Price ₹50/-

मासिक
बिम्ब
कोंकणी साहित्य आणि बिम्ब

डिसेंबर २०१५

सात साहित्यकारांक
बिम्ब सन्मान

दर्जेदार सिनेमा हेंच इफ्फीचें ओंदूचें यश

सुबोध केरकाराचो 'मोग' फुललो पिळर्ण पठारार

बिम्ब सन्मान

on your next holiday to Goa...

Experience the New Tourism Services to be launched by Goa Tourism

HOT AIR BALLOON

SEA PLANE

AMPHIBIAN VEHICLE

MOTORIZED PARAGLIDING

Fun Goa safe Goa

GOA

@TourismGoa officialgoatourism Incredible India

W: www.goa-tourism.com
E: reservations@goa-tourism.com

HYUNDAI | NEW THINKING. NEW POSSIBILITIES.

HYUNDAI
DECEMBER
DELIGHT

For the year's best offers, rush to ALCON HYUNDAI today.

Zero
Down Payment*

Free
3rd Year Warranty*

Cash
Attractive Offer*

*Terms and conditions apply.

ALCON HYUNDAI
COUNTO AUTOMOBILES PVT. LTD.
PORVORIM: Survey No. 20/1 , NH - 17 Porvorim, Goa. Ph. 0832-2415123 / 24 Mob: 9552580050
MARGAO: Bonita Apt., Arlem, Margao Goa. Ph. 0832-2740390 Mob: 9552587077, 7767814892

HURRY! LIMITED PERIOD OFFER.

कोंकणी मासिक

बिम्ब

१४ वें वर्स

वर्स: १४ अंक: १२

डिसेंबर २०१५

मोल ५० रुपया

मुखेल संपादक
दिलीप बोरकार

मुद्रक आनी प्रकाशक
दिलीप बोरकार

छापणावळ
इम्प्रेशन्स, बेळगांव

वेवस्थापक
कामिनी किणी

अक्षर जुळवणी आनी मांडावळ
श्वेता नायक

वर्गणीचे दर
वर्सुकी ३५०रु./३ वर्सां १००० रु.
खंयच्याय म्हयन्या सावन वर्गणीदार जावं येता. वर्गणीचो चेक 'BIMB MONTHLY' ह्या नांवान धाडचो

संपादकीय पत्रवेव्हाराचो पत्तो
'धर्म लक्ष्मी', सांत लॉरेन्स,
आगशीं-गोंय ४०३२०४
दूरध्वनी: ०८३२ २४३८३५५
Email:bimbkonkani@yahoo.co.in

ह्या अंकांत उक्तायिल्ले विचार त्या त्या बरोवप्याचे आसात. संपादक मंडळ ताचे कडेन सहमत आसतच अशें ना.

संपादकीय / ५
प्रतिबिम्ब / ६
कादंबरी - नं. ध. बोरकार / २१
वोंवळां - रुपा कोसंबे / २७
सैमराग- हर्षा शेटये / ३०
कथा - विजया शरद सावंत / ३८
झोत - सखाराम शेणवी बोरकार / ४५
गरनाल - कृ. म. सुखठणकार / ४६
पर्यटन - सुशांता दत्ता नायक / ६०
तोखणाय - अरूण साळकार / ६४
हार्ट टू हार्ट- सुजाता सिंगबाळ / ६९
आपटो - राधा भावे / ७२
उस्तवारी- अरुण काकोडकार / ७४
ललित - सुमेधा कामत-देसाय / ७७
इंद्रधोणू - आशा शानभाग / ८०
भोंवडी - सुचेता कामत पै / ८२
उतरकुवाडें - संतोष हळर्णकार / ९६

१० **शीर्षकथा**
गोंय राज्य 'पुण्यभूंय' म्हण जाहीर करूंक गोंयचे राजकारणी 'पुण्यवंत' जाय ते पासत पर्यून एक खेप गोंय 'मुक्ती' लढो जाय...!
◆ दिलीप बोरकार

४२ **मनसंवेदना**
◆आर. रामनाथ
◆इंद्रजीत गणपत घुले
◆राजश्री सैल
◆व्यंकटेश नायक
◆रुपाली मावजो किर्तनी
◆अमिता शंभू शिंदे
◆सुधीर कोडकोणी

५३ **भुरग्यांचें आंगण**
◆जयमाला दणायत
◆माया खरंगटे
◆शोभा फुलकार
◆भिकाजी घाणेकार
◆डॉ. माधवी सरदेसाय
◆स्मिता खांडेपारकार

शंबर वर्सांची लोकहिता पासत प्रदीर्घ सेवा
हिन्दु फार्मासी
पणजी, गोंय. फोन २२२३१७६/२४३२९०३
HINDU PHARMACY
◆वखदां रसेता शिवाय विकप बेकायदेशीर. दोतोराच्या रेसेताचेरूच वखदां विकत घेयात.
◆दुयेंसां आनी इलाजा विशीं योग्य ती म्हायती जाणून घेवप हो दरेक रुग्णाचो हक्क.

संपादकीय

पंदराव्या वर्साच्या हुंबऱ्यावेल्यान...!

डिसेंबराच्या ह्या अंकासावन बिम्ब मासिक १४ वर्सां पुराय करता. १४ वर्सां म्हळ्यार व्हडलो सो काळ न्हय आनी वनवासाचो जर प्रस्न येत जाल्यार तो काळ तसो आकांताळोच म्हणचो पडटलो. जानेवारी २००२ वर्सा आमी 'बिम्ब' मासिक म्हूण चलोवपाचो निर्णय घेतलो आनी सातत्य, दर्जो राखून तो १४ वर्सां मेरेन हाडलो. ह्या काळांत आमकां अडचणी येवंक नात अशें न्हय. मासिकाक आनी तेंय बी कोंकणींतलें आसलें जाल्यार त्या मासिकाक अडचणी नात अशें म्हणप म्हळ्यारूच वाचतल्याक धक्को बसपा सारकें! कोंकणीच्या वांट्याक सदचीच कुंडेकुस्कुराची जीण आयल्या. तिचे जिणेंत सूख हाडूंक आमचे सारखे मोर जावन धडपडटात खरे पूण तांचेकडेन एका पांखा परस दुसरें पांखूच नासता. तरी एका पांखान मोर जावन आमचेकडल्यान जें कितें घडटा ताची ह्या चौदा वर्सांत वाचप्यांनी तोखणायूच केल्या.

जानेवारी २००२ च्या पयल्या अंका सावन ह्या डिसेंबरच्या अंका मेरेन तो सर्वांग सुंदर करपा पासत आर्थीक नदरेन घटाय दिवपाक खूबशे हितचिंतक आमचे वांगडा रावले. अदीं मदीं सकयल वयर जालें तरी आर्थिक चणचणीक लागून कोंकणींतलें एक मासिक बंद करपाची परिस्थिती काय उप्रासूंक पावलीना. ह्या १४ वर्सांच्या काळांत एक अणभव आमी घेतला तो म्हळ्यार एक दर्जेदार मासिक वो दिसाळें चलयतलो जाल्यार थंय भाशेचो प्रस्न उप्रासना. भाशेचो वाद येना. जें कितें बरें आसा तें वाचपी उखलून धरतात. आत्मस्तुती न्हय तर फाक्त असो आसा, आयज बिम्ब गोंयच्या खूबश्या घरांनी पावला आनी पावपाक जर एक दीस कळाव जालो जाल्यार त्या घरांतल्या वांगड्यांक तळमळे लागतात. मागीर फोनार फोन सुरू जातात.

हें जावपाचें कारण म्हळ्यार बिम्बाची दर्जेदार मांडावळ ती जालीच पूण बिम्बांतलीं वेगवेगळीं सदरां आनी हेर साहित्य. फाटल्या चौदा वर्सांत कितले तरी बरोवपी बिम्बांतल्यान दर म्हयन्याक वाचप्यांच्या घराघरांनी पावले. वाचप्यांनी तांची तुस्त तोखणाय केलीच आनी बरोवप्यांनीय आपूण कितें बरयतां, कितें बरोवंक जाय आनी कशें बरोवंक जाय हाचें भान दवरून आपल्या साहित्या वांगडाच बिम्बाचो दर्जो सांबाळ्ळो. हाकाच लागून बिम्बाच्या यशाचें श्रेय तांकांच वता.

बिम्ब नेमान येवचें देखून आर्थिक फाटबळ दिवपाक उद्योजक सदांच आमच्या फाटल्यान रावले. आयज कोंकणी पासत जायरात दियात अशें सांगपाचो काळ उरूंक ना तर खंयचें नेमाळें चड लोकांकडेन पावता हाची म्हायती करून घेवन उद्योजकच त्या नेमाळ्यांक जायरात दितात. 'बिम्ब' मासिकाचोय तातूंत आसपाव जाता हें सांगतना आमकां खोस भोगता.

हें इतलेंय बरें बरें सांगतना एक खंत हांगा उक्तायल्या बगर रावं नज. आमी बिम्ब पुरस्कार दिवपाचो निर्णय घेतलो आनी फाटलीं चार वर्सां ते दियत आयले. ओंदुचें हें पांचवें वर्स. आमचे साहित्यीक म्हालगडे जे आतां आमचे मदीं नांत तांची, तांच्या साहित्याची याद आनी अभ्यास जावंचो देखून तांच्या नांवान आमी हे पुरस्कार भेटयतात.



बिम्बांतल्यान साहित्याचे वेगवेगळे प्रकार केळोवप आनी आमच्या जाणटेल्यांचें साहित्यीक दायज आयचे पिळगेन मुखार व्हरप असो एक विचार हाचे फाटल्यान आशिल्लो. पूण कांय साहित्य प्रकार केळोवपी लेखक-कवी आमी ह्या पांच वर्सांत वाचप्यां मुखार हाडूंक पावलेनात. तेच पासत ह्या वर्सा लोककवी डॉ. मनोहरराय सरदेसाय ह्या पुरस्कारा पासत नामांकन जालें ना. विनोदी साहित्याचोय झरो आमच्या गोंयांत खंयच स्त्रवतना दिसना देखून आमी फाटल्या वर्सा सावन पुरस्कारांच्या विभागांत लवचिकताय हाडली. बिम्बांतल्यान सातत्यान बरोवपी आनी वाचकां कडल्यान प्रतिसाद मेळोवपी लेखक-कवींच्या नांवांची वळेरी करून ती आमच्या ज्युरी मंडळाकडेन दवरली आनी तांचे कडल्यान आयिल्ले शिफारशी प्रमाण बिम्ब पुरस्कार जाहीर केले.

ओंदूय तीच परंपरा चालीक लावन आमी बिम्ब पुरस्कारा खातीर नामांकन केलां. जांकां हे पुरस्कार फावो जाल्यात तांचें सगळ्यांचें अभिनंदन करतना आमकां खोस भोगता. फुडाराकूय तांचे कडल्यान आमकां दर्जेदार साहित्य वाचूंक मेळटलें हातूंत दुभाव ना.

बिम्ब मासिक पंदराव्या वर्सांत पावल दवरतना आमची हीच अपेक्षा आसा.



गरनाल अखंडीतपणान फुटूं!

हांसप आनी हांसोवप ह्यो दोन वेगवेगळ्यो कला. आपूण हांसून हांसून दुसऱ्याक हांसोवप खूब सोपें. पूण आपूण आपली मिशी सुध्दां हालय नासतना दुसऱ्याक पोट फुटसर हांसोवप ही एक खूबच कठीण कला. आनी हीच कला 'बिम्ब' मासिकांत 'गरनाल' कॉलम बरोवपी बाब कृ. म. सुखठणकार हांचे कडेन भरभरून व्हांवता. तांचे बरोवप म्हणजे पोटांत फुटपी एक गरनालूच. जो केन्ना टम्म करून फुटत हाचो नेम ना. अशें म्हणटात की मोन्याच्या मुखार जर बडबडत रावत तर तो मोनो सुध्दां उलोवपाचो यत्न करता. तशेंच कृ. म. सुखठणकाराचें लिखाण वाचून चिंतेन बुडिल्लो सुध्दां हांसपाक लागता. हांव दुसऱ्याचें सांगिना. म्हजेंच उदारण दितां. जेन्ना म्हजी माये मोगाची आवय भायर पडली तेन्ना हांव म्हज्याच चिंतनांनी घुसपल्लें. जेवण ना, खाण ना फकत रडत दीस काडटालें. मम्मी गेल्या उपरांत तिसरे दिसा म्हज्या घोवान 'बिम्ब' म्हज्या हातांत दवरलें आनी तातूंतलें 'गरनाल' सदर वाचतां वाचतां अचकीत मुखामळार हांसो आयलो आनी म्हाका हांसतना पळोवन म्हज्या घोवान कृ. म. सुखठणकारांचे मनांतल्या मनांत उपकार आठयले. दिसपाक जरी बरोवपी खूब सिरीयस दिसले तरी तांचें मन खूब बरें. एकदां मनांतल्यान दोस्त मानीत तर मैत्रीक सदांच जागपी अशें तांचें व्यक्तिमत्व. अशेच ताणीं वेगवेगळे विशय हाताळून आमच्या जिवितांत बिम्ब मासिकांतल्यान अखंडीतपणान गरनाल फोडचे हेंच नमळायेचें मागणें.

– अविता गांवकार
सावर्शे, सत्तरी – गोंय
मो. : ९९२३०५८५४७

कोंकणीची अवतिकाय

आयज पर्थून गोंयांत भाशावाद चल्ला हें वाचून मन विषण्ण जाता. कित्याक काय हो वाद? तुमी जाणांत काय हांव नकळों, जेन्ना गोंय पोर्तुगेजां कडल्यान मेकळें केलें तेन्नाच्यानच ह्या वादाक सारें, उदक पडत रावलें, जावं कांय मराठी वादयांव तें घालीत रावले. ह्या वादाचो पयलो म्हारू गोंयांत हाडून सोडलो, तो म्हाराष्ट्रांतल्या कांय बुदवंत लोकांनी आनी माणकुल्या गोंयचेर नदर दवरली, उपरांत महाराष्ट्रवाद गोंयांत रूजयलो. सर्गेस्त भाऊसायबाकय दिसलें की गोंय हें म्हाराष्ट्राचेंच जावये, कारण हांगां गोंयांत पुर्तुगेजांवेळार पुर्तुगेज भाशेचो वेव्हार आसूनय मराठी आसली आनी स्वाभावीक नदरेंतल्यान पुर्तुगेज भास आतां गेली आनी मराठी तर आसाच देखून जळा मळां ताणीं कोंकणी जी आमची निजाची भास तिका अपशकून करपाक सुरवात केली. ते नकळ आसले (जाणां जावनय) की गोंयांत कोंकणी कातारां, तियात्रां, नाटकां, काले, धालो आनी जागोर असले प्रकार आशिल्ले ते! तांचें एकूच ध्येय जाल्लें तें म्हळ्यार 'झालाच पायजे' ह्या एकाच घोशवाक्याचेर ताणीं लोकांक खुबळावन घाले, तरी बरें आमी सार्वमतांत वांटेकार जावन तो जैतीवंत केलो म्हणून! ना जाल्यार हे आमकां तेन्ना कापूनच उडोवपाचे आनी तशेच ते वागताले. तांकां कैफ चडिल्लो.

गोंयांत तेदेवेळार पयलें सरकारय महाराष्ट्रवादी गोमन्तक पक्षाचें आनी कोंकणीक वायट दीस आयले आनी तांचें फावलें. १५/१६ वर्सां तरी हांणीं कोंकणीक मान वयर काडूंक दिली ना. सरकार दरबारांत आमकां कोंकणी लोकांक ताणीं लागीं लागीं चेंपोवन दवरले आनी आयजूय हो म्हाराष्ट्रवाद ह्या वादयांवांनी आनी हो पक्ष जाका कसलींच तत्वां ना तो हांगा दवरून ह्या शांत गोंयाक तळमळोवन दवरला. आरे आमकां हो वाद जायच कित्याक? कोंकणी ही आमच्या राज्याची भास आनी मराठी ही सहभास अशें सरकार दरबारांत लिखीत आसतना सरकार इंग्लीशीक अनुदान बी असल्यो गजाली हाडून लोकांक कित्याक घुसपावन घालता? राष्ट्राची भास ही हिन्दी थारल्या आनी तरीकय जळां मळां इंग्लीशीचो खवदळ चल्ला जाल्यार फाल्यां गोंयचे खांपे (विधानसभेंतले) वाघ-शिंव-कोले एखाद्रे फाल्यां लोकसभेंत जावं राज्यसभेंत पावले तर भारताची भास ही इंग्लेज म्हणून मागतले? ना न्हय! तर मागीर गोंयांत भाशावादाचेर उ आमची शक्त उणी जायत चल्ल्या तिक आळाबंदा हाडूंक फाव काय ना? हे मराठी वादयां जे भाशावादाचेर चड आनी चड लक्ष घालता ताचें मुखेल कारण म्हळ्यार तांकां कोंकणी नाक इंग्लेज जाल्यार उपकारता.

तसो त्या भाशावादाचेर एक तोडगो का येतालो तो म्हळ्यार सार्वमत. पूण तें परत घड अशें म्हाका दिसना. तशें जाल्लें जाल्यार ह वादाचो कायमचो सोक्षमोक्ष जावन वतलो आसलो तुमी जाणांत गोंयांत आनी गोंयांभायरय कोंकण समाज पातळिल्लो आसा पूण आमचे कोंकण जाळवणदार गोंयांत कोंकणी समाज घडोवया आनी मराठी वादयावांक आमची तांक दाखोवन दिवय हें मतींतूच घेनात, जो तो वावुरता माचयो, पद आनी प्रतिश्ठे फाटल्यान.

जो गोंयांत वाद आसा तो जर नानपयत जावन वतलो जाल्यार हो महाराष्ट्रवादी की भ्रश्टवादी (ज्या पक्षाक तत्वांच ना) गोमन्तक पक्ष गोंयच्यान नामशेष जावंक फावो, जाल्यारच गोंयांक थाकाय मेळटली. कारण होच पक्ष आनी ह्या पक्षांतले थर नाशिल्ले राजकारणी जे सत्ते पासत हापापलेले आसात तेच मराठीक पोसवण दितात आनी म्हणटात कशे कोंकणी आमचीच पूण मराठीय जायच! राजनिती आनी सरकारांत सामील जावपा पासत हो गोंयांत आशिल्लो महाराष्ट्रवादी पक्ष खंयच्याच राष्ट्रीय प्रवाहांत (पक्षांत) विरगळना (पणजे जाल्ल्या भारतीय जनता पक्षाचे माचयेर खामसुत्रे बशिल्ले पळोवंक मेळटात – सुनापरान्त ता. १३/१/२०१४ संकल्प रॅली पुराय बातमी वाचा) मात, पूण वयलेचाराक लोकांक फटोवपाक! ह्या पक्षांतल्या कांय फुडाऱ्यांनी लोकांक पयशे वाटून आनी लाचार करून दवरून तांच्या नाड्यार ह्या महाराष्ट्रवादी पक्षाची पोसवण करून दवरल्या, देखून ही महाराष्ट्रवादाची कीड काबार करून उडोवपाक आमकां यत्न करूंक जाय अशें म्हाका जाल्यार दिसता.

■

– शिवनाथ भाई नागेशकार
नागेशीं-बांदोडें, फोंणें – गोंय

साहित्य धर्म पाळचो

कोंकणींतलीं दोन नेमाळीं नेमान घरा पावतात. तीं म्हळ्यार 'जाग' आनी 'बिम्ब'. बिम्बाचो चवथ अंक हातांत पडलो. संपादकीय वाचून जाल्या उपरांत पान साता वयलो 'कोंकणी सत्यनाश' वाचून साहित्यावयली वान्साच गेली. कोंकणींतल्या रेड्या पाड्यांचीं झुजां... हे ओपारीची याद जाली. खीणभर चिड्डिल्ल्या माड्डिल्ल्या ल्हानशा तणाक दिसचें तशें म्हाका दिसलें. रोखडोच संपादकाक फोन लायलो. मनांतली मळमळ भायर आयली. पूण गणेश आनी सरस्वती हांच्या मंदिरांत कांय वेळ काडिल्ल्यान मनांतले विचार कागदार बरोवंचे अशें दिसलें. जुस्त तीस वर्सां आदीं सर्गेस्त रवीन्द्रबाब हाणीं *नवप्रभां* त बरयल्ल्या स्वगताची याद जाली. 'मराठी लिहिणे न लगे आमुचा राम राम घ्यावा!' एक लेखक असो जेन्ना निर्णय घेता तेन्ना तो भितरल्यान पेटून उठिल्लो आसता. उपरांतचीं दोन वर्सां राजभाशा आंदोलनांत गेलीं. म्हजे सारके कांय तरणाटे जांचो मुळावो संबंद दोनूय भाशांकडेन सारकोच आशिल्लो ते दोना मदले खंयचेच एके पार्तिंत गेले नात.

पूण भाशीक आंदोलनाचो परिणाम म्हणू येत कितेंय तरी बरोवपाची उमेद मेळ्ळी. ते उमेदीक कोंकणी म्हालगडे स. सुमंतबाब आनी भौ. पुंडलिकबाब हांणी कौतुकाचें सारें घालें.

कोंकणी अकादमीचो फाटल्या दोन-तीन वर्सांत वावर लागींच्यान पळयल्ल्यान सद्याच्या वादा संबंदान दोन विचार वाचकां मेरेन पावचे ह्या उद्देशान ही चीट बरयल्या. कोंकणी अकादमीच्या वर्सुकी अंदाज पत्रकांत सुमार एक कोटी रुपयांचो खर्च दिसता. तातूंतलो बरोचसो कर्मचाऱ्यांच्या पगारांत वता. ह्या कामगारांच्या सेवा शर्ती संबंधांत पत्रवेव्हार कांय जाणांक TBPS दिवपाक लागून चर्चेक आयिल्लो. अकादमी स्थापन जावन दोन दशकां जालीं तरी ह्या मुळाव्या गजालींची सारकी जाप ना हें अकादमीच्या फुडाराचे नदरेन घातक आसा.

अकादमीक स्वायत्तता आसा पूण ती कार्यावळी आनी येवजुणीकी संबंदांत. अकादमी आर्थीक नदरेन पुराय तरेन सरकारी पालवार निंबून आसा म्हणटकीर दुडवांच्या खंयच्याय उपेगाक सरकारी नेम आनी प्रोसिजर लागतात. हे नेम मनशागणिक बदलूंक शकनात तेच भाशेन अकादमी स्वायत्त आसा अशें समजून कोणाकूय हे पयशे आपणाल्या बोल्सांतले अशें समजून मोडपाची मेकळीक ना. कोंकणी अकादमी, कोंकणी साहित्य, कोंकणी संस्कृताय सांबाळपी अशें तिचें रूप बुनयादी वेळार मांडिल्लें. पूण अकादमी आपल्या मुळाव्या 'अर्थाकडल्यान' व्हांवून दुसऱ्याच 'अर्थांत' घुस्पल्या अशें दिसता. हातूंतल्यान कोंकणी भाशा तशेंच कोंकणी समाज काबार करपाक मदत जावं येता अशें म्हाका दिसता.

भौसाचो पयसो प्रामाणीकपणान संस्थेच्या वावरा खातीर वापरल्यार समाजांत संस्था नामना जोडटली हें सांगपाक म्हज्या सारक्यांची गरज ना. पूण एक गजाल सांगलेबगर रावूं नजो. अकादमीचे एके समितीचो वांगडी म्हण वावर करतना मानधन तशेंच भत्तो घेवंचो म्हण तेन्नाचे अकादमीचे सचिव गुरूदास पिळर्णकार हाणीं सांगलें तेन्ना हांवेन तो घेवपाचो न्हयकारलो. एका पुरायवेळ 'सरकारी कर्मचारी' आशिल्ल्या मनशान, सरकाराकडल्यान आनीक त्या दिसाचो दोट्टी पयसो घेवप समा न्ही अशें म्हाका दिशिल्लें. तशें पत्रच हांवेन सचिवाक दिल्लें. म्हज्या सारक्याक तें शक्य आशिल्लें म्हण अकादमी कडल्यान हांवेन कसलेंच मानधन वो भत्तो घेवंक ना. सरस्पतीची सेवा करता अशें म्हणटा ताणीं इतली तरी नमळताय आनी नैतिकताय बाळगुची अशें दिसता.

भौशीक जाग्यार आंगोस्त्रां धुंवपी परिट वा धोबी (कोंकणी उतर मुद्दाम वापरूना कारण कोणाक जातीवयल्यान हिणायलें अशें दिसत) हाणीं तें काम मुजरत करचें. पूण दर खेपे सीतेकूच अग्निदिव्य करपाक लायतना खरो बळी कोणाचो वता हाचें भान दवरचें. स. रवीन्द्रबाबाल्या महाभारताच्या अनुसर्जनाची आनी व्यासाच्या कवनांची याद ह्या खिणाक जाल्या.

'उबारून हात वयर, दीस रात आड्डतां
धर्म आदि पाळ्ळो जाल्यार, अर्थ काम आपर्शी येता
इतलें कशें समजना, कोणूच म्हजें आयकना
- व्यास

- दो. मधुसूदन जोशी
रायबंदर - गोंय.
मो. : ९४२३०५९०३६

हास्य बिम्ब

हालींची नीत

एक म्हस सामकी भिवन जंगलांत पळन वताली.

वाटेर तिका एका हुंदरान पळयलें आनी विचारलें, ''येदी व्हडली म्हस जावन लेगीत अशी भिऊन खंय पळटा..?''

म्हशीन सांगलें, ''जंगलांत पुलीस आयल्यात, हतयाक धरूंक.''

''पूण तूं तर म्हस. हती खंयचो? तूं कित्याक पळटा..?'' हुंदरान म्हळें.

''इश्टा तुका खबर ना. हो आमचो भारत देश. तार्णी एक खेप धरलो म्हणटकच आपूण हती न्हय हें प्रोवार करपाक फुडलीं वीस वर्सां कोर्टांत सरतलीं की हांव हती न्हय तर म्हस आसां म्हण..''

हुंदरान तें आयकलां मात, तोय रावलोनां. वाट मेळटा ते वाटेन तार्णे फुज्यो काडल्यो...

पुटस्कार

बिहार सरकारान जाहीर केलें, जांच्या कुटुंबांत पांच भुरगीं आसात त्या दर घराक सरकार पन्नास हजारांची मदत दितलें.

पांडेक चारूच भुरगीं आशिल्लीं. ताका ह्या पन्नास हजारांची आस जाली. तार्णे आपले बायलेक सांगलें, ''हें पळय रागार जावं नाका, म्हजें एक गर्लफ्रेंड आसा. ताका म्हजेपासून जाल्लो एक भुरगोय आसा. हांव तो घेवन येतां. म्हणटकच आमचीं पांच भुरगीं जातलीं आनी आमकां सरकारचे येवजणेचो लाव मेळटलो.''

ताचे बायलेन कांयच प्रतिक्रिया दिली ना. तिचें मौन हीच मुकसंमती मानन तार्णे वचून त्या भुरग्याक घरा हाडलो. घराकडेन पावलो तेन्ना ताका तार्ची हेर भुरगीं खंयच दिश्टी पडलींना. तार्णे उत्सुकतायेन बायलेक विचारलें, ''आगो आमगेलीं कर्चीबर्ची खंय गेल्यांत गो..?''

पांडेचे बायलेन पांडेचेर एक निर्विकार नदर मारली आनी थंडपणान म्हळें, ''आमचीं ? हूं...! तीं जांचीं आशिल्लीं ते ते येवन तांकां घेवन गेल्यात...''

■

गाढवांचें राज्य

एक खेप सुण्याची आनी गाढवाची पैज लागली. जो कोण धांवू सगळ्यांत पयलीं थारायल्ले सुवातेर पावता तो राज्याच्या सिंहासनाचे बसतलो आनी राज्य करतलो.

धांवपाची सर्त सुरू जाली. सुणो सामको खूश आशिल्लो.

तार्णे चिंतलें, 'आपूण तर सुणो. धांवपाक हुशार. म्हजे परस फास्ट ह गाढव कितें धांवतलो?'

पूण ताका खबर नाशिल्लें दर गांवच्या नाक्यानाक्यावयले सुणे ताचे हल्लो करतले आनी ताका मुखार वचपाक दिवंचेच नात. आनी जालें तशेंच. नेटान धांवपी सुण्याचेर दर एका चौकांतले थळावे सुणे तुटून पडत आनी रेसिंतल्या सुण्यांक तांचे कडेन झगडुपाक वेळ आनी शक्त होगडावची पडली. जेन्ना तो थारायल्ले सुवातेर पावलो तेन्ना गाढव आदींच थंड पाविल्लें आनी हड्डें मुखार काडून सिंहासनाचेर बशिल्लें.

जेन्ना आपलेच जात बांधव जैताकडेन वचप्याक फाटीं ओडटात तेन्ना गाढवांचें राज्य आयल्यार अजाप तें कसलें?

पॅरीस आनी अमेरिका

बापायन पुताक विचारलें, ''शाण्या तुका चड कोण आवडटा? हांव काय मम्मा?''

पुतान म्हळें, दोगांय.

''तशें न्ही रे एक कोणूय सांग.'' बापायन म्हळें.

''दोगांय.''

''जर हांव अमेरिकेक गेलों आनी तुजी मम्मा पॅरिसाक गेली जाल्यार तूं खंय वतलो?'' बापायन विचारलें.

''पॅरिसाक.'' पुतान म्हळें.

''म्हणटकच तुका म्हजे परस मम्मा चड आवडटा तर?''

''ना ना. तशें न्हय म्हाका अमेरिके परस पॅरीस चड सुंदर दिसता म्हूण.''

''हांव जर पॅरिसाक गेलों आनी तुजी मम्मा अमेरिकेक गेली जाल्यार तूं खंय वतलो?'' बापायन विचारलें.

''अमेरिकेक.'' पुतान म्हळें.

''कित्याक?''

''आरे.. एकदां हांवें पळयलें न्हय पॅरीस. आनीक कितले खेप पळोवपाचें तर तें?'' पुतान म्हळें.

■

The life of every celebration
Celebration lifeline
monginis

शीर्षकथा

गोंय राज्य 'पुण्यभूंय' म्हण जाहीर करूंक गोंयचे राजकारणी 'पुण्यवंत' जाय ते पासत पर्थून एक खेप गोंय 'मुक्ती' लढो जाय...!

- दिलीप बोरकार

गोंय राज्याचे मुख्यमंत्री म्हूण हालींच १ वर्स पुराय करपी भौ. लक्ष्मीकांत पार्सेकार हांकां ऑक्टोबर म्हयन्याचे २७ तारकेक एक शिश्टमंडळ मेळ्ळें. ह्या शिश्टमंडळाचें फुडारपण नामनेचे सुटके झुंजारी, लेखक आनी मार्ग चळवळीचे प्रवर्तक भौ. गुरूनाथ केळेकार हाणीं केलें आनी ह्या शिश्टमंडळांत आनीक एक खडेगांठ सुटके झुंजारी आनी नामनेचे कवी भौ. नागेश करमली, तशेंच फा. मोवझीन आताईद, मार्टीन मिनीन फेर्नांडीस, कलानंद मणी आनी दिलीप बोरकार म्हळ्यार म्हजो आसपाव आशिल्लो. मुख्यमंत्र्यांकडेन आमी वरभर भासाभास केली आनी मुख्यमंत्री पार्सेकार हाणीं सकारात्मक नदरेन हाचेर वावर करपाचें उतर दिलें.

ह्या शिश्टमंडळान गोंयच्या मुख्यमंत्र्यांक मागणेपत्र सादर केलें तांतलो मजकूर हो असो आसलो –

१. गोंयच्या मुक्तिसंग्रामाचो गोंयांत एक म्युझियम आसचो.

गोंयांत पणजे वा त्या वाठारांत गोंयच्या मुक्तिलढ्याचें एक संग्रहालय आसचें. गोंयांत जो गोंयांभायलो लोक येता तांकां तें पळोवंक मेळटलें. गोंयकारांनी गोंय मुक्त करपा खातीर कितले त्रास सोंसले, कितल्यांनी देह दवरले, तांकां भारतीयांनी कसो पालव दिलो, गोंयकारांनी भारतीय सैन्याक कसो येवकार दिलो ताचो हो इतिहास आसा. दिल्लींत त्रिमूर्तींत भारताच्या स्वातंत्र्य लढ्याचें व्हडलें संग्रहालय आसा. दर दिसा शेंकड्यांनी विद्यार्थी तशे भोंवडेकार ताका भेट दितात.

गोंयचो मुक्तिसंग्राम १९४७ ते १९६१ मेरेन तब्बल १५ वर्सां चल्लो. ताचे पयलीं लेगीत पुर्तुगाला आड गोंयांत जायतीं बंडां जाल्लीं ताची गवाय मेळटा. पंडित नेहरू हांणी गोंयच्या मुक्तिसंग्रामाचें तोंड भरून कवतूक केलां. आकारान येदोसो आशिल्ल्या ह्या प्रदेशांतल्या नागरिकाचो त्याग लक्षांत दवरूपा सारको आसा असो निरवाळो ताणीं दिला. गोंयचे मुक्तीक लागून भारताचें स्वातंत्र्य पूर्ण जाल्ल्याचें ते परपरत सांगताले. हाचें म्हत्व आमी अजून समजून घेवंक ना. गोंयां सत्तेर आयिल्ल्या सगल्या सरकारांनी कळटना नकळटना ह्या जाज्वल्य लढ्याकडें पुराय दुर्लक्ष केल्ल्याचें जाणवता. ह्या संग्रामान त्या धा वर्सांत सगळ्या संवसाराचें लक्ष ओडून घेतिल्लें. गोंय जगभर प्रसिध्दीच्या झोतांत आशिल्लें. गोंयांविशीं आज दिसता तें भोग्य आकर्शण आनी तेन्नाचें त्यागी दर्शन हातूंत भूंय-मळबाची तफावत आसा. पर्यटन हें भोंवडेकारांचे मनरिजवणे खातीरूच असो सगल्या सरकारांनी गैरसमज करून घेतला. असो हो प्रदेश पळोवंक येतल्या पर्यटकांक आनी हांगाचे जनतेक ह्या प्रदेशाचो दैदिप्यमान इतिहास हे वास्तूंत दिसूंक जाय. अशी ही वास्तू गोंयां स्थापप चड गरजेचें.

२. गोंय राज्याची 'पुण्यभूंय गोंय' म्हण वळख जावची.

शणै गोंयबाब हाणीं त्या काळार म्हळ्यार १९३५च्या सुमाराक गोंयांक 'धर्तरवयलो सर्ग' म्हणिल्लें. उप्रांत काकासायब कालेलकर हाणीं गोंय 'पुण्यभूंय' म्हण म्होर मारिल्ली.

तुमी जाणा आसतले, केरळ राज्य आपली 'देवभूंय' म्हण जायरात करता. संवसारीक पर्यटन थळ म्हण नामनेक पाविल्ल्या गोंय राज्यान 'पुण्य भूंय' हें बिरूद आपणावचें आनी गोंय ही एक 'भोगभूंय' म्हण जे मानतात तांकां हो एक पवित्र प्रदेश म्हण वळख करून दिवची. हाचो अर्थ हांगा मन-रिजवण जावची न्हय असो कोणेंच करून घेवचो न्हय.

३. 'देव बरें करूं!' सगळ्याक जावचें.

सगळ्या गोंयकारांच्या तोंडांत 'थँक यू' बदला 'देव बरें करूं' हें वाक्य घोळत आसता.

दुसऱ्याचे उपकार मानतनाच 'देव सगळ्यांचें बरें करूं' अशी प्रार्थना तातूंत जाणवता. हाका लागून हो प्रदेश घडये हेर राज्यां परस हिंसे पासून पयस आशिल्लो जाणवता. गोंयांत दर दिसा आंदोलनां वा चळवळी जातात. ते सगळे उपासाचे मर्यादेंत आसतात. हें गोंयचें खाशेलेंपण जालां. गोंयां भायर चळवळी फातर शेवटून सुरू जातात आनी फारपेट जावन सोंपतात.

गोंयचे निरोगयाळेंपण अदीक घट जावचें म्हण म्हाल मार्गांचेर आनी हेर रस्त्यांचेर जे इंग्लीशींतल्यान *Welcome* आनी *Thank You* लायिल्ले तक्ते दिसतात तांचे वयर सुरवेक 'मोगाचो येवकार' 'देव बरें करूं' ह्या उतरांचे फलक लावंचे. तांचे सकयल इंग्लीशींतलीं उतरां दिवंचीं.

ह्या दिसांत गोंयांत मार्गाचेर 'रोड साईन्स' उपकरायिल्ली दिसतात. तांचे बांगडा ड्रायव्हरांची तशेंच वाचतल्यांचीय उमेद वाडोवपी कांय फलक आसचे. जशेपरीं 'धांव धांव धांवलो, तारी कडेन पावलो' हाचो अर्थ 'गाडी फास्ट मारली तरी फेरीबोट चुकली.'

वयर बरयल्यात ते तिनूय विशय तुमकां भावतले अशें आमी समजतात.

आमचें शिश्टमंडळ दनपारचें मेळिल्लें. तेच रातीकडेन वाचपाक एखाद्रें पुस्तक घेतलों म्हूण आलमार उक्ती केली आनी फुला-बोलाक गांठ पडची तशी काकासायब कालेलकार हांचें 'पुण्यभूमि गोमंतक' हें पुस्तक हाताक लागलें. रवीन्द्र केळेकार हाणीं 'हाचेर केन्नाय बरय जमता तेन्ना' म्हूण म्हाका तें भेट दिल्लें. पंचविसेक वर्सां आदीं, तेन्ना तें वाचून तश्शें दवरिल्लें तें म्हाकाच सोदूंक आयिल्लेवरीं हाताक लागलें. काकासायबाक गोंय ही पूण्यभूंय अशें कित्याक दिसलें?

पुस्तक रातभर बसून वाचून काडलें आनी कांय मुद्दे अधोरेखीत करीत गेलों.

ऑक्टोबर १९५८त गांवदेवी, मुंबय हांगच्यान गोमंत भारती प्रकाशनावतीन प्रकाशक वसंत पांडुरंग बोरकार हाणीं तें छापून उजवाडाक हाडिल्लें.

प्रकाशकाचीं दोन उतरां हातूंत प्रकाशक वसंतबाब सांगतात-

सुमार वीस वर्सां फाटीं काकासायब गोंयांत गेल्ले. तेन्नाच ताणीं वळखल्लें गोंयचो आत्मो अस्वस्थ आसा. तशें ताणीं उलोवनूय दाखयल्लें.

गोंयाविशीं काकासायबान ज्या द्रश्टेपणान तांचे व्यथेचें योग्य निदान केलें, तेच द्रश्टेपणान, गोंयांक घटसाण मेळटली अशीं पथ्यां-उपचार ते सांगूंक लागले. केन्ना आज्जेच्या कळवळ्यान तर केन्ना बापायच्या करारीपणान. तांचे हे सांगणे फाटल्यान तांची संस्कृती फाटले जाणवायेची जीवन दृष्टी सदांच जागृत आशिल्ली.

गोंय ही काकासायबांची पितृभूंय आशिल्ल्यान तिचेविशीं तांचो भक्तिभाव कांय आगळोच आशिल्लो. पूण तिचेविशीं जो खाशेलो कळवळो आशिल्लो ताचें कारण मात इतलेंच न्हय. भारतवर्षाच्या

HURRY!
HOME LOAN AT

LOWEST EMI OF JUST
₹878* per lac

LOWEST INTEREST RATE
@10%* p.a.

*Conditions Apply

Higher quantum of loan with no maximum limit • Specialized branches for fast approval

यूनियन बैंक ऑफ इंडिया
अच्छे लोग, अच्छा बैंक

Union Bank of India
Good people to bank with

भारतीय बैंकिंग कोड एवं मानक बोर्ड के सदस्य Member of Banking Codes & Standards Board of India

Helpline Nos.: **1800 22 2244** (Toll free no.) | **080 2530 0175** (Chargeable)
080 2530 2510 (For NRIs) | www.unionbankofindia.co.in

Download "PointART" app from pointart.mobi | Open App & Capture the above ad | Know more about our Home Loan

स्वच्छ भारत
एक कदम स्वच्छता की ओर

इतिहास रामायणांत गोंयच्या वांट्याक उर्मिलेची उपेक्षा आयल्या. तिचें परिमार्जन जावंक जाय आनी ताच्या मूक त्यागाची कदर जावंक जाय असो तांचो आग्रो आशिल्लो. गोंयान राष्ट्रीय नवनिर्मणेंतली आपली नियती जाणून घेवंक जाय आनी ती सफळ करपा पासत गरजेचो आशिल्लो कालोचीत पुरूशार्थ करून दाखोवंक जाय अशें तांचें जिवाभावाचें सांगणें आशिल्लें. आयजवेर ज्या आदर्शांचेर गोंयचो आत्मो पोसला ताचें डोळस दर्शन ताणें घेवंक जाय आनी तशें जावचे पासत आपले उमाळे ताणें आपले सभावीक वाणींतल्यान उक्तावंक जाय. इतलेंच न्हय तर, गिन्यानाचें पुर्विल्लें दायज आनी नवें धन गोंयच्या समाजाक स्वभाशेंत लाभूंक जाय. ते बगर गोंयच्या सामान्य समाजाचो आत्मो खऱ्या अर्थान स्वतंत्र आनी समर्थ जावंचोना अशें ते आवर्जून सांगताले.

गोंयचो फुडार आनी ताचें नि:श्रेयस हे पासत काकासायबान त्या काळार सुमार विशेक वर्सां जायते कडेन भाशणां दिलीं, लेख बरयले, वावुरप्यांक पत्रां बरयलीं, चर्चा-परिसंवाद केले. हातूंत काकासायबान गोंयचे जनतेक कितें सांगलें? तें सगळें ताणीं समजून घेवन ते दिकेन त्या वेळावेल्या गोंयच्या समाजान पावली मारली काय काकासायबांचो 'पुण्यभूंय गोमांतक' हो विचार कोणें समजून घेतलोच ना? तांचें त्या काळावेलें सांगणें आयचे काळार 'पूण्यभूंय गोंय' हे संकल्पनेक लागू जाता काय कितें? गोंय आपलो ५४वो मुक्तिदीन ह्याच म्हयन्याक मनयता आसतना काकासायबांचे 'पुण्य भूमि गोमंतक' निर्मणेंतले विचार वो संकल्पना आमच्या मुक्तगोंयचे तरणे पिळगेचे हरगती पडटा काय कितें हें पळोवपाची वेळ आयल्या-

काकासायब म्हणटात - गोंयांक जेन्ना हांव 'पुण्यभूंय' म्हणटां तेन्ना आमचीं देवस्थानां थंय आसात इतलोच एक विचार म्हज्या मनांत येना. तें तर आसाच, ते भायर संस्कृतांत 'पुण्य' ह्या उतराचो जो व्यापक अर्थ आसा तो मतींत धरून हांवें गोंयांक 'पुण्यभूंय' म्हळां. 'पुण्य' म्हळ्यार इंद्रियांक, मनाक, अभिरूचीक पसंत पडटा, इश्ट दिसता तें. सुवासाक पुण्यगंध म्हणटात. गीतेंत ह्या अर्थान हें उतर आयलांच. दीस अनुकूल आसा अशें म्हणपा खातीर लेगीत 'ॐ पुण्याहम्' अशें म्हणटात. पुण्याहम् उतरांतलें 'अहम्' हें 'अहन्'चें रूप म्हणपाचें व्याकरणकारांनी स्पश्ट केल्लें आसा. अहन् म्हळ्यार दीस. आमकां पुराय भारत देस ही पुण्यभूंय आसाच. ते भारतभूंयेंत लागीं लागीं केंद्रस्थानी आशिल्ल्या सौंदर्यसमृध्द वाठाराक आनी मोगाळ पुरूशार्थी जनतेक स्मरून 'पुण्यभूंय' म्हळें जाल्यार तें सगळेवटेन योग्यच म्हणपाचें. दरेकाक आपल्या आवय बापायची भक्ती करपाचो अधिकार आसाच.

गोंयची सैमसुंदराय अनुपम आसा. उत्तरेचें काश्मीर आनी दक्षिणेकडलें केरळ हांगची पुराय सोबा एकठांय हाडून जण काय सैमान गोंयांक नटयलां. आगगाडयेन वतना घाटाची, रानाची सोबाय, दोंगर पोखरून केल्ले बोगदे आनी स य रूतूंत पांचव्योच दिसपी रूखावळी चित्त ओडून घेतात तें जालेंच, पूण काळी न्हंयेन तयार केल्लो दूदसागराचो घसघसो तर सामको उन्मादकारी आसा. गिरसप्पा घसघसो भोवतेक संवसारांत सगळ्यांत व्हड आसत, नायगाराचो अदीक भीशण आसत, पूण हो दूदसागर सगळ्यां परस चड मोहक आनी सुंदरायेची मूर्त आसा. गोंयांत न्हंयो आनी पोयों हांचो जणकाय चक्रव्यूह तयार जाला. एका गांवच्यान दुसऱ्या गांवांत वचपाचें आसत जाल्यार सुकती भरती पळोवन आमी जलमार्गान सहज वचूंक शकतात...

माड, माडयो, केळी, काजू, भिण्णां ह्या सारक्या रूखांची सोबाय इतली घनदाट आनी पळोवंक गंभीर दिसता की हे रूखावळीचे मान्यताये बगर मनीस हांगा वसाहत करूंकच शकचोना. हे रूखावळींतल्यान हिंदूंचीं देवळां आनी क्रिस्तांवांच्यो इगर्जी आपलीं माथीं वयर काडटना दिसतात, तेन्ना तर सुंदरायेची तेंगशी हुपता आनी तोंडांतल्यान आपसूक उतरां भायर सरतात खऱ्यानीच ही देवभूंय!

TJSB BANK

TJSB Sahakari Bank Ltd.

(MULTI STATE SCHEDULED BANK)

Vishwas Zindagi Bhar Ka

Rate of Interest **12.75%***

Trade Ease

Big dreams....small dreams...realize them all!

Avail loans up to

₹ 2 Crores*

for Wholesale and Retail Traders

* Conditions Apply

Branches in Goa -

- **Mapusa Goa:**✆:0832-2250520 • **Ponda:**✆:0832-2311288
- **Madgaon:**✆:0832-2710179 • **Panjim:**✆:0832-2426822

Toll Free No - 1800 223 466 | **www.tjsb.co.in**

– फाटल्या कांय वर्सां सावन गोंयच्या क्रिस्तांवांमदीं जे गोंय सोडून पुर्तुगाल, फ्रान्स बी हांगा राबितो करून आसात आनी पुर्तुगेज भास ही आपली मांयभास मानतात तांचे भितरूय राष्ट्रीयतेची भावना उत्पन्न जावंक लागल्या. ते आतां हिंदुस्थानाक स्वदेश मानतात. हिंदु आनी क्रिस्तांव एक जाल्यार स्वराज्याची आस्त सफळ जावंक शकता म्हणपाचें भान तांकां आसा. हो एकवट कसो प्रस्थापीत करूं येता हाचेर विचार जावंक जाय.

गोंयच्या हिंदु आनी क्रिस्तांव समाजाक एकठांय दवरपी तत्वां जायतीं आसात. धर्म वेगळे आसले तरी तांचें रक्त एक आसा. राहणीमान मातशें वेगळें दिसलें तरी संस्कृतायेंत फरक ना. सामाजीक जिवितांतलें वेगळेंपण आड येत आसलें तरी रासवळ जिवीत आनी सामान्य वेव्हार हे एकमेकाक फावो सारकेच आसात. आनी सगळ्यांत व्हड समान बंधन सांगपाचें जाल्यार दोगांयच्या ओंठार घोळपी मोगाळ आनी म्होंवाळ कोंकणी भास. हिंदुस्थानांतले खंयचेय भाशे परस कोंकणीचें माधुर्य उणें नाच. कोंकणी संस्कारी भास. तिजें अर्थवाहित्व असाधारण. उपमा–रूपकां सारख्या अर्थालंकारानी तो परिपूर्ण आसा. कोंकणी भाशेंत फकत 'सकाळ जाली' अशें म्हणनात तर 'फांतोड फुल्ली' अशें म्हणटात.

कोंकणी आनी मराठी ह्यो दोनूय भासो भिन्न आसुनय एकमेकांक इतल्यो लागींच्यो आसात की, त्यो दोनूय एका कुटुंबांतल्यो न्हय, अशें जर कोणेंय म्हळें तर ताचेर कोणाचो विस्वास बसचो ना.

अजापाची गजाल म्हळ्यार उत्तर हिंदुस्थानांत हिंदीची जी हालत आसा तीच गोंयांत कोंकणीची आसा. गोंयांत हिंदू कोंकणी बरयतात ते नागरी लिपींत आनी ख्रिस्ती लोक बरयतात रोमन लिपींत. हिंदुंचे कोंकणी भाशेंत मराठी आनी संस्कृत शब्द चड आशिल्ल्यान ती स्वदेशी भासता. किरिस्तांवांचे कोंकणी भाशेंत दिसानदीस पुर्तुगेज भाशेंतलीं उतरां वाडत गेल्ल्यान अशिक्षीत क्रिस्तांव लोकांक ती दुर्बोध जायत चल्ल्या. जे लोक गोंय सोडून दक्षिणेक कर्नाटकांत वचून रावले तांचे भाशेंत कानडी उतरां घुसलीं. इतलेंच

काकासायब कालेलकार

गोंयांत ब्राह्मण, भट, भंडारी, कोळी, माळी, मराठे, रजपूत बी जायते जातीचे हिंदु आसात, क्रिस्तांव आसात, मुसलमान आसात आनी हेर धर्मांचेय लोक थोडे भोव आसतलेच. ह्या सगळ्यांमदीं आंतरीक एकवट साधपी एकमात्र वस्त म्हळ्यार कोंकणी भास. मराठीक प्राधान्य दिवन जर कोंकणीक गौण केलें, तिजें साहित्य वाडयलें ना, सरकार दरबारांत तिका सुवात मेळोवन दिली ना तर गोंयचे जनतेच्या एकवटाचें एकमात्र आंतरीक तत्व क्षीण जावन नश्ट जातलें, आनी गोंयची प्रजा छिन्नभिन्न जावन विनाशाच्या मार्गाक लागतली. आमकां इतलें तरी मानूंकच जाय, गोंयचे पुर्तुगेज भाशेचें राज्य पयस करून तिचे सुवातेर लोकभाशेचें राज्य जर स्थापन करपाचें आसत, तर तें स्थान कोंकणीकूच दिवचें पडटलें. गोंयांत आयज जर एखाद्दे देशी भाशेक राजभास करप शक्य आसत, तर सरकार दरबारांत कोंकणीक तें स्थान दिवप शक्य आसा. हाका लागून मराठीवाल्यांनी कोंकणीचे मजतीक धांवन वचूंक जाय. म्हणटकच सरकार दरबारी आनी शिक्षणाच्या मळार कोंकणीक प्राधान्य दिवप सरकाराक अपरिहार्य जातलें.

न्हय तर कोंकणी भास कानडी लिपींत बरोवप आनी छापप तांकां सोयीचें दिसता.

गोंयांत हिंदू मदीं एक ल्हानसो पक्ष आसा, जो मराठी भाशेक कोंकणीचो प्रतिस्पर्धी मानता. दुसरो एक पक्ष आसा तो कोंकणीक एक भास म्हूण प्रतिश्ठीत करूंक आवंडेता. पूण मराठी पक्ष कोंकणी ही मराठीचोच एक ल्हानसो फांटो आसा अशें मानता. तिचें स्वतंत्र साहित्य ना. ती व्यापक समाजांत प्रचलीत ना. लोक वेव्हार कोंकणींत चलता आसलो तरी मायबोली मराठी आसा.

महाराष्ट्रांतल्या मराठीवाल्यांनी आजमेरेन कोंकणी भास उलोवप्यांची निंदा करूंक नाशिल्ली आनी तिका गांवंढळ म्हणून हेटाळणी करूंक नाशिल्ली जाल्यार मराठी – विरोधी असो कट्टर कोंकणी पक्ष निर्माण जावंचोच नाशिल्लो. मराठीवाले आतां थोडे निवळ्ळ्यात. ते उगतेपणी कोंकणीच्यो बकच्छायो करिनात. पूण तिचेविशीं तांचे मदीं आशिल्लो तुच्छ भाव अजून पुरायेन ना जावंक ना.

अशे तरेन गोंयांत एके वटेन मराठीक लागून आनी दुसरे वटेन पुर्तुगेज भाशेच्या अपरिहार्य अध्ययनाक लागून दोनूय वटयां कोंकणीक उदरगती पासत नेट लावचो पडटा. गोंयची जनता मराठी सोडूंक शकना. पुर्तुगेज तांकां शिकचीच पडटा. पूण जातींजातींतल्या एकवटा पासत दोनूय समाजांनी एकामेकां मदलो अविश्वास, मत्सर, द्वेश हांचो त्याग करून कोंकणीची उदरगत करूंक जाय.

गोंयचे क्रिस्तांव मुंबय ते मंगळुरू मेरेन फाफसल्यात. इतलेंच न्हय तर हिंदुस्तानचो अस्तंत किनारो आनी आफ्रिकेचो उदेंत किनारोय तांचो आसा. हिंदी स्वराज्याचो प्रस्न तांचे वैयक्तिक नदरेन जसो म्हत्वाचो आसा तसो गोंयच्या राजनैतिक उदरगतीचो प्रस्नय आमकां तितलोच निकडीचो आसा. हांगचो हिंदु आनी क्रिस्तांव जेन्ना एक जातले तेन्ना तांचो भाग्यसूर्य उदेतलो. एखाद दुसऱ्याक उपदेश करून हें काम जावपाचें ना. आपापले परीन काळजां जोडपाचो प्रयत्न आनी एकमेकांविशीं मनांत आदरभाव बाळगिल्ल्यानूच तें काम जावन पडटलें. पूण जर गोंयचो क्रिस्तांव उत्तर

हिंदुस्थानांतल्या मुसलमानांचें अनुकरण करपाचो प्रयत्न करीत आनी गोंयचो हिंदु जर जातीयतेचे भावनेन मार्ग आडावंक लागत, तर हांगचो राजकीय प्रस्न ब्रिटीश हिंदुस्थानांतल्या प्रस्नापरस हजारपटींनी चड गुंतागुंतीचो जातलो. ब्रिटीश हिंदुस्थानाच्या इतिहासावेल्यान गोंयचे जनतेन धडो घेवंक जाय आनी आपलो उध्दार शक्य तितले बेगीन घडोवन हाडूंक जाय.

गोंयांत आमचें कुळदेवाचें मंदिर आसा. कुळदेवाच्या दर्शनाक आमी आतां घाटा सकयल वचूंक जाय अशें आमचे घरा बापूय -आवय उलयतना हांव आयकतालों. हाका लागून भुरगेपणा सावन गोंय ही आमची पवित्र भूंय आसा अशें म्हाका दिसूंक लागिल्लें. सातेक वर्सांचो आसतना बेळगांवच्यान कारवाराक गेल्लों तेन्ना कॅसलरॉक कडची वनसोबाय, दुदसागरचो घसघसो आनी मुरगांवचें बंदर पळयल्लें. दर्याचेंच दर्शन तेच वेळार पयलेंच घडलें. मुखार १८९९ वर्सा एक म्हयनोभर आमी मंगेशीं वचून राविल्लीं. तेन्ना सावन गोंयचे वनश्रीची गोडी लागली. थंयचे आंबे, मुट्टे, काजू, नाल्ल आनी भिण्णांचो आस्वादय घेतला. गोंयां वचचे आदीं कारवाराक आसतना गोंयच्या राण्यांच्या बंडाची हकीगत एका क्रिस्तांव मिस्त्री थवयाकडल्यान आयकूंक मेळिल्ली. ह्या सगळ्या अणभवांक लागून गोंय म्हळ्यार एक अद्भूत काव्यभूंय अशें मनांत घट्ट बसलें. मालवण वेंगुर्ला, सावंतवाडीसावन कारवार मेरेन प्रचलीत आशिल्ली कोंकणीय ल्हानपणार खूब आयकूंक मेळ्ळी. तेच वांगडा हांगा सगळे सुवातेर संस्कारी लोक मराठी साहित्याचें, आनी खास करून मराठी कवितेचें अध्ययन मोठे आस्थेन करतात हेंय हांवें पळयलें. गोंयची बोलभास मधूर कोंकणी आसा आनी थंयची साहित्यीक भास प्रौढ मराठी आसा, हेंय तेन्ना हांव समजूंक पाविल्लों. कोंकणींत कविता करपाची ती फक्त उथळ वो पाचकळ हास्यरस निर्माण करपा पासत, अशेंच जणकाय गोंयच्या लोकांनी थारायल्लें आसा म्हणपाचें पळोवन ते वेळार म्हाका दुख्ख जाल्लें. कांय कांय सुवातांनी कोंकणींत बरींबरीं प्रेमकाव्यांय हांवें आयकल्लीं.

म्हजें मत अशें आसा की, गोंयांत कोंकणी आनी मराठी ह्या दोनूय भासाचें अध्ययन आनी वापर अखंड चलचो. मराठीच्या अभावान कोंकणी सुकून तरी वतली वो बरीच विकृत तरी जातली.

कोंकणीन आपलें साहित्य खूब वाडोवचें. कोंकणींत पुर्तुगेज आनी इंग्रजी उतरां घुसप अपरिहार्य आसा. पूण तांचें प्रमाण, कोंकणीचे प्रकृतीक बाधक जातलें इतलें वाडचें न्हय. हे पासत तरी कोंकणीक मराठीचें दूद सदांच मेळूंक जाय.

गोंयांत ब्राह्मण, भट, भंडारी, कोळी, माळी, मराठे, रजपूत बी जायते जातीचे हिंदु आसात, क्रिस्तांव आसात, मुसलमान आसात आनी हेर धर्माचेय लोक थोडे भोव आसतलेच. ह्या सगळ्यांमदीं आंतरीक एकवट साधपी एकमात्र वस्त म्हळ्यार कोंकणी भास. मराठीक प्राधान्य दिवन जर कोंकणीक गौण केलें, तिजें साहित्य वाडयलें ना, सरकार दरबारांत तिका सुवात मेळोवन दिली ना तर गोंयचे जनतेच्या एकवटाचें एकमात्र आंतरीक तत्व क्षीण जावन नश्ट जातलें, आनी गोंयची प्रजा छिन्नभिन्न जावन विनाशाच्या मार्गाक लागतली. आमकां इतलें तरी मानूंकच जाय, गोंयचे पुर्तुगेज भाशेचें राज्य पयस करून तिचे सुवातेर लोकभाशेचें राज्य जर स्थापन करपाचें आसत, तर तें स्थान कोंकणीकूच दिवचें पडटलें. गोंयांत आयज जर एखाद्रे देशी भाशेक राजभास करप शक्य आसत, तर सरकार दरबारांत कोंकणीक तें स्थान दिवप शक्य आसा. हाका लागून मराठीवाल्यांनी कोंकणीचे मजतीक धांवन वचूंक जाय. म्हणटकच सरकार दरबारी आनी शिक्षणाच्या मळार कोंकणीक प्राधान्य दिवप सरकाराक अपरिहार्य जातलें.

इतली तयारी केली म्हणटकच लिपीचो प्रस्न सोडोवंचो पडटलो. गोंयां पुरतें उलोवंचें जाल्यार कोंकणी पासत 'बालबोध' आनी रोमन ह्यो दोनूय लिपी आमकां आपणावच्यो पडटल्यो. एकच बालबोध (नागरी) लिपी चलची अशें म्हणप कितलेंय सयुक्तिक आसलें तरी तें आयज चलपाचें ना. हे बाबतींत वस्तुस्थिती वळखप आनी शक्य तेंच करप शाणेपणाचें जातलें. पूण जर सरकारान आनी प्रजेपयकी कांय अदूरदर्शी लोकांनी कोंकणी पासत फकत रोमन लिपीच चलची असो आग्रो धरलो तर मात आमी, प्राण गेलो तरी बेहत्तर, पूण कोंकणी पासत बालबोध लिपी सोडपाक अ तयार जावंचे नात, असो निर्धार करून निर्वाण सत्याग्रह करपाक तयार रावंक जाय.

जांकां जांकां म्हूण गोंयचें हीत कर आसत ताणीं मराठी आनी कोंकणी ह्या दो भासांची सेवा करपाची दिक्षा घेवंक जाय.

गोंयांत जर मराठीक तिगोवन दवरप आसत तर तिणें कोंकणीक मुखार करू स्वताची उदरगत साधची पडटली. अश कोंकणी आनी मराठी ह्या दोनूय भासांची शै म्हणा आनी समान बुध्दीन तांची सेवा केल मराठीचेर कोंकणीचो आनी कोंकणीचेर मराठी प्रभाव पडटलो. ह्यो दोनूय गजाली इश्टूच आस

जर गोंयच्या लोकांनी फक्त कोंकणीकू वेंगायली आनी मराठीची उपेक्षा केली तर गोंय वेपार सपुश्टांत येतलो. गोंयचें सामाजिक जी पुरायेन लागशिल्ल्या प्रदेशांकडेन एकरूप जात आसा; तेंय मराठीच्या अभावान खंडीत जा वतलें. हाका लागून गोंयच्या लोकांनी कोंक आनी मराठीची सांगड तोडूंक फावना.

कोंकणी भाशेचीं रुपां जायतीं आसात. पू खुद्द गोंयची कोंकणी हीच प्रमाणभूत आनी मुखे कोंकणी समजुची. गोंयच्या लोकांनी लोकां उपकारपी साहित्य मोठेप्रमाणात तयार केलें तरू ही गजाल आपसूक सिध्द जातली.

राजकीय नदरेन गोंय हो एक दुर्दैवी प्रां केन्नाच सोंपचीना असली दुख्ख परंपरा गोंयच्य वांट्याक आयिल्ली आसा तसली पोलंडच्या वांट्याक येवंक नासतली. इतलें आसूनय गोंयच प्रजा जीव धरून आसा. इतलेंच न्हय त जिवितांतल्या कितलेशा मळार स्वताच्य व्यक्तित्वाची छाप दवरपाची कला गोंयां केन्नाच मंदावंक ना. रत्नागिरी जिल्ह्यान कां अप्रतिम रत्ना उत्पन्न केलीं देखून त्या जिल्ह्याचे नांव रत्नागिरी हें सार्थ थरलां अशें म्हणटात पूण गोंयांत संख्येन आनी विविधतायेन जितली रत्नां आयजवेर दिल्यांत तितलीं आनीक खंयच्याच इतल्या ल्हान आंवाठाच्या वाठारा दिवंक नासतलीं.

कोंकणीच्या मोगाक लागून मराठीविशींचो 'दुजाभाव' उत्पन्न जावंक फावना आनी मराठीविशींच्या आदराक लागून कोंकणीची

हेळसांड जावंक फावना. तिजो अपमान जावंक उपकारना. हेंच ह्या दोन भाशांविशींचें गोंयचें धोरण आसूंक जाय.

कोंकणी भास गोंयांत मुखेल आसली तरी तिचें प्रचलन गोंयाभायरूय पयसमेरेन आसा. हे भाशेंत चडशें साहित्य नासलें तरी ही भास आंतरीक शक्तीन समर्थ आसा. हिजें धोरण आदीं सावन समन्वयकारीतेचें जाल्ल्यान हिणें मराठी, कानडी, हिंदुस्तानी, पुर्तुगेज आनी इंग्रजी भाशेंतलीं उतरां घेवपाक संकोच केलो ना. अशा उतरांतलीं जीं उतरां सभावीकपणान कोंकणींत येवन घट्ट बसलीं त्या उतरांक बहिश्कृत करपाची निती गोंयच्या लोकांक पसंत पडूंक ना. मुखेल गजाल म्हळ्यार कोंकणीच्या योगानूच गोंयच्या समाजाचो एकवट तिगून उरला. देखूनच गोंयची जनता समन्वयकारी कोंकणीकडेन विशेश भक्तिभावान आनी कृतज्ञतायेन पळयता.

आनी ह्या सगळ्या कारणांक लागून गोंयचें मुळावें शिक्षण कोंकणींतल्यान जावंचें असो आग्रह आसूंक जाय. गोंयांत मराठीचो वापर वयल्या थरांत चलता आसलो तरी जंय सामान्य जनतेकडेन राजकारभाराचो संबंद येता, थंय कोंकणी भासूच वावरूंक जाय असो गोंयच्या लोकांचो आग्रो आसूंक जाय. मराठीच गोंयांत चलची हें गोंयच्या सामाजीक जीवनांत हितकर ना आनी गोंयच्या लोकांनी तें केन्नाच सोंसून घेवंचें न्हय.

गोंयचे खनीज पदार्थ, जंगलांतलें उत्पन्न आनी समुद्रांतलीं नुस्तें बी संपत्त हाचो उपेग करपाचे बाबतींत जे जे कितें नवे प्रयत्न हिंदुस्थान सरकारा कडल्यान जातले, ताच्या फायद्याचेर सगळ्यांत आदीं गोंयच्या लोकांचो हक आसूंक जाय, हें तत्व सुर्वेक सावन मान्य जावंक जाय. हे वो हेर बाबतींत नवे उद्योग धंदे सुरू जाले जाल्यार तातूंत भांडवल गुंतवणूक करपाचो पयलो अधिकार गोंयांत मुळा सावन रावपी लोकांचो आसूंक जाय. गोंयां भायलें भांडवल जर अश्या उद्योगांत गुंतयल्लें आसलें तर ताचे शेअर्स मूळ मोलांत विकते घेवपाची वेवस्ता गोंयच्या लोकांक दर धा वर्सांनी मेळूंक जाय.

- फाटल्या कांय वर्सां सावन गोंयच्या क्रिस्तांवांमदीं जे गोंय सोडून पुर्तुगाल, फ्रान्स बी हांगा राबितो करून आसात आनी पुर्तुगेज भास ही आपली मांयभास मानतात तांचे भितरूय राष्ट्रीयतेची भावना उत्पन्न जावंक लागल्या. ते आतां हिंदुस्थानाक स्वदेश मानतात. हिंदु आनी क्रिस्तांव एक जाल्यार स्वराज्याची आस्त सफल जावंक शकता म्हणपाचें भान तांकां आसा. हो एकवट कसो प्रस्थापीत करूं येता हाचेर विचार जावंक जाय.

जे लोक भायल्यान येवन गोंयांत राबितो करूंक आवंडेतात, ताणीं अमूक इतल्या दिसांच्या वास्तव्या उपरांतूच ते थंयचे लोक थारतले म्हणपाचें थारावंक जाय. जे लोक कोंकणी उलोवंक लागतले आनी लग्न संबंदान गोंयच्या समाजांत भरसतले तांचे पासत ही मुजत उणी करूं येता.

गोंयांत आजवेर चलत आयिल्ल्यो ग्रामसंस्था आसात, तांकां घटाय हाडपाचें धोरण आरंभाक सावन राबोवंक जाय. जर फुडाराक कोणांक तातूंत फेरफार करचेंशें दिसलें जाल्यार उण्यात उणें दोन तृतीयांस मतांनी तातूंत फेरफार करपाची मुभा आसूंक जाय.

गोंयचे क्रिस्तांव लोक पुरायेन भारतीय आसात. ते जरी क्रिस्तांव धर्माचे आसले तरी तांचो स्वदेश पुर्तुगाल न्हय, इंग्लंड वो पॅलेस्टाइन

गोंयचे एके जाहीर सभेंत काकासायब कालेलकार, रवीन्द्र केळेकार, शंकर भांडारी, बाकीबाब बोरकार आनी हेर.

लेगीत न्हय. गोंयच्या क्रिस्तांवांचें जल्मभूंय प्रेम सगळ्यांक खबर आसा. संवसारभर ते खंयीय फाफसले तरी तांचें गोंयांवेलें प्रेम आनी कोंकणीचो मोग उणो जायना. ताणीं हिंदुस्थानाच्या स्वातंत्र्य लढ्यांत व्हडलोसो भाग घेवंक नासत. ताचें कारण म्हळ्यार तांचे भितर राजकीय जागृताय वेळार जावंक पावली ना. पूण ताका लागून तांचो देशप्रेम उणो जायना. तांकां ह्या गोंयांत मानाचें स्थान आसा, आसूंक जाय. तांची जल्मभास कोंकणी; तिचेवेलो तांचो मोग जे मेरेन उणो जायना तो मेरेन कोंकणीचो नाश कोणूच करूंक शकचोना. तांकां कोंकणी भास रोमन लिपयेंत बरोवंक कोणूच आडावचोना. पूण कोंकणी भास उलोवपी, क्रिस्तांवां परस हिंदूच चड आसात. ते कोंकणी पासत नागरी लिपीच वापरतात. कोंकणी भास संस्कृत कुटुंबांतली आसा. तिची मुखेल लिपी नागरीच आसतली. तेन्ना ती लिपी लेगीत क्रिस्तांवांनी शिकून घेवंक जाय. ती शिकून घेतली ना जाल्यार कोंकणींत तयार जावपी नवें साहित्य तांचे मेरेन पावचेंना.

आनी ह्या सगळ्या कारणांक लागून गोंयचें मुळावें शिक्षण कोंकणींतल्यान जावंचें असो आग्रह आसूंक जाय. गोंयांत मराठीचो वापर वयल्या थरांत चलता आसलो तरी जंय सामान्य जनतेकडेन राजकारभाराचो संबंद येता, थंय कोंकणी भासूच वावरंक जाय असो गोंयच्या लोकांचो आग्रो आसूंक जाय. मराठीच गोंयांत चलची हें गोंयच्या सामाजीक जीवनांत हितकर ना आनी गोंयच्या लोकांनी तें केन्नाच सोंसून घेवंचें न्हय.

इंग्रज गेले आनी तांचे फाटल्यान पुर्तु गेले म्हणटकच ह्या देशाचो राजकारभार भाशेंत चलपाचो ना. आमचें स्वदेशी स ते भाशेंत कित्याक म्हूण चलचें? गो कारभार मुखेलपणान कोंकणींत चलचो, भोव मराठी वापर जावं येता. गरज पडटा हिंदी-हिंदुस्थानी वापरची, पूण आपलो रास वेव्हार ह्या फुडें इंग्रजींत, पुर्तुगेजींत वो भाशेंत चलचो ना हें निश्चित.

गोंयांत मराठी भाशेचो यथेच्छ प्रचार जाव गोंयच्या लोकांनी मराठी साहित्याचें आकंठ स करचें. मराठीची जाता तितली सेवा कर मराठी सेवकांमदीं गोंयच्या लोकांनी उच्च स मेळोवंचें. पूण तेच वांगडा पुराय गोंयचो एक तिगोवपी आनी गोंयचे जनतेक दूद पा मांयबोली जी कोंकणी तिची उपेक्षा करची न सामान्य जनतेक कोंकणींतल्यान ज्ञानामृत पा समर्थ करचें. तांकां मराठी, हिंदुस्थानी, कान गुजराथी बी जायत्या भासांच्या अध्ययनाक स करचें आनी गोंयांत जें दुहीचें वाताव गरजेभायर निर्माण जाता तें जावंक दिवचें न्ह

रवीन्द्र केळेकार आनी चंद्रकांत केणी हांच्या सांगाताक काकासायब कालेलकार

कोंकणीचो फुडार ज्योतिशावेल्यान थारावंचो नासता. जनतेविशीं पोटतिडक आशिल्ले, जनजागृतायेचें म्हत्व पटलेले लोक सेवक अनन्य निश्ठेन कोंकणींत तेजस्वी आनी हितकर साहित्य तयार करीत जाल्यारूच कितें तरी घडटलें. कोंकणी भाशेविशीं जनतेंत जें सभावीक आपलेंपण आसा, ताका पोशण दिवपाचें काम कोंकणी भक्तांचें. तांची भक्ती जिवंत आनी उत्कट आसली जाल्यारूच कोंकणीचे उदरगतीची चळवळ पसवतली. हीं कामां आपसूक जावपी नासतात. धा-वीसूच काय जायना, निश्ठावान लोक जर काम करीत तर हे चळवळीचें फळ आयच्यान दिसूंक लागतलें आनी एक दोन पिळग्यांमदीं कोंकणी उलोवपी समाज वयर सरूंक पावतलो.

जनसेवे पासत कोंकणी सारखें समर्थ शीघ्र फलदायी आनी प्राणवान साधन हातांत आसतना तें वापरप ना आनी तकली खाजोवन भायर येवं येतात तितले दुबाव काडीत बसप हें करंटेपणाचें लक्षण. जर गोंयच्या लोकसेवकांत जनतेविशीं निश्ठा आसत आनी जनजागृतायेचें काम हातांत घेवपा इतलो जोम आसत जाल्यार ताणीं कोंकणीच्या विकासाक जिवीत ओपपाचो निश्चेव करचो.

भाशेचो प्रस्न कसोय सुटावो करात. सामान्य मनीस जागृत जावंक जाय. तो अशिक्षीत आसा म्हणत ताची उपेक्षा हे फुडें करूंक जावंचीना. तांच्या अज्ञानाचो फायदो घेवन, विकार आनी भावना वापरून, तांकां चिथावन तांचेकडल्यान कामां करून घेवप हें कांय दीस फायद्याचें थारता. पूण त्या प्रयत्नाक ईश्वराचो आशिर्वाद नासतलो. आनी एकखेप जनता चुको करून शाणी जाली म्हणटकच मागीर आयचें फुडारपण नानपयत जातलें आनी खऱ्या फुडाऱ्यांक रक्ताचे न्हंयेंतल्या प्रवाहांतल्यान मुखार वचचें पडटले.

लोकांचे सभावीक भाशेचो उपेग करून त्या मार्फत लोकशिक्षणाचें आनी लोकसेवेचें काम करपाच्या प्रयत्नाक इतली आडखळ कित्याक आसची तेंच कळना.

***

काकासायब कालेलकार हांचे कल्पनेंतलें वो अणभवांतलें पूण्यभूमी गोंय वो गोमंतक मुक्ती आदलींचें. ५४ वर्सां आदीं, गोंय मुक्ती आदलींचे गोंयचे प्रस्न वेगळे आशिल्ले. सगळ्यांत मोठो प्रस्न आशिल्लो गोंय परकी राजकर्त्यांच्या चोपक्यांतल्यान मुक्त करपाचो. पुर्तुगेजांच्या जुलमी सत्तेंतल्यान गोंयचे जनतेक मुक्त करून स्वतंत्रतायेच्या वातावरणांत मुक्त स्वास घेवंक दिलोना जाल्यार गोंयकारांची उदरगत जावप शक्य ना, तांकां मनीस म्हूण जियेवपाची संद ना म्हणपाचें कालेलकारां सारक्या द्रष्ट्या विद्वानानी पारखिल्लें आनी आपले परीन गोंयचे सुटके पासत वावुरपी झुंजाऱ्यांक तेंको दिल्लो.

गोंयचे मुक्ती इतलोच म्हत्वाचो असो गोंयचे भाशेचोय प्रस्न आशिल्लो. भास म्हळ्यार मनशाचे अभिव्यक्तीचो आत्मो आशिल्लो. पूण राजकी गुलामी वांगडाच गोंयकार भाशीक गुलामीतूय जियेताले. गोंयकारांचेर राजकी गुलामी पुर्तुगेजान लादिल्ली जाल्यार भाशीक गुलामी महाराष्ट्रांतल्या विस्तारवादी वृत्तीच्या फुडाऱ्यांनी आनी तांचे फुसलावणेन भुल्लूसून गेल्ल्या

गोंयच्या मराठीवाद्यांनी. गुलामी राजकी आसूं वो भाशीक, ती परकीयांची आसूं वो स्वकीयांची. शेवटाक ती गुलामीच. भाशीक गुलामींतल्यान गोंयकारांक मुक्त करपा खातीर गोंयांत जी चळवळ चलताली ते चळवळीकूय काकासायबांचो तेंको आनी मार्गदर्शन मेळटालें. भाशीक गुलामीचें जूं मानेवेल्यान मोखून मारचें अशें भाशेचें म्हत्व खबर आशिल्ले काकासायब आपल्या उलोवपांतल्यान, बरोवपांतल्यान सांगत आशिल्ले आनी कोंकणी विरोधकांकडल्यान वायटपण घेताले.

गोंय मुक्त जालें. राजकी गुलामींतल्यान गोंयकार मुक्त जालो. पूण भाशीक गुलामी मात ताणें आपले मानेर सासणाची दवरून घेतली. जें गोंय पुण्यभूंय जावंक पळयतालें वो जावंचें असो हावेस आसलो त्या गोंयांक ही भाशीक गुलामी मोठो अडसर जावन पडलो. मुक्त गोंयांत गोंयकारांक नीज सत्वाचो साक्षात्कार जातलो आनी ते आपूण जावन हें भाशीक गुलामपणाचें जूं मोखून मारतले अशें दिशिल्लें. पूण ताणीं ते चडांतचड वेंगावपाचो हट्ट धरलो आनी तितलेंच उणें म्हूण काय कितें, पुर्तुगेजी सुवातेर इंग्लीशीक वेंग मारली आनी कोंकणीक कुस्कुटावन इंग्लीशीच्या बेडयांनी स्वताक जखडपांतूच आपली उदरगत मानली. गुलामपण म्हळ्यारूच उदरगत अशें मानून निसत्व जीण जियेवपी गोंयकारांकडल्यान पूण्यभूंय गोंयची अपेक्षा बाळगप म्हळ्यार आयज हाताभायर गेल्ल्या सपनां फाटल्यान धांवप! तरी जाणीं अजून आस्त सोडूंक ना, निराशावाद जांकां स्पर्शूक ना असले कांय लोक आपल्या सपनांतल्या पूण्यभूंय गोंयचो पाठपुरावो करतना दिसतात. ते जें कितें विचार करतात तें जावप शक्य ना हें खबर आसुनूय तांच्या भाबड्या सपनांक मान दिवन तांच्या सांगातान चलचें पडटा. पूण्यभूंय गोंयचीं सपनां रंगोवपी गुरूनाथ केळेकार हाणीं सरकारान हाचेर लक्ष दिवंचें आनी तें कशे तरेन दिवं येता हाचेर भासाभास करूंक आमकां थोडो वेळ दिवंचो म्हूण गोंयचे मुख्यमंत्री लक्ष्मीकांत पार्सेकार हांकां पराथलें. पूण पत्र धाडून म्हयनो उलगलो तरी ताची जाप ना तें पळोवन गुरूनाथबाबान तेंच पत्र बिम्बा खातीर धाडून ताची उगती चीट केली. शेवटाक जनाची नासली तरी मनाची सांबाळपा पासत मुख्यमंत्र्यांनी आमकां वेळ दिलो. ताटकळत भायर बसोवन दवरनासतना दिल्ल्या वेळार भितर घेतले आनी च्या बी दिवन वरभर सकारात्मक चर्चा केली. मुख्यमंत्री पार्सेकारान गुरूनाथ केळेकार, नागेश करमली बी शिश्टमंडळांतल्या ज्येश्ठ सुटके झुजाऱ्यांच्या पांयांक हात बी लावन नमस्कार केलो आनी 'तुमच्या सारक्या सुटके झुंजाऱ्यांनी त्याग केलो देखुनूच आमकां स्वतंत्र गोंय पळोवंक मेळ्ळें आनी मुख्यमंत्र्यांचे खुर्चेर बसूंक पावले' म्हणपाचें प्रांजळपणान सांगलें.

प्रांजळपणान म्हणपाचें इतलेंच कारण की पार्सेकार हे मुळचे शिक्षक आनी पारदर्शी. सुटके झुंजाऱ्यांमुखार ते राजकी नाटक करचेनात आनी करपाची गरजूय ना. पूण तांचेकडेन वर-देड वर चर्चा करून, तांकां मागणेपत्र भेटोवन आनी ताणीं 'जावंक जाय, करूया' अशें तोंडभर आश्वासन दिल्लें आसलें तरी आमचें गोंय हें 'गोंयां तुज्या मोगा खातीर' वाल्यांचे संकल्पने प्रमाण पूण्यभूंय जावंक पावतलें काय कितें हो प्रस्न आसा.

केरळ जशें देवभूंय म्हूण जग वळखता तशें गोंयची पूण्यभूंय वळख जावंची अशें आमच्या सारक्या 'गोंयां तुज्या मोगा खातीर'वाल दिसप चूक न्हय. तें केन्ना तरी जातलेंच जातलें हो आशावादूय म बळावप वायट न्हय. पूण आयज गोंय आमच्या हातांत उरपाचें सोडा आमचें तरी म्हणपा सारकें उरलां काय? होच मुखेल प्रस्न आसा.

गोंय पूण्यभूंय करपा पासत तें आदीं गोंयकारांकडेन उरपाक आशिल्लें. आयज आमी गोंयचेर नदर भोंवडायतात तेन्ना गोंय हाता भ गेलां हें आमकां होलमता. कितलोय प्रयत्न केलो तरी वाऱ्यार गेल्ल गोंय पर्थून मुठींत येवपाचें ना म्हणपाचें आमकां सगळ्यांक खबर अ तरी आमी धडपडटात, जिवे आसा सर शेपडी बडोवंक जाय देखून.

काँग्रेस पक्ष भ्रश्टाचारी आशिल्लो. भ्रश्टाचाराचो अतिरेक जाल तातूंत शिक्षण माध्यमाचेर योग्य निर्णय घेवप त्या पक्षाक शक्य जालें मतां हातांतल्यान वचचीं न्हय देखून जे कोण इंग्लेज माध्यमाक अनुदान मागणी करताले तांची मागणी पुराय केली. त्या धोरणाक विरोध क भाजपाक सत्तेर हाडलो. त्या पक्षान फाटल्या साडेतीन वर्सां आप आश्वासनांक, दिल्ल्या उतराक जागपाचो विचार लेगीत केलो ना. भोवमत आसून लेगीत ह्या नाजूक जाग्यावेल्या दुखण्याक स्पर्श करप धाडस ह्या सरकाराक जायना. कित्याक हो प्रस्न गोंयच्या समाजाभि फूट पाडपी आसा, एकमेकाच्यो तकल्यो फोडपी आसा. पूर्ण भोव आसलें म्हूण सत्या वाटे रावप शक्य जाताच अशें ना. ते पासत ए उपाय म्हळ्यार जे कोण ही मागणी करतात तांकां समजावप, चिं लावप. पूण शक्य आसा व्हय तें!

गोंयांत कॅसिनो आयल्यात. सगळेच लोक म्हणटात कॅसिनो नाव सरकारूय म्हणटा नाका. कॅसिनो धांवडायल्यार गोंयकारांमदीं फूट पडपा तकल्यो फुटपाचो प्रस्नूच येना. तरी लेगीत ताचेर निर्णय घेवपाचें धाड आमकां कोणाकूच ना.

आमी गोंयांक खाशेलो दर्जो मागतात. कित्याक तर गोंय आ गोंयकारांक राखण मेळची म्हूण! कसली राखण? कोणाक खबर न गोंयाक घटकराज्य जे दिसा मेळ्ळें तेच दिसा गोंयच्या हिताची राख जाली. गोंयची राखण करूंक कायदे करपाचे अधिकार मुख्यमंत्र्याक प्रा जाले. कितलीं वर्सां जालीं गोंयाक घटक राज्य मेळून? तरी आमी खाशे दर्जो मागतात! वैचारीक दिवाळखोरी ही. तरी खाशेलो दर्जो मागचो पडटा. लोकांक खुबळावपा पासत!

आमी म्हणटात गोंय हें गोंयवादी राजकारण्यां कडेन पावंक जा गोंयची राखण करूंक धोरणां आखपी सरकार जाय. आयजवेरचीं सगळ सरकारां आमी कावलाक काडल्यांत. नव्या सरकाराची आमी वाट पळयता नव्या वर्सा नवो पक्ष येता, नवी तिसरी शक्त येता. पयली, दुसरी खंयच ती खबर ना. हे तिसरे शक्ती कडेन गोंय पूण्यभूंय करपाची शक्त आसा पळोवंची पडटली.

कादंबरी



कोंकणींतले ज्येष्ठ कादंबरीकार, ललित निबंधकार आनी नाटककार म्हूण वळख आशिल्ल्या नं. ध. बोरकार हांची सपन ही नवी कादंबरी ह्या सदरांत खिरस्ती खिरस्तीनी चालू आसा. हे आदीं तांच्यो 'पोको, गोंदू, समर्पण आनी बावकें ' ह्यो चार कादंब-यो वाचकांचे पसंतीक उतरल्यात....

सपन

- नं. ध. बोरकार

गुलू-लोरसूचें काजार जालें आनी दोन अथीर घराबे थीर जावंक पावले. आलसूबाल्या माथ्यावेलो पेज दिसान दीस उणो जायत रावलो. आतां तो चिंताविरयत जाल्ल्या कारणान ताच्या आंगांतलें बळ इल्लें इल्लें वाडत रावलें. वसंतरुतू लागचे पयलीं दोंगरावेली रुखावळ निपर्णावस्थेंत बदलता आनी वसंताची सुलूस लागतांच पालेवंक लागता. आलसूबाचेंय तशेंच जाल्लें. चिंतनांनी सुकून गेल्लो आलसूबा निर्शेणेंतल्यान भायर सरिल्लो. धुवेच्या काजारान ताचें जिवीत कोमरेवंक लागिल्लें. नवें बळ रिगिल्लें ताच्या आंगांत. ताचें लक्ष आतां सगळ्या तरांच्या कामांचेर केंद्रीत जाल्लें. आंग फाफडून तो कामाक लागलो.

नातलूक तर हरव्याचे सुवातेर पिकें मेळिल्लें. आपलो पूत फुकट गेला, गुलू सारकी हक्काची सून मेळ्ळी जाल्यार आपलो पूत सुदरतलो आनी आपलो संवसार भांगराळो जातलो, असले विचार मनांत बाळगून आशिल्लें नातलू.

नातलूली ही मोख आनी सपन कश्ट विरयत फळाक आयिल्लें.

आपलो पूत आतां सपनांचेर न्हय तर कश्टांचेर विस्वास दवरूंक लागला, हें सगळें घडलां तें गुलूक लागून आसलें, तरी सांत लॉरेंसाचे कृपेचो तातूंत चड वांटो आसा, अशें सिमांवचें पक्कें मत्त आशिल्लें.

सुदारिल्ल्या मनीस समाजांत लोकशाय सदांच बऱ्याक पडटा. पूण खंयच्याय देशांत लोकशाय बरे तरेन आनी खोल रुजतली जाल्यार, त्या देशांतले लोक सुदारीत आनी बऱ्या मनाचे आसचे पडटात. देशप्रेम तांच्या रगतांत भिनिल्लें आसचें पडटा.

लोकांमदें गुंडापुंडांचो आनी अन्नाड्यांचो आंकडो वाडत रावलो, तर थंय लोकशाय आसली-नासली सारकीच.

लोकशायेंतल्या शांत, सभ्य आनी प्रामाणीक लोकांक दिसूंक जाय, की हे राजवटींत आपल्याक न्याय, मान-रेस्पेद मेळटा. आपल्या सुखा आड कोण येना. जनतेक असो धीर मेळ्ळो तरूच थंयचे लोकशायेक बळगें मेळटा. ना तर देशांतल्या घराघरांत, वाड्यावाड्यार, गांवांगांवांत, राज्याराज्यांत आनी कोनशाकोनशांत हुकूमशा तकली वयर काडूंक लागतात.

सगळेच हुकूमशा वायट आसतात अशें कोणाच्यान म्हणूं नज. कांय हुकूमशा बरेय आसतात. समाजाक तांची गरजूय आसता. देखून लोकांचो तांकां तेंकोय आसता.

आलसूबा, सिमांव सारके लोक सदांच निरूपद्रवी आसतात. तांकां लोकशायबिकशाय कांयच लागना. तांकां ताचो अर्थय कळना. तांचो सगळो दिसपट्टो कारभार देवाच्या स्मरणांतल्यान चलिल्लो आसता. ताका लागून तांचें सगळें थीर आसता.

पूण नातलू-लोरसूलें तशें नासता. तांचें पित्त केन्ना आनी कशें खवदळत हाचो नेम नासता.

समाजांत वावुरतलो जाल्यार वावुरप्यांक मनशांची पारख आसूंक जाय. गुलूक ती आशिल्ली. वेळ प्रसंगार, नातलू असल्या मनशांक चीपमट करूनच फुडलें पावल उकलपाच्या विचारांत गुल्ल जालें गुलू!

४८

बऱ्या मनान कार्य करूंक सोदपी प्रामाणीक मनशाक कार्य स्वतंत्रतायेची चड गरज आसता. आपणें हातांत घेतिल्ल्या कार्यांत कोणें लुडबूड केल्ली ताका मानवना.

गुलून आपलें कार्यस्वातंत्र्य पुरायेन हातासिल्लें. मायेमोगान आनी कायद्यान काजार जावचे पयलीं तें लोरसूक हक्कान कांयच सांगूंक शकनासलें. आतां तें लोरसूकडल्यान हक्कान आपल्याक जाय तें करून घेवंक शकतालें.

काजारान मनशाक निखटो हक्कच मेळना, तर घोव-बायलांमदें मायेमोगाचो विकासय जावंक पावता. हो विकास फकत घोव-बायलांमदेंच न्हय, तर तांच्या लागसारच्या नातलगांमदें लेगीत जावंक पावता. एकामेकांक आवडलोना तरी तांकां तो घडोवन हाडचो पडटा, जुळोवन घेवंचो पडटा. कारण तांकां ताची गरज आसता.

मनशांकडेन कितलोय दुडू आसलो, कितलींय भाटां बेसां आसलीं आनी मोग नासलो तर तांचो घराबो सुखान चलूंक शकना.

गुलूक हाची कल्पना आशिल्ली. देखून ताणें मोगान मनशांक जिंकून, तांकां शिस्तीची संवय लावन, स्वता शिस्तीन फुडें वचपाचें थारायलें. लोरसूकडें काजार जावपा फाटल्यान गुलूचो एक खास असो उद्देश आशिल्लो, मोख आशिल्ली. हेर शिकिल्ल्यो चलयो काजारा उपरांत फकत आपलें सूख पळेतात. आपूण बरें आनी आपलो घोव बरो. घराब्यांतल्या हेर वांगड्यांचें तर तांकां कोंत नासता. आडवाद सोडलो जाल्यार, मांय-मांव तर तांकां दोळ्यां मुखार नाका आसता.

पूण गुलू तशांतलें नाशिल्लें. ताका आदर्श धूव, आदर्श सून, घोवाची आदर्श बायल कशी आसता, हें लोकांक दाखोवन दिवपाचें आशिल्लें. आनी ते खातीर ताका लोरसूचो-आपल्या घोवाचो आदार जाय आशिल्लो. देवाचे कृपेन ताका तोय मेळत रावलो.

व्हडलें गोंय-भाटी आनी आगशी, हे गांव एकामेकां पसून पयस नाशिल्ल्यान गुलूक दोनूय घराब्यांचेर लक्ष दवरपाक सोंपें जातालें. ताणें आतां आपल्या फुडल्या वावराची नव्यान येवजण तयार केली. ताका आगशीच्या घराची आनी शेत-भाटाची व्हडली काळजी नाशिल्ली. फुडलें खंयीं पावूं, सद्या आगशीचे संपत्तेची काळजी घेवपाक व्हडली-शी अडचण पडनाशिल्ली गुलूक. थंय नातलू आशिल्लें, सिमांव आशिल्लो. तांची राखण करपाक लोरसू आशिल्लो. पूण आलसूबाक मात भाटयेर कोणूच नाशिल्लो. आतांआतांच काजार जाल्ल्या लोरसूक आगशी सोडून गुलुल्या बापाय म्हऱ्यांत भाटयेर येवन रावंक शक्य नासलें. आनी आलसूबा आगशी येवन धुवे म्हऱ्यांत रावंक शकनासलो.

तरी गुलून लोरसूक समजायलो. लोरसू आतां दिसभर आगशी रावन रातीचो भाटयेर रावंक वचूंक लागलो.

पूण हें अशें कितले दीस चलपाचें? लोरसू गुलू वांगडा भाटयेर येवन रावंक शकतालो. ताका व्हडली-शी अडचण दिसनासली. गुलू वांगडा आसलें की तो खूश!

गुलूचें मात तशें नाशिल्लें. आपल्या बापाय इतलीच काळजी ताका लोरसूच्या आवय-बापायची आशिल्ली. सद्या तीं चलता भोंवतात खरीं. पूण सगळे दीस सारके आसनात. तीं आतां म्हातारपणाचे वाटेक लागल्यांत. केन्ना ना केन्ना हांतरूण धरल्या बगर रावचीं नात. तशें घडलें जाल्यार दोनूयकडच्या म्हाताऱ्यांची सेवा आपल्याचेरूच पडटली, हाची चिंता आतां गुलूक सतावंक लागली.

आपली चिंता गुलून लोरसू मुखार उलोवन दाखयली.

गुलू आपल्या आवय-बापायक लागून पडलां, हाचें लोरसूक खूब वायट दिसलें. आपले तकलेंतलें गिरगिरें सुरू केलें.

''तूं सांगता तें सारकें गो गुलू. माहां मानवो ना.'' लोरसून थोडो वेळ चिंतून अ मत्त उक्तायलें.

''कितें मानवोना तुहां?'' गुलून शिंति येवन लोरसूक प्रस्न केलो.

''पोत्तें, पोत्तें भाटयेर येवप मानवोना माह लोरसू शाण्या मनशाभशेन उलयलो.

''आमी भाटयेर दादीक लागोन येताय मु

''कोवता माहां.''

''कोवता जाल्यार, ओहें कोहें उलो तोर तूं?''

''माहां दिसता, हांव सारकें उलोयतां.'

''तुहां दिसल्यार, तूं उलोयता तें सा जाता मुरे?''

''तोहें न्होय गो गुलू, तूं माहां सोजमोना

''तोहें जाल्यार माहां सोजमोता तोहें उल मुरे!''

''आतां तूंच चिंत आनी पोये. हांव सोद तुज्या सांगातान भाटयेर रावलों जाल्यार, ल कितें म्हुणटलो? लोरसू मांय-पायक एकटीं सो मावोड्यां रावता. आनी ओहलें उलप मुगो ग माहां साप्प मानोवचें ना.'' लोरसून आपल मनांतलें ठामपणान उलोवन दाखयलें.

''तोहें जाल्यार म्होज्या दादीचें कितें रे, एकटो पोडचो ना रे भाटयेरू?'' गुलू धास्तेत

''ना पोडचो. आमी तेहा एकटो पोडो दिवंक फावोना.''

''तूं आनी कितें उलोयता रे लोरसू. तोकल बोरी आहा मुरे तुजी? आमी दादी सांगात रावलीं ना जाल्यार तो एकटो पोडचो ना, ओ कोहें म्होण्टा रे तूं?'' शांत चित्ताचें गुलू मात तिडकलें.

''बेश्टेंच आबूज जावं नाहां गो गुलू! हो कितें सांगतां तें बोरे भाशेन आयक!'' गुलू चिंतलें, हो कितें तरी उलोवंक सोदता. कितें धडपणाचें आसलें जाल्यार आयकूंक कि जालां? बऱ्याक पडल्यार घेवचें, ना तर सोडू दिवचें. केन्ना केन्नाय पिशांच्यो तकल्यो परजळूंक लागतात आनी लोरसू तर अजून पिश

वळेरेंत वचूं ना. आयकून पळोवया तरी कितें सांगता तो!

अशें चिंतून गुलून लोरसूल्या चेऱ्याकडें पळेत कान फांकारले.

''सांग कितें सांगता तें.''

''आमी मुगो मामाक - तुज्या दादीक-आगशी व्होरोया. दोनूय म्हाताऱ्यांचें फोत्त वोयतोलें. तुजी आती आहाच रांदूंक!''

''म्होजो दादी, घोर सोडून हुंयच वोसपा ना.''

''तोहें जाल्यार आनी एक खोडेगांठ आयडिया आहा म्होकोडे.'' लोरसू खिणांत उर्बेलो.

''तुज्यो त्यो आयडिया माहां कोता येवपा ना बाडया!''

''सांगतां तें आयक तोरी.'' गुलून तोंड वांकडें करून थंयच्यान वचपाक उठलें. तरी फुडलें आयकून घेवंचें अशें ताच्या मनान घेतलें आनी तें खीणभर थांबलें.

''सांगता मुरे? सांग. पोयतां कितें सांगता तें!''

''आदीं तूं बोस पोवया.'' लोरसून ताच्या दोनूय भुजांचेर चेपण घालून ताका बळयांच बसयलें. लोरसून ताका खेटून बसपाचो प्रयत्न केलो. पूण गुलूक तें मानवलें ना. ताणें हे वटेन ते वटेन नदर मारली आनी लोरसूचेर रागगान दोळे मोटे केले.

लोरसूय तितलोच शिटूक आशिल्लो. तो आतां गुलूपसून मात्सो पयसूच रावन उलोवंक लागलो-

''गुलू, तुजी आडकोव कोवता गो माहां. तुयें दादी सांगात सोडलो जाल्यार तो एकटो पोडटोलो आनी तो एकटो पोडोंक फावोना देखून तूं म्होकोडे काजार जालें, तेंवूंय हांव जाणां.'' गुलूक लोरसूचें हें उतर लागलें आनी ताच्या तोंडांतल्यान अचळय उतरां भायर पडलीं -

''तोहें म्होणों नाहां रे लोरसू! तुहां कितें दिसता, म्होजो तुजेर मोग ना म्होणोनू?''

''हांव तुजो दुबाव झेयना. हांव जाणां तुजो म्होजेर खूब मोग आहा पोय तो. पूण इतल्यान सोंपोना गो गुलू. तुहां तुज्या दादीचें चिंतप आहा. आनी हांव म्होज्या मम्मी-डॅडीक सोडून पोयस रावोत-सो दिसता तुहां? हांव आदीं पिसो आहलों. आतां तुज्या सांगातान माहां शाणेपोण येवंक लागलां. तूं तुज्या दादीचेंच दीस-रात चिंतता. तें पोवन माहांय म्होज्या मम्मी-डॅडीचें म्हातारपोण दिसोंक लागलां. ह्या तिगांय म्हाताऱ्यांची सेवा आमहां दोगांकूय सांगातान कोच्ची पोडटोली गो गुलू. ना तोर आमी फुडाराक कोहलेंच सूख भोगूंक पावचीं नाय.''

येदो वेळ लोरसूचें उलवप कानाभायऱ्यान घालपी गुलू आतां लोरसूच्या तोंडाकडें पळेत रावलें. आतां मेरेन गुलूक दिसतालें, आपणें उलोवचें आनी लोरसून फकत आयकुचें.

आतां वारें उरफाटे दिकेन व्हावंक लागलां अशें गुलूच्या लक्षांत आयलें. गुलू खातीर हें सुचिन्न आशिल्लें. कारण खंयचेच शाणे बायलेक आपलो घोव, आपल्याहून दुर्बळ आसचो अशें दिसना. तो आपल्याहून बळीश्ट आनी हुशार आसल्यार ती गजाल तिका गर्वाची आसता. घोव पिशेपणां उलोवंक लागल्यार 'तूं गप्प बस रे' अशें म्हणून घोवाचेर ताणशेवपाची पाळी बायलेचेर येवंक फावना.

लोरसूक आपल्या आवय-बापायची काळजी दिसूंक लागल्या, ही गुलू खातीर बऱ्याची गजाल आशिल्ली. गुलूक आतां दिसलें, लोरसूक जर बरें उलोवंक कळटा, तर ताका चडांत चड उलोवपाची संद दिवची.

''लोरसू, तुजें चिंतप आनी उलोवप चड मानवलें माहां.'' गुलून खुशालभरीत जावन म्हणलें.

''हे फुडेंय हायें जाता तितलें चिंतून उलोवपाचें चिंतलां. आमच्या सोंवसाराच्या हायद्याचें.''

''उलोय तोरी. पोवया कोहल्या हायद्याक पोडटा पोय तें!''

''आमी कितें कोरुया जाणां मुगो गुलू!''

''सांग रे.'' गुलून सहजतायेन आवाज चडयलो.

''आमी मुगो, भाटयेर तुमच्या घाराक तेंकोन ल्हान-शें एक घोर बांदुया.''

''आनी कितें कोरुया, त्या घारांत वोसोन रावया?'' गुलून आकांतून प्रस्न केलो.

''ओगीच शितापुडें मीठ हांव नाहां गो गुलू.''

''आब्बा! बोरें कोवता मोरे तुहां उलोवंकू. शेपाय कोहो सारको.'' अशें उलोवन गुलून लोरसूचें कवतूकच केल्ल्या भशेन केलें.

''हांव कितें सांगतां तें शिंतिदान आयक. आमी तीन-चार मुनशांक रावपा जाता तोहें

एक कूड बांदून काडया मुगो, आनी भाड्या दिवया.''

''कित्याहू! दुडवां लागोनू?''

''ना. तोहें केल्यार मुगो तुज्या दादीक आदार मेवतोलो. तेहा सोदांकाल जाग मेवतोली. आमहांय हुंयीं आहल्यार सुसेग मेवतलो.''

लोरसू इल्लेंशें उलयलो खरो, पूण गुलू खूब कितें समजलें. लोरसूले हे विचार लोरसू आदीं आपले तकलेंत कशे शिरलेना, हाचें गुलूक अजाप दिसलें. लोरसूचे हे विचार गुलूचे दिश्टीन चड मोलादीक आशिल्ले. ताणें ते फुडें चालू दवरले.

''लोरसू, तूं सांगता तें आयकोन म्होजेय तोकलेंत आतां उजवाड पोडोंक लागलो. आमी एक घोटसाणेचें कूड बांदुया मुरे, आनी तितूंत घोव-बायल जावन आहलेल्या मानाय-कामेच्याक भाड्यान दवरुया. भाडेंय मेवतोलें आनी शेतांत सदाकाल काम कोरूंक मानाय-कामेरेंय मेवतोलें.''

लोरसून कळाव करिनासतना आठ दिसां भितर सोबीत कूड बांदून काडलें. सोबीत हे खातीर की आलसूबाक सांगात दिवपी मनशां मात्शीं देशेंत आसचीं, अशें गुलूक दिसतालें.

गुलूक भाडेकारय रोखडोच मेळ्ळो. घोव, बायल आनी तांचो धा-बारा वर्सांचो पूत. करनाटकी जावं मागीर तीं, तांकां मात्शी-मात्शी कोंकणी उलोवंक आयिल्ल्यान, आलसूबा आनी लिंगाप्पाचें बेस बरें जमलें.

निरादार जाल्लो आलसूबा दिशींदिशीं खचून वतालो. काजार जाल्ली आपली धूव आतां परक्याची जाली, आपल्या खातीर तिची धांवपळ जाता, हें पळोवन आलसूबा खंती जातालो. आतां करनाटकी घराबो ताच्या सांगताक आशिल्ल्यान ताची खंत पयसावली. ताच्या आंगांतली शक्त वाडत रावली. लिंगाप्पा शेतांत काम करता तें पळोवन, निश्तेज पडिल्लीं गात्रां आतां बॅटरी घातिल्ल्या घड्याळीचे कांटे अकस्मात नेटान हालूंक लागतात, तशे आलसूबाचे हात-पांय सुटसुटीत हालूंक लागले. ताका आतां लिंगाप्पा सांगातान आपणेंय काम करचें-शें दिसूंक लागलें आनी तशें करपाक ताणें सुरवातूय केली.

आपल्या दादीक बरो सांगात मेळिल्ल्यान, गुलूच्या माथ्यावेलो पेज उणो जालो खरो, पूण तें पुरायेन हुसको मेकळें जावनाशिल्लें. दादीच्या जेवणा खाणाचो प्रस्न ताच्या मुखार आशिल्लोच.

उप्रासिल्ले प्रस्न सुटावे करपाक लोरसू आतां सक्षम जाला, हाची खात्री आतां गुलूक जाल्ली. ताणें लोरसूचे मजतीनच दादीच्या जेवणा-खाणाचो प्रस्न सोडोवपाचें थारायलें.

कांय कश्टकारांची आनी शेतकारांच्या जेवणाची खाशेली अशी पध्दत आसता. आलसूबाक शेतांत काम करतां करतां मदेंच पेज जेवपाची संवय. दनपारच्या शिता वांगडा ताका सुक्या मिरसांगांची, नाल्ल विरयत चेटणी खावंक आवडटाली. सुक्या मिरसांगांचो वाटून केल्लो मेथो आठ-धा दीस लेगीत भेळशेनासतना उरता. इल्लो इल्लो मेथो घालून, तातूंत भिण्णां, सोलां घालून आंबट-तीख केल्ली, ताल्ल्या-बांगड्यांची कडी आलसूबाक रुच्चीक लागताली. गुलू ताका असलेंच जेवण करून वाडटालें. ह्याच जेवणाची ताका संवय जाल्ली ती अजून सुटूंक नाशिल्ली.

असले संवयेचें जेवण देवलें-उणें जालें तर दादी हालतलो. आनी एकदां हालिल्लो म्हातारो मूळ स्थितीर सोंपेपणान येना. ताका लागून, दादीक बऱ्याक पडटा तसलो उपाय गुलू आनी लोरसू सोदूंक लागलीं.

''गुलू, आमी मुगो एक प्लॅन कोरुया.'' - लोरसू.

''कोहलो?''

''हांव कितें सांगतां तें बोरे भासेन आयक.'' लोरसू व्हडलो जाणकार कसो उलयलो.

''तूं उलय रे, हांव आयकोतां.'' गुलून कान फांकारून म्हणलें.

''म्हजीं मम्मी-डॅडी आगशी सांगातान रावताय. तेहां आमची व्होडली-शी गोरोज ना. आमी रातीचीं दादीच्या सांगाताक रावया. तेहा शीत-पेज रांदून दोवरुया आनी माजीर णोवांक सुमार दोगांय आगशी या.'' लोरसून येवजण सांगली.

''होय बाडया. सारकें तुजें. ओहें केल्यार हिंगच्या आनी थिंगच्या शेत-भाटांचेर आमची दोगांचीय नोदोर पोडटोली. सगळीं कामां बरे येवजणेन जातलीं.'' गुलून आपली खोस लोरसू मुखार उक्तायली.

ही येवजण गुलून आलसूबाकय सां तो खुशालभरीत जालो. धूव दिवन मेळयल्ल्याची खोस ताका भोगली.

आपल्या दादीचें सगळें व्यवस्थीत जाल गुलू आतां हुसक्या मेकळें जालें. ताणें अ लोरसूच्या सांगातान दोनूय घराब्यांच्या शेत लक्ष घालें. गुलू आनी लोरसू शेतांकडें आ पळेतात तें लक्षांत घेवन नातलू आनी सि कोमेल्ल्यावरी नेटान कामाक लागलीं. नात सिमांवचे देखीन गांवांतल्या हेर शेतकारां नेट आयलो. गांवांत आशिल्ले नाशिल्ले स शेतकामती आपापल्या कामांत गुल्ल जा गेले.

५०

आतां ऑक्टोबर म्हयनो सोंपून नोव्हे लागिल्लो. शेतांतली रेंवटी जमीन अजून अ आशिल्ली. सिमांवल्या शेतांतले होंडे सुक लागिल्ले. तरी अर्दकुटे भरून आशिल्ल होंड्यांतलीं तांबडीं-धवीं साळकां मळबांत सुर्यदेवाक पळोवन उकत्या मनान हांसताली

तरी तांचें हें हास्य खिणयाळें आसा, हा कल्पना त्या साळकांक आशिल्ली. का होंड्यांतलें पयरचें उदक काल नाशिल्लें आ कालचें आयज! आनी थोड्या दिसांनी हों सुकतलो, शेतकार येवन बोंग्यां सयत साळकि होंड्यांतल्यान भायर मारतलो. होंडे निवळ के बगर सिमांवाक फुडल्या कार्याक हात घालूं जमचें ना.

सिमांवक होंड्यांतलीं हांसतीं खेळ साळकां तोडून, साळकिणी हुमटाकन भा मारप आवडनासलें. तरी तें कुकर्म जिवार येव तो करतालो.

ह्या वर्सा गिमांत शेत रोवपाच जापसालदारकी, गुलू मजतीन लोरसू आपल्याचेर घेतली. ही गजाल ताणें सिमांवच्च कानार आदींच घालून दवरिल्ली. हें आयकू सिमांवूंय खुशालभरीत जाल्लो.

हे आदीं सिमांव आपले हिकमतीन शेता सगळें काम करतालो. सगळें काम परंपरेन फु आयिल्लें. पूण हे वर्सा गुलून जाय थंय कामां आनी कामाचे रचनेत थोडो बदल घडोवन हाडपा चिंतलें. ते खातीर ताणें थोडी भासाभास घडोव

हाडपाक एक बसका घेतली. बसकेंत नातलूक घेतलें ना. सिमांवच्या मत्तान ताची गरजय नाशिल्ली. कारण कसल्याय विशयाचेर उलोवपाक गेल्यार नातलू विशय सोडून फकत फरफरपाचेंच काम करतालें.

शिमांवक शेतकामाचें पारंपारीक गिन्यान आशिल्लें. त्या आदारान ताणें लोरसूकडल्यान खूबशीं शेतकामां करून घेतिल्लीं. ताका लागून लोरसू पारंपारीक शेतकामांत फिशाल जाल्लो. गुलूक मात शेतकामाची संवय नाशिल्ली. लोरसू आनी सिमांव काम करतात तें ताणें पळेल्लें. पूण तें काम ताका खटकतालें.

खटकपाक तशें कारणय आशिल्लें. तें इस्कॉलांत आठवेक शिकतासतना ताका आठवड्यांतल्यान एक तास शेतकी विशयाचो आशिल्लो. हो विशय शिकोवपी शिक्षक गोंयच्या एका फार्मांतल्यान प्रशिक्षीत जावन आयिल्लो.

आपलो बापूय शेतकार आशिल्ल्यान, गुलू हो विशय मन लावन शिकतालें. आतां ताका तें उपेगाक पडलें.

हे आदीं पारंपारीक पद्दतीन गिमांत शेतांत कसलीं कसलीं पिकां घेतात, हें गुलून लक्षांत घेवन दवरिल्लें.

ऑक्टोबर सोंपता आनी पावस पळटा, हे वगतार सिमांव आपलें शेत लुवून-मळून भाता साक सालांत दाळून दवरतालो आनी फुडल्या वावराक लागतालो.

गुलूक दिसलें, मांवाली ही पारंपारीक पद्दत सुदारली जाल्यार बरोच फायदो जावपाचो आसा. पूण आपली नवी पद्दत घोवाक आनी मांवांक पटूंक जाय. गुलून आतां तांकां आपल्या म्हऱ्यांत बसोवन घेतले. म्होवाळ उतरांनी आपले तकलेंतली नवी पद्दत तांच्या मुखार मांडली.

ही नवी पद्दत फकत गिमांत येवपाच्या भाजीपाल्या पुरतीच मर्यादीत नाशिल्ली. तर ती पावसांत वाडपी शेतभाताचेरूय आदारून आशिल्ली.

सिमांव आपलें शेत रोवचे पयलीं, माया म्हयनो सोंपतां सोंपतां म्हणल्यार तरवो घालून तो शिंपून काडटालो. पूण तो दाट जाल्ल्या कारणान आनी ताका फसफसीत उदक पडनासल्यान ताची गरगरीत वाड जायनासली.

> ***सिमांवलें शेत हे भशेन फळून-फुलून समृध्द जालां तें पळोवन गांवांतले हेर शेतकार अजापीत जाले. ते येवन येवन पळोवन बचूंक लागले सिमांवलें शेत! तशें पळोवंक गेल्यार, आगशीची सगळीच फळावळ आनी भाजीपालो हेर गांवाच्या शेतकारांच्या दोळ्यांत भरऽ सारको आसता. पणजे, मडगांव, फोणें, म्हापशें ह्या बाजारांनी आगशीचो मुळो आनी वायंगीं चडच फामाद. पूण हे वर्सा सिमांवल्या शेतांतली सगळे तरेची पिकावळ म्हणल्यार व्हडलो चमत्कार!***

थांबांत बळगें येनासलें. ताका लागून पिकाचेर वायट परिणाम जावन फाव तशें बरें पीक येनासलें.

हें सगळें घडटालें तें अज्ञानाक लागून. गुलून आपल्या शिक्षणाचो उपेग करून सिमांवाचें अज्ञान पयस केलें.

गुलूक आतां भलतेंच तोंड सुटिल्लें. तें लेक्चरर जावन लेक्चर दितालें. सिमांव आनी लोरसू, तोंड आंऽ करून, कान फांकारून अदाशा प्रमाण गुलूच्या तोंडांतल्यान भायर पडिल्लीं मोतयां वेंचताले.

गुलूक एका सारकें खूब उलयनशें दिसतालें. पूण ताणें आपलें उलप नियंत्रणांत हाडलें. कारण, फाटल्या जावन गेल्ल्या-पिकांविशीं ताका चड उलोवपाचें नाशिल्लें. पावसाळी पिकांचो तेंप आतां फाटीं पडिल्लो. आतां ताच्या मुखार आशिल्लो गिमाळो आनी गिमाळ्यांतलीं पिकां. सिमांवलें विशाळ शेत आनी सगळे तरेचीं गिमाळीं पिकां गुलूचें लक्ष आकर्शून घेतालीं.

गुलून आपल्या फुडाराचो विचार करून ह्या शेताचो पुरायेन अभ्यास केल्लो.

सिमांव ह्या शेतांत वर्सान वर्स कणगां, वायंगीं, मिरसांगो, कोंकणदुदी, वाटकुळे भोपळे, तेंडलीं, पोडोळीं बी रोवन पीक काडटालो. पूण फाव तशें उत्पन्न मेळनाशिल्लें ताका. कारण ताची रोवपाची मांडणी आनी पद्दत शास्त्रशुध्द नाशिल्ली. ती तशी आशिल्ली जाल्यार उत्पन्न दोब्राद मेळपाचें, हें गुलूक कळून आयिल्लें.

गुलूच्या लक्षांत आयलें, सिमांव कणगांवाली रोवपाक माजे काडटा. पूण ते बरेच अशीर आसतात. कणगांची वाड जातली जाल्यार माती सैल आनी माजे पोकळ आसचे पडटात. दुसरी आनी एक म्हत्वाची गजाल गुलूच्या लक्षांत आयली. ती म्हणल्यार, सिमांव कणगां माज्यांनीं मुळो, तांबडी-धवी भाजीय रोयतालो. मुळांत माती थोडी आनी तातूंत मुळ्या सारके हेर सोयरे. ताका लागून कणगांची वाड सारकी जायनाशिल्ली. तीं गिड्डीं आनी बारीक उरतालींच, ते भायर तांच्या सांगाताक आशिल्ल्यो भाज्योय गिड्डेवन अशक्त उरताल्यो. इतलेंच न्हय, ह्यो भाजयो सुकल्यो म्हणटकच तांचीं काटयारीं ताडां सुक्या वालींनी मिसळून वाली निरुपेगी करतालीं. काटयांक लागून सुकिल्ल्यो वाली गोरवां खांयनाशिल्लीं.

गुलू आतां उलयत उलयत दोगांकय घेवन शेता देगेर गेलें. दोगांकय, घोवाक आनी मांवाक शेता देगेर उबे केले. हातांत एक बडी घेतली. एक टिचर भुरग्यांक शिकयता तशें गुलू आतां दोगांकूय शिकोवंक लागलें.

ताणें आपल्या पुराय शेताचेर नदर मारली. शेताच्या पुराय आकाराचो, रेंवेंर एक नकसो तयार केलो. आपले तकलेंतल्या विचारां प्रमाण पुराय शेताची विभागणी केली. होंड्यांच्या लागसाराक तेंडलीं, पोडोळीं हांचे माटव अशे तरेन उबे केले, होंड्यांचेर सावळी पडून उदक सुकचें न्हय.

एका होंड्यावेल्या माटवाचेर फक्त पडोळ्यांची येवजण, दुसऱ्याचेर फकत तेंडलीं. माटवाच्या सरभोंवतणच्या म्हेडींचेर वालांच्या वालींची येवजण. होंड्याक तेंकूनच मिरसांगांक सुवात. मिरसांगांच्या सरभोंवतणी तांबडी भाजी, मुळो, वायंगीं, कोंकणदुदी आनी हेर तरेचे शाक भाजेक वेगळ्यो सुवातो. जी सुवात उरता ती कणगांच्या वालींक सोडटालो सिमांव. वालींनी मुळ्याबियां शिंपडावपाची संवंय आशिल्ली ताका. गुलून ती संवंय बंद करपाचो सल्लो दिलो. कारण गुलूच्या

मत्तान सदांच एकमुळीं झाडां आसल्यार बरीं! सांगातान वाडिल्लें, खंयचेंय रोंपटें वो झाड सशक्त जावंक पावना.

अशें जरी आसलें, तरी गुलून मिरसांगांच्या रोंप्यानीं मदीं-मदीं रोजिणींचो रोंपो आसपाक आडमेळें हाडलें ना. कारण हीं तांबडीं-हळदुवीं रंगयाळीं रोजां, सिमांवाल्या शेताची सोबाय वाडयतालीं. रोजांक लागून अख्खें शेत फुलिल्ले वरी दिसतालें.

सिमांवन आनी लोरसून गुलूलें लेक्चर मन लावन आयकलें. असलें लेक्चर सिमांव पयलेच खेपेक आयकतालो. तोय गुलूचेर विश्वास दवरून गुलू कितें सांगता तें सारकेंच आसतलें म्हूण रावलो. बेटोच प्रतिप्रस्न विचारून स्वताचें हाशें करून घेवपाचें सिमांवन टाळ्लें.

लोरसूक आतां शेतकामांत रुची आशिल्लीच. पूण ताचें चड लक्ष गुलूचें सौंदर्य ओडून घेतालें. गुलू उलयतासतना ताचें हांसतें तोंड तोखेत रावचें, ताच्या तोंडांतल्यान भायर पडिल्लीं उतरां आयकत रावचीं, ताका लागून गुलूलें उलप वेगीं थांबचें न्हय, अशें लोरसूक दिसतालें. पूण कसल्याय कार्याक मर्याद ही आसताच. गुलून आधुनीक आनी फायदेशीर शेतकामाचें थोडे भितर गिन्यान दिवन सिमांवक आनी लोरसूक शेतमळो फुलोवपाक सज्ज केले.

आपूण शिकलां बी म्हूण मॅडम कशी बसून रावलें ना गुलू. आपली आती आनी तिचो घोव, दोगांय शेतकारां. आतां आपूण तांची सून जालां. म्हणटकच आपुणूय शेतकान्नच.

आपली मांय-मांव शेतांत जाता-नज करून मरसर काम करतलीं आनी आपूण बसून रावतलें? अशें चिंतून गुलू लोरसू वांगडा काम करपाचे तयारेंत रावलें.

५१

आतां ऑक्टोबर सोंपून नोव्हेंबर म्हयनो लागिल्लो. शिंयांची सुलूस लागिल्ली. सिमांवन सुलाभाटावेलें रेड्यां जोत हाडून आपलें शेत नांगरलें. सर्वो काडून शेत निवळ केलें. भायले रोंपे हाडूंक पडचे न्हय म्हूण माज्यांनी मिरसांगांचीं, वायंग्यांचीं, कांद्यांचीं बी बियां किल्लत घालीं.

गुलूले कल्पनेन आनी येवजणेन रोयिल्लें शेत, फावो तशें सारें-उदक पडिल्ल्यान थोड्याच दिसांनी गरगरीत वाडलें. फळां-फुलांनीं भरून गेलें.

मजा अशी की, सिमांव वांगडा हेर शेतकारांनीय आपापलीं शेतां रोवंक जाय म्हूण रोयिल्लीं. पूण ते शेतकारांकडें गुलू नाशिल्ल्यान तांचीं शेतां पुटाक आयलीं नात.

सिमांवलें शेत हे भशेन फळून-फुलून समृध्द जालां तें पळोवन गांवांतले हेर शेतकार अजापीत जाले. ते येवन येवन पळोवन वचूंक लागले सिमांवलें शेत! तशें पळोवंक गेल्यार, आगशीची सगळीच फळावळ आनी भाजीपालो हेर गांवाच्या शेतकारांच्या दोळ्यांत भरऽ सारको आसता. पणजे, मडगांव, फोणें, म्हापशें ह्या बाजारांनी आगशीचो मुळो आनी वायंगीं चडच फामाद. पूण हे वर्सा सिमांवल्या शेतांतली सगळे तरेची पिकावळ म्हणल्यार व्हडलो चमत्कार! हो चमत्कार देव-देवतांनी घडोवन हाडूं नाशिल्लो, तर तो घडोवन हाडिल्लो गुलूच्या पांयगुणान आनी हिकमतीन!

गुलून चिंतलें, आपलो मांव-मांय आनी गांवांतले हेर शेतकार आपल्याचेर खूश आसात. असल्या वेळार आपले नवे पद्दतीविशीं कितेंय सांगलें जाल्यार परंपरेक वेंग मारून बशिल्ले शेतकार आयकतले. आपल्याचेर विश्वास दवरतले आनी अशे तरेन फुडले वर्सा अख्ख्या गांवांतलीं शेतां, दोब्राद पीक दिवंक शकतलीं.

गुलून एके सांजवेळार गांवांतल्या कांय शेतकारांक आपल्यागेर आपोवन हाडले.

गुलू सिमांवली सून, शिकिल्ली, गोड आनी ल्हान उतरांची. ते भायर चिंतून उलोवपी. नातलू भशेन कित्या कितेंय, तोंडाक येता तशें बडबडपी न्हय. ह्यो सगळ्यो गजाली लक्षांत घेवन, सिमांवले इश्ट शेतकार व्हडा उत्सूकतायेन सिमांवल्या घरा बल्कावांत येवन बसले.

मनशाक आपल्या आंगांतले बरे गूण आनी निजाचें बरेंपण, समाजाक दाखोवपा खातीर संद मेळूंक जाय. आपलें व्हडपण हेरांक सांगले बगर आनी दाखयले बगर कशें कळटलें? आनी ताचें-आपल्या गुणांचें-प्रदर्शन घडयले बगर, तांचो उपेग समाजाक कसो जातलो?

गुलूक ही संद आयतीच मेळिल्ली. आपले पडवेर येवन बसकण मारिल्ल्या शेतकार भावांक हांसत्या मुखामळान येवकार दिलो. तांकां जाय-नाका हाची चवकशी केली.

उपस्थीत शेतकार भावांनी, सिमां सजयल्लें शेत बारकायेन पळयल्लेंच. सजावटी फाटलें कारण मात कोणाकच ख नाशिल्लें. गुलून तें स्पश्ट करून सांगलें.

गुलून आपले विचार, आपले भाशेन अ थंय जमिल्ल्या शेतकार भावांक समजता सोंपे भाशेन उलोवन दाखयले. ताणें म्हण 'म्होज्या शेतकार भावांनो, तुमहां आमचें पोवन चोड ओजाप दिसतोलें. कारोण हे भा माण्णेन, येवजोणेन सोजोयल्लें शेत तुमहां गाआंत आनी हुंयच पोवोंक मेवचें ना.

माहां तुमहां सांगोन शें दिसता, की तुमी हे फुडें ओहलेच येवजणेन आनी माण्णेन क कोच्चें ओहें दिसता. तुमी कोहलेंच शिकें झेयनासतोना शेतां रोयताय, देखून तीं लुकसाणा पोडटाय.

कोहल्याय कामाक जाणकारां कोडल्य शिकोप हें झेवचेंच पोडटा. हांव तुमच्याहून ल्ह आसून लेगीत तुमच्या सामकाराक उलोवपा धाडोस कोत्तां. हेचें कारोण, इस्कोलांत जाणका कोडल्यान हायें फावो तें शिकोप झेहलां. तुमीं तें झेवचें, ओहें माहां दिसता.'

सिमांवलें शेत आनी गुलू आतां गांवां फामाद जालें. चड करून गुलूविशीं गांवांत चच सुरू जाली. ही चर्चा सरकारच्या लेगीत काना गेली.

एक दीस गुलूक सोदीत, शेतकी खात्या कांय अधिकारी आगशे आयले. तांणी सिमांवल्य शेताची पळोवणी केली. एक सिमांवलें शे सोडलें जाल्यार आगशेंत, दुसरें शेत पळोवं मेळ्ळेंना त्या अधिकाऱ्यांक! ही सगळी करामत गुलूची, हें जेन्ना अधिकाऱ्यांच्या लक्षांत आयलें तेन्ना ताणीं गुलूची तोंडभरून तुस्त केली गुलूच्या रुपान शेतभर फांकिल्ले आशेचे किरण पळोवन अधिकारी खुशालभरीत जावन गेले.

फुडें चलता...

मास्कारेन्यस वाडो,
गोवा वेल्हा. फोन : ०८३२-२२१८१४७

वों व ळां

माधवीबाय : पुस्तकरुपान

माधवी बायन भाशाशास्त्रा सारको कठीण विशय अत्यंत सोंपो आनी मनरिजवणेचो असो करून आपल्या विद्यार्थ्यां मुखार आनी हेर अभ्यासकां मुखार दवरलो. तांचे समिक्षेचे लेखूय तशेच लालित्यान भरिल्ले मनरिजवणेचे आशिल्ले. तशेंच 'तांचे विशीं... म्हजेय विशीं...' ह्या पुस्तकांतल्या लेखांवेल्यान माधवीबाय व्यक्तीचित्रां कितलीं सशक्त आनी लालित्यान चित्रावंक शकता म्हणपाचें मोस्त्र आमच्या सारक्या वाचकां मुखार दवरून गेलें. तांचे कडल्यान फुडारक आमकां भाशाशास्त्र आनी समिक्षा हाचे भायर दर्जेदार ललित साहित्य मेळपाचें आशिल्लें अशें हें पुस्तक वाचतना जाणवता. तेच वांगडा माधवीबाय आमच्यांतलें आतां ना जालां हे कोडू सत हें पुस्तक वाचतना खऱ्यानीच विसरायेर पडता.

- रुपा कोसंबे

तांचेविशीं... म्हजेंयविशीं... हें माधवीबायचें पुस्तक हातांत घेतलें. ह्या प्रकाशनान एक उगडास भोंवडी ह्या रुपान पुस्तक उजवाडायिल्लें आसा. पुस्तक वाचतां वाचतां होलमता की हें पुस्तक न्हयच तर माधवीबाय आपले सदचे संवयी प्रमाण तोंडार एक प्रसन्न हांसो खेळयत आपली जिवीतकथाच कथन करता आनी ताचे ओडलायणे भाशाशैलीन ही काणी सगळी आयकल्याशिवाय पुस्तक दवरून उठूंक जावंचेंच ना हाची जाण येता. जिणेंत आयिल्ल्या दरएका मनशा बद्दल कृतज्ञताय बाळगीत, कोणाकूच दुखयनासतना, आपल्या लागींच्या मनशांचीं चित्रणां करतनां तांच्या सगळ्या तासांचेर उजवाड घालून मनमेकळेपणान ताणें केल्लें कथन वाचून मन एकदम खोशयेन भरून येता.

आपल्या 'नानू' ह्या नांवाची फोडणिशी करतना तें म्हणटा, पोर्तुगालच्यान आयिल्लें तेन्ना सविता पोर्तुगीज भाशेंतल्यान इरमा (भयण) म्हणटालें, इरमाचें 'मान' जालें आनी 'माना'चें नान. ह्या 'नाना'चींय आनी कितलींशीं अपुर्बायेचीं रुपां म्हणजे माँचें 'नानू' बाबाचें 'नानुली' आनी तातोचें 'नानुडी'. पिरवळच्या वाठारांत 'नानू' धरलें.

तातो आनी माँ (रविन्द्रबाब आनी गोदुबाय) हांच्या मोगाचे सावळेखाला वाडटालें तेन्ना ताणें आपलें नांवूंय नानू रवीन्द्र केळेकार बरोवप. सवेक पावतासर ह्या नांवान ताची वळख आशिल्ली. पूण सविता अमेरिकेच्यान आंकुं - मामा बराबर आयलें तेन्ना हें नांव कादेर्नाचेर वाचून ताणें विचारलें, 'नानू तुजें खरेलें नांव? आनी तातो तुजो बापूय?' म्हणटगीर नव्या कादेर्नाचेर निखटें 'माधवी' बरोवंक लागलें. पूण 'रवीन्द्र केळेकार' काडून 'जयवंत सरदेसाय' बरोवंक हात येना जालो. एक दीस तातोनूच हें पळेलें आनी आपल्या हातान सगळ्या कादेर्नांचेर 'माधवी जयवंत सरदेसाय' बरयलें.

माधवीबाय म्हणटा, 'भूरग्यांकूय व्यक्तिमत्व आसता. ताकाय मत आसता अशें मानपी तातोगेर म्हजी वाड जाताली आनी म्हजीय कांय 'स्पश्ट मतां' घडिल्लीं. जून जाल्लें घडावलें काडटना केळ मारपच कित्याक म्हण तातोक विचारतगीर ताचे उपरांत परत केन्नाच कोणें केळ मारून घडावलें काडलें ना. घरार पडटली ती पोपाय मारपाक आयिल्ले तेन्नाय तातोकडेन तक्रार करतगीर पोपाय मारपाचें फुडें धुकल्लें आनी ताचो परिणाम फुडें पावसांत ती पोपाय घराचेर पडपांत जालो तरी कोण्णें कांयच म्हळें ना. ताचो आवडिचो पेटो सुलतांव मरनाफुडें जाल्लें दुख्ख निवळावपाक ताच्या हट्टामुखार तातोन दोन दोन पेटे बेळगांवच्यान हाडून घेतले. अमेरिकेच्यान आंकूं आनी मामान धाडिल्ले सविता बरोबरचे फोटो पळोवन तातोनय मुद्दाम फोटोग्राफराक घरा हाडून तामरेत, तिचेर फुलांचो वाज बी दवरून, बरें न्हेसोवन फोटे काडून घेवन ते अमेरिकेक धाडचे. घरांत येतालो तो फोंडू म्हूण मानाय ताका 'पोसक्या' म्हण

तिडायतगीर ताणें ताचेकडेन झगडचें. ताका 'फोंडको', 'फोंडूलो', 'दुकर' बी म्हणचें. तेन्ना तातोन ताचे असले वागणुकेचें कारण सोदलें, 'नानू एकलें पडटा, ताच्या वयाचीं भुरगीं नात, अशें तिडावन झगडूंक मुखार काडटगीर भुरग्यांची शक्त वाट लागता' आनी रोखडींच सुमंतमामालें सुजू आनी गांवच्या अनंत घाडयालें फुलें दिसभर रावंक येवंक लागलीं. तांच्या बराबर खेळपाच्या नादांत फोंडून 'पोसकें' म्हणिल्लें तें कानामनार घेना जालें. अशा भुरग्यांच्या मानसशास्त्राचो विचार करून तांकां वाडोवपाच्या वातावरणांत माधवीबायचें भुरगेंपण अपुरबायेन आनी कसलोच जाच नाशिल्ले शिस्तींत गेलें.

माधवीबाय बरयता, तातो आनी माँक लागून पिरवळचें घर म्हळ्यार संस्था कशें चल्लें. तातोच्या गोंयच्या आनी गोंयां भायल्या इश्टांचें यो वच, बनारसाक रावन हिन्दी शिकपी जपानी विद्यार्थ्यांचो सुटयांनी नेमान आनी हक्कान केल्लो देड-देड म्हयनो राबितो, तातोचे इश्ट आशिल्ल्या नुरूद्दीन मवानीची धुव नाझू. आवयच्या मोगाक अंतरिल्ल्या त्या नाझूचें बाळंतपण जातगीर तीन म्हयने बायक घेवन पिरवळा रावप आनी हे सगळ्यांचे सरबरायेंत पुराय घरांत जीव ओंतून वावरप. ह्या मेकळ्या ठाकळ्या वातावरणाचो परिणाम ताचे जिणेचेर जालो आनी ताची जीण समृध्द आनी व्यापक जायत गेली. 'फायच्या आमच्या संवसारांत' ही ताची आशावादी कविता हाचीच गवाय म्हळ्यार चूक जावचीना. माधवीबायची तेरा वर्सांच्या हुड वयाचेर आणीबाणीचेर उजवाड घालपी 'फूल हांव पोरसांतलें' ही कविता वाचून मनोहरबाब सरदेसाय हांणीं ताका दिल्ली कवितेंतल्यान जाप आनी रवीन्द्रबाबांच्या दोळ्यांत आयिल्लीं दुकां ताचे फुडाराच्या सृजनशक्तीची, विधायक कार्याची झलक न्हय तर आनी कितें?

'तांचे विशीं.. म्हजेय विशीं...' पुस्तकांत आपले जिणेचेर प्रभाव घालपी मनशांचें तें दिलखुलास वर्णन करता. तशीं ताचे जिणेंत आयिल्लीं चडशीं मनशां हीं भौशीक जिणेंतलींच. वाचप्यांक संवकळीचीं. पुस्तक वाचतना इतलें मुंगरून वचपाक जाता की संवकळ नाशिल्लीं मनशां लेगीत ताचे बरोवपाचे कळाशेन आपलींच

कशीं जावन वतात. पुस्तकांत आशिल्ले ते माधवीबायच्या जल्मदिसापसूनचे ते लग्न धरून अनेक घडामोडी आशिल्ले फोटे पुस्तकाची सोबाय वाडयतात तें जालेंच. पूण, दर एका फोटोंतलो माधवीबायच्या तोंडावयलो निरागस, निर्व्याज, निरपेक्ष कसो हांसो वाचप्यांचेर एक प्रकारचो मोनेळ घालता. निर्शेणी पयस करता. विस्वास आनी ताका सांबाळून घेतल्या नानूची अवतिकाय वाचून दोळे दुकांनी भरून येतात. माधवीबाय म्हणटा, 'कोणकोणाक कितें कितें दिवपाच्या इत्सांबरोबर माँच अकस्मात ना जालें, आमचे मदीं आसुनूय. मरणूच मनशाक व्हरता तें खरें न्हय, 'जिवितूय केन्ना केन्ना मनशाक नाऽच करता, माँक पळोवन दिसतालें.' भुरग्यांच्या मानसशास्त्राचो अभ्यास करून माँन बरयिल्ल्या 'फुलत्या कळयां'चो नियाळ तर माधवीबायन थोडेभितरूच पूण खूब सुंदर रित्या घेतला.

'आंकूं' माधवीबायचो बापूय. हें 'आंकूं' नांवूय ताका दसपाक माधवीबायची वर्सान व्हड आशिल्ली भयण सविताच कारण जालें. तर सविताक दर खेपे 'आंकूं' म्हणटना 'म्हजो' अशें ताच्या फाटल्यान विशेशण लावप. 'आंकूं'ची संवकळ सविता परस ताचेकडेन धा वर्सां उसरांच जाल्ल्यान माधवीबायन तें मानून घेतिल्लें. 'आंकूं' बद्दल ताका रास्त अभिमान. तो एक व्हड विज्ञानीक... किटकशास्त्री म्हण, खेळगडो म्हण, आपलो प्रांत नासतनाय सुवात भरपाक उमेदवारांची उणीव आशिल्ल बोल्सांतलें डिपॉझिट भरून वेंचणूकेक उबो रा आनी पक्षाखातीर पोटतिडकीन वावुरपी म्ह कोंकणी शाळा चलूंक जाय म्ह निस्वार्थीपणान घराघरांनी भुरग्यांक पुंजाव काम करपी म्हूण. तशेंच मिनाच्या खणींचे वां परिणाम फुडाराक गोंयाक भोंवतले हें वळ गोंयच्या पयल्या वयल्या पर्यावरणवाद्यां मट एक म्हूण. भाटकारपण गाजोवपाचें कुशी उरलें, उलट मुंडकारांक पावपी, अडीअडच वेळार तांकां मदत करपी, भाजी विकतल्यां काकुळट दिसून पांच पांच कोथमिरे भाजयेच चुडयो, कील कील हरव्यो मिरसांगो, शं शंभर लिंबू असो अनर्थाचो माल घे कोणकोणाक 'जाग्यार' घालून येवपी तृ आंकूंचें वर्णन माधवीबाय करताच पूण वांग ताका एक खंतूय आसा. आपले मामा (आवयचे) घराचें सपन मात आंकूं पुराय करू पावलो ना आनी निमणे मेरेन तांकां भाड्याच फ्लॅटांतूच रावचें पडलें म्हणपाची. दारांत म्हो विकूंक आयिल्ल्याची काकुळट करून चव हजारांचें म्होंव घेवन दवरपी आंकूं, नुस विकतल्या इल्ल्या इल्ल्या भुरग्यांची तोखणा करत पोंवशेल्लें नुस्तें घेवन येवपी आंकूं चुकनासतना वाकड्यो-तिकड्यो पिंपऱ्यो लागिल्ल्यो पोपायो घेवन येवपी आंकूंच्य परोपकारी वागण्याक लागून आयिल्ल कौतुकमिश्रीत तिडक तें उक्तायता. तशेंच ह्य करण्यांक लागून आंकूं आनी मामाभितर जातल झगडीं पळोवन ताचो घुस्मटमार जाता तेंवू कबूल करता. आंकूंच्या ह्या स्वभावाक लागू कितल्याशाच जाणांनी ताचो गैरफायदो घेतला तेन्ना ताणें आंकूंक आपलेभशेन समजायला ताचेर तिडकलां लेगीत. पूण कोंकणीच्या मळा ताणें केल्ल्या कार्याची कोणेंच दखल घेतलीना, उलट 'रवीन्द्र केळेकारालो भावोजी' म्हूण ताक पळयला अशें माधवीबायक जाणवलां तेन्ना मात तें दुखावलां.

'आंकूं'विशीं ताचें प्रकरण सगळ्या बरपाचें 'कळस कशें'. तातूंत बापायवयलो मोग आसा, त्या मोगाक लागूनच आयिल्लो शीण आसा,

ताचे बद्दल तक्रारीचो सूर आसलो तरी ताच्या एकेक 'अवाजवी करण्यांच्या' समर्थनाचें कवतूकय आसा.

भुरगेपणांतलीं फकत स वर्सां माधवीबाय आवयपसून पयस उरलें आनी ताका लागून तांचे भितर एक तरेचें अंतर जाणवतालें अशें माधवीबाय मान्य करता. पूण कडक आनी शिस्तप्रिय आवयचे तालमीक लागूनच आपूण आसां, तशें घडलें हाची जाणविकाय तें दवरता. आपल्या कणखर हातांची जाणीव मामाक लागूनच जाली. मामान मेकळेपणान वाडूंक दिल्ल्यान आपलें जिवीत मुट्टेवपी, बंधन केन्ना जालें ना हेंवूय तें म्हणटा आनी जाण्टेपणाक विसरायेचे वाटेक लागिल्ले 'शेणिल्ल्या' मामाक मेळूंक वता तेन्ना ताका तोंडभर हांशिल्लें पळोवन नात्यांतलें अंतर, ताका लागून येवपी ताण, शीण सगळे खंयचेखंय ना जावन आवय-धुवे मजगतच्या नितळ-निवळ प्रेमाचें आपलेंपण उदेता म्हणून खोशशी जाता.

अर्थ कळनासतना पाठांतर करून शिकप उपाय नाशिल्ल्यान माधवीबायन मानून घेतिल्लें. पांचवेक एबीसीडी शिकोवन जातकच सरान I am, you are, He/She/it is पाठ करूंक लायलें तेन्ना माधवीबायन am, are, is बी कित्याक म्हूण विचारतगीर सरान ताका 'पाड पडिल्लें पोर/पाठ कर गो' म्हण तिडकून सांगचें आनी बाकिचे भुरगे हांसतगीर सत्रेन सगळ्यांचे फाटीर धपके घालचे. हें बाचतना मात माधवीबाय भाषाविज्ञानातली विदुषी जाल्लें हें त्या मार घालपी सराक केन्नाय कळिल्लें काय ना काय? हो प्रस्न मात मनांत आयलेबगर रावलोना. सवितान अमेरिकेसावन येतगीर विमानतळावयल्यान येतना मोटारींत 'घरा तुका तुजें कूड आसा?' म्हण विचारिल्लें आनी तें व्याकरण आयकून ताका 'आवयस्स! कसली भास' म्हणून ताणें अजाप जाल्ल्याची घडणूक ही ताणें मुद्दाम नमूद केल्या, धाव्या वर्सार लेगीत शुध्द भाशेविशीं ताची तळमळ न्ही?

हें ताचें आत्मकथन वाचतना मदीं मदीं ताची विनोदबुध्दी झळकल्याबगर रावना. देखीक, चाफ्रान माधवीबायक बरयिल्ल्यो चिटी तातोन ताका मुखार छापपा खातीर सांबाळून दवरपाक लायल्यो. माधवीबाय म्हणटा, 'हांवेंय त्यो जतनायेन दवरिल्ल्यो. पूण एक दीस माँ म्हणूंक लागलें, 'शेणत बी त्यो. म्हजे कडेन दी..' आनी ताणें त्यो इतल्यो सेगूर जाग्यार दवरल्यो की निमाणें मेरेन ताका त्यो मेळ्ळ्योच नात.'

'हांवें विणप तातोक मानवनाशिल्लें. तशें पिरवळच्या हुंदरांकय आवडूंक नाशिल्लें जावंक जाय. हांवें विणिल्लें तें तामरेतीवेलें सँत्र एकदीस नाच्च जालें आनी वावराक येवपी शांतूक कोठयेकूड निवळ करतना हुंदरान तिस्त्यो-वाद्न्यो केल्लें मेळ्ळें.'

'बायलांक कावळो आफुडपाचे बाबतींत, अमेरिका आनी इंडिया समान हें सविताक मानून घेवचेंच पडलें.'

'शिवाजीन अमेरिकेचे घुरयेचेर जैत जोडलें, आनी मिकी मावसाची तोपी मोन्यांनी बचून आशिल्ली तशी आरमारींत बसली.'

'आमी गांवठी इंग्लीशीकूच एकनिश्ठ रावलीं. आनी मजा म्हळ्यार, इल्लें इल्लें करून वर्सांभितर सविताय आमच्या हेळ्यांची इंग्लीश उलोवंक लागलें.' (दर एकल्यान संग्रहाक दवरूंकच जाय अशें पुस्तक हें)

मिठाची कणी हांव
दर्या भेटेक गेली
दर्यान हात लायनाफुडें
दर्या येदी जाली

वयाच्या अकराव्या वर्साचेर माधवीबायन बरयिल्ली ही सगळ्याक गाजिल्ली कविता, घडये नकळतांच ताच्या फुडाराची भविष्यवाणी वदोवन गेली पूण... हे मिठा कणयेचे अकाली वचपान मात समेस्त कोंकणी मनशाची जीण सामकी अळणी अळणी जाली हातूंत इल्लोय दुबाव ना. माधवी बायन भाशाशास्त्रा सारको कठीण विशय अत्यंत सोंपो आनी मनरिजवणेचो असो करून आपल्या विद्यार्थ्यां मुखार आनी हेर अभ्यासकां मुखार दवरलो. तांचे समिक्षेचे लेखूय तशेच लालित्यान भरिल्ले मनरिजवणेचे आशिल्ले. तशेंच 'तांचे विशीं... म्हजेय विशीं...' ह्या पुस्तकांतल्या लेखांवेल्यान माधवीबाय व्यक्तीचित्रां कितलीं सशक्त आनी लालित्यान चित्रावंक शकता म्हणपाचें मोस्त्र आमच्या सारक्या बाचकां मुखार दवरून गेलें. तांचे कडल्यान फुडाराक आमकां भाशाशास्त्र आनी समिक्षा हाचे भायर दर्जेदार ललित साहित्य मेळपाचें आशिल्लें अशें हें पुस्तक वाचतना जाणवता. तेच वांगडा माधवीबाय आमच्यांतलें आतां ना जालां हे कोडू सत हें पुस्तक वाचतना खऱ्यानीच विसरायेर पडटा.

■

व्हडलें भाट, ताळगांव. मो. : ९४०४९१४४३७



सैमराग

शेवण्या किटुरा .....

शेवण्या किटुरा हो हर्षा शेट्ये हांचो शेवण्यांवेलो अभ्यासपूर्ण लेख आमी दिवाळी अंकांत पान क्र. १२४ ते १३८ मेरेन रंगीत छापिल्लो. शेवण्यांचीं नांवां ज इंग्लीश भाशेंत कंवसांत दिल्लीं तीं बदर चुकीन फॉन्ट बदल न जाल्यान रसभंग करपी थारलीं. ह्या विशयावेल्या जाणकारांनीं हो लेख चुकां विरयत पर्यूत उजवाडावंचो अशी विनवणी केल्यान हांगा पुनर्मुद्रीत केला. - संपादक

काळसर केसरी रंगाचो साधारण साळोरेपरस मात्सो व्हड. पूण शेंपडी खूब लांब, असले दोग तीग जाण झाडार येवन बसतात. केंऽ केंऽ असल्या खरखरीत आवाजांत आड्डता. इंग्लीशींत ताका 'ट्री पाय' म्हणतात आनी मराठींत टकाचोर. कोंकणींत खंय ताका सोनकावळो म्हणतात. नांव आयकून म्हाका अजाप जालें. हो सोनकावळो कावळ्याच्याच कुळांतलो. ताचो बापोल भाव. जरी तो मातूय कावळ्याभशेन दिसना जालो तरी. म्हळ्यार आमच्या पुर्वजांक शेवण्यांचें बरेंच ज्ञान आशिल्लें तर!

- हर्षा शेट्ये

चिंव... चिंव... चिंव... चिंव... बांदोड्या महालक्ष्मीच्या देवळांत देवीक पायां पडटना आवाज आयलो. वयर आवाजाचे दिकेन पळयल्यार देवळांत लायिल्ल्या झुंबरांचेर घेऽ म्हणून चिमण्यो, आनी झुंबरांनी भितर चिमण्यांचे घोंटेर पळोवन अजाप दिसलें. हार्लीसराफ गोंयांत चिमण्यो दिसपाक कुस्तार जाल्यात आनी हांगा इतले लोक आसात तरीय इतल्यो चिमण्यो...! हरशीं चिमण्यो मनश्यांक पळयल्यार भुर्र करून उडटात. पूण हांगा तांकां खबर आसा दिसता, देवीच्या देवळांत आमकां भंय ना म्हणून! पायां पडून भायर आयलें. मुखावयल्या झाडावयल्यान पिश.. पिश.. करून पिशपिशें उडून गेलें. आनीक एक शेवणें दिश्टी पडलें. पयलीं दिसलें, ती चिमणी म्हणून! पळयत जाल्यार तकलेर धवो दाग आसा आनी फाटलो पांखाटो आयणो कसो. आवय, म्हळ्यार हें नाचरें (Fantail Fly Catcher) महालक्ष्मीच्या देवळाभायर खूब झाडां आसात. तांचेर ल्हान ल्हान खूब तरेचीं शेवणीं.... हांव एका लग्नाक थंय आयिल्लें. म्हूर्त जालो म्हणून भितर गेलें. नाजाल्यार आनीकूय शेवणीं दिश्टी पडपार्ची.

आमच्या पोरसांत खूब तरांचीं शेवणीं येतात. पूण नाचरें येना. हांवें ताका पयलीं पळयलां. म्हजी एक नणंद मुंबय जोगेश्वरीक रावता. तांच कंपांवडांत खूब झाडां आसात. मुंबय वतकी तांगेर रावप जाता तेन्ना हें नाचरें दिसांतल्या एक वेळ तरी दर्शन दिवन वता. केन्ना चुकयना.

आमचे आशीकुशीक कितलेशेच तरेच शेवणीं आसतात. तांचे आवाज कानार पडटात पूण आमी सरसकट तांकां चिमण्यो म्हणून मेकळ जातात. पूण बारीकसाणीन पळयल्यार वेगवेगळ शेवणीं दिश्टी पडटात. फाटीं आमी सुमेध कामतीगेर पाश्यां ताच्या पुस्तक प्रकाशनाक गेल्लीं. रातचीं थंय राविल्लीं तेन्ना सुमेधान सांगलें थंय हॉर्न बील हो पक्षी सद्दां दिश्टी पडटा म्हणून, तोय बी एक न्हय, तीन तीन हॉर्नबील. एक एकोडो दिसता खंय आनी एक जोडो. सकाळींफुडें उठून हांव, माया आनी राधा पासयेक गेल्लीं. जुस्त ग्रे हॉर्नबील एकोडो दिश्टी पडलो. बरो गोबराकोराचो! व्हड पक्षी शिंग कशी चोंच. हाचो दुसरो भाव मलबार हॉर्नबील पळोवपाक चड बरो दिसता. ताका एकदां तेकडी केरळाक पळयला. आनी मलेशियाच्या बर्ड पार्कांत आनीकूय पळयल्यात. सुमेधाक विचारलें, हाचें कोंकणी नांव खबर आसा काय

म्हणून? तें म्हणपाक लागलें, 'हय, सत्तरी तालुक्यांत हॉर्नबिलाक वायरी म्हणटात. हेर कडेन आनीकूय नांवां आसूंक शकतात! खरें ताचें! गोंयांत चडश्या शेवण्यांक वेगवेगळ्या जाग्यार वेगवेगळ्या नांवांनीं वळखतात. सत्तरींतलें नांव वेगळें, साश्टींतलें वेगळें आनी सांग्या, काणकोणचें वेगळें.

मडगांवां आमच्या पोरसांत स वर्सांपयलीं खूब शेवणीं येतालीं. घोंटेर बांदतालीं. आमच्या दुरगाभायर आशिल्ल्या शेतांनी तरेकवार बकीं, बळारी दिश्टी पडटाल्यो. पूण मागीर थंय शेतां पुरोवन जिल्हो हॉस्पीटलाचें बांदकाम सुरु जालें आनी शेवणीं येवपाचीं बंद जालीं. तीन वर्सां नेटान काम करून आतां काम बंद पडलां. फाटलीं दोन वर्सां हॉस्पीटलाची इमारत पडको वाडो कशी उबी आसा आनी तातूंत पाकोळ्यांनी आपले घोंटेर बांदल्यात. आशीकुशीक तरेकवार झोपां वाडल्यांत. रान मातलां म्हळ्यार जाता.... आनी आतां थंय खूब तरांचीं शेवणीं येवपाक लागल्यांत.

एक दीस केसरी तकलेचो कस्तूर (Orange headed thrush) नेटान उडत आयलो आनी आमच्या जनेलाच्या आरश्याक ठो करून आपटलो. आमी भायरूच आशिल्लीं म्हणून बरीं. म्हाका कितें करप तें कांयच कळना जालें. एक तर हांव इतलो सुंदर पक्षी म्हऱ्यांतल्यान पयलेच खेपो पळयतालें. हांवें म्हजे एके पक्षीप्रेमी इश्टीणीक फोन केलो. तें म्हणपाक लागलें कांयच करूं नाका. उडपाक बी त्रास जाता जाल्यार म्होंव थोडें पातळ करुन ताका पिवयात. ताच्या म्हऱ्यांत कुत्रो, माजर येत म्हणून हांव थंय मात्शें पेल्यान ताका राखूंक बसलें. पूण वरभरान तो सारखो जालो आनी उडून गेलो. पूण मागीर दोन-तीन दीस तो आमकां घराचे आशीकुशीक दिश्टी पडलो. मागीर केन्नाच दिसूना. ताका कोंकणींत कितें म्हणटात काय? कितें तरी नांव आसतलेंच. हीं शेवणीं कांय गोंयांत आतां नवीन येवनांत. तीं पयलीं सावन गोंयांत दिसतात.

हरशीं आमच्या पोरसांत सदांच येवपी शेवण्यांचीं कोंकणी नांवां हांवें कोणांक कोणांक विचारून जाणां जावन घेतल्यांत. आमच्या पोरसांत सकाळ सांज सदांच दिसपी शेवणीं म्हळ्यार मडवळण, बोचुड्डी आनी बोणयाळें... फाटलीं पांच-स वर्सां आमच्या पोरसांत घोंटेर बांदून तांचे बाळटेर जातात. खाप्री बोचुड्डीय आमच्या पोरसांत दिश्टी पडटा, पूण पाकलो बोचुड्डी जनेल उगडें आसल्यार जनेलांतल्यान भितर सुद्धा सरता. बोचुड्डेक पिटकोळी, पिट्टोळ बी असलीं नांवां आसात. हालींच म्हाका मायान सांगलें बोरये वाठारांत ताचो मामा बी पिटकोळेक तोपयो म्हणटा म्हणून, आनी कोणें म्हाका सांगलें तीं ताका शेंडेकार म्हणटात म्हणून! आनीक कोण शेंड्या पिट्टोळ म्हणटात खंय! मराठींत शिपाई बुलबूल म्हणटात. आमच्या फाटल्यान रावपी सांगलीचे बायलमनशेन ताका नारद बुलबूल म्हणटात म्हणून सांगलें.

दिसांतल्यान एकदां तरी दिसपी आनीक एक शेवणें म्हळ्यार कुमात्तर. केन्नाय हांचो जोडो दिश्टी पडटा. तांचो जोडो दिसप म्हळ्यार खंय शुभशकून. हो शुभशकून म्हाका कितलेशेच फावटीं जाता. पयर तर कूप..कूप आवाज सामको म्हऱ्यांतल्यान येवपाक लागलो. पळयत जाल्यार रांदचेकुडीच्या जनेलाभायर कुमात्तर आनी कुमात्तरीण. तीं चीई चीई करत भुर्र करून उडून गेलीं आनी फाटल्या झाडार बसलीं. हो मात्सो सो चल्लो आनी भुर्र जालो. ती बशिल्ली त्या झाडार वचून नाचूंक लागलो. ताचीं तीं चकचकीत मातयेकोराचीं पाखां सुंदरुच दिसतालीं. कित्याक कोण जाणा तो शेपो वयर काडून नाचूंक लागता तेन्ना सदांच म्हाका मोराची याद येता. हालींच म्हाका तेजश्रीबायन कुमात्तराक मोरायलो म्हणून आनीक एक नांव आसा म्हणून सांगलें. म्हाका कुमात्तरापरस मोरायलो हें नांव खूब आवडलें. दिसपाक खंय तरी ताचो मोराकडेन संबंद आसता न्हय? ते खातीर.

एक दीस आमच्या पोरसांत इंडियन रॉबीन आयलो. मात्सो गोबरो काळश्या रंगाचो. मडवळणीपरस (oriental magpie robin) मात्सो ल्हान. शेपडो हालयत नाचत कसरती करतालो. हांवें जनेलांतल्यान पळयलें. इतले म्हणसर दोन मडवळणी आयल्यो. ताच्या आंगार वचून ताका एकदांचो दुरगाभायर धांवडायलो. म्हाका दिसता मडवळणींनी आमचें पोरसूं आपल्या नांवार केलां. थंय तांकां तांचो बापोलभाव आयिल्लो सोंसना जावंये! बाकीच्या हेर शेवण्यांचे वाटेक तीं वचनांत. आतां आमच्या घराभायर तो केन्नाय दिसता. कोंकणींत ताका बार्देस वटेन कांटाकोय हें नांव आसा म्हणून म्हाका रमेश घाडीन सांगलें. ते भायर कसरती करता म्हणून ताका डोंबारीण म्हणटात हेंय हांवें आयकल्लें. कोंकणींत शेवण्यांक वेगवेगळ्या वाठारांत वेगवेगळीं नांवां आसात. आनी थोडे लोक म्हणटात कोंकणींत शेवण्यांक नांवां नांत. इंग्लीश नांवांचो कोंकणी अणकार करुंक जाय म्हणून. कोंकणींत हें ना, तें ना म्हणपाची कांय जाणांक संवय जाल्या.

पावसाचे दीस सोडल्यार सदांच घरामुखार दिसपी शेवणें म्हळ्यार किराटी. केन्ना केन्नाय एका बरोबर तीन-चार किराटी सुद्दां दिश्टी पडटात. चड करून दनपारच्या वताच्या कडार. पोपटाभशेन पांचवो रंग तकलेक, मानेक हय न्हयसो तांबसो रंग. चिमणेयेदें सुंदर शेवणें. काळी चोंच, गळ्यांत काळो दोरो कसो काळशी रेग, शेपडेंतल्यान सरी कशी भायर सरिल्ली आसता. टीट्.. टीट्.. टीट् आवाज करीत आसता. मदींच झोपय घेवन मुसाक बी धरतना सोबीत दिसतात. इल्लींशीं विमानां उडिल्लेभशेन. हालींसराक हें भाग्य म्हाका कमी मेळ्ळां. अंडरग्रावंड केबल घाल्यात. ते खातीर घरामुखावयले लायटीचे खांबे, सरयो काडल्यात. एक केबलटीव्हीची वायर उरल्या. तिचेर बशिल्ले दिश्टी पडल्यात. मराठींत हाका वेडा राघू आनी इंग्लिशींत स्मॉल ग्रीन बी इटर म्हणटात. हाचे आनीकूय भाव, बापोलभाव आसात. निळे शेपडेची किराटी हांवें एकदां खोतीगांवांत पळयल्या.

निळकंठ नांवाचो एक सुंदर पक्षी. पारव्या येदो. चुकून दोनदां दिश्टी पडला. बरो व्हड तकलेचो, निळसो, गाड तांबसो, लेव निळसो पक्षी. ताका इंडियन रॉलर, चड करुन ब्लू जे म्हणून वळखतात. हालीं लायटीच्यो सरयो नाशिल्ल्यान हे पक्षी झाडांनी आसात जाल्यार दिश्टी पडनात. हाका कोंकणींत आनी दुसरें नांव आसा जाल्यार खबर ना. सोदचें पडटलें.

म्हज्या आज्याक शेवण्यांचीं खूब नांवां खबर आशिल्लीं. म्हजें आजोळ सांखळे. मदीं घर आनी घराचे चारी वटेन खूब झाडां. घरामुखार व्हडल्यो दोन पेरी. खूब पेरां लागतालीं.

त्या भायर सगळ्या तरांच्या आंब्याचीं झाडां, चाफ्याचीं झाडां. चिकवाचें झाड आनी पुर्तुगाली जांबाचें झाड. ह्या झाडार खूब शेवणीं येतालीं. आजो तांचीं नांवां सांगतालो. आज्याच्या घराफाटल्यान दोंगर. आज्याबरोबर हे दोंगर आमी पांयांनी माड्डिल्यात. म्हजो आजो ४ वर्सां पयलीं १०४ वर्सांचेर गेला. ताचेकडल्यान शेवण्यांचीं नांवां जाणून घेवपाक जाय आशिल्लीं. तेन्ना तांचें म्हत्व म्हाका कळूंक नाशिल्लें. मडवळीण, बोणयाळें, नाचरें, शेळोणे, बोचुड्डी, सोनयाळें, सांवरी, कुचेकान्न हीं नांवां हांवें आज्याल्या तोंडांतल्यान आयकल्यांत. बोणयाळें म्हळ्यार पिशपिशें (sunbird) सोनयाळें म्हळ्यार काळशें आनी हळदुवें ल्हानशें शेवणें. पोंदच्यान हळदुवेंच दिसतालें. म्हळ्यार कॉमन आयवोरा आसपाक जाय.

सांवरी म्हळ्यार (Rosy starlings) गुलाबी साळोऱ्यो. ह्यो चडश्यो सांवरीच्या झाडांचेर भिऱ्यांनी दिसतात म्हणून तांकां सांवरी हें नांव पडलां जावये! काय ह्यो सांवरी सांवरीच्या झाडाचेर बसतात म्हणून ह्या शेवण्यांच्या नांवांवयल्यान सांवरीच्या झाडाक सांवर हें नांव पडलां? कोण जाणां!

हालींच म्हाका रमेश घाडी हांच्या 'सांज' हे कवितेंत वकलां सांवर हें एक शेवण्याचें नांव मेळ्लें. तेंगशेर बसून रुमडाच्या, कोगूळ गायता आसतली पाखां हालयत वकलां सांवर, तळ्यांत न्हांवता आसतली. तार्णी सांगलें वकलां सांवर म्हळ्यार दोळ्यां भोवतर्णी हळदुवीं वर्तुळां आसतात ती मैना म्हणून. ही कॉमन मैना. चड करुन शारांनी दिसना. दुसरी जंगल मैना, म्हळ्यार आमची साळोरी, ती शारांनीच चड दिसता. ती चड कॉमन. पूण आमच्या घराकुशीक साळोरी-जंगल मैना दिसना. पूण वकलां सांवर-कॉमन मैना चडशी सदांच दिसता. आमच्या पोरसांत केन्नाय येतात पूण घरामुखार शेंडो गेल्लो एक माड आसा, थंय ह्यो वकलां सांवरी खूब येतात. येतना एक दोन बी येनांत. ७-८ तरी येतात. किल.. किल करीत एकमेकांच्या आंगार वतात. पूण मदींच जर दुसरें शेवणें बी आयलें जाल्यार सगळीं जाणां झुडून ताच्या आंगार वतात आनी ताका धांवडावन घालतात.

काळसर केसरी रंगाचो सादारण साळोरेपरस मात्सो व्हड. पूण शेंपडी खूब लांब, असले दोग तीग जाण झाडार येवन बसतात. केंऽ केंऽ असल्या खरखरीत आवाजांत आड्डता. इंग्लीशींत ताका 'ट्री पाय' म्हणटात आनी मराठीत टकाचोर. कोंकणींत खंय ताका सोनकावळो म्हणटात. नांव आयकून म्हाका अजाप जालें. हो सोनकावळो कावळ्याच्याच कुळांतलो. ताचो बापोल भाव. जरी तो मात्तूय कावळ्याभशेन दिसना जालो तरी. म्हळ्यार आमच्या पुर्वजांक शेवण्यांचें बरेंच ज्ञान आशिल्लें तर!

हालीं घरामुखावयल्या माडार सदांच एक कीर दिश्टी पडटा. फाटले तीन म्हयने तांचो जोडो दिसतालो. सकाळ सांज शेंडो गेल्ल्या माडार तांचो मोगाखेळ सुरु आसतालो. मागीर एक दीस पळयल्यार माडार बुराक केला आनी तातूंतल्यान किराची फक्त तकली दिसता. दुसरो कीर मदीं मदीं येतालो. हालींसराक येच ना. मिसेस कीर तातयां उबोवपाक बसल्या जावये! पूण ती मदीं मदीं दुसऱ्या झाडाचेर बी बसता. पूण पिलां भायर सरिल्लीं दिश्टी पडनात. त्या माडाचेर पोपट आसतना दुसरे वटेन ठुकठुके चोंच मारून माडार बुराक करताले. काळसर पांचव्या रंगाचे. काळी तकली केसरी कपल. चकचकीत हळदुवी चोंच आनी गाल. दनपारच्या कडार मे म्हयन्यांत हांचोच आवाज येतालो. ठुक.. ठुक.. ठुक! कासार बी आयदनांक थोकणां मारतना आवाज येता तसोच आवाज हे काडटात. मागीर ती ठुकठुकीण माडाच्या बुराकांत बसून रावली. मदींच ठुकठुको येतकीच ती उडून वताली आनी हो बसतालो १०-१५ दीस हें चल्लें, मागीर ती केन्ना नाच्च जाली तें कळ्ळेंचना. ठुकठुक्याक मराठींत तांबट म्हणटात. इंग्लीशींत (coppersmith).

ठुकठुक्याचो मात्सो व्हडलो भाव आसा. कुटुरो.. थोडे कडेन कुटुरगो म्हणतात. हो केन्नाय झाडार बशिल्लो दिश्टी पडटा. पोपटाभशेन पाचवोच रंग. मोठ्ठो तकलो. तांबडीच मोठ्ठी चोंच. मोठ्ठे दोळे. दोळ्यांभोंवतर्णी केसरी वर्तुळ. इंल्लीशींत ताका (white cheeked barbet) म्हणटात. हाचो आवाज वसंत ऋतूंत चड येता. कुटुरू कुटुरू करून. एक दीस एक कु घोणीच्या तोंडांतल्यान आमच्या दारांत प पडटनाच मेल्लो. केन्नाय झाडार बसतालो आसतलो हो. ताचे मागीर आनीक कुटुरो प दिसूंक ना.

आमच्या घराक सगळ्या कुडींनी व्ह व्हडलीं जनेलां आसात. बजबज्यांक आम जनेलांचो कित्याक घोस्त तो खबर ना. च चीं करीत सकाळ जातनाच बजबजीं जनेल चोंच मारूंक सुरू करतात. आयतारा मा उसरां बी उठचें म्हणून थारायलें जाल्यार लेग हीं बजबजीं स पयलींच उठोवन सोडटात. सक सांज मदींच ७-८ जाणां पोरसांत येवन बज करून सगळ्या जनेलांचेर चोंची मारून वता पळोवंक गेल्यार हांकां ना रूप ना रंग. त म्हाका तीं आवडटात. बजबजीं येतकच पो जिवें तट्टीत जाल्ले भशेन दिसता. हीं बजब चिमण्यांपरस बरींच व्हड. मात्शीं चिमणेच्य रंगाचीं हळदुवे चोंचीचीं. झाडांच्या सुक्या पान हीं किदें किदें उस्तीत आसतात. कोंकण बजबज करतात म्हणून बजबजीं. हिंदींत तां सातभाई म्हणटात. पूण इंग्लिशींत तांचें लिं बदलता आनी तीं सेवन सिस्टर्स जातात. पू तांचो आकडो मात सातूच उरता.

हांचोच एक ल्हानभाव/भयण म्हळ्य पत्रीं. होवूय ६-७ जाणांच्या ग्रुपांत आसत विचविच... री.. री.. करून एकमेकांक जागय आसतात. सुकिल्ल्या पानांच्या रंगाचे भशे हांचो रंग म्हणून हीं पत्रीं. आनीकूय दोन तरां हांचे बापोलभाव आसतात खंय! गोबरा कोरा आनी हळदुव्या दोळ्यांचो बॅबलर. पूण हां तांकां पळोवना.

हुप्पो म्हणून एक देखणो साळोरेयेदो पक्ष आसा. हाका भुरगेपणांत हांवें सांखळे खूब वेळ पळयला. आजो ताका हुडहुडो काय हुतहुत कितें तरी म्हणटालो. हालीं खूब वर्सांनीं हां हुडहुड्याक पळयलो. पिंगश्या रंगाचो हो पक्षी आंगार झेब्राभशेन पटे आसतात. तकले इल्लोसो आयणो कसो तुरो आसता. हालीं तो म्हाका सदाशिवगडार दिश्टी पडलो. हुप्पो हुप्पो असो आवाज तो करीत आसता. थं कोणें सांगलें ताचें नांव फातरफोडो म्हणून

कोंकणींत ताका आनीकूय नांवां आसतलीं.

कोंकणीं लोकवेदांत शेवण्याविशींच्यो जायत्यो दंतकथा मेळटात. तातूंतली सुऊ आनी कुऊची काणी तर हांवें आजयेकडल्यान कितलेशेच खेपो आयकल्या. गोंयांत वसंत ऋतूची सुलूस कोगुळाचो मधूर सूर घेवन येता. कुहू कुहूचो आवाज कानार पडतकीच आजयेले काणयेची याद येता. कुऊ आनी सुऊ ह्यो दोन भयणी आशिल्ल्यो. त्यो एकदां लाकडां हाडूंक रानांत गेल्ल्यो. तेन्ना तांचे फाटीक वाग लागलो म्हणून दोगूय भयणी धांवत सुटल्यो. सुऊ घरा पावली. कुऊ पावलीना. सुऊ मागीर कुऊ कुऊ करून भयणीक सोदत रावली आनी जाणटी जावन मरून गेली. दुसऱ्या जल्मांत ती कोगूळ जाली. पूण तिणें कुऊक सोदपाचें बंद केलेंना. अजून ती कुऊक सोदत आसा.

असलीच एक कवडयाची काणी हांवें भुरगेपणांत आयकल्ली. कवडो, कवडीण आनी कवड्याची भयण, अशा तिगां जाणांची काणी. कवड्याक फोव खावपाक खूब आवडटाले. तो भात हाडून भयणीकडेन दितालो. भयण ताका ते कांडून फोव करून दिताली. एक दीस ताणें बायलेकडेन मागले. बायलेन भात कांडले, आसूडले फांफूडले. आशे बी वेंचून निवळ करून दिले. इल्लेशे फोव पळोवन कवड्याक तिडक आयली. बायलेन आपणें फोव खावन उरिल्ले आपल्याक हाडून दिल्या अशें ताका दिसलें आनी ताणें तिका मारून उडयली. आनी तो फोव खावपाक बसलो. ताका ते फोव खूब रूचीक लागले. हरशीं भयण दिताली त्या फोवांत आशे, फातर मेळटाले. आतां ताका कळ्ळें फोव कित्याक कमी जाले ते. तो पिकासांवान रडूंक लागलो.

सीतेच्या हातचे फोव, गोड गोड गोड
उठ गे सीते हांव कवडो, पोर पोर पोर

कवडो चडसो उदकाळ जाग्यार झाडांचेर क्रूऽ क्रूऽ आवाज करीत बशिल्लो आसता. ताचो आवाज रडकुरो कसो दिसता. तो आवाज आयकून पयलींची जाणटेलीं म्हणटालीं, हो पळय, कवडो पोर रडटा म्हणून. कवड्याचेर खूबशीं गितां, धालो गितां बी रचिल्लीं आसात. उमाशेचे राती कवडो पोर रडटा, आज मळब तुट्टा, धर्तरी फुट्टा. हें सुंदर गीत कोणें बरयलां तें मात म्हाका खबर ना.

कवड्याची आनीक एक काणी आसा. एके बायलेन एक कवडो पोशिल्लो. तिच्या घोवाक ताची नसाय जाताली. ती ताका सुपा पोंदा धांपून दवरताली. एक दीस घोव ताका मारून खाता. फुगडी खेळतना बायलो म्हणटात.

खंय गेलो म्हजो कवडुलो
हांवें ना देखिल्लो
सुपा पोंदा धांकिल्लो.....

आनीकूय जायत्यो कवड्याच्यो काणयो आसात.

गोंयकारांक किरां मोरांचीय खूब लक्तुबाय. ल्हान भुरग्याक पयलीं वळख जाता ती ह्या किरा मोरांचीच.

धोल गो बाये धोल धोलांचे
बायेक आंगलें हाडलां किरां मोरांचें

फुडें होच मोर येथे येथे येथे येथे बस रे मोरा करून खेळगीतांत येता. मागीर तो धालां गितांनीय येता.

आज मोर खंय खंय
सवर्ण पिकलां थंय थंय.....

मोर हो एक देखणो पक्षी. शेवण्यांचो राजा. आमच्या भुरगेपणांत हो मोर सोपेपणांत दिसना आशिल्लो. सांखळे विठोबाच्या देवळाकडल्या राण्याल्या घरांत एका व्हडल्या पांजऱ्यांत मोर आनी लांडोर आसतालीं. सुटयेंत आजोळा वतकीच आमी तांकां पळोवपाक मुद्दम वतालीं आनी मोरांक पळोवन धन्य जातालीं. आतां आमी मोर रानांत ज्या जाग्यांनी रावताले थंय घुसल्यात; ते खातीर मोर आमकां वचत थंय

दिसूंक लागल्यात. एक दीस म्हाका दिवचलच्यान येतना थिवी टेलिफोनच्या खांब्यार बशिल्ले मोर दिसले. आनी एक दीस म्हापशां फुडें गिरी पावतकीच तीन मोर दिसले. इतलेंच कित्याक वेळसांव वेळेर वतना लेगीत थंय मोर दिसले. दोन दिसां पयलीं मडगांवां घोगळांत मठाकडेन मोर दिसले म्हणून आयकलां.

एकदां म्हाका सावय भाटांत गेल्लेकडेन हळदुव्या पाखांचेर काळो रंग आनी दोळ्यांक काळी पट्टी अशें एक शेवणें दिसलें. काळी पट्टी पळोवन हांव ताका वळखलें, तो खाटीक म्हणून. तो खंय आपल्या पोटाक जाय ताचे परस चड जिवांक, किड्यांक, ल्हान सुकण्यांक मारता आनी काट्यांचेर दवरता, ते खातीर ताका खाटीक हें नांव पडलां. मराठींत ताका चश्मीस म्हणटात. कोंकणींत वकलीश्त बी म्हणटात जावंये! पूण ताच्या दोळ्यांभोंवतणीं आसा तें वक्ल कशें न्हय. काळी पट्टी कशी! ते खातीर मराठींत ताका गांधारी खाटीक अशेंय म्हणटात. आनीक एक गोबरा कोराचोय खाटीक आसता.

आमगेर एक सारमानशेवयलो पाडेली येतालो. ताका शेवण्यांचीं कितलींशींच नांवां खबर आशिल्लीं. पांचवें ल्हानशें चिमणेयेदें शेवणें आसता खंय! बटबट्या दोळ्यांचें. दोळ्यांभोंवतणी धवेंच वर्तुळ आसता. ताका दोळूक म्हणटात खंय! हें शेवणें म्हाका रोखडेंच कळ्ळें. (white eye) आसतलो म्हूण. धवश्या पाखांची एक घोण आसता खंय! साळवो म्हणून. तो पाडेली करमळे, जुंव्यार सगळेकडेन नाल्ल पाडूंक वतालो. थंयच्या तळ्यांनी कितल्याश्याच तरांचीं बदकां दिसतात म्हणून ताणेंच म्हाका सांगिल्लें. धव्या काळ्या कोराचें काटूक बदक, आबोल्या कोराचें बदक, हुमलें म्हणून काळसर तांबडया कोराचें बदक. आतां हीं नांवां खंयच्या बदकाचीं तीं म्हज्या सारकेल्या सामान्य पक्षीप्रेमीक कळचींना, पूण पक्षीतज्ञांक कळटलीं. घडये काटूक म्हळ्यार कॉटन पिगमी डक आसत. आबोल्या कोराचें म्हळ्यार रूडी शेडलक आनी हुमलें म्हळ्यार लेसर विस्टलींग डक. हीं गोंयांत खंयूय उदकाळ जाग्यार तळुल्यांनी दिश्टी पडटात. भुरगेपणांत आजयेचे काणयेंत धवे हंस, तांबडीं बदकां बी आसतालीं, तीं माणकां मोतयांचो चारो खातालीं. तींच हीं बदकां आसतलीं.

गोंयांत शेतांनी, उदकाळ जाग्यार उगत्या मळार सगळीकडेन बकीं दिश्टी पडटात. ह्या बक्यांक इंग्लीशींत, हिंदींत, मराठींत वेगवेगळीं नांवां आसात. गोंयांत आमी सरसकट सगळ्यांक बकीं/ बळारी म्हणटात. भुरगेपणांत आमी मडगांवां सकयल्या बाजारांतल्या बांदार म्हळ्यार कोलव्यां वचपी वाटेर बांदार खेळपाक म्हूण वतालीं. थंय काळीं, धवीं, हळडवसार, लेव मातयेकोराचीं बकीं आसतालीं. 'हाचीक' नांवाचो एक रेंदेर थंय सूर काडपाक माडार चडटालो. ताणें एक दीस ह्या बक्यांचीं नांवां सांगिल्लीं. धवें बकें, धव्या मानेचे बकें, कुड्डें बकें. कुड्डें हो शब्द कोंकणींत दोन भशेन वापरतात. दोळ्यांनी दिसना त्या मनशाक आनी फिकट रंग. हांगा ताच्या फिकट मातयेकोरा भशेन रंगाखातीर ताका कुड्डें बकें म्हणटालीं.

धव्या मानेचें म्हळ्यार काळो कोर पूण मानेचो रंग धवो. खरें म्हळ्यार हे बकें करकोचो हे जातींत येता. आनीक एक सुंदर रंगीत करकोचो गोंयांत दिश्टी पडटा. हांचे पांय हेर बक्यांपरस लांब आसतात. मानूय व्हडली आनी चोंच बक्यापरस रूंद आनी लांब आसता. पूण आमी सरसकट सगळ्यांक बकींच म्हणटात. ह्या रंगीत करकोच्यांचें आंग धवें. पूण पाखांचे कुशीक काळसर रंग आसता. शेंपडी काळ्या पिसांची आनी गुलाबी रंगाची आसता. चोंच हळडवसार केसरी रंगाची आसता म्हणून संस्कृतांत ताका केसरमुखी बी म्हणटात. आमी एकदां उडपी वतना वाटेर एका गांवांत तळ्यांत खूब painted stork पळयल्ले. थंयच्या एका कोंकणी उलोवपी मनशान तांकां कोकारे म्हणटात म्हणून सांगिल्लें. गोंयांत कितें वेगळें नांव आसा जाल्यार खबर ना. तांबडी कोकारी, शणैच्या बांयचेर न्हाताली! हें कोणाक उद्देश्यून म्हणटात काय? रंगयाळो करकोचो, केसरी चोंच म्हणून बी ताका तांबडी कोकारी म्हणटात काय?

आनीक एक करकोचो गोंयांत सगळेकडेन दिसता. उगड्या चोंचीचो करकोचो. धवो रंग, पाखांकडलो भाग काळो, काळशी मोठशी चोंच, चोंच धापतकीच मदीं चीर कशी उगडी उ म्हणून हो उगड्या चोंचीचो. गोंयांत सगळ्य दिसपी व्हड करकोचो म्हळ्यार खड्डें ब खड्डी बळार (adjutant stork) तकलेक आनी मानेक पिसां नासत गोबराकोराचें, काळशेंशें आंग. दिसपाक मा विद्रुप सो.

आमच्या घराच्या लागींच शेतां रोयत हांव ह्या दिसांनी सांजवेळां मुद्दम पासयेक वटेन वतां. शेतांत कोण ना कोण तरी शेव दिश्टी पडटात. Red wattled la wing चो एक जोडो दिसता. टिट्... टिट् टिट्युव्ह.. करीत उडत आसता. मराठींत ता टिटवी म्हणटात. थंय काम करतल्यांनी ता देठों/तेठों म्हणटात म्हणून सांगलें. ल्ह कोकातरीच्या आकाराचो हो पक्षी. पुडी कोरा रंग. पोंदच्यान धवो. तकली आनी मान काळ दोळ्यांकडेन तांबड्यो गांठी कश्यो आसता दोळ्यांसकयल धवो पटो कसो आसता.

कोकातरी तर घराकुशीक खुबूच दिसता कुव्वा कुव्वा, आवाज येत आसता. साम भिवकुरी. आवाजाची सुलूस लागल्यार धांव सुटतात. आमच्या दुरगाभायर शेतां लायल्यां फुडें डिस्ट्रिक्ट हॉस्पीटलाची अर्दवट बांदिल्ल पडकी इमारत उबी आसा. थंय मारिल्ल खळयांनी घाण उदक साठवलां. ताचेर झा मातल्यांत आनी भितर कोकातरींचें साम्राज्य कोकातर म्हळ्यार इंग्लीशींत whit breasted water hen ह कोकातरीपरस मात्शी व्हड अशी आनीक ए कोंबी आसता. ती आमच्या घराकडेन दिसन पूण शेतांनी उदक बी साठवता, तळुल्य आसतात, तातूंत ती दिसता. चोच तांबडी फाटल्यान लुंड्या शेपडेकडेन तांबडें खत जांबळट निळसो रंग. इंग्लीशींत purpl moorhen म्हणटात. कोंकणींत हिच लिंगबदल जाता. मुरहेनाचो तेलकोंबो जाता साश्टींत तेलकोंबो म्हणटात. हेर कडेन तिक दुसरें नांव आसूं येता.

उदकांत रावपी आनीक एक सुंदर पक्ष म्हळ्यार पाणमोर. मोराभशेन चकचकीत आं

आनी निळसर तांबसर रंगाची शेंपडी. दोळ्यांकडल्यान माने मेरेन धवो पटो कसो. करमळे तळ्यार हांवें एकदां तीन पाणमोर पळयल्ले. खूब वर्सां पयलीं हांवें एक लेख वाचिल्लो. कमलपक्षी कमळाच्या पानांवयल्यान चलत वता. तो कमळा भितरले परागदाणे खाता. तेन्ना म्हाका दिशिल्लें हो कमलपक्षी हंसाभशेन धवोफुल्ल आसतलो. आनी ही श्रीमती कमलपक्षीण आसता ती खंय कमळाच्या पानांचेर तातयां घालता आनी कमलपक्षी तीं तातयां उबयता आनी पिलांक पळयता. ती तातयां घालून दुसरो कमलपक्षी गुठलायता. हालींच हांव ह्या पक्षांचीं नांवां सोदतना म्हजे पक्षीप्रेमी महाराष्ट्री इश्टिणीन सांगलें, कमलपक्षी म्हळ्यार bronzed winged jacana म्हणून. आरे, म्हळ्यार हो आमच्या तळ्यांनी दिसपी पाणमोर तर! हाचो आनीक एक भाव आसा. ताका धवी पट्टी नासता.

गोंयच्या वेगवेगळ्या वाठारांनी शेवण्यांक वेगवेगळीं नांवां आसात. हांवें पळयल्ल्या शेवण्यांचीं नांवां हांव कोणांक कोणांक विचारून सोदून काडीत आसां. अजूनूय शेवण्यांचीं कोंकणी नांवां जाणां जाल्ले खूब लोक गोंयांत आसात. आनी तान, भूक विसरून हीं कोंकणी नांवां सोदपी तरणाटेय बी गोंयांत आसात.

फाटल्या दिसांनी कोंकणी स्पिकस् ह्या फेसबूक फोरमाचेर 'तुमकां हाचें कोंकणी नांव खबर आसा?' असो एक पोस्ट वाचूंक मेळ्ळो. ताचे बरोबर Golden Oriole ह्या सुंदर शेवण्याचो फोटो आशिल्लो. वेदांग सावंत ह्या गोवा मेडिकल कॉलेजांत शिकपी विद्यार्थ्यान हो पोस्ट घाल्लो. गोंयांत दिसपी शेवण्यांचे अप्रतिम अशे फोटो ताणें काडिल्ले आनी तांचीं कोंकणी नांवां जाणून घेवपाखातीर तो एक एक फोटो पोस्ट करतालो. हांवें आनी बाकीच्यांनीय बी आपल्याक खबर आसा तीं कोंकणी नांवां ताका सांगलींच. कोंकणी नांवां सोदून काडपाचे ताचे हे धडपडीचें म्हाका कौतूक दिसलें आनी म्हाकाय एक पोस्ट घालीन दिसलो. आनी हांवेंय बी 'तुमकां खबर आसा त्या शेवण्यांचीं कोंकणी नांवां सांगात' असो एक पोस्ट घालो... आनी अक्षरशा शेवण्यांच्या कोंकणी नांवांचो पावस पडलो.

सांग्यावयल्या ग्रॅगरीबाबान, काणकोणच्या सुहासबाबान, साळगांवच्या रमेशबाब घाडीन, तेजश्रीबायन, स्नेहलताबाय भाटीकारान आनी कितलेश्याच जाणांनी नांवां घालीं. कांय जाणांनी फोटोय घाले. किरणानूय भावाक विचारून काणकोण वाठारांतलीं कितलीशींच नांवां सांगलीं. हड्डी म्हणून लेव पोपटी ल्हान आकाराचीं कबुतरां खंय भिऱ्यांनी येतात. Green Pigeon आसतलें. घेगी म्हणून चिमणेच्या कोराचीं ल्हान शेवणीं भिऱ्यांनी येतात. तें Pipit आसतलें. खवण म्हळ्यार मातयेकोराचीं शेवणीं. कबूतरांपरस आकारान दोबराद. तींय बी भिऱ्यांनी येतात खंय पिकेवेळार. कांकणां म्हणून उगडे मानेचीं काळ्या आंगाचीं शेवणीं केंऽ केंऽ करीत झाडार खूब संख्येन बसतात खंय! कांकणां म्हळ्यार गिद आसतले. आनीक एक शेवणें सांगेकारांनी सांगलें लायो म्हणून. काणकोणकारांनी तो लवो म्हणून सांगलें. ल्हान कोंबयेच्या आकाराचो, चिमणे कोराचो, आंगार काळशे पटे शे.... वर्णनावयल्यान हांव वळखलें... एकदां आमी रातचीं बेळगांवच्यान येतना रस्त्यावयल्यान हेवटेनच्यान तेवटेन वतना पळयल्लें. ७-८ जाण तरी आशिल्ले. इंग्लीश नांव जंगल बुश क्वेल.

आनीक एक शेवणें आमच्या पोरसांत येता. काळसर पोपटी. दिसपाक मातशें पिशपिश्याभशेन. पूण चोंच ल्हान. शेंपडी मातशी लुंडीशी! इंग्लीश नांव Flowerpecker. काणकोण वाठारांत पिटूशें म्हणटात खंय! गोंयांत दिसपी शेवण्यांभितर हें सगळ्यांत ल्हान शेवणें. आमगेर आयिल्ल्या एका सोयऱ्यान ताचें नांव किटूर म्हणून सांगलें. किटूर नांव आयकून म्हाका भुरगेपणांत आयकल्ले एके काणयेची याद जाली.

एका किटूराक एक कीड मेळटा, किटूर तिका खावपाक वता. कीड म्हणटा, 'शी, तुवें तोंड तरी धुलां? हतशें बुरश्या तोंडान म्हाका खातलें? वच पयलीं तोंड धुवून ये.' किटूर धुवून येता. निमाणें कीड विचारता, 'म्हाका हरवेंच खातलें? इंगळो घेवन यो आनी बरें भाजून खा.' किटूर वता आनी इंगळो चोंचीन धरता. चोंच लासता. काणी आयकतना किटुराची काकूट दिसताली. हाय.. हुय... करीत नाचता तें किटूर दोळ्यांमुखार येतालें.

काणकोणकारांनी काणकोण वाठारांत रान कोंबयो खूब दिसतात म्हणून सांगलें. म्हळ्यार Grey jungle fowl. तिचे परस मात्शी ल्हान गांवठी कोंबये येदी आनीक एक आसता खंय! तिका कुट्टुरें म्हणटात खंय! कुट्टुरें नांव आयकून म्हाका एक म्हण याद जाली. 'मोर नाचता म्हूण कुट्टुरें नाचता' इतलीं वर्सां म्हाका कुट्टुरें म्हळ्यार शेवण्याचें नांव म्हणून खबर नाशिल्लें. एका पाखान मोर जावप बी असले वाक्प्रचार तर आमी सर्रास वापरतात.

आमच्या सुधाबायकडेन शेवण्यांचीं नांवां, शेवण्यांचे आवाज हांची खूब म्हायती आसा. तिचे कडल्यान तें खास सुधाबाय स्टायलीन आयकुवपाक बरें दिसता. एक दीस तिणें म्हाका सांगलें तिच्या भुरगेपणांत जांबावले रातचें एक शेवणें रडपाचो आवाज येतालो. शेवण्याचें नांव खंय दुकपोडे. तें शेवणें रातचें दुख पोडूं ऽऽ ... दुख पोडूं ऽऽऽ अशें रडत आसता खंय! मागीर तिची आवय म्हणटाली खंय 'हें पाड पडिल्लें दुकपोडें रडत आसा. कोण खंवसतलो देव जाणां.' सकाळींफुडें गांवांत कोण तरी मेला म्हणून खबर येताली 'पळय, काल सबंद रात दुकपोडें रडटालें' आवय म्हणटाली. मनीस मरपाचो संबंद बाबड्या दुकपोड्या कडेन येतालो.

हें शेवणें दीसभर ओग्गी आसता.

घुगुमाभशेन रातचें भोंवता. कोण काय हें? घुगुम काय न्हय? दुक पोडू ऽऽ दुक पोडू ऽऽ आवाजाकडेन जुळपी, रातचें रडपी शेवण्यांचें नांव म्हाका कशें कळटलें? म्हाका जरी इंग्लीश नांवां आनी शेवण्यांची म्हायती आसली तरी इतलें ज्ञान म्हाका ना. वेदांगाकडेन वळख जायत सावन ताचे कडल्यान शास्त्रशुद्ध म्हायती मेळटा. ताका विचारलें, तो म्हणूंक लागलो Indian night jar आसतलें म्हणून. तें टुकुरू टुकुरू करून रातचें रडटा खंय! दुखपोडू आनी टुकुरू आवाज जुळटा.

आनीक एक सुधाबायन सांगलें, पावसो म्हणून पावसाच्या दिसांनी एक शेवणें येता खंय! तो योऽ पावसा.. यो ऽ पावसा असो आवाज करता खंय! आतां हो आनी कोण काय? ह्या दिसांनी चातक पक्षी दिश्टी पडटा. पि ऽ हू.. पि ऽ हू असो सकाळचो, सांजवेळचो ताचो आवाज येता. वयल्यान उडटना दिश्टी पडटा. सुंदर पक्षी. एकदां हांवें हाका दिवचले झाडार बशिल्लो पळयल्लो. माथ्यार इल्लोसो तुरो, काळोच रंग, गळ्यापोंदा धवो, शेपडेचेर धवे पटे... तेन्ना म्हाका ताचें नांव चातक म्हूण खबर नाशिल्लें. अंदू वर्सा हांवें ताका आमच्या घरा फाटल्यान पळयलो. बेश्टेंच म्हणून बयल्या बेडरूमांतल्यान भायर पळयतां जाल्यार झाडार चातक बसला. सामको राजबिंडो गुबगुबीत सो. ह्याच दिसांनी आनीक एकटो येता. तो पि.. पि.. पिपिहा.. असो आवाज करता. मराठींत ताका पावश्या म्हणटात. तांकां ताचो आवाज पेरते व्हा... म्हळ्यार शेतां रोया.. अशें म्हणिल्ले भशेन दिसता खंय! इंग्लीशींत ताका Hawk cuckoo म्हणटात आनी चातकाक Jacobin cuckoo. हो मराठी पावश्या आमचो कोंकणी पावसो आसतलो. यो ऽ पावसा आनी पी ऽ पिपिहा आवाज जुळटा.

आमच्या पोरसांत किट्ट भोंवरा white rumped munia दिश्टी पडटात. हाचेय फोटो वेदांगान कोंकणी स्पिकसाचेर घाल्ले. तेन्ना रिवणाच्या पै बाबान ताचें नांव किट्ट भोंवरा म्हणून सांगिल्लें. चिमणेपरसय ल्हान. वयलें आंग काळें, गळ्याकडलो धवो, पोटाचो भाग काळो, दाट चोंच. घोंटेर करपाक तण, हरयाळी चोचींत धरून व्हरताली. सदांच हांचे दोन-तीन जोडे दिश्टी पडटात. पिके वेळार बी शेतांनीं हांचें भिरें येता अशें आयकल्लें. फाटल्या दिसांनीं केळशे एका हॉटेलांत रावपाक गेल्लीं. सकाळीं उठून पासयेक गेलें. तेन्ना हांवें हांचें भिरेंच पळयलें. हांचे बरोबर वकलां सावरींचेंय भिरें. हीं किट्ट भोंवरां आमच्या पोरसांत आशिल्लीं. पूण नांव खबर नाशिल्लें. म्हाका दिशिल्लें तीं मडवळणीचीं पोरां बी आसतलीं म्हणून हांवें बारीकसाणीन पळोवंक नाशिल्लीं. हांच्यो आनीक दोग भयणीं आसात, खवळां भोंवर Scaly breasted munia अंदू ह्योय बी पोरसांत येवन गेल्यो आनी एक तीन कोरांचे तिरंगी भोंवर आसतात. तींय गोंयांत खूब कडेन दिसतात. पूण हांवें पळोवंक ना. काळे, धवे आनी काळसर तांबडे. चवथी हांची बापोलभयण गुंज भोंवर. गुंजेभशेन तांबडोच रंग आनी वयर काळे, धवे थिपके इंग्लीश नांव Red Avadavat. पू ही दुर्मिळ. तिका कोंकणी नांव आ म्हणतकीच ती गोंयांत खूब प्रमाणा दिसतालीं जावये. आतां चिमण्यो कश दुर्मिळ जायत गेल्यात तशीच तिचिय ग जाल्या जावये. गोबरा कोराची आनी एक आसता तिवूय दुर्मिळ.

आनीक एक सुंदर पक्षी गोंयां सगळेकडेन दिसता. Lesse flameback woodpecker कीं... कीउ... मात्सो किरकिऱ्या भशे आवाज करीत खूब वेळां पोरसांत माडा बी येवन बसता. सुंदर भांगराकोराचो माथ्याक तांबडें चेपें. माडाचेर चोंच मारू किडे बी सोदीत वयर वयर चडत रावता इतलो तेंप हांव हाका मेस्त म्हणटालें मराठींत सुतारपक्षी म्हणटात. पू सांग्याच्या ग्रेगरीबाबान हाका सांग्या पाडेली म्हणटात म्हूण सांगलें. म्हाक पाडेली हें नांव खूब आवडलें. गोंयच्या लोकजिवनाचो पाडेली हो एक म्हत्वाचें घटक. त्या नांवाचो पक्षी गोंयांत आसप म्हळ्यार पाडेल्याचो भोवमान कसो! गोंयचें मातयेंत रूजून आयिल्लें नांव. थोडे कडेन

ताका पाडेकारूय म्हणटात खंय!

तांबड्या गळ्याची पिटकोळी गोंयची राजपक्षी Flame throated bulbul. गोंयांत स तरांच्यो पिटकोळ्यो दिश्टी पडटात. तशेंच किरकिरे.. आठ तरांचे किरकिरे दिश्टी पडटात. एक आमचो सदचो धवे छातयेचो White breasted kingfisher, दुसरो ल्हान, निळो किरकिरो Common kingfisher, तिसरो व्हडलो किरकिरो Stork billed kingfisher, चवथो पाणकावळो Pied kingfisher. हे चारूय हांवें पळयल्यात. उरिल्ले बुटको किरकिरो (Oriental dwarf kingfisher), धव्या गॉलाचो किरकिरो (Collared kingfisher), काळे तकलेचो किरकिरो (Black Capped kingfisher) आनी निळ्या कानाचो किरकिरो (Blue eared kingfisher) अजून पळोवपाचे उरल्यात.

गोंयांत तशें पळोवंक गेल्यार ४०० वयर शेंवणीं दिश्टी पडटात. गोंयांभायले पक्षीतज्ञ मुद्दम हांगा शेवण्यांचो अभ्यास करपाक येतात. ते भायर गोंयचे पक्षीतज्ञ, प्रक्षी प्रेमी शेवणीं दिसतात त्या जाग्यांनी वचून तांचे फोटो घेतात, निरिक्षण करतात.

हालींच पेपरांत एक बातमी वाचिल्ली. गोवा टुरिझम एव्हि टुरिझमाचो प्रचार करतले म्हूण! संवसार भरांतल्या पक्षांच्या अभ्यासकांक आनी पक्षी प्रेमींक आकर्शित करतले. आतां सद्या जे पक्षी निरिक्षक बी येतात ते खरेंच कोणांक आवड आसा तेच येतात. ते कशीय वाट काडीत येतात. ह्या एव्हि टुरिझमाखातीर मेळत ते टुरिस्ट पक्षी निरिक्षणाक वतले. पक्षांचो प्रजजन काळ, घोंटेर बांदपाचो काळ कांयच लक्षांत घेना आसतना. ताचो शेवण्यांच्या जिविताचेर वायट परिणाम जायना जातकीच जालो. पर्यटकांचे चोमे जर थंय वचपाक लागले जाल्यार पक्षी त्या जाग्यार येवपाचे बंद जायत म्हणून भंय.

फाटल्या दिसांनी पश्चिम बंगालांत घडिल्ली एक खबर वाचिल्ली. एक नामनेचो बर्ड फोटोग्राफर थंय इंडियन पिटा ह्या शेवण्याच्या घोंटेराचे फोटो काडूंक आयिल्लो. त्या घोंटेराचे सारके फोटो काडपाक मेळपाक जाय म्हणून ताणें मुखावयल्यो फांदयो तोडल्यो. ते खातीर जे खांदयेर घोंटेर केल्लो तीच मोडून पिलां सकयल पडलीं. थंय निरिक्षणाक आयिल्ल्या पक्षी प्रेमींनी हें पळयलें. त्या पिलांची आवय सामकी आकांत करताली. तिची तळमळ तांच्यांनी पळोवंक जालीना खंय!

आनी दुसरीय खबर थंयच घडिल्ली बर्ड फोटोग्राफर येवन येवन घरट्यांचे फोटो काडटात तें पळोवन थंयच्या भुरग्यांनी तीं घरटींच काडून व्हेलीं. तांकां दिसलें पिलांसकट तीं विकल्यार खूब पयशे मेळटले म्हणून ताणीं तीं नाच केलीं.

कोंकणींत शेवण्या किटुराचेर एक कवन आसा.

शेवण्या किटुरा
खंय गो गेलेलें?
घाटार गेलेलें
घाटार कित्याक?
वांवळ्यो हाडूंक
वांवळ्यो कित्याक?
घोटेर बांदूंक
घोटेर कित्याक?
पिलां काडूंक
पिलां कित्याक?
मामालें शेत राखूंक.....

सद्दया गोंयचीं रानां काबार जायत आसात. नवीं झाडां लावप जायनात. फाटल्या दिसांनी एक लेख वाचिल्लो. गोंयच्या खाण पट्टयांत जीं नवीं झाडां रोयल्यांत तीं भायल्या देशांतल्यान फुकट मेळिल्लीं अशीं. त्या झाडांचीं पानां दाट. मातयेंत लेगीत बेगीन कुसनांत खंय! तांचेर कावळो लेगीत घोंटेर बांदीना खंय! तेखातीर कवनांतलें शेवणें किटुर घाटार वावळ्यो हाडूंक वता तसली पाळी गोंयच्या शेवण्या किटुराचेर येना जाल्यार पुरो. ते भायर घोंटेर करपाक गोंयां भायल्यान येवपी शेवणींय आसात. शिंयाच्या दिसांनी तीं चड दिश्टी पडटात. तांचे खातीरूय तीं ज्या झाडांचेर घोंटेर करतात तीं झाडां आमी रोवपाक जाय. उत्तर भारतांत तशेंच भारताभायर शीं पडपाक लागतकीच शेवण्यांचीं भिरीं दक्षिणेची वाट धरतात. तातूंतलीं कितलींशींच भिरीं गोंयांत देंवतात. शंभरा वयर तरांचीं शेवणीं गोंयांभायल्यान येतात. तांबशीं, काळशीं, आबोल्या कोराचीं बदकां येतात. करकोचे, काळे बुडे पाणलवे, तिरमारे... कितल्याश्याच मैलांचो प्रवास करून गोंयचे भुंयेर देंवतात. गोंयच्या उदकाळ जाग्यांनी राबितो करतात. चड करून वचत थंय निळ्या उदकार शेवण्यांचीं भिरीं देंवतना दिसतात आनी आतां आंब्या काजींक चंवर येतलो, भोंवरे गुणगुणटले हाची सुलुस लागता. बाकीबाब बोरकार आपले कवितेंत म्हणटात.

निळ्या जळार सवण्यांचे
थव्यार थवे, धवेच धवे
उफेत हुबत सांगती आतां
येतले दीस म्होंवेच म्होंवे
तणाक पसुन येतले दोळे
आनी वालिंक कळेच कळे
आडुन दडून येतले कानार
सवण्यांचे उल्यार उले, उल्यार, उले....

■

फातोड्डें – गोंय.मो – ९८५०५३०१५२

फोटोग्राफी: वेदांग सावंत, म्हापशें–गोंय

क
था

जीन्स पँट

तें जीन्स घालून झेतान भायर सरलें. दे दणादण खेळून आनी लोळून तें दनपरां घरा आयलें तेन्ना ताची आनीक ताचे जीन्स पेन्टीची दशा जाल्ली. आवयन तें पळयलें आनी ती बोग्गी रावली. आतां असल्या वेळार ताका कितेंय सांगप म्हळ्यार, आ बैल मुझे मार अशी गत जावपाची. तें घरात येवन सोफार बसलें. आपले चिखलाचे हातपांय तानें पळयले. पँट हिसपा भायर लोळिल्ली. पूण आतां करप किदें? ताका ती पँट काडपाची इत्सा नाशिल्ली.

- विजया शरद सावंत

"बाबा, तुका सद्दां ऑफिसांतल्यान येवपाक वेळ किद्याक लागता रे? आई बेगीन येता क्रेचांत म्हजेकडेन. तुका लागून खुब्ब उशीर जाता आमकां घरा वचपाक." केजी वनांत शिकतल्या भार्गवीन रागारागान तोंड फुगोवन म्हळें, आनी तशेंच पांय आपटीत गाडयेकडेन आयलें. बाबान गाडयेचें दार आवय-धुवेक उगडून दिलें. बॅग सिटार भिरकाटावन 'धपक' असो आवाज करीत तें आपूणय बॅगाकडेन वचून बसलें. आई फुडलें दार उगडून मुखार बसली. भार्गवी रागान तांबडेंगुंज दिसतालें. दोगांयजाणां भार्गवीकडें पळोवन आनी मागीर एकामेकांकडेन पळोवन भितरले भितर हांसलीं.

बाबान गाडी स्टार्ट केली. "काम खूब्ब आशिल्लें गो म्हाका भार्गवी, ताका लागून कळाव जालो थोडो. फाल्यां बेग्गीन येतां हां." बाबान खालत्या आवाजान ताची समजूत घालपाचो प्रयत्न केलो.

"बाबा बा ऽऽ बा ऽऽ!!! ..."

"किदें गो भार्गवी, किदें जालें?" बाबान विचारलें.

"बाबा, म्हाका जीन्स पँट जाय! आनिक आत्तां जाय, जाय म्हंजे जाय."

भार्गवी बरेंच अस्वस्थ जाल्लें. आवयक एकदम हांसोच फुटलो....

"आगो, तूं आसा केदें? केजी वना इल्लेंशें शिरपुट !! कितलीं शॉपां भोंवलीं आमी तुका जीन्स घेवपाक. एकूय कडेन मेळ ना. आयज परत जीन्साचें भूत खंय मेळ तुका? व्हडले भयणिल्यो जीन्स लेगीत सार जायना ताका. लांबयेक सारकी जाल्यार क मोटें; कमर सारकी जाल्यार पांयार वयर च असली हागेली गत. जीन्स जाय खंय! बरें ख पी आनीक बेगीन मोठें जा. मागीर जाय तस कपडे घाल."

आवयचो उपदेश आयकून भार्गवी आनी बेजार जालें.

"तूं वोग्गी राव गेऽऽ. हांव बाबाक उलयतां. तुजेकडेन न्ही. बाबा, म्हाका जी जाय रे."

भार्गवी सामकें काकुळतेक आयिल्लें. बाब ताका विचारलें, "पूण तुजे सायजीची जी खंय मेळटा रे शाण्या? आमी आतांच थ वचून हाडुंया."

"बाबा, तें म्हाका खबर ना. पू आमगेल्या क्लासींतलीं भुरगीं घालतात मरे."

"पूण शाण्या तीं तुजेपरस मोठीं आस न्ही गो. तुजेयेदे उंचायेचें कोण आसा? आनी तें जर जीन्स घालता जाल्यार आमी ताक विचारून हाडुया."

"मागीर आतां आमी घरा वचुया मगो म्हाका लायब्ररीचें पुस्तक दिवपाचें आसा."

बाबान अशें म्हणून गाडयेची स्पीड वाडयल आनीक तो लायब्ररीचे वाटेक लागलो.

''बाबा, देव जीन्स घालता?'' भार्गवीचो आवाज खोशयेन भरील्लो.

''को ऽऽ ण?''

''देव बाबा.'' तें एकदम मुडार आयलें.

''देव, खंयचो गो...?'' बाबाय मुडार आयलो.

''गणपती? हे दीस तर चवथीचे न्ही. जीन्स घाल्लो गणपती तयार करपाक! आनी हांवें मगो केन्नाच जीन्स घाल्लो गणपती पळोवंक ना.''

''बाबा, देव म्हजे क्लासीत आसा.''

''आब्बा, हें आनीक एक नवीनच मुगो तुजें. देव देवळांत आसता. तुगेल्या स्कुलांत कसो पावलो? तें 'देव नाही देव्हाऱ्यांत' अशें नाटक, गाणें बी आयकलां गो हांवें पूण 'देव आहे केजीवनात'य अशें आयकूं ना.''

''बाबा, फकाणां करूं नाका रे.. देव खऱ्यांनीच म्हजे क्लासींत आसा. तो जीन्स घालता.''

''भार्गवी, देव पितांबर न्हेसता. मुकूट बी घालता, जाल्यार त्या रामायण, महाभारतावेल्या सीरीयलींतल्याभशेन भेस करता हें म्हाका खबर आसा. आतां तो जीन्स घालता आनीक तुजे क्लासींत बसता; म्हळ्यार तुमी सगलीं खुब्ब पुण्यवान मगो. नामदेवाक एकल्याकूच पांडुरंग दिशिल्लो, जाल्यार मीराबाईक एकलेकूच श्रीकृष्ण. आनी आतां तुजे क्लासींत झाडून सगल्या भुरग्यांक, टिचरींक, आनी तुज्या प्रिन्सिपल मॅडमीक, प्युनाक, तुमची आवडटी केअर टेकर राजश्री आँटीकूऽऽय!'

''बाबा बाऽऽबा.'' भार्गवी रागान आडुलें.

''देव म्हजे क्लासींत स्टुडंट आसा. तो जीन्स घालता.''

बाबाय आतां बरो ऽऽ मुडार आयलो, ''देव तुजे क्लासींत स्टुडंट जावन आयलो. म्हाका फाल्यां दाखय हां, हांव पांयां पडपाक येतां.''

''तूं येवपाचो ना हा बाबा सांगतां तुकां हांव.... देव नांवाचो भुरगो... म्हजे येदो उंचायेचो, केजी वनांत येता. तो जीन्स घालता. तसली म्हाका जाय. म्हाका जीन्स आतांच जाय.'' भार्गवीन रागान फाटले सीटार फुगडी घालपाक सुरवात केली. रागान ताणें गपच गपच करुन थंयच्या थंयच उडक्यो मारल्यो. आपल्या लायब्ररीच्या बुकाची बीन तें वाट लायत ह्या विचारान बापूय चवताळ्ळो.

''तुकां सांगतां हांव भार्गवी, जर त्या लायब्ररीच्या बुकाचें तुवें किदेंय केलें जाल्यार हांव सोडचों ना तुका. बूक दिवपाचो तो. दितना वस्त हाडिल्ली तशी दिवपाक जाय. बुकाचें किदेंय जालें जाल्यार तूं आसा आनी हांव आसां..'' बाबाय रागान गुरगुरपाक लागलो.

भार्गवी बाबड्याची हेवटेन भियेवन गुळी जाली. ''स वरां जावन गेलीं. आतां खंयची लायब्ररी? या आमी घरा.'' आईन म्हळें आनीक गाडी घराच्या रस्त्याक लागली. वाटेर सांताक्रुज बाबा केळीं घेवपाक देंवलो तेन्ना आईन तें बूक काडून आपले पर्सींत घालें. भार्गवी बारीकसाणेन त्या बुकाक पळयतालें, तें पळोवन तिणें हांसून म्हळें, ''शाण्या बुकाक कांयच जालें ना हां. तूं कसलेंच टेन्शन घेवं नाका.''

आतां भार्गवी नॉर्मल जालें. कसलीतरी पुडी घेवन आयिल्ल्या बाबाक ताणें बरीऽ स्मायल केली. बाबाय ताका पळोवन हांसलो.

गाडी स्टार्ट मारतना ताणें भार्गवीक म्हळें, ''भार्गवी तुका हांव जीन्स दितलों हां गो. तिवूय बी आयजच.''

''बाबा, पुडयेंत पँट आसा?'' भार्गवीन खोशयेन विचारलें.

''ना गो पळयच तूं. कसली बेस्टपैकीं जीन्स पँट दितां तुका ती..''

भार्गवीच्या तोंडार खोशयेचे बुतांव फुलले. तें एकदम गुलाबी कोराचो बुतांवशें दिसपाक लागलें.

घरा येवन सगल्यांनी च्या घेतली. आईन बरेऽ फोव केल्ले, ते भार्गवीन उमेदीन खाले. आयल्याबरोबर मैत्रेयी वांगडचें एक झगडेंय आयज कॅन्सल जालें. मैत्रेयी भार्गवीली व्हडली भयण. तें स्कुलांत सकाळीं वतालें. दनपरां घरा येवन दार उगडटालें. एकलेंच जेवन बी अभ्यास करुन सगल्यांची वाट पळयत बसतालें. भार्गवीक अशे आई बाबा नासतना रावपाक भिरांत दिसताली. देखून तें क्रेचांत रावतालें. ताचें के. जी. त्याच क्रेचांत आशिल्लें. थंय तें सगल्या भुरग्यांमदीं खोशयेन रावतालें. सांजवेळा सगल्यांची मम्मी नाजाल्यार पप्पा कोणय व्हरपाक येतालीं. तशें तेंवूयबी आईची वाट पळयत रावतालें. आईचें ऑफीस लागींच आशिल्ल्यान आई साडेपांचांक ऑफीस सुटतगीर रोकडीच पावताली. आवयक पळोवन ताच्या जिवाक खूब्ब बरें दिसतालें. मागीर तें तिच्या पदराकडेन खेळटां खेळटां तिका स्कुलाच्यो खबरो सांगतालें. हां हूं करीत आवय आयकताली. आनी आपल्या घोवाची वाट पळेताली.

बाबा च्या पिवन पेपर वाचपाक लागलो. मदीं मदीं ऑफिसाच्या कामाचे फोन येताले. भार्गवीन खूऽऽब वाट पळयली. बाबा कसोच कान हालयना तें पळोवन लास्टाक ताणें म्हळें, ''बाबा म्हजी पँट दी मरे.''

''आऽऽगो हांव विसरलों. ईसरान गेलो गो तुजा बा.'' ताणें तें झगडीं काडटलें म्हणून कॉमेडी केली.

''चल आमी आता माळ्यार या. टॉर्च हाड गो.'' इतलें म्हणटा थंयच आसा, आई लागली भरभरपाक. ''हें पळयात म्हाका खूब कामां आसात हांगा. तुमगेल्या फाटल्यान ते पोन्ने कपडे उस्कटावपाक हांव येवपाचें ना. आनी तुमी कपडे भायर उडोवन म्हजो वावर वाडय नाकात. त्यो जीन्स ताका जायनात..''

''हांव टॉर्च हाड गो मैत्रेयी म्हणपाक सोदतालों. मदींच किद्याक उलयता? तूं तुजें काम कर. चल गो भार्गवी.. आयज हांव तुका जीन्स दितलों.''

बाबा, भार्गवी आनी मैत्रेयी हें त्रिकूट माळ्यार चडलें. व्हडल्या व्हडल्या आवाजांत भाशणां चलिल्लीं, मदींच घोग्यांनी पावस पडिल्ल्याभशेन हांसो. आईक किचनांत सगलें आयकूंक येतालें. शेवटाक तीन जीन्स घेवन तिगांय सकयल देवलीं.

''एक एक जीन्स घालून दाखय पळोवया म्हाका.'' बाबान सांगले. भार्गवीन मुकाट्यान त्यो घालून दाखयल्यो.

''वॉव, बुजगावणें बरें दिसता.'' अशें म्हणून मैत्रेयी खिदळपाक लागलें.

''बाबा हांव ह्यो पोन्न्यो जीन्स घालपाचें ना हां. मागीर तुमीच म्हाका सगलीजाणां सॅकँड हँड म्हणुन चाळयतात.''

''आमी ल्हानपणांत दुसऱ्या न्हय तर तिसऱ्या आनीक चौथ्या पावटीचे कपडे घाल्या. तुमकां

आतांच्या भुरग्यांक सगले फस्ट हँड लागता. जाता जाल्यार घाल ती मैत्रेयीली जीन्स.'' आवयन ऑर्द सोडली.

भार्गवी निर्शेलें. ''मर्दी मर्दी उलोवंनाका पळोवया. भार्गवी शाण्या तूं कसलेंच टेन्शन घेवं नाका. तुजो बाबा तुका जीन्स दितलो. तिवूय बी तुज्या मापाची. बाबाकडेन जादू आसा. तूं परत एक पावट म्हाका जीन्स घालून दाखय सगल्यो.''

'खरेंच बाबा' अशें म्हणून ताणें त्यो परत घाल्यो. 'पळय रे बाबा ही मोटवी जाता, ही व्हड जाली.' अशें म्हणत तें निर्शेलें. ''राव राव, बाबान जादू घालुक ना आजून.''

''जादू मंतर कोला मंतर छू छू छू.'' एक पँट हातांत धरून दोळे धांपून बाबान म्हळें. भार्गवीनय आपले दोळे घट्ट धांपून धरले. जादू आपूण पळयतां म्हणून फेल वचूंक जायना अशें ताका दिसलें. आतां हाचेर जादू आसा, तेन्ना तूं बेगीन बेगीन सुयसुताचें बॉक्स हाड.'' बाबान गंभीर जावन म्हळें. तें आवयकडेन सुयसुताचें बॉक्स मागपाक लागलें तेन्ना आवयन हांसत्या मुखान ताका दिलें. आतां ताची खात्रीच जाली की बाबाक जादू येता.

भार्गवीन लाडांत येवन बाबाल्या गळ्यांत आपले दोनय हात घाले आनीक तें आपलो गाल ताच्या खाडाक घासूंक लागलें. तो खरखरीतपणा ताका आवडटालो. बापूय चश्मो लावन सुयेंत धागो घालपाक लागलो. आवय रांदताली. मैत्रेयी काणयांचो बूक घेवन बसलें. भार्गवी बाबाक तेक्कून बशिल्लें. मिटमिटे दोळे करून बाबा पँट शिवता तें पळयतालें.... ताणें पयले कमर सारकें केलें. भार्गवीन पँट घालून पळयली. ताका ती फीट्ट बसली. ''बाबा, बाबा म्हाका जाली ती. घालून रावूं हांव आतां?''

''ना गो बाय, पांयापोंदा लोळटा मगो ती. तिवूय सारकी जावपाक जाय.''

''पयलें जेवन घेयात. मागीर बसात तुमी.'' आईन सांगलें. सगलींजाणां जेवपाक बसलीं. भार्गवी उमेदीन जेवलें. तें बाबाक खबरी सांगतालें. खबरी सोंपून सोपनाशिल्ल्यो. तोवय बी किदेंतरी पयलेच पावटी आयकता अशें दिसतालें. एकदम अजापीत जावन.. 'केन्ना? अशें, आब्बा, बरें

मगो तूं.!' ना जाल्यार, 'हय तर.. धूव कोणाची असलीं उतरां मारतालो. मर्दीच अजापीत जावन दोळे मोट्टे ना जाल्यार बाऽऽरीक करतालो. मागीर 'बेगीन बेगीन जेवन घे पळोवया. आमकां केदे व्हडलें काम आसा' अशें म्हणटालो. आवय आनी व्हडली धूव हीं नाटकां पळोवन भितरल्या भितर हांसतालीं. जेवण खेळीमेळीन बेगीनच सोंपलें.

''बाबा आमी परत बसुया न्ही?'' ताणें कमरेंत अर्दी बाग घेवन म्हळें. ''कित्याक गो भार्गवी? हांव वाडिल्लें ताट सोंपून उठलां मुगो. हांव ना आं परत जेवपाचों. म्हजें पोट पळय कितलें भरलां तें? कितलें मोट्टें जालें पळय तेंऽऽ.'' ताणें आपलें पोट मोट्टें करून दाखयलें.

''बाबा आमी पँट सारकी करुया. जाऽऽदू करुया.'' एकदम दोळे मोट्टे करीत तें उडक्यो मारपाक लागलें. तें बापायक कशेंच सोडपाक तयार नाशिल्लें, ''हां हां हां हय हय हय!!! विसरलों मगो हांव. बरी याद केली. तूं हांगाच बस हां म्हजे लागीं. हांव विसरतां न्ही गो मर्दी मर्दी..''

आईचें किचनातलें काम सोंपता मेरेन जालीं इकरा. दोगांय बापूय आनी धूव खबऱ्यांनी गुल्ल जावन पँट सारकी करतालीं. ''आज पँट घालुनच न्हिदपाचें काय किदें?'' तिणें विचारलें.. ''हय हय हां आज पँट घालुनच न्हिदतलें.'' भार्गवीन जाहीर केलें. ''बरें तर हांव वतां न्हिदपाक. तुकां न्हिद आयली जाल्यार यो भार्गवी.'' अशें सांगून ती आनी मैत्रेयी न्हिदपाक गेलीं. धुवेलो बाबा धुवे खातीर चश्मो लावन धागे मारतालो, आनी धूव ताका खबरी सांगून ताचो शीण काडटाली.

''बाबा तुका ऑफीसांत सगलेंजाण भित न्ही रे? तुवें सांगिल्लें कसलेंय काम ते यॅस् स यॅस् सर करून करतात. हांवें पळयलां तें.''

''किद्याक रे शाण्या अशें विचारलें?''

''तशें न्ही रे बाबा... पळय हां.. ऑफीस तुवें सांगिल्लें काम सगलींजाणां करतात. आ घरा म्हजें काम तूं करता. तशें जाल्यार ह तुजें बॉस कशें जालें ना?''

''हय सायबा, हय सायबा...'' बाबान म्ह ''तूं म्हजें बॉस, आनीक तूं आतां म्हज पांयावेल्यान सकला बस... ना जाल्यार सूय तुका अचकीत तोपूंक शकता. हो कस रे बॉस म्हजो? म्हाका सारकें काम तरी करूं दी न्ही बॉसा.. ना जाल्यार न्हिदपाक वच हां.

''ना बाबा हांव न्हिदपाचें ना.. म्हाका जीन घालूनच न्हिदपाक जाय.''

''बरें बरें हांव करतां न्ही ती सारकी. बस हांगा.''

भार्गवी बाबाक तेंक्कून बशिल्लें. तें कां वेळाभितर झेमपाक लागलें. थोड्या वेळान सोफा आनी बाबाची फाट हांचे खाचींत न्हिदू पडलें. रातीं देडमेरेन बसून बापायन ती पँ पांयार मोटवी केली, इल्लीशी घट्ट केली मनासारखी जातगीर ताणें भार्गवीक उठयलें उठनाफुडें, ''बाबा, जाली रे ती?'' ताणें विचारलें.

''हय गो. घालून पळय आतां ती.''

भार्गवीन बेगीबेगीन पँट चडयली. वयर फ्रॉक घातिल्लो. तें हॉलभर गोल गोल धांवलें. पँट बेसबरी जाल्ली. ताज्याच मापाची. दुकानांतल्यान हाडिल्ली कशी दिसताली. बापायन ती शिंवतना खूबच जतनाय घेतिल्ली. ताणें धावन वचून आवयक आनी भयणीक उठयलीं. 'म्हजी जीन्स, म्हजी जीन्स' अशें गायत तें उडक्यो मारपाक लागलें. सगलीं जाणां कवतुकान भरिल्ले नदरेन भार्गवीक पळेतालीं.

'आऽऽय..' व्हडलो आवाज करुन बाबान एक जांभय दिली. ''म्हाका न्हीद येता रे भार्गवी, आमी वचुया मुगो न्हिदपाक?'' ताणें म्हळें.

भार्गवीची न्हीद केन्नाच गेल्ली. पूण बाबाक पुरो जालां हें ताका कळ्ळें. बाबाचो हात धरुन उडयो मारतां मारतां तें आवयकडेन न्हिदपाक गेलें आनीक थोड्यावेळान गाढ न्हिदून पडलें.

सकाळीं फुडें उठतना भार्गवीन कांयच बोवाळ घालूना. शेनवार आसूनय तें बेगीनच उठलें. शाण्या भशेन तोंड बी धुंवून च्या पिवपाक बसलें. च्या पितना आपल्याची पँट निवळ आसूंक जाय हाची जतनाय तें घेतालें. ''भार्गवी, आतां हो आठवडोभर हीच जीन्स घालून काडपाचो काय किदे?'' मैत्रेयी खिदळ्ळें.

''हय, हय हांव ही जीन्स कशीच काडपाचें ना.''

''आनीक तू न्हावपाचें बी ना?''

''ना हांव आयज न्हावपाचें ना. म्हाका म्हजी जीन्स काडपाची ना..'' तें व्हडल्यान आड्डलें. आई आपलें हातांतलें काम दवरून उबी रावली.

''आसूं दी आई तें न्हायना जाल्यार तूं किद्याक टेन्शन घेता. हांव ही खबर सगल्यांक फोन करून सांगतां.''

जालें, मैत्रेयीन ब्रेकींग न्यूज सगल्या लागींच्या लोकांक पातळायिल्ली. काकागेर, आत्यागेर, मामागेर, मावशीगेर. आईची ऑफीसांतली मैत्रिण सुनेत्रामावशीक सुद्धां कळयली. थोड्यावेळान फोनाची रींग वाजपाक लागली. आईन फोन उखल्लो. भार्गवीची काकी उलयताली. ''भार्गवीन जीन्स घाल्या खंय!'' ''हय हय'' आईन म्हळें..

''आमी येतात ताका पळोवंक, दी पळोवया ताका फोनार..'' काकी भार्गवीकडेन कितें उलयली कांयच कळूंक ना. पूण भार्गवीन उमेदीन सगलीं उत्तरां दिलीं. फोन दवरतना काकीक मायेमोगाचें आपोवणेंय केलें. 'काकी तूं फाल्यां आयल्यार जाता. हांव जीन्स घालुनच आसतलें.' फोन येत रावले. सगल्यांक ताका पळोवपाक येवपाचें आमंत्रण दिवूनच ताणें फोन दवरलो. गोटूदादाचो फोन आङ्गलो. भार्गवी, ''मला हे दोन दिवस खूप काम आहे ग, मी तुझी जीन्स बघायला बुधवारी येतो. येताना कॅमॅरा पण आणतो, तुझी एक छानशी मुलाखत घेईन''

''तू कधी पण ये रे गोटूदादा, मी पँट घालुनच राहाणार.'' भार्गवी आनीकुय खूश....

शेनवारा के. जी. क हॉलिडे. आनीक सॅकँड सॅटरडे. आवय-धूव घराच आशिल्लीं. शेजारी भुरगीं भार्गवीक आपोवपाक आयलीं खेळपाखातीर. तें जीन्स घालून झेतान भायर सरलें. दे दणादण खेळून आनी लोळून तें दनपरां घरा आयलें तेन्ना ताची आनीक ताचे जीन्स पेन्टीची दशा जाल्ली. आवयन तें पळयलें आनी ती वोग्गी रावली. आतां असल्या वेळार ताका कितेंय सांगप म्हळ्यार, आ बैल मुझे मार अशी गत जावपाची. तें घरात येवन सोफार बसलें. आपले चिखलाचे हातपांय ताणें पळयले. पँट हिसपा भायर लोळिल्ली. पूण आतां करप किदें? ताका ती पँट काडपाची इत्सा नाशिल्ली. मैत्रेयी न्हावन, बरे कपडे घालून आयलें. भार्गवीक पळयनाफुडें तोंडार हात धरुन हांसपाक लागलें. जाऽऽलें! भार्गवीन चान्स घेतलो आनीक तें व्हडाव्हडान रडूंक लागलें. आई गॅलरींत बाबाची वाट पळयताली. ती बेगीन बेगीन भितर आयली. ''किदें जालें गो? किद्याक रडटा?''

''आई म्हजी पँट पळय मगे कशी जाली ती. तें हांसता म्हाका.''

''आता तें कोण?'' तिणें विचारलें.

'मैत्रेयी' अशी जाप दिवन आशिल्लो नाशिल्लो फोर्स काडून तें आड्डी मारपाक लागलें. आवय थोडोवेळ कांयच उलयली ना.

रडें मातशें उणें जातगीर तिणें मायेन ताका सांगलें, ''भार्गवी, तूं न्हावपाक वच. हांव ती जीन्स धुतां आनी वताक घालतां. ह्या दनपरच्या वताक बरी सुकतली ती. चल पळोवया बेगीन न्हावपाक.''

आतां कांयच उपाय ना हें जाणून तें न्हावपाक गेलें. आवयन बेगीन बेगीन ती पँट धुली. आनी भायर गेटीर सुकपाक घाली. सांजमेरेन णव जाग्यार तिणें ती भोवंडायली. भार्गवीन 'म्हजी जीन्स सुकली गे?' हो प्रस्न चोवेचाळीस पावटीं विचारलो. तिनसांजच्या वेळार सातांक सुमार ती कमरार चडयली आनीक ताणें सुसेग घेतलो.

आयतारा ती पँट ताणें न्हावपा टायमार काडली आनी न्हावन घाली. आयताराकय जीन्स पँट कशी आसा म्हणून विचारपाक फोन आयले. काका काकी मुजरत येवन भार्गवीची खबर घेवन गेलीं.

आयज सोमार! भार्गवी सकाळीं स्कुलाक वचपाचें. आयज उठोवपाचें काम पडलें ना. 'तोंड धूय गो बाये बेगीन' म्हणून गायन करचें पडलें ना. आपलीं सगलीं कामां वेवस्थीत करून, युनिफॉर्म घालून तें तयार जालें. आईन तागेली क्रेचांतली बॅग भरली. ताचो जेवणाचो टिफीन, खावपाचो टिफीन भरलो. आपले क्रेचांत घालपाचे कपडे भार्गवीनच काडले. जीन्स पँट आनी तांबडें टी शर्ट!!

स्कुलाक आयज मजाच जाली. जे फॉर जोकर शिकयलें तेन्ना तें जे फॉर जीन्स म्हणपाक लागलें. टिचर हांसली. तिणें भार्गवीक 'मम्मीन जीन्स घेतल्या गो?' म्हण विचारलें. 'मम्मीन न्ही टीचर पप्पान घेतल्या.' भार्गवीची रोकडीच जाप. स्कुल सोंपलें आनीक थंयच क्रेच सुरु जालें. तें बेगी-बेगीन चेंज करुन आयलें.

जीन्स आनीक तांबडें टी शर्ट ताका सोबून दिसतालें. हेवटेन तेवटेन धांवत धांवत तें देवाक (भुरगो वय वर्सां चार) सोदपाक लागलें. देवानय ताका पळयलें.

''भार्गवी तुजी जीन्स काय बरी दिसता गो. म्हजी एकदम सादीशी दिसता.'' देवान म्हळें.

भार्गवी खोशयेन बरेंच झेतान भोवपाक लागलें. आतां भार्गवीकडेन जीन्स आशिल्ली.

■

देवुळवाडो, सांताक्रूझ-गोंय.
मो. : ९४२३०५७६७६

मनसंवेदना



त्या मुळाचो इल्लोसो कुडको काडून

तूं खोल खोल वच
त्या निमण्या मुळाच्या टोकामेरेन
त्या मुळाक हुंग
ताका पुराय नियाळ
दोळेभर साठय
उपरांत -
त्या मुळाचो इल्लोसो कुडको काडून
धोडय
उदकान घोळय
शिजय
आनी जिरय...

आतां तूं पांचवोचार
आनी चोंयवशीन किण्ण रान...

- आर रामनाथ
कुर्टी - फोंडें.
मो. ९८५०४५८७६३

अच्छे दीन

पयलोच वारो, पयलींच ल्हारां
सगळो बोवाळ पयलो
दुकां व्हांवता पयल्याभशेन
पुसपाक कोण आयलो?
हांवें सोदलें धाय दिकांनी
खंय अच्छे दिन दिसनात

येवजण्यांची जायरात आयली
पानां पुसपी दोळ्यांक उलगलें वर्स
सुखाचें सपन पडलें कोणाक?
बरो कोणाक जाणवलो हर्ष
सगळ्यांचीं तींच नाटकां
कोणूय बरें कांय करनात

तेंच दुखख, तींच दुकां
काळजांत तोच दुबाव
एकेच माळेचे मणी
सगळ्यांचो एकूच सभाव
वयल्या वयल्यान धांवता घोडो
सकयलें कांयच पळयनात
हांवें सोदलें धाय दिकांनी
खंय अच्छे दिन दिसनात

- इंद्रजीत गणपत घुले
मंगळवेढा, सोलापूर.
मो. : ९४२३०६०११२/
९५५२०६१३२५

बिल्डींग

ताणें आपल्या स वर्सांच्या नातवाक
दाखयली शारांतली सगल्यांत व्हड बिल्डी
आनी सांगलें थरथरत्या आवाजांत
जाणां पुता
ही हांवेंच बांदिल्ली ह्या हातान
हजारांनी मानायांची फौज
लागिल्ली कामाक
तो दुसरो माळो बांदतना
चिरे दाळटना
आख्खो माळोच देंवन
येवपाचो तकलेर
जीवन मरणामदीं एका खिणाचें अंतर
मरण अशें येवन गेलें हात लावन
तो आपलेच घुंवळेंत
कितें कितें उलयतालो कन्नडांत
सगले राग, वितराग, वैराग्य
आनी
नातू पळयतालो अजापान
आज्यालया थरथरत्या रांपेल्ल्या
काबाड कश्टान हाडाचीं काडां
जाल्ल्या हातांक
नातवान ल्हवच ते येदे व्हडले
गडगंज चकचकीत गेटीक हात लायलो
कोण जाणां खंयच्यान दांडो आपटीत
दोळे वटारीत सेक्युरटी गार्ड आयलो
आनी
थरथरत्या हातान आज्यान
नातवाक आपणें बांदिल्ले
शारांतले ते सगल्यांत व्हड
बिल्डींगेकडल्यान पयस पयस
ओडीत व्हेलो

- राजश्री सै
फादर आग्नेल कॉलेज
पिला

मनसंवेदना

सागरांतले न्हंय

न्हंय न इच्छ पावला
म्हांतारपण मेळचे पुडे
मिट्टा सागर पळोवका एक गडे
जीवन मेळना परत
मिट्टा विषय बगलेन करत

सत्व खनीज हांगा घेवून
सागर पळोवन
तांतू मेळका आनी गोळका,
परतून गांवाक फाटी येवका,
न्हंय जावून होळका.
हांगा मात्ती फातरार चमकुका
म्हण,
न्हंय भायर सरला
म्हांतारपण मेळचे पुडे
मिट्टा सागर पळोवका एक गडे

सागरांत न्हंयचे उदाक दिसना
परत गांवाक येवूंक
सगटाक जायना

केन्नाय तरी बाषपीकरण जावून
मेघ बांदून, उदाक जावून
परत मात्तींत मेळूंक पुरो
नातल्यार सागरांत न्हंय जावून होळूंक पुरो

– वेंकटेश नायक
मंगळूरू

एकलें

टक टक... टक टक...
हांवें फोर्सान दारार मारलें
कोणें आयकलें ना जावये
बोल्सांतले चावयेन दार उगडलें
'मम्मा हांव पावलें, खंय गे तूं'
बेजार ना जाल्यार पुरो!
लायट पेटयत हांव भितर सरलें
अरेच्चा! मम्मा येवंना दिसता
कामारच आसतली अजून
हांव साप्प विसरलें
बेगांतली तस्रीप मेजार दवरत
हांव ओठांतल्या ओठांत पुटपुटलें
मम्मा आसपाची आज घरा
मनाक आज खूब दिसलें
सगळ्यांत पयलीं टीवी लायलो
घरांत कोण उलयल्लेवरी दिसलें
मेजार दवरिल्लें जेवण घेवन
हांव टीवी सामकार बसलें
एकलें घरा येवप, टीवी पळोवप
सुर्वेक सुर्वेक बरें दिसतालें
आतां घेवन जेवनय दिसना
पूण कोणाक हांव सांगतलें?
खूब खूब उलोवंचें आसता
उलयत बसतां वणटी कडेन
अभ्यास खेळ करतां एकलें
उलोवं तरी कोणा कडेन?
सदांच म्हणत आसतात दोगांय

आमी ल्हान आसताना
अशें करतालीं तशें करतालीं
पूण तुमचे ल्हानपणांत खंय
तुमीय अशीं रावतालीं?
आज आमकां मेळटा
तें तेन्ना तुमकां मेळ्ळें ना
पूण तुमकां तेन्ना मेळटालें
तें आमकांय मेळूंक पावलें ना
टक टक... टक टक... जावचे पयलीं
अभ्यास करून सोपोवंक जाय
मूड बरो आसल्यार पुरो
खूब कितें उलोवंक जाय

– रुपाली मावजो किर्तनी
दुबय

सोबीत सुंदर आमचें गोंय

गोंय आमचें सोबीत सुंदर
सगळें जग तोखेता
सैम हांगा पाचवोचार
दरयो सगळो खळखळटा

गोंयांत आमच्या शांतता
सैमाची हांगा सोबितकाय
शेतां, भाटां, कुळागरां
हीच आमची गिरेस्तकाय

पणजे गोंयची राजधानी
रातची राणी कशी सजता
दर्यार सदांच हांगच्या
थंड वारें सुट्टा

गोंयांत आसा देवळां भोव
सुंदरतायेन नटील्लीं
इंगर्जी लेगीत आसा
हांगा पोर्तुगिजांनी बांदिल्ली

गोंयचें जेवण इतलें रुचीक
खातलो बोटां चाट्टा
भुकेल्ल्याक कोणाकूय
गोंयकार आपलो समजून वाडटा

गोंय आसा धाकटुलें
गोंयकार मनांत मात म्होंवाळ
जाती धर्म जायते आसा
पूण ना खंयच वेगळोचार

सगळें आसा हांगा
कांयच ना उणें
उदक, वीज भायलें लेगीत
गोंयकार आमी शाणे

गोंयचो सैम इतलो सोबीत
कोणूय हांगा रमता
पोटाखातीर भायलो लोक
मजेन हांगा रावता

सोबीत सुंदर गोंयांत
पर्यटकांक केन्नाय येवकार
गोंयांत हांव जन्मलें म्हूण
मागतां देवाचे उपकार

– अमिता शंभू शिंदे
पिळगांव, दिवचल – गोंय.

देव्वाने घालूचि गांठ

मनांतुले ह्या सगळे सांगूंक कांय जायश्ना
जाय-जाय म्हणू दिसता – पूण माग्गुक कांय जायश्ना

पाय्याक चाक्कं लायूलवारी-भोवतालो हांव
चार दीस चड राब्बून-पळयने एक गांव!

दिसताले तेन्नाई-एक्कडे स्थिर जावका
आलोचना कोरची मात्र-पूण मुखार कांयच ना!

मागिल्लें-मागिल्लें सगरांक-मेळताचि अशी ना
सांगिले 'अश्शी' सर्व-सगरांक कळताची अशी ना!

कळनुई 'कळळे' अशी म्हणतली-मेळताची अशी ना
मेळनुई 'होय' अशी म्हणतली-आसताची अशी ना!

ह्या असल्या कर्माक-बेजार्नु गेल्ला हांव
ह्या कोरूक मज्जेरी-तूंची देव्वा धांव!

'देव्वानेचि घालची गांठ' आयकून आस्स हांव
केदना घालतलों सांग-राक्कून आस्स हांव!

– सुधीर कोडकर्ण
सांताक्रूझ, मुंबई

झोत



२०००च्या दसकांत चार कोंकणी म्हणींचीं *संकलनां* आनी एक कोंकणी म्हणींत प्रतिबिंबींत जाल्ली 'गौड ब्राम्हण समाजाची सामाजीक आनी सांस्कृतीक फाटभूंय' हें एक भौव मोलादीक पुस्तक उजवाडाक आयलें.

२०००च्या दसकांतलें एक खाशेलेंपण म्हळ्यार जीं चार कोंकणी म्हणींचीं *संकलनां* उजवाडाक आयलीं तातूंत एक देवनागरी लिपींत आनी तीन रोमी लिपींत आसात.

कोंकणी म्हणींचीं *संकलनां* भितरलें एक मोलादीक *संकलन* म्हळ्यार २००३ वर्सा उजवाडाक आयिल्लें *मनोहर पै धुंगट* हांचें 'कोंकणी म्हणीसागर' हें संकलन.

'कोंकणी म्हणीसागर' हें गोंय,केरळ, कर्नाटक आनी महाराष्ट्र ह्या वाठारांत राबितो करुन आशिल्ल्या कोंकणी मनश्याचे जिबेर घोळपी म्हणींचें संकलन. ह्या संकलनांत आसपाविल्ल्यो म्हणी लेखकान विंगड-विंगड प्रकाशीत आनी अप्रकाशीत माध्यमाच्या आदारान पुंजायल्यात. जंय गरज आसा थंय म्हणींचो अर्थ दिला. कांय कडेन म्हणींचीं कोंकणी वाठारांत घोळपी हेर रुपांय दिल्यांत. कांय कडेन हिंदी, मराठी, इंग्लीश, गुजराती आदी भासांतलीं समरुपांय दिल्यांत आनी जंय शक्य आसा थंय टिपो आनी म्हणी फाटली काणी सांगल्या. हातूंत २१००वयर म्हणी आसात. कोंकणी भाशेंत आयजमेरेन उजवाडाक आयिल्ल्या म्हणींच्या संकलना भितरलें हें एक खूब मोलादीक संकलन. गोंय कोंकणीं अकादेमीन तें उजवाडाक हाडलां. ह्या संकलनाची दुसरी आवृती रोखडीच येवपाची आसा.

ह्या दसकांतलें आनीक एक म्हत्वाचें पुस्तक म्हळ्यार २००४ वर्सा उजवाडाक आयिल्लें, 'कोंकणी म्हणींत प्रतिबिंबींत जाल्ली गौड ब्राम्हण समाजाची सामाजीक आनी सांस्कृतीक फाटभूंय' हें पुस्तक! 'कोंकणी म्हणींचो अभ्यास करुन ताचे फाटली सामाजीक आनी सांस्कृतीक फाटभूंय जाणां जावपाचो येत्न केला. अशे तरेचो कोंकणी म्हणींचो अभ्यास हाचे आदीं जावंक ना. कोंकणी म्हणींचो अभ्यास करप्यां खातीर हें एक मोलादीक पुस्तक. हें पुस्तक जरी इंग्लीश भाशेंत आसलें तरी हातूंत आसपाविल्ल्यो सगळ्यो म्हणी देवनागरी लिपींत दिल्यात. ह्या पुस्तकाची बरोवपी जावन आसा, एल. सुनिताबाय आनी हें पुस्तक केरळच्या सुक्रतिंद्र ओरिएन्टल रिसर्च इन्स्टिटचुट हाणीं उजवाडायलां.



२००४ वर्सा 'आवयचीं माणकां-मोतयां' हें ज्युलियेत आब्रेव इ द कोस्त हांचें इंग्लीश भाशेंत अर्थ दिल्लें रोमी लिपींतलें कोंकणी म्हणींचें संकलन उजवाडाक आयलें. हातूंत १४० म्हणी आनी कांय म्हणी फाटल्यो काणयोय दिल्यात. म्हणी आनी काणयांचो अर्थ इंग्लीशींत सांगला.

२००७वर्सा 'कोंकणी ओपारींचो झेलो' हें ब्राझिन्यु सुआरीश कालापुरकार हांचें रोमी लिपीतलें कोंकणी म्हणींचें संकलन उजवाडाक आयलें. हातूंत १२५०वयर म्हणी आसात. हें निखटें इंग्लीश भाशेंतल्या वर्णमाले प्रमाण संकलन आसा. म्हणींचो अर्थ दिवंक ना.

२००७ वर्साच 'वज्रां' हें इजिदोर दांतश हांचें इंग्लीश भाशेंत अर्थ दिल्लें रोमी लिपींतलें कोंकणी म्हणींचे संकलन उजवाडाक आयलें. हातूंत १००० वयर म्हणी आसात. हें इंग्लीश भाशेंतल्या वर्णमालेप्रमाण संकलन आसा आनी म्हणींचो अर्थ इंग्लीश भाशेंत दिला. ह्या संकलनांचें खाशेलेंपण म्हळ्यार गोंयचे नामनेचे व्यंगचित्रकार आलेक्सीज हाणीं म्हणींचेर आदारुन काडिल्लीं व्यंगचित्रां.

अशेतरेन २०००चें दसक कोंकणी म्हणींखातीर म्हत्वाचें थारलें. २०१०च्या दसकांत आयजमेरेन उजवाडाक आयिल्ल्या कोंकणी म्हणी संकलनांची म्हायती फुडल्या अंकांत घेवया.

■

-सखाराम शेणवी बोरकार
सी-२५, सपना व्हेली,
पाजीफोंड-मडगांव, गोंय.
मो. :९९२३३०६७५१

ग र ना ल

रामायण - पासियेंसाची कमतरताय

फुडले दोन दीस रगान सीताभाई रांदन पेट्यना. प्रभू रामचंद्र आनी रामानूज (लक्ष्मणाचें आनीक एक नांव) कंदमुळां खावन काडतात. जावं, दोन दीस ग्रास काडले म्हणून कांय नजो पूण अशे तरेन आमच्या प्रभू रामचंद्रान पासियेंस काडिल्लें जाल्यार फुडें जो अनर्थ घडलो तो घडचो नासलो. लंकाधीशाच्या सुवर्ण लंकेची राख जाली. दशानन आनी ताचे भाव, ताचीं भुरगीं जिवाक मुकलीं. हें सगळें घडचें नासलें. श्रीराम आनी ताची फामील चवदा वर्सांचो वनवास सोंपोवन सुखरुप आपल्या घरा वतलीं आशिल्लीं. लंकापतीच्या संवसाराची धूळधाण जावंची नाशिल्ली.

- कृ. म. सुखठणकार

दादल्यांक पासियेंसाची भयंकर गरज ही गजाल हांव धरुन सगळ्या विचारवंतांनी मान्य केल्या. कारण आमचो संबंद दिसपट्टी बायलां कडेन येता. देवान दितना बुद्द आनी पासियेंस चड प्रमाणांत दादल्यांक दिलां ही गजाल ताणीं सदांच मतींत दवरुन त्या प्रमाणे ताणीं आपलो वेव्हार करपाक जाय. आदल्या युगानी पासियेंसाची खूब कमी आशिल्ली अशें आमकां पुराणांचेर नदर मारल्यार दिसून येता कारण ऋशी मुनी उट सूट शिराप दिताले. हें पुराणांच्या पाना कणकणी आमकां वाचपाक मेळटा. एका ऋशीन खंय दाळीच्या रोसाक (शिवराक मुळो घालून) मीठ कमी पडलें म्हणून शिराप दिल्ल्याचो दाखलो दत्ताक खंय तरी सापडला अशें म्हाका तो सांगतालो. म्हाका ऋशीचें नांव विचारपाची गरज भासली ना. तुमकां जाय जाल्यार विचारुं येता. ही म्हायती दत्ता कडल्यान मेळटकच हांवें हांव सुमानांतल्यान कितले खेप अळणी जेवण जेवतां हाची नोंद दवरली आनी म्हाका बारा खेप असो आंकडो मेळ्ळो. म्हजे कडेन शिराप दिवपाची शक्त आशिल्ली जात ही बारा खेप शिळा जावन रांदचेकुडींत पड आशिल्ली. हें चिंतून म्हाका ओग खातकुतल्योश्यो जाल्यो. प्रत्यक्षांत, अ दाळीच्या रोसांत मीठ कमी पडलां काय गो? इतलेंच विचारपाची शक्त म्हाका दे दिल्यार पुरो अशें हांव ताचे कडेन मागतां.

आतां रामायण कित्याक लागून घडलें ह हांवें धरुन जायत्या विचारवंतांनीं आपले वि मांडल्यात. थोड्यांनी कैकयीक, थोड्य मंथरेक, थोड्यांनी बाबड्या मडवळाक लेग जापसालदार धरला आनी आपल्या शेणिल्ल कपड्यांचो राग ताचेर काडला. म्हजें मत अ रामायणांत आमकां पासियेंस वखदाक लेग

मेळना. हाका लागून नाका जाल्ल्यो घडणुको घडल्यात आनी रामायण घडपाक आपले परीन हातभार लायला. कैकयीन दशरथाक युद्धांत कसली तरी मजत केली खंय! ताचें डिटेल सद्याक म्हजे कडेन ना आनी आमकां नाकाय बी. ती घोव बायले मदली गजाल, तातूंत चड भितर वचप समा न्हय. तेन्ना दशरथान तिका जाय तें माग अशें सहज म्हणिल्लें. हांवूय हिका म्हणटालों पूण ही भानगड वाचिल्ल्याक हांवें अशें म्हणपाचें सोडून दिलां. तर, कैकयीन म्हणलें, 'आतां नाका, जाय तेन्ना मागतां.' ओके. दुसरी म्हत्वाची गजाल म्हळ्यार, दशरथाक पुत्र वियोगाचो शिराप आसलो. ताणें थंय आनीक एक भानगड करुन दवरिल्ली. पयलिंच्या राजांक नाका आशिल्ल्या गजालिनी इंटरेस्ट आसतालो कारण तांचे कडेन भरपूर वेळ आसतालो. आतांच्या राजांक हांगां गुड्डुलासांवां करपाकूच वेळ पावना. सोड. तर, आमच्या दशरथ राजाक कासाक वचपाचो शौक आशिल्लो. असोच तो एक दीस कासाक गेलो. थंय ताका दिसभर कितेंच हाताक लागलें ना. ताचें पासियेंस सोंपत आयलें. इतल्यान ताका सावज उदक पियेता तो आवाज आयलो. ताणें आनीक वेळ करिनासतना आवाजाचे दिकेन बाण सोडलो. तो शब्दवेधी कासादोर आशिल्लो. तो बाण वचून उदक भरपी श्रावण बाळाक लागलो (शर आला तो धावुनी आला काळ. विव्हळला श्रावण बाळ) आनी तो आक्ताक सोंपलो. ताच्या आंधळ्या आवय बापायन तुंवय आमच्या सारकोच पुत्र वियोगान वतलो असो शिराप दशरथ राजाक दिलो. आतां ही वयली घडणूक In a fit of rage जाल्या अशें म्हाका दिसता, कारण, आमचो पूत गेलो आतां तुजोय पूत वचूं, असो खंयचोच आवय बापूय मागचींना आनी तो काळ पळेत जाल्यार एकल्यान गाय मारली म्हणून दुसरो वासरुं मारता असोय नाशिल्लो. हांगां म्हाका पासियेंसाची कमतरताय दिसता. दशरथाचें दिसभर बसून सावजाची वाट पळोवन पासियेंस काबार जाल्लें. ताणें कोण उदक भरता काय पियेता तें पळे नासतना तीर सोडलो. श्रावण बाळाच्या जाण्ट्या आवय बापायन आपल्या पिरायेक सोबऽ सारकी मॅच्यूरिटी दाखय नासतना दशरथाक शिराप दिलो. सगळ्यांचेंच पासियेंस सोपिल्लें अशें हांव म्हणटां तें ह्या खातीर.

वेताक चुकता तो वांवाक चुकता म्हणटात तें खरें. भरत, शत्रुघ्न हे घरा नासतना रामाक सिंहासनाचेर बसोवपाची दशरथाक कसली घाई जाल्ली ती म्हाका समजना. मागीर कलियुगांत हेंच जावपाक लागलें. गोमंत भुमींत मुख्यमंत्री गोंयां भायर वतकच सरकारां पडपाक लागलीं. Kaikayi smelt a rat तातूंत तिची कांयच चूक ना. आपलो पूत राज्यांत नासतना (तो मामागेर गेल्लो हें म्हाका मागीर कळळें) सवतीच्या पुताक सिंहासनार बसयता हाचो तिका राग येवं नाशिल्लो जाल्यार आमींच तिका पिशी थारायतलीं आशिल्लीं आनी दुसऱ्या भाशेन उलयतलीं आशिल्लीं. हांगां मिस मंथरा (दासी) खाल्ल्या मिठाक जागली आनी तिणें कैकयीचे कान भरले अशें सगळे म्हणटात. कैकयीन एक दीस दनपरां कोण ना शें पळोवन आपल्याक जाय तें दशरथा कडेन मागलें. आमचो पुरषोत्तम (प्रभू रामचंद्राचें आनीक एक नांव, तुमच्या म्हायती खातीर) वनवासाक (चवदा वर्सां. पॅरोल ना.) वचपाक भायर सरलो. तेन्ना सीता माईक आनी लक्ष्मणाक ताच्या बराबर वचपाची गरज नासली अशें म्हाका दिसता. प्रभू रामचंद्रानी तांकां आपल्या बराबर येवं नाका अशें आग्रहान म्हणलें नासूंक जाय कारण सगळ्योच बायलो, धरुन म्हजी आपुणूय येतां अशें घोवाक म्हणटाच. प्रत्येक पंचमीक हांव कवळ्यां वचूंक भायर सरतां तेन्ना (पणजेसून बस सुट्टा), हांवूय येतां अशी ही म्हणूंक जाय म्हणून म्हणटा. मागीर हांव, 'नाका गो, देवाक खंयसुनूय पांयां पडल्यार पावता' अशें हिका समजायतां. हें आमचें जालें, आमीं प्रभू रामचंद्राचें कितें जालें तें पळेताले. खरो टर्नींग पॉयंट आयलो तो दंडकारण्यांत अशें म्हाका दिसता. जेन्ना जनकप्रियेन (सीतेचें आनीक एक नांव) आपल्याक कांचनमृग जाय म्हणून सांगलें तेन्ना जानकीवल्लभान मात्तूय पासियेंस दाखयलें ना आनी आपली पर्णकुटी सोडून कांचनमृगा फाटल्यान धांवलो. कौशल्या, सुमित्रा आनी कैकयी बराबर संवसार करुन लेगीत बायले कडेन कशें पासियेंस काडप ही देख दशरथान जानकीवल्लभाक दिली ना अशें म्हाका दिसता. रामप्रियेन श्रीरामाचो कितलोय जीव खावं आशिल्लो, ताणें आपली पर्णकुटी कशीच सोडपाची न्ही...

''म्हाका तें कांचनमृग हाडात न्ही-'' मैथिली.

''आगो प्रसंग कितें आनी तूं मागतां कितें?'' श्रीराम.

''तुमीं आयज मेरेन म्हाका दिलां तरी कितें? हीं वल्कलां? हांव कोणाची धूव तें तुमी जाणात मूं? आज म्हजी ही दशा कितें? म्हाका कितल्यो सोयरिको येताल्यो. शेवटीं हांगाच पडपाचें आशिल्लें!''- वैदेही.

''आगो, अशें कितें उलयता तूं? अयोध्येंत कितें कमी आसा तुका? तुका वयल्यान पांयांच्या नाखटां मेरेन भांगरान भरिल्लें विसरलें तूं? आतां परत वतकच सगळें तुजेंच न्ही?''- श्रीराम.

''हांगां वाल्मीकी सराक लेगीत फाल्यां कितें जातलें तें खबर ना आनी तुमी चवदा वर्सांनी म्हाका कितें मेळटलें तें सांगतात? आनी तेंय बी तिणें दवरल्यार मूं?''

''आगो, थंय आमचो डाडा पुत्र वियोगान तळमळटा आसतलो. म्हाका ताचें चिंतून रातभर न्हीद पडना. तकली सामकी चिंतून फुटूंक पावता. तूं म्हाका ह्या अश्या समयार सांगात दिवचो सोडून कांचनमृग हाड म्हणून सांगता?''

''तुमकां इतले किलोमिटर पयस आशिल्ल्या मनशाचें पडलां, हांगां हांव वयर सकयल जातां ताचें तुमकां कांयच पडूं ना!''- सीतामाई.

''आगो अशें कशें म्हणूंक शकता तूं? हें सगळें करतां तें तुज्याच खातीर न्ही?''

''कितें केलें तुमी? लग्ना उप्रांत वेगळें बिराड करुया म्हणिल्लें, केलें तुमी? केल्लें जाल्यार आज ही परिस्थिती येवंची नाशिल्ली. बसूनी आशिल्लो भरताक बाकिचें सगळें हड्ड्यार घेवन! तुमी येवन फकत धनुश्य मोडलें आनी म्हाका घेवन हांगां आयले. आनीक कांयच केलें ना!'' - जानकी तांबडी जावन.

''आगो, केद्यान? लक्ष्मण आयकतलो.''

''तो आनी आयला बराबर आमी कमी म्हणून! आयकता जाल्यार आयकुनी! ताकाय कळपाक जाय, भुरगो ना तो!''

''आगो आतां पुरो. हांवूंच तोंड घेवन भायर वतां. हांगां रावत जाल्यार म्हजें पासियेंस काबार जातलें.'' अशें म्हणून प्रभू रामचंद्र पर्णकुटींतल्यान भायर सरता. फुडले दोन दीस रागान सीतामाई रांदन पेटयना. प्रभू रामचंद्र आनी रामानूज (लक्ष्मणाचें आनीक एक नांव) कंदमुळां खावन काडटात. जावं, दोन दीस त्रास काडले म्हणून कांय नजो पूण अशे तरेन आमच्या प्रभू रामचंद्रान पासियेंस काडिल्लें जाल्यार फुडें जो अनर्थ घडलो तो घडचो नासलो. लंकाधीशाच्या सुवर्ण लंकेची राख जाली. दशानन आनी ताचे भाव, ताचीं भुरगीं जिवाक मुकलीं. हें सगळें घडचें नासलें. श्रीराम आनी ताची फामील चवदा वर्सांचो वनवास सोंपोवन सुखरुप आपल्या घरा वतलीं आशिल्लीं. लंकापतीच्या संवसाराची धूळधाण जावंची नाशिल्ली.

लक्ष्मण भावोजी प्रभू रामचंद्रा बराबर कित्याक वनवासाक गेलो हो प्रस्न आमकां (सावळो, दत्ता, हांव) अजून सुटूना. He must have had his own compulsions. ताणें वनवासाक तांचे बराबर वचून व्हडलो उजवाड घालो अश्यांतलो भाग न्ही. वयल्यान सोबीत सूर्पणखेचें नाक कापून तिका विद्रूप करुन रावणाक instigate करपाचें काम ताणें केलें. मागीर इंद्रजिता कडल्यान जखमी जाल्या उप्रांत अंजनीसुताक सगळी धांवपळ करची पडली. ताचेर आनीक एक रामायण बरोवं येता. निमणें रामचंद्राक ताका रावणा कडल्यान दोन उपदेसाचीं उतरां आयक म्हणून सांगचें पडलें. थंयूय रावणाच्या पांयां कडेन बसचें सोडून ताचे तकले कडेन बसून हांशें करुन घेतलें. सोड, दोन भावांच्या लफड्यांत आमी पडचें न्हय. सांगपाचो मुद्दो लंकाधीशाच्या पतनाक प्रभू रामचंद्रा इतलोच लक्ष्मणूय जापसालदार आसा अशें म्हाका दिसता. जेन्ना प्रभू रामचंद्र कांचनमृगा फाटल्यान धांवलो तेन्ना सीतामाईची सगळी जबाबदारी ताणें लक्ष्मणाचेर सोंपयल्ली. जेन्ना सीतामाईक आपलो घोव संकश्टांत पडलो असो दुबाव आयलो तेन्ना 'आगे, ना गे ना गे' अशी लक्ष्मणान सीतामाईक कितली समजायली. ना न्हय! पूण सीतामाई कशीच बदली ना. लक्ष्मण भावोजीचें पासियेंस सोंपलें आनी निमणें ताणें एक लायन मारुन सगळें होगडायलें. ही लायन मागीर लक्ष्मण रेशा म्हणून फामाद जाली. सगळ्यो बायलो लंगडी घालीत ल्हानपणां सावन अश्यो कितल्योश्योच रेशा हुंपत आयल्यात तशीच आमच्या सीतामाईन ती लक्ष्मण रेशा हुपली. लंगडी मात घाली ना. ते रेशेचें म्हत्व तिका लंकेक पावतकच कळ्ळां आसतलें पूण by that time it was too late...

''लक्ष्मण भावोजी, तूं म्हज्या पांयांक पळेत रावतलो काय भावाक मजत करपाक धांवतलो? असो खुंट कसो हांगां कित्याक उबो रावला?''- सीतामाई.

''भाभी, हें दंडकारण्य असल्या नकलामी खातीरुच फामाद आसा. भाईच्या (श्रीराम) शौर्याचेर म्हजो पूर्ण विस्वास आसा.''

''तू आमच्या बराबर म्हाका हेंच सांगपाक आयला?''

''भाभी, हांवें कितें सांगपाचें तें भा सांगलां. तूं भितर वच आनी शिताक घा दोन पेले तांदूळ घाल, भाई जेवपाक येतल हांव जोळोव हाडपाक वतां. ओके?''

लक्ष्मणान जर पासियेंसान ही केस अ हॅण्डल केल्ली जाल्यार रामायण घडचें नाशिल्ल

प्रभू रामचंद्र रावणाचो बी वध करुन आय खरो पूण मागीर ज्यो ताणें चुको केल्यो त आमकां सोबता, ताका न्ही. कोणा एव मडवळाचें आयकून ज्याचें आमकां नांव ग खबर ना, ज्याचें आधार कार्ड ना कांय न ताणें कितें म्हणलें तें दुसऱ्या कडल्यान आयकू तूं सीतामाईचो त्याग करता? तूं राजा!! CE तुजे कडेन आसा. सगळी सरकारी यंत्रणां तु कडेन आसा! एक वन मॅन रिटायर्ड जज कमिशन बसय मरे! सगळी चवकशी कर आन मागीरुच कितें तें ॲक्शन घे न्हय! मडवळ कितलोय जालो जाल्यार परको. आमकां आम बायलेच्यो तक्रारी हांगां स्वताच्या आव कडल्यान, सख्ख्या भावंडां कडल्यान येतात आमी कितें आमचे बायलेक सोडल्या? आमी सोडल्यारुय आमकां कोण कांय म्हणचोना. हांव म्हजीच गजाल सांगतां. आईन म्हज्या लग्नाच्य दुसऱ्याच दिसा (आमचो मधुचंद्र जावंचोच आशिल्लो) ही घरांत पायल चप्पल घालून पट्टड पट्टड करीत चलता म्हणून म्हजे कडेन तक्रार केल्ली (तक्रार गंभीर आशिल्ली). तरीय हांवें हिका सोडली? हांवें म्हजी तकली वापरली तशीच प्रभू रामचंद्रान वापरपाची अशें म्हजें म्हणणें. तें सोड, सीतामाई परत आयली. परतूय तीच मिस्टेक! परत तिका अग्नीपरिक्षा घेवपाक लायली. तेन्ना मात आमच्या सीतामाईचें पासियेंस सोंपलें. तिणें म्हणलें, तुज्या सारक्या मनशा बगलेक येवचे परस हांव म्हज्या घरा गेल्लें बरें (हें म्हाका दत्तान सांगलां) आनी हांगांच खरें वाल्मीकी रामायण सोंपता.

येदें व्हडलें रामायण कित्याक घडलें तें तुमकां आतां कळ्ळांच आसतलें. आतां हें इतलें सांगतकच सीता रामाची कोण हें विचारुन म्हजें पासियेंस काबार करुं नाकात.

■

रायबंदर – गोंय. मो. : ९८५०५३०७५६

सुबोध केरकाराचो 'मोग' फुललो पिळर्ण पठारार

देशांतली सगळ्यांत व्हडली खासगी आर्ट स्पेस

मोग आसल्यार हून वडे घांटार पावतात म्हणटात. तशेंच 'मोग' पळोवंक जाय, मोगान भारावन वचूंक जाय जाल्यार साळगांव वाठारांतले पिळर्ण घाटयेर वचून सुबोध केरकारालें 'मोग' ही देशांतली सगळ्यांत व्हडली खासगी आर्ट स्पेस पळोवंक हरकत ना.

सुबोध केरकार हो जात्याच उचापती कलाकार. ताच्या रगतांतूच दर्याची उचंबळाय आसा. देखून अल्पसंतुश्ट रावून आसा तातूंतच धन्यताय मानपी सुबोध न्हय. ताचो हावेस मळबाक गळसणी घालपाचो. हाकाच लागून सुबोधान बशिल्लेकडेन जोड दिवपी दोतोरकीचो वेवसाय सोडलो आनी आंगांत आशिल्ली निजाची कला केळोवन संवसारभर झेंप

पान ५२चेर

बिम्ब

पुरस्कार २०१५

ज्ञानपीठकार रवीन्द्र केळेकार स्मृती पुरस्कार

(रू. २५०००/-, शाल, श्रीफळ आनी मानचिन्न)

मानेली: दत्ता दामोदर नायक

ज्ञानपीठकार रवीन्द्र केळेकार यादस्तीक पुरस्काराचे मानेली भौ. दत्ता दामोदर नायक हे वैचारीक आनी ललित साहित्या पासत कोंकणी साहित्यांत परिचीत आसात. दत्ताबाबाच्या व्यक्तीमत्वाचीं कितलींशींच तासां आसात. ते पसरकार, बिल्डर आनी कविमनाचे साहित्यीक. विद्यार्थी जिणेंत तांचेर मार्क्सवादी विचारसरणेचो प्रभाव पडला. निधर्मवादी, राष्ट्रसेवा दल, साधना परिवार हांचे संस्कार घेवन आयिल्ले प्रागतीक विचारांचे विचारवंत. तांची कोंकणी आनी मराठींतल्यान साबार पुस्तकां उजवाडाक आयल्यांत. तांकां 'जाय काय जूय?' ह्या पुस्तकाक २००७ वर्साचो साहित्य अकादेमी पुरस्कार लाबला.

डॉ. मनोहरराय सरदेसाय यादस्तीक लोककवी पुरस्कार

नामांकन जावंक नाशिल्ल्यान दिवंक ना

विजयाबाय सरमळकार यादस्तीक पुरस्कार

(रू. ५०००/-, शाल, श्रीफळ आनी मानचिन्न)

मानेली: अरूण प्रभाकर शेणवी काकोडकार

सर्वसादारण वीमा ह्या मळाचेर फाटलीं चाळीशेक वर्सां वावुरपी अरूण काकोडकार बिम्ब मासिकांतल्यान सातत्यान ललित आनी कथा साहित्य केळयतात. तांकां कोंकणी भाशा मंडळ गोंयच्या नाटकांचे हातबरप सर्तींत दोन वर्सां इनामां फावो जाल्यांत. 'मूठभर मळब' हें तांच्या ललित निबंधांचो संग्रह उजवाडाक आयला.

पद्मश्री डॉ. र. वि. पंडित यादस्तीक काव्य चेतना पुरस्कार

(रू. ५०००/-, शाल, श्रीफळ आनी मानचिन्न)

मानेली: सुनील हरी पालकार

तिसवाडी म्हालांतल्या नावशी गांवांत जल्मल्ले सुनील हरी पालकार हे सातत्यान कविता बरयतात. तांकां कथा, एकांकी, नाटकांय बरोवपाची आवड आसा. तांणी सुरबूस बालगितां रचल्यांत. तांच्या कवितांचो हेर भारतीय भासांनी अणकार जाला. तांचो 'नागीण' हो कविता संग्रह, 'रंगमंच' हो एकांकी संग्रह आनी 'कोणाल्यो म्हशी कोणाक उठाबशी' हें नाटक उजवाडाक आयलां. तांणी देशभक्ती गितांचें संकलनूय केलां.

कवी पांडुरंग भांगी यादस्तीक पुरस्कार

(रू. ५०००/-, शाल, श्रीफळ आनी मानचिन्न)

मानेली: मेल्विन रॉड्रिगीश

मंगळुरूचे नामनेचे कवी मेल्विन रॉड्रिगीश हे साहित्य अकादेमी पुरस्काराचे मानेली जावन आसात. तांच्या 'प्रकृतीचो पास' ह्या कविता झेल्याक २०१२ तलो केंद्रीय साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार फावो जाला. कोंकणी भास, साहित्य चळवळींत तांचो मोलाचो वांटो आसा. तांचीं साबार संपादीत पुस्तकां आनी कविता झेले उजवाडाक आयल्यात. तातूंत 'भेसां जाल्लें काळीज' ही नवलकाणी, 'मोगापेळो', 'फितां', 'वाट' ह्या कविता झेल्यांचो आसपाव आसा. कोंकणी कविता आंतरराष्ट्रीय पांवड्यार पावची देखून तांणी 'कविता ट्रस्ट' ही संस्था स्थापन केल्या.

अ. ना. म्हांबरो यादस्तीक पुरस्कार

(रू. ५०००/-, शाल, श्रीफळ आनी मानचिन्न)

मानेली: रूपा कोसंबे

बिम्ब मासिकाच्या आरंभा सावन रूपा विजय कोसंबे हांणी काव्य, ललित, कथा, पुस्तक परिक्षण अशा साबार साहित्य प्रकार केळोवन आपली खाशेली अशी वळख बिम्ब वाचकां मुखार दवरल्या. समाजीक जाणविकायेचें भान आशिल्ली कवयित्री आनी ललित निबंदकार अशी वळख आमकां तांच्या कवितेंतल्यान आनी निबंदांतल्यान मेळटा. तांचो हे आदीं 'उमळ' हो काव्य संग्रह उजवाडाक आयला. तांणी सुनापरान्त दिसाळ्यांतल्यान सातत्यान बरोवप केलां जाची वाचकांनी तुस्त केल्या.

चंद्रकांत केणी यादस्तीक पुरस्कार

(रू. ५०००/-, शाल, श्रीफळ आनी मानचिन्न)

मानेली: आशा शानभाग

बिम्ब कथा पुरस्काराच्यो मानेली आशा शानभाग हांणी बिम्ब मासिकांतल्यान फाटलीं साबार वर्सां सातत्यान कथा आनी ललित लेखन करून आपली अशी एक खाशेली वळख कोंकणी साहित्याच्या मळार केल्या. एक रोखठोक, स्पश्ट, भिड-मुर्वत बाळगिनासतना आपल्याक योग्य दिसता तें सरळ बरोवपी आशा शानभाग हांचो 'कोऽहंऽऽ' हो कथासंग्रह उजवाडाक आयला.

शंकर भांडारी यादस्तीक पुरस्कार

(रू. ५०००/-, शाल, श्रीफळ आनी मानचिन्न)

मानेली: गजानन जोग

गजानन जोग फाटल्या चार दसकां सावन कथा बरयतात. हो कथाकार पात्रांच्या अंतर्मनांत बुडी मारून तळाचो ठाय घेता. तांची 'रूद्र' सारकेली कथा कोंकणी कथेच्या वाटेवयलो वाटचिरो. तांचे कथेक एक विनोदाची झालरूय दिश्टी पडटा. तांच्यो विनोदी कथा वाचप्यांक भितरल्या भितर हांसूंक लायतात. तांचें 'रूद्र', 'सोद' हे कथा संग्रह, 'गोपी', 'वर्स फुकट वचूंक ना' ह्यो बाल नवलिका उजवाडाक आयल्यात. तांकां गोंय कोंकणी अकादेमी पुरस्कार आनी केंद्रीय साहित्य अकादमीचो बालसाहित्याचो पुरस्कार फावो जाला.

पान ४९ वयल्यान

घेतली. आपलें पेंटींग, आपले कार्टून आनी इन्स्टॉलेशन मात दर्या पार व्हरून इत्सा आसत जाल्यार एक तरनाटो कितें पासून करूंक शकता हें संवसाराक दाखोवन दिलें. ताच्याय फुडें वचून स्वताचे कल्पनेंतलो एक प्रशस्त म्युझियम उबारपाची संकल्पना राबोवन ती सत्यसृश्टींत हाडपाची किमया ताणें करून दाखयली.

पिळर्ण इंडस्ट्रीयल इस्टेट हो वाठार तसो इंडस्ट्रीयल इस्टेट म्हणून फामाद. थंय आसून आसून कितें आसतलें? तर फॅक्टरी आनी उद्योजकांचीं आस्थापनां. थंय वचून वचून वतले कोण? तर जे धंद्यांत, उद्योगांत आसात तेच. वेव्हार करपाक, खरेदी-विक्री करपाक. पूण हेच इंडस्ट्रीयल इस्टेटी भितरूच एक कलात्मक वाठार निर्माण करून संपूर्ण इंडस्ट्रीयल इस्टेटीकूच कलात्मक रूप दिवपाचें काम सुबोध केरकारान केलां.

पिळर्ण इंडस्ट्रीयल इस्टेटींत पयलीं दिसताले ते कंपन्याचे फलक. पूण आतां रस्त्यार वाट दाखोवंक उब्यो आसात समुद्र नीलपरी. निळो हो दर्याचो रंग, निळो रंग मळबाचो आनी हो रंग सुचयता मनशाची खोलाय आनी उंचाय. सुबोध केरकाराच्या ह्या म्युझियमांत अणभवूंक मेळटा एका कलाकाराच्या मनाची, कर्तृत्वाची उंचाय आनी खोलाय.

मोग म्हळ्यार प्रेम. पूण हीं म्युझियम ऑफ गोवा ह्या इंग्लीश नांवाच्या शब्दांचीं आद्याक्षरां. म्युझियमचें एम, ऑफचें ओ आनी गोवाचें जी. जांकां कले विशीं आदर आसा, मोग आसा तांकां ह्या म्युझियमांत खूब कितें पळोवंक मेळटलें, आश्वाद घेवंक मेळटलें.

रस्त्याच्या दोनूय वटयां उब्यो आशिल्ल्यो ह्यो निळ्यो मरमेड्स सुबोधच्या 'मोग' सुवातेर व्हरतात. कसलोच दिकादर्शक फलक लायनासतना आपल्या इन्स्टॉलेशनाचो वापर करून म्युझियमामेरेन सहजयतायेन व्हरपाची कल्पना सुबोधा सारक्या कलाकाराचेच सुपीक तकलेंत येवं येता.

पणजे, म्हापशें, कांदोळी, वागातोर, कलं अश्या म्हत्वाच्या पर्यटनथळा लागीं संपर्कांत उ येता अशे सुवातेची सुबोधान निवड करून पिळ औद्योगीक वसाहतींत म्युझियम ऑफ गोवा (मो उबारलो. १५०० चौखण मिटरांचे सुवातेर नामने गोंयकार आर्किटेक्ट डिन डिक्रूज हाणीं आप कलात्मक संकल्पनेंतल्यान तीन मजली इमारती आराखडो तयार केलो जातूंत गॅलरीवांगडाच अ स्टोअर, कॅफे, कलाकारांखातीर स्टुडिओ तशें कलात्मक कार्यावळी सादर करूंक, चर्चात्म कार्यावळी घडोवन हाडूंक वेवस्ता आसा.

'हें म्युझियम म्हळ्यार खासगी मळावेली देशांतली सगळ्य व्हडली आर्ट स्पेस' अशें सुबोध अभिमानान सांगता. पंदराशें चौख मिटर सुवातेर स्वताच्या खर्चान उबें केल्लें हें सुबोधाचें म्युझियम आ गॅलरी हांचे मदलें हायब्रीड मॉडेल. कला, कलाकार, क्युरेटर्स, संग्राहक विद्यार्थी तशेंच अध्यापक अशा सगळ्या स्तरांवेल्या रसिकांक हां हक्काची सुवात आसा. शिल्पकार, इन्स्टॉलेशन्स, चित्रां आ व्हिडिओ आर्ट हाकाय म्हत्वाची सुवात आसा. हांगा कायमस्वरूपा कलेक्शन नासलें तरी वर्साक निदान चार क्युरेटेड शो आयोजीत करपाच सुबोधाचो विचार आसा... देशी-विदेशी पर्यटकांनी मुजरत येव आस्वाद घेवपा सारखीच ही सुवात आसा.

गोंयच्या आनी शेजारच्या राज्यांतल्या विद्यार्थ्यांक अभ्या दौऱ्यावेळार, पिकनिके वेळार अभ्यासपूर्ण, कलात्मक स्पॉटाची सदां गरज भासता. सुबोधाच्या ह्या म्युझियमान तांचे पासत एक म्हत्वाच 'कलास्पॉट' निर्माण करून दवरला जाचो सगळेच 'मोग' करूं लागतले हातूंत दुभाव ना. ■

भुरग्यांचें आंगण

तिसावी काणी

जादुगार गारुड्याचो भोवमान

काणी आयकुपाचे उमळशिकेन राजा भोज दुसरे दीस परत शिंवासना म्हऱ्यांत आयलो. ताणें शिंवासनाक हळूच हात लायलो. ते बरोबर तिसावी 'प्रभावती' परी प्रगट जाली आनी तिणें राजाक विक्रमाची कथा सांगूंक सुरवात केली.

विक्रम राज्य करतालो त्या वेळार एक खेप कपिलासश्ट आशिल्ली. प्रधानाक आनी घराब्यांतल्या हेर लोकांक घेवन राजा गंगा न्हंयेचेर न्हावंक गेलो. थंय आशिल्ल्या तपस्व्यांक, ब्राह्मणांक गरिबांक ताणें धन संपत दिवन संतुश्ट केले.

त्या लोकांमदीं आशिल्लो एक गारूडी राजा मुखार आयलो. ताणें म्हळें, ''राजाधिराज हांव तुमकां एक विज्मिताचो जादुचो खेळ करून दाखयतां. तो जर तुमकां आवडलो जाल्यारच तुमच्या मनांत येता तें इनाम दियात.''

राजान म्हळें, ''बरें आसा.''

''हांव खेळ करपाक जाय तें सामान घेवन येतां, तितले म्हणसर तुमी हांगाच रावात.'' अशें सांगून जादूगार गेलो. जादू पळोवंक म्हणून उमळशिकेन जायते लोक थंय जमले.

कांय वेळान थंय घोड्यार बसून एक तेजस्वी मनीस आयलो. ताचे बरोबर एक सोबीत बायलमनीस आशिल्ली. तो मनीस पयलीं सकल देंवलो, मागीर ते बायलेकय ताणें सकल देंवयली. तो राजा आनी प्रधाना मुखार आयलो आनी तांकां नमस्कार करून ताणें म्हळें,

''म्हाराज, हांव इंद्राचो सेवक आनी ही म्हजी बायल. म्हजेकडल्यान एक अपराध घडला, म्हणून इंद्रान म्हाका कांय दीस हे भुंयेर रावपाची ख्यास्त दिल्या. पूण सद्या सर्गांत देव आनी राकेसां मदीं लडाय जावंची आसा. ते खातीर इंद्रान म्हाका परत आपयला. हांव लडाय करूंक वतां तो मेरेन म्हजे बायलेक तुमच्या आलाशिऱ्याखाला दवरची. तुमचे इतलो विश्वासू राजा दुसरो कोण आसा? तुमी तुमचे धुवेवरी हिका सांबाळची.''

विक्रमान प्रधानाचो सल्लो घेतलो आनी तिका सांबाळटां म्हणून त्या मनशाक उतर दिलें. ते बरोबर तो स्वार आक्ताक मळबांत गेलो आनी हळुहळू दिसना जालो.

कांय वेळान मळबांतल्यान एक तुटिल्लो हात सकयल पडलो. तो पळोवन ते बायलेन किळांच मारली. त्या स्वाराचोच तो हात हें सगळ्यांक कळ्ळें. ती बायल रडत रडत म्हणूंक लागली, ''देव-राकेसांच्या युध्दांत म्हज्या घोवाक जिवेशीं मारलो! आतां तांच्या ह्या हाता वांगडा हांव सती वतलें! तांचे कुडीचे आनीक कुडके खंय खंय पडल्यात जाणा कोण!''

राजाचेर आकांत आयलो. ताणें म्हळें, ''अस्तुरे, तुका जाय तें माग पूण सती वचूं नाका.''

ते बायलेन कोणाचेंच कांयच आयकलें ना. विक्रमाकडल्यान तिणें आपल्या

घोवाच्या नांवान दानां दिवंक लायलीं आनी निमणें तिणें चिता पेटयली आनी त्या तुटक्या हाता वांगडा सती गेली.

लोक सामके चुरचुरले. तितल्यांत मळबांतल्यान तो घोडेस्वार सकल देंवलो. ताणें म्हळें, ''म्हाराज! देवांचें जैत जालें! युध्दांत म्हजो फकत हात तुटलो. म्हजो पराक्रम पळोवन इंद्रान म्हाका माफ केलो. हांव म्हजे बायलेक घेवन इंद्राकडेन वतां!''

राजान म्हळें, ''आरेरे! तुजो तुटिल्लो हात हांगा पडलो. तो पळोवन तुजे बायलेक दिसलें, तूं मेला म्हणून. तिणें दुख्खान तुजो तुटको हात घेवन चितेंत उडी घेतली. ही पळे अजूनय चिता जळटा!''

घोडेस्वार राजाक दुशण दिवंक लागलो, कितें कितें उलयलो. राजाक सामकी लज जाली, आपले कडल्यान व्हड चूक जाल्या म्हणपाचें ताका कळ्ळें, आतां कितें करप? ह्या विचारांत राजा शेणिल्लो आसतनाच जमावांतल्यान तो गारुडी मुखार येता तो राजान पळयलो.

राजाक नमस्कार करून ताणें म्हळें, ''म्हाराज! होच म्हजो जादुचो प्रयोग. आतां पळे!'' अशें म्हणून चिते मुखार उबो रावन कितें तरी पुटपुटत हातांतली जादुची बडी फिरयली. तेन्नाच ते चितेंतल्यान ती बायल भायर आयली आनी हात जोडून गारूड्या मुखार उबी रावली.

गारूडी, तो घोडेस्वार आनी ताची बायल तिगांनय राजाक नमस्कार केलो.

राजा सकट सगळे जाण अजापीत जाले. राजान खोशी जावन त्या गारूड्याक पांच लक्ष भांगराच्यो मुद्रा दिल्यो आनी पांच गांव वतन म्हणून दिले. थंयचे थंयच गारूड्यान ते बायलेक आनी घोडेस्वाराक नाच केले. मागीर राजाक पांयां पडून तो गेलो.

इतली काणी सांगून प्रभावतीन म्हळें, ''राजा भोज, कलाकाराचो असो भोवमान तूं करता?''

राजान म्हळें, ''ना, हांव इतलों उदार न्हय.''

राजाची जाप आयकून प्रभावती अदृश्य जाली, आनी शिंवासनाक वचून चिकटली. राजा भोज उठून आपल्या म्हालांत गेलो.

■

– माया अनिल खरंगटे
दवर्ली, नावेली – गोंय. मो. : ९४२०६८५२७८

इश्टागत

एका वडाच्या शेजरा
एक तुळस रावताली
दोगांयजाणां इश्टागतीन
मायेमोगान दीस सारतालीं

शेजारच्या फ्लॅटांत
माड रावूंक आयलो
हांव व्हड, हांव व्हड
येतनाच म्हणूंक लागलो

तेन्नाच्यान झगडीं सुरू
वड, तुळस आनी माड
तिगूय जाणां झगडलीं
एकमेकाक बडयलीं

थंयच लागीं रावतालो
आंबो एक सादो भोळो
ताकाच ताणीं 'जुवीज' केलो
सगळ्यांक आनंद जालो

सगळें सगळें आयकून
आंब्यान तांकां सांगलें
तुमी तिगूय सारकेच
सैमाक आमच्या म्हत्वाचे

वड सावळी दिता
तुळस प्राणवायू दिता
माड नाल्ल दिता
देखून मायेमोगान रावात

– भिकाजी घाणेका
लिडिया गार्डन, सांत इनेज
फोन : २९०४२६

काणयो महाभारतांतल्यो

पांडूक मेळलो शाप...!

सगळीं राज्यां पादाक्रांत करून येदें व्हड जैत मेळोवन आयिल्लो पांडूराजा झुंजा तेंपार ताका विसव नाशिल्लो म्हणून विश्रांती घेवंक आनी जैताची खोशी मनोवंक आपणाल्या दोगूय राणयां बराबर रानांवनांत भोंवडी करूंक गेलो. माद्री आनी कुंती राजाच्या सांगातान खोशी आशिल्लीं. सैमसोबीत रानांनी राजाबराबर मोठे खोशयेन दीस सारतालीं. एक दीस तो वनांत शिकारेक म्हणून गेलो. ताका हरणाची शिकार करूंक जाय आशिल्ली. रानांत सामको भितर हरणाक सोदीत गेल्लेकडेन झोपांनी ताका आवाज आयलो. पांडूराजान आवाजाचे दिकेन बाण सोडलो. बाण अचूक लागिल्लो. पूण थंयच्यान एक किळांच आयली म्हणून तो धांवत फुडें गेलो. पूण थंय हरण नासलें. ताच्या बाणान एक ऋषी आनी ताचे बायलेचो वेध घेतिल्लो. तीं दोगांय जखमी जाल्लीं. पांडूक खूब वायट दिसलें. ताणें दुखी जावन म्हळें, ''ऋषी श्रेश्ठ, क्षमा करात. तुमी हांगा आसतलीं अशें हांवें चिंतलें लेगीत ना. चुकून...'' ऋषीचे बायलेन तर जीव सोडिल्लो. ताणें दुखेस्त जावन म्हळें, ''राजा आमी घोवबायल एकठांय आसतना बाण मारून तुवें आमकां घायाळ केलीं. हांव तुका शाप दितां-तूंय असोच तुजे बायलेच्या सहवासांत आसतलो तेन्ना तुका अशेंच मरण येवं.'' इतलें उलोवन त्या ऋषीन सदां खातीर दोळे धांपले.

पांडूच्या मनाक हें सगळें खूब लागलें. पूण सगळें खिणाभितर घडून गेल्लें. ताचेर आनी कांयच उपाय नासलो. मोठ्या दुखी अंतस्करणान, निर्शेवनच तो आपणाल्या खोपट्याकडेन परत आयलो. ताका असो दुखी जाल्लो पळोवन कुंतीन विचारलें, ''कितें जालें, तुमी इतले निर्शेल्यातशे? शिकार मेळूंक ना म्हणून?''

ताणें दुखी अंतस्करणान म्हळें, ''ना कुंती, म्हजेकडल्यान एक व्हड अपराध घडला.''

''कितें अपराध! कसलो अपराध घडला नाथ?'' कुंतीन भियेवन विचारलें.

''कुंती, हांवें शिकारेक गेल्लेकडेन आवाजावटेन बाण मारलो - हरण म्हणून समजून! पूण तो एका पुण्यवंत ऋषीक आनी ताचे बायलेक लागून तांकां दोगांकय मरण आयलें.'' पांडून दुखेस्त जावन कुंतीकडेन आपली चूक उलोवन दाखयली.

''खरेंच, हें खूब वायट जालें.'' कुंतीन म्हळें.

''शी, शी-खरेंच खूब वायट काम घडलें हें म्हज्या हातान.''

''सगळें खरें, पूण तुमी कितें तें मुद्दम जावन केलें ना. नकळटां घडलां तें कृत्य.'' कुंतीन ताका समजावपाक म्हळें.

''हय, पूण त्या ऋषीन मरतना म्हाका शाप दिला.'' पांडून खंतेवन सांगलें.

''शाप! कसलो शाप?'' कुंतीन भियेत विचारलें.

''शाप, खूबच वायट शाप आसा कुंती.'' पांडून सांगलें.

''म्हाका सांगात तरी, कसलो शाप दिला ताणीं तुमकां?'' कुंतीन भियेतच विचारलें.

''ऋषीन शाप दिला, तूं जेन्ना तुज्या बायलेच्या सांगातान एकांतांत आसतलो तेन्ना तुकाय अशेंच मरण येतलें.'' पांडून सकल मान घालून सांगलें.

''कितें असो शाप दिला त्या ऋषीन?''

''हय कुंती, हय माद्री, हांवें खरेंच व्हडलो अपराध केला.'' पांडून निर्शेवन सांगलें.

माद्रीन म्हळें, ''हें सगळें म्हाका लागून जालां. हांवेंच हट्टान तुमकां शिकारेक धाडले. खरें तर हो म्हजो अपराध जावन आसा.''

''जें जालें तें खूब वायट जालें. आतां हाचेफुडें कितें करपाचें?'' कुंतीन येवजीत म्हळें.

''महाराज, तुमची जीण खूब मूल्यवान जावन आसा. त्यापासत आमी दोगांय कसलोय त्याग करूंक तयार आसात. आमी तुमच्या बराबर एकांतांत येवचीं नात.''

''खरें अशें जातलें?''

''अशें जावचें म्हणून आमी काळजी घेवया.''

दोगांनीय एका बराबर ताका उतर दिलें! पूण पांडूच्या मनांत मात त्या ऋषीचीं उतरां - ती शापवाणी घोळत आसली.

कांय तेंपान सगळें थिरायेर पडपाखातीर रावतालीं तो जागो सोडून तीं तिगांय दुसऱ्या रानांत आयलीं. पांडू तेन्ना सावन निवळूंक नाशिल्लोच. सदांच सत्भास काडिल्लेवरी वावुरतालो, दुख्खांत बुडिल्लो. एक दीस कुंतीन म्हळें, ''जालें तें वायट जालें. पूण अशें थतरवितर जावन कितें उपेग? आयिल्लो दीस बरे तरेन सारूंक जाय.''

''कुंती, म्हज्या मनांत वेगळीच चिंता उप्रांसल्या.'' पांडून मान हालयत म्हळें.

''म्हळ्यार कितें आनी आनीक कसली चिंता सतायता तुमच्या मनाक?''

''कुंती, आतां कुरूवंशाची वाड कशी जातली? मातेक आनी भीष्माक तोंड कशें दाखोंव?''

''म्हाका दिसता, जें कितें घडलां तें पितामहाक सांगूंक जाय. तेच कितेंतरी मार्ग काडटले हे सगळे विपत्तेंतल्यान.'' कुंतीन सुचयलें.

''अशें म्हण्टा? म्हाकाय तशेंच दिसता. आमी परत राज्यांत वचूया.''

ताचे मागीर रोखडींच तीं हस्तिनापुरांत परतलीं. सगळ्यांत पयलीं भीष्माची भेट घेवन रानांत घडिल्ली घडणूक पांडून भीष्माच्या कानार घाली - ''पितामह, म्हजे हातान व्हड अपराध घडला, ऋषीची हत्या घडल्या.''

भीष्मान म्हळें, ''आरे, पूण तुवें मुद्दम थोडेंच केलां. नकळटां तो अपराध घडलो तुज्या हातान. आतां ताका कितें करप?''

''पितामह, पूण त्या ऋषीक आनी ताचे बायलेक मरण आयलें. ऋषीन म्हाका शाप दिला.''

''कळ्ळें म्हाका. हांतल्यान भायर सरपाचो कितेंतरी मार्ग सोदून काडुया. पूण तूं शांत जा.'' भीष्मान ताका मसजायलो.

- जयमाला दणायत
मुंबय. मो. : ०९७५७११९३१७

टॉमी

धाकटुलो कुतू
हाडला म्हज्या पापान
शेपटी हालयत नाचता
फाटल्या फुडल्यान

कुतूक आमच्या दिलां
नांव आमी टॉमी
टॉमी टॉमी टॉमी
भोंक भोंक भोंकता

मेळटा तांच्या फाटल्यान
भोंकीत धांवता
आठ दिसांनी एकदां
टॉमीक आमी न्हाणयता
रखरखीत वतांत
व्हरून बसयता

टॉमी सांगाता हांव
सांजचो सदांच खेळटां
हांव बॉल उडयतां
टॉमी हाडून दिता
टॉमी टॉमी टॉमी
म्हजो लाडको टॉमी

- शोभा फुलकार
मो. : ७७९८६८६६३४

माधवी सरदेसाय हाणीं १९९५ वर्सा आंत्वान द सँतेक्झ्युपेरी हांचें Le Petit Prince ह्या पुस्तकाचो कोंकणी अणकार माणकुलो राजकुंवर ह्या नांवान केल्लो. तीच काणी आमी माणकुल्यां खातीर दर म्हयन्याक खिस्तीखिस्तीनी उजवाडायतात.

IX

आपणालो गिरकुलो सोडटना माणकुल्या राजकुंवरान मूळ राबितो सोडून नवे सुवातेर वचपी सुकण्या भिऱ्याचो आधार घेतिल्लो जावंक जाय अशें म्हाका दिसता. भायर सरचेल्या दिसा ताणें सकाळीं फुडें पयलीं आपणालो गिरकुलो वेवस्तीत करून दवरलो. ताचे वयले जिते ज्वाळामुखी ताणें भोव जतनायेन निवळ केले. तागेल्या गिरकुल्याचेर असले दोन ज्वाळामुखी आशिल्ले. सकाळचो च्या करपा खातीर ते बरे उपकारा पडटाले. थंय एक मेल्लो ज्वाळामुखीय आशिल्लो. पूण माणकुलो राजकुंवर म्हणटालो, ''कांय सांगूं नज'', आनी देखून, त्या दिसा ताणें होय ज्वाळामुखी निवळ केलो. असले निवळ केल्ले ज्वाळामुखी सवकासायेन, एके धारेन जळटात. तांकां ओतो येवंक पावना. आमगेले धतरे वयले ज्वाळामुखी निवळ करपाक आमी खूब ल्हान पडटात हें सांगपाची गरज ना. आनी देखून आमकां तांचे खूब त्रास सोंसचे पडटात.

माणकुल्या राजकुंवरान जड मनान गोरख-चिंचेचो निमणो रोपो हुमटावन काडलो. तो आपणाल्या गिरकुल्याचेर परतो पावल दवरूंचो ना म्हूण आशिल्लो. पूण त्या दिसा हीं सगळीं संवकळिचीं कामां ताका भोव म्होंवाळ दिसूंक लागलीं. आनी फुलाक ताणें निमाणे खेपे उदक घालें आनी ताचेर तो कंवचेचें धांपणें घालूंक लागलो तेन्ना तर ताका रडचें शें दिसलें.

– बरें तर, येतां... ताणें फुलाक म्हळें.

पूण फुलान जाप दिलिना.

– येतां हांव, ताणें परतेंय म्हळें.

फूल मातशें खांकलें. पूण ताका थंडी जाल्ली म्हूण मात न्हय.

– हांवें खूब पिशेपणां केल्यांत, फुलान निमाणें ताका म्हळें. म्हाका माफ कर. खोशी जावपाचो यत्न कर.

दुसऱ्याक दुशण दिवपाच्या फुलाच्या सभावाची माणकुल्या राजकुंवराक वळख आशिल्ली. फुलाची ही भास मात ताका नवीच आशिल्ली. ताका सामकें अजाप जालें आनी फुलाचेर कंवचेचें धांपणें घालुंकूय तो विसरलो. फुलाचें हें शांत म्होंवाळ आंग तो समजूंक पावलो ना.

– हांव तुजो मोग करतांच, फुलान ताका म्हळें. पूण इतले दीस तुका हें कळूंक पावलें ना ही म्हगेलीच चूक. आसूं, तें म्हत्वाचें न्हय. पूण तुंवेंय बी म्हजेचवरी पिशेपणां केल्यांत. आतां खोशी जावपाचो यत्न कर... आसूं तें कंवचेचें धापणें. आतां म्हाका नाका तें.

– आनी, वारो...?

– म्हाका तशी व्हडलिशी थंडी जावंक ना... आनी, हांव फूल... देखून रातचें शितळ वारें म्हगेल्या जिवाक बरेंय बी.

– आनी सावदां...?

– पिसोळ्यां कडेन संवकळ करपाची आसल्यार दोन-तीन कुसां-किडीय म्हाका सोंसून घेवंच्यो पडटल्यो. पिसोळीं खंय भोव सोबीत आसतात. आनी, पिसोळीं आनी कुसां-किडी सोडल्यो जाल्यार म्हाका हांगा दुसरो कोण मेळूंक येतलो? तूं तर खूब पयस आसतलो... आनी, व्हडल्या सावदांचो म्हण म्हाका इल्लोय भंय दिसना. म्हगेलीं दावकुलां आसातूच.

आनी, सादे-भोळेपणान आपणाले चार कांटे माणकुल्या राजकुंवराक दाखयत ताणें मुखार म्हळें:

– असो वेळ काडूं नाका. तुवें वचपाचें थारायलां. देखून वच आतां!

कित्याक काय म्हळ्यार, फुलाक आपणालीं दुकां माणकुल्या राजकुंवराक दाखोवपाचीं नाशिल्लीं. तें बरेंच मानी आशिल्लें...

■

– डॉ. माधवी सरदेसाय

कुंडेकरम्कूर



एका गांवांत एक भट रावतालो. तो खूब गरीब आशिल्लो. ताका सात चलयो आशिल्ल्यो.

एक दीस भट गांवांत पुजेक गेल्लो थंय ताका जेवणाक वडे वाडले. ताका ते बरे लागले. ताणें घरा येवन बायलेक वडे करूंक सांगलें. बायलेन ताका पीठ, गोड आनी नाल्ल हाडूंक सांगलें.

भटान सामान हाडून बायलेकडेन दिलें आनी तिका सांगलें, ''चलयो न्हिदतकच कर. नाजाल्यार सगळे वडे तींच खावन उडयतलीं.''

भटणीन आपल्या चलयांक बेगीन वाडलें आनी न्हिदूंक सांगलें. मागीर ती वडे करूंक बसली. तिणें पीठ मळ्ळें आनी वडे थापले. तिणें वडे तेलांत सोडल्या मात घरभर वास पातळ्ळो. एक चली जागें जालें. तें आवयसरीं येवन विचारूंक लागलें, ''आई कितें करता गे?'' आवयन म्हळें, ''कांय ना गो. वडे ते.'' आनी तिणें एक वडो ताका दिलो.

चली हुनीहुनीत वडो घेवन कुडींत गेलें आनी ताणें तो वडो एके भयणीचे बोंबलेर दवरलो. तेंय जागें जालें. तेंय आवयसरीं येवन बसलें. आवयन ताकाय एक वडो दिलो. तो वडो व्हरून तिणें तिसरे भयणीचे बोंबलेर दवरलो.

अशेतरेन सातूय भयणी उठून बसल्यो आनी ताणीं सगळे वडे खावन सोंपयले.

मागीर भट घरा येत जाल्यार एकूय वडो ना. ताणें बायलेक विचारलें. तिणें म्हळें, ''चलयांनी खाले.'' भटाक आपल्या चलयांचो राग आयलो. ताणें येवजिलें, चलयांक व्हरून रानांत सोडप.

सकाळीं उठून ताणें चलयांक सांगलें. ''आमी रानांत भाजी हाडूंक या.'' चलयांक खरें दिसलें. तीं बाबडीं बापायबरोबर गेलीं. बऱ्या वेळान तीं रानांत पावलीं. भटान तांकां एका उगत्या जाग्यार बसयलीं आन सांगलें, ''तुमी हांगा भाजी मेळटा जाल्या पळयात, हांव थंय लाकडां फोडटां.''

मागीर भटान एक लाकूड एका झाडाव बांदलें आनी आपूण घरा गेलो. वाऱ्यान तें लाकूड झाडाक आपटतालें आनी खट्ट खट्ट असो आवाज येतालो. भुरग्यांव दिसलें बापूय लाकडां फोडटा. तीं पद म्हणूंक लागलीं, ''आमी बाबडीं भाजी खुट्टां...

दादा आमचो लाकडां फोडटा...''

करतां करतां आमोरी जाली. बापूय व्हरूंक येवना म्हणून सातूय जाण आवाजाचे दिकेन गेलीं. पळयत जाल्यार बापूय ना, आनी लाकूड झाडाक आपटून लाकडां फोडिल्लेवरी आवाज येता. तांकां कळ्ळें, बापायन तांकां फटयलें म्हणून. तीं भियेलीं.

इतल्यान तांकां मुयांची एक रांक दिसली. तीं रांकेफाटल्यान गेलीं. तांकां एक घर दिसलें. तीं सातूय जाणां त्या घरांत भितर सरलीं. पळयत जाल्यार घरांत कोणूच ना. सगळीं जाणां घरभर भोंवलीं. घराक सात कुडी आशिल्ल्यो. प्रत्येक कुडींत तरेकवार वस्तू आनी सामान आशिल्लें. एके कुडींत मात फकत कुंडो आशिल्लो. व्हडल्या भयणांनी बऱ्यो बऱ्यो कुडी घेतल्यो आनी धाकटे भयणीक कुंड्यान भरिल्ली कूड दिली. आनी ताका नांव दवरलें 'कुंडेकुस्कूर'.

कुंडेकुस्कूर दिसभर कुंडो फाफुडटालें आनी ताका इल्ल्यो कणयो मेळटाल्यो. त्यो तें पेजेक वापरतालें. एक दीस ताका कुंडो फाफुडटना एक रत्नजडीत मोर आनी भांगरान भरिल्लो करंड मेळ्ळो. ताणें तो कुंड्यान लिपोवन दवरलो आनी कोणाक सांगलेंना.

एक दीस थंय लागींच गांवांत जात्रा आशिल्ली आनी नाटक आशिल्लें. सय भयणी न्हेसून सवरून नाटकाक भायर सरल्यो. ताणीं कुंडेकुस्कुराक म्हळें, ''ये कुंडेकुस्कुरा, तूंय यो मगो.''

कुंडेकुस्कूरान म्हळें, ''तुमी वचात. हांव रावतां घरांत. म्हाका आज जीवाक बरेंऽऽ दिसना.''

भयणी वतकच कुंडेकुस्कूर आपले कुडींत गेलें. शालू न्हेसलें, भांगरां घालीं, भांगतिळो घालो, तें मोरार बसलें. मोराच्या तोंडांत मोतयांची माळ दिली आनी भुर्र मोरा म्हळें. ते बराबर मोर उडून ज्युस्त नाटकाच्या माटवांत बसलो.

सगळे लोक अजापान कुंडेकुस्कुराक पळयत रावले. ह्यो स भयणी नाटक सोडून कुंडेकुस्कुराक पळोवंक लागलीं. आनी म्हणूंक लागलीं, ''आगो सारकें आमच्या कुंडेकुस्कुरा भशेन दिसता.''

नाटक सोंपूंक मात्सो वेळ आसा म्हळ्यार कुंडेकुस्कूरान मोराक भुर्र मोरा म्हळें. मोर ताका घेवन घरा आयलो.

घरा येतकच कुंडेकुस्कूरान सगळीं भांगरां शिंगरां काडून करंडांत घालून लिपोवन दवरलीं. पोन्ने कपडे घालून तें रावलें. कपळावयलो भांगतिळो काडूंक तें विसरलें.

भयणी घरा आयल्यो आनी म्हणूंक लागल्यो, ''आगो कुंडेकुस्कुरा, तूं कित्याक येवंक ना? ज्युस्त तुजेवरी दिसपी एक चली थंय आयिल्लें.''

इतल्यान एके भयणीन भांगतिळो पळयलो. ताणें विचारलें, ''हें कितें गो? लकलकता तें?''

कुंडेकुस्कूराच्या लक्षांत आयलें. ताणें म्हळें, ''तुमी वतकच म्हाका कुडकुडो खावन जोर आयलो. म्हणून कोलती लायली.'' सगळ्यांक खरें दिसलें.

तेवटेन कितें जालें? त्या नाटकाक एक राजकुंवर आयिल्लो. ताका कुंडेकुस्कूर खूब आवडलें. तो सोद काडीत आयलो आनी कुंडेकुस्कुराक लग्नाची मागणी घाली.

कुंडेकुस्कुराचें राजकुंवराकडेन लग्न जालें. भयणीय तांचे वांगडा गेल्यो. भट आनी भटीणय नव्या घरांत रावंक लागल्यो. सगळींजाणां सुखी जालीं.

■

– स्मिता खांडेपारकार
फोंडें – गोंय.
मो. : ९८२३०७९७८०

पर्यटन

भांगराळें बर्मा



एका बलुनांत वीस लोक बयर वतात. सकाळचें एकच वर. सांजच्या पांच वरांचेर सगळ्या भोंवडेकारांक बैलांगाडयेंत बसोवन गांव फिरोवन दाखवयतात. लायनीन बैलांगाडयो आनी थोडयो घोडयां गाडयो. खंयच्यानय नदर फिरय सगळे वटेन स्तुपां. मदीं एक लाकडाचो कोरांतिल्लो, १५०० वर्सां पयलींचो स्तूप. इतलीं सुंदर स्तुपां दाखवयतात सगळे भोंवडेकार फक्त फोटेच काडपाक मग्न. रातचो आठ वरांचेर हॉटेलांत 'डंडेरी' म्हणून तांचो एक पारंपारीक नाच आसता. त्या नाचान ते तांचो सगळो इतिहास सांगतात. आमी तर सामकीं भारावन गेलीं.

- सुशांता दत्ता नायक

ऑक्टोबर २०१५त आमी बर्मा (ब्रह्मदेश) वचून आयलीं. बुध्द धर्म पसरिल्ले सगळे देश चायना, जपान, श्रीलंका, नेपाळ, भुतान पळोवन जाल्ले. बर्मा वचपाचें उरिल्लें.

कोलकाताच्यान आमी रंगून गेलीं. देड वरांचो विमानाचो प्रवास. एक वरान वेळ फुडें. आमी दोगां इंडियन सोडल्यार सगळे भोंवडेकार ऑस्ट्रेलीयन, स्पेनीश, जर्मन, जपानीज, कोरियन. देश सामको स्वच्छ, नितळ. हॉटेलां पॉश. आमी सगळ्याक गायड घेवन फिरलीं. गायड घेतकर सगळ्यो खबरो कळटात. बाकी लोकांक इंग्लीश तितली उलोवपाक येना. गायड चली आशिल्लें. ताचें नांव सॉ. पयलेच दिसा ताणें आमकां एक हजार वर्सां पयलो जगांतलो सगळ्यांत मोठो भांगराचो पगोडा दाखयलो आनी आमी सामकीं भुरकुटून गेलीं. शंबर मिटर उंचीचो भांगराचो पगोडा आनी ताका सरभोंवतणी शेकड्यांनी कस्तुरी मोगरेचे कळे कशे भांगराचीं ल्हान ल्हान स्तुपां. दोळे दिपकावताले. सांजच्या चार वरांचेर गेल्लीं. वतान पगोडा सामको चकचकतालो. आमोरी जायसर आमी थंय रावलीं. मागीर ताचेर लायटींचो फोकस घालो आनी तो तर देखावो 'न भुतो न भविष्यती' असो आशिल्लो. सगळ्या भोंवडेकारांच्या गळ्यांत तीन तीन कॅमेरा. कोण उबे रावन, तर थोडे बसून, तर थोडे न्हिदून फोटे काडटाले. न्हिदल्या शिवाय पगोडाचो पूर्ण फोटो येना. जाय तितलो वेळ दोळे भरून पळयात. पुजा करपाक लायन ना, देव देवस्पण ना. भट ना म्हणटकर 'गोविंदा' म्हणून धुकलपाचोय प्रस्न येना. वेगवेगळे मुद्रेचे बुध्दाचे भांगराचे पुतळे आशिल्ले आनी थोडे कडेन भांगराचे धाकटे पुतळे आशिल्ले. तांचेर मात लोक वाटयांनी उदक घालताले. सात वाटयां खातीर सात वेगळे पुतळे. जो ज्या वाराक जल्माक आयला ताणें त्या वाराच्या पुतळ्याचेर

उदक घालप आनी आपल्या वयापरस १ वाटी चड घालप. आयुश्य मेळचें म्हणून.

'सॉ'न आमकां सांगलें... 'वी डोंट हॅव मच रिचुअल्स, बुध्दीजम इज अ व्हेरी सिंपल रिलिजन' बर्मीज लोक सामको ओरिजिनल बुध्दीजम पाळटात. थेरावर बुध्दीजम. मागीर सॉन आमकां स्लिपींग बुध्दा दाखोवपाक व्हेलीं. तोय बी ६० फुटांचो धवो फुल्ल, हातार तकली दवरून दोळे उकते. ती खंय ताची शिश्यांक शिकोवपाची पोज. पावला पोंदा वेगवेगळ्या आकाराचीं चिन्नां आशिल्लीं. सामको भव्य. थंयच्यान भायर सरन दिसनाशिल्लें. रंगुनाक सगळे कडेन ब्रिटिशा तेंपावेल्यो इमारती आसात. पोस्ट ऑफिस, कोर्ट आनी सगळीं सरकारी ऑफिसां. पयलीं रंगून बर्माचें राजपाटन आशिल्लें. पूण तें आतां कांय कारणांक लागून दुसरेकडेन हालयलां.

बर्मा लोक लुंगी न्हेसतात आनी शर्ट आनी दोन पट्यांचें जोतें घालतात. बायलोय बी टायट लुंग्यो आनी ब्लावज घालतात. सगळ्यो बायलो 'ल्हान-व्हड', 'गांवांतल्यो-शारांतल्यो'सगळ्यो पोल्याक चंदना बशेन लेप लायतात. हांवें सॉ क विचारलें कित्याक लायतात काय म्हणून, तें म्हणपाक लागलें, 'फोर ब्युटिफिकेशन'. वत खर आशिल्ल्यान तें ताका सनन्स्क्रीन कशें

उपेगाक येता. स्कुलाचो युनिफॉर्मय बी लुंगी आनी पोल्यांक लेप. पळोवपाक कॉमीक दिसता.

लग्नाक आनी पार्ट्यांक वतना बी हे लुंगी आनी दोन पट्याचें जोतें घालतात काय? अशें मनांत आयलें म्हणून मुद्दाम थंयचे पेपर आनी मासिकां चाळ्ळीं. पळयल्यार एके व्हडले कंपनीचे सगळे सी. ओ. ओ.लुंग्यो, धवे शर्ट आनी दोन पट्यांचीं जोतीं! फॅशन करपी मॉडेलय बी लुंगी-शर्ट आनी दोन पट्यांचें जोतें. तांच्या देशाचो भेसच तो. लुंगेक ते लोंजी म्हणटात.

'रंगुनच्यान' आमी विमानान 'बगान' गेलीं. विमानतळय ल्हान आनी विमानय बी ल्हान. पन्नासेक लोकांचें. बॅगां फिरपाचो बेल्ट बी ना. हातानींच बॅगां हाडून दितात. विमान सकयल देंवतना आमी जो वाठार पळयलो तो सांगपाक उतरांच कमी पडटलीं.

पांचवींचार झाडां आनी तातूंतल्यान अळमी उगवल्यां कशीं मातये कोराचीं स्तुपां गांवभर पसरल्यांत. पयलीं १० हजार बांदिल्ले खंय. आतां तातूंतले २ हजार उरल्यात. थोडे आमचे व्हडले इगर्जे येदे आनी थोडे ल्हान कपेला येदे. अशें दिसता की आमी खंय तरी भुतकाळांत पावल्यांत. सगळो गांवच 'वर्ल्ड हॅरिटेज साईट' म्हणून वेंचून काडला. गांवच्या मध्यार एक व्हडलो स्तुप आसा. ताका पन्नासेक सोंपणां आसात. एक एक सोंपण थांबून थांबून चडचें पडटा. सगळे भोंवडेकार सूर्य उदेतना आनी अस्तंतेक वतना वयर चडून तो सुंदर देखावो पळयतात. सूर्य अस्तंतेक वता थंय एक न्हंय आसा. हजारांनी स्तुपांचीं कोरीव तोकां सामकें सुंदर विणिल्लें रेन कशें दिसता. थोड्या स्तुपांनी बुध्दाची म्हुर्त आसा. थोड्यांनी ना.

एके ऑस्ट्रेलियन कंपनीन सकाळचें एकच वर मळबांत फिरोवन हाडपाक गॅसाचे बोमाडे केल्यात. हांगा आमचो गायड चलो आशिल्लो. नांव शीथु. ताणें आमकां सांगलें, 'इट इज टू

ॲक्सपेन्सीव' चारशें डॉलर एकट्याक. चड म्हारग म्हणून आमी गेलींना. हॉटेलांतल्यान आमकां बलून वयर फिरयतना दिसले. एका बलुनांत वीस लोक वयर वतात. सकाळचें एकच वर. सांजच्या पांच वरांचेर सगळ्या भोंवडेकारांक बैलांगाडयेंत बसोवन गांव फिरोवन दाखयतात. लायनीन बैलांगाडयो आनी थोड्यो घोड्यां गाडयो. खंयच्यानय नदर फिरय सगळे वटेन स्तुपां. मदीं एक लाकडाचो कोरांतिल्लो, १५०० वर्सां पयलींचो स्तूप. इतलीं सुंदर स्तुपां दाखयतात सगळे भोंवडेकार फक्त फोटेच काडपाक मग्न. रातचो आठ वरांचेर हॉटेलांत 'डंडेरी' म्हणून तांचो एक पारंपारीक नाच आसता. त्या नाचान ते तांचो सगळो इतिहास सांगतात. आमी तर सामकीं भारावन गेलीं.

दोन दीस 'बगान' रावन आमी 'मंडाले' गेलीं. थंय तशेच कितलेशेच भांगराचे पगोडा. पूण भांगराच्या रंगान पेन्ट केल्ले. रंगूनचो पगोडा खऱ्या भांगराच्या पत्र्याचो. थंय लोक खूब भांगर दान दितात खंय! 'मंडाले' एक भांगराची बुध्दाची म्हुर्त दाखयली. सगळ्या आंगभर ताका पातळ भांगराचीं पानां दसोवन दसोवन मोठ्ठो केला. पाशाणाच्यो बुध्दाच्यो म्हुर्त्यो करतात ते कारागीर दाखयले. हांगाच्या गायडाचें नांव मॉन. ताणें सांजच्या पांच वरांचेर आमकां सनसेट पॉइंटार व्हेलीं. थंय बी वयर एक मोनेस्टरी आसा. दोंगरार चडपाक वेवस्था बरी आसा. चडून वचपाक जायना त्या लोकांखातीर व्हडलीं व्हडलीं लिफ्टां आसात आनी थोडे कडेन ॲस्कलेटर (चलता तसलीं सोपणां) आसा ताचे वयल्यान कळटा की थंय बरेच भोंवडेक येतात म्हणून. सनसेट पॉइंटा वयल्यान ता आमकां हॉस्पिटल आनी कादय दाखयली. काद पळयतना म्हाका लोकमान्य टिळक कितलींशीं वर्सां मंडाले कादयेंत आशिल्ल्याची याद जाली तेच कादयेंत लोकमान्य टिळक बरींच वर्स आशिल्ले. दुसरे दिसा आमकां थिब्बा राजाच ग्लास पॅलेस दाखयली. ती पॅलेस पळयतन म्हाका एकदम पंदरा वर्सां पयलीं रत्नागिरी थिब्ब पॅलेस पळयल्ली ताची याद जाली आनी काळीज चरचरलें. येदो व्हडलो राजा आनी ताका व्हरू रत्नागिरी बंदीस्त दवरिल्लो. तेन्ना राजाची पिरा २६ वर्सां आशिल्ली. ताचे बराबर ताची बायल आनी दोन चलयो आशिल्ल्यो. इंडियेक येतक ताका आनीक दोन चलयो जाल्यो. १८८५ ते १९१५ मेरेन राजा रत्नागिरी उरलो आनी रत्नागिरीच अंतरलो. राजा मरतकर राणयेन बम सरकाराक अर्ज केलो आनी ती दोन चलयांक घेवन बर्मा गेली. दोन चलयो हिंदुस्तानातच रावल्यो. एकटी रत्नागिरी सावंत म्हणटा त्या चल्याकडेन लग्न जाली आनी एक कलकत्त्याक लग्न जाली. चारय चलयो ल्हान आसतना मराठी शाळेंत वताल्यो, दोन विणयो घालताल्यो आनी बरी मराठी उलयताल्यो. त्या राजाची ती भव्य पॅलेस पळोवन जीव कळवळ्ळो. आतां ती सगळी मिलीटरीच्या कब्जांत आसा. भोंवडेकारांक पळोवपाक उक्ती आसा. रत्नागिरीचे चिखल गांवचे लोकमान्य टिळक बर्मा कादयेंत आनी बर्माचो राजा थिब्बा रत्नागिरी बंदीस्त. कितें काय हो नियतीचो खेळ!

अमरापुरा न्हंय वयलो दोन किलोमिटर, जगांतलो सगळ्यांत व्हडलो लाकडाचो पूल पळयलो. राजा 'मिडोंना'क ध्यान करपाक पलतडीं वचपा खातीर तो लोकांनी बांदिल्लो खंय! सूर्य उदेता तेन्ना आनी अस्तंतेक वतना पुलाचें पडबिंब उदकांत पडटा आनी खूबच

सुंदर दिसता. तें पळोवपाक भोंवडेकारांची गर्दी! गांवचे लोक ताचेवयल्यान चलून वतात नाजाल्यार सायकल हातांत धरून वतात.

मंडालेच्यान आमी 'इनले लेक' गेलीं. 'इनले लेक' हो गांवच तळ्याचेर. तळें २२ किलोमिटर लांब आनी ११ किलोमिटर रूंद. सगलीं घरां आनी हॉटेलां तळ्याचेरूच. कांय हॉटेलां तर तळ्यांतय आसात. तळ्याचे सगळे वटेन वेगवेगळे गांव. होडयेक मोटर लायिल्लो आसता. एके वटेंतल्यान दुसरे वटेन वचपाक एक वर लागता. गांवांतल्या लोकांनी तळ्याचेर तोमातांची शेती केल्या. सुक्या बांबूंच्यो आटयो करून तळ्यार दवरल्यात. ताचेर तळ्यांतल्या मुळांतलो शेळो घाला आनी वयर माती घालून तोमातां रोयल्यांत. आमी गेलीं तेन्ना होडयेंत बसून तोमातां काडटालीं आनी भरून भरून व्हरतालीं. बायलो, भुरगीं सगळीं होडयो ताणटात. शाळेंत वतात तीं भुरगीं आपूणूच होडें ताणून शाळेंत वतात. शाळाय बी उदकांत. बायलो आनी भुरगीं होडयो एका पोंतार आसरमाणी घालून बसून ताणटात. दादले मात एका पोंतार उबे रावून एकाच पांयान ताणटात. ते चडशे नुस्तें मारपी. तांच्या एका हातांत नुस्तें धरपाक लांब टोकाचो जाळयेचो खोटलो आसता. तळ्यांतूच मोनेस्टरी आसा. प्रत्येकाकडेन गायडान आमकां मोटर आशिल्ले होडयेंत बसून व्हेलीं. बारीक होडी म्हणून तीनच कदेलां दवरपाक मेळटा. प्रत्येक कडेन पळोवपाक होडयेंतल्यान परत परत देवचें पडटा. आमकां सगळें पळोवपाक दोन दीस लागले.

आमी पुनवेकडें पाविल्ल्यान न्हंयेंतलो एक बरो उत्सव पळोवपाक मेळ्ळो. सगळ्यां फुडें हंस पक्ष्याचो भांगराचो होडयेचो रथ आनी ताचे फाटल्यान लांबचे लांब तांचें वाद्य वाजयत पन्नासेक होडयो आनी त्योय बी सकाळच्या सात वरांचेर. त्या तळ्यांतल्या पुरसांवां बरोबर होडयेंत बसून गांवचे लोक आनी भोंवडेकार. सामको याद उरपा सारको दीस तो. सगल्यांत मजा म्हणजे ते एका पांयान ताणटात. सामको दुर्मिळ देखावो.

तळ्यांतल्यान आमचें गायड जाचें नांव पो, तिणें आमकां एक गांव दाखोवपाक व्हेलीं. त्या गांवांत शेंकड्यांनीं स्तुपां आसात. पूण तांकां केन्नातरी भुकंप जावन वेरो आयल्यात आनी तांचेर झाडां बी उगवल्यांत. त्या गांवांत एक 'पावो' नांवाची आदिवासी जमात रावता. ती जमात १९९५ पर्यंत कोणाकच आपल्या गांवांत पांय दवरपाक दिना आशिल्ली. पावो लोक थंय दिश्टी पडटात. आपल्या बराबर भोंवडेकारांक फोटे काडपाक लायतात आनी मागीर टीप मागतात.

तळ्याचे आनी एके देगेर एक जमात आसा, ताच्या बायलांच्या गळ्यांत ८ किलो वजनाची पितुळची कडी आसता. आमी त्या बायलां बरोबर फोटे काडले. ती कडी थंय जोकून पळोवपाक दवरल्या. हातांत धरून वजन पळोवपाक. तांकां विचारतकच ती सांगपाक लागली की दादले रानांतल्या वाघापसून आपल्याक वाचोवपाक शकतात. बायलो शकनात. वाग गळ्याक पयलीं घास मारता खंय! म्हणून चलयांक तें पूर्ण वाड जातकर गळ्यांत घालप तें मरऽ म्हणसर. अजून ते जमातींत ती पध्दत आसा.

तळ्यांतल्या गांवांनी पांच दिसांनी एकदां बाजार भरता. तोय दीस आमकां पळोवपाक मेळ्ळो. बाजार सामको आमच्या फेस्ताभशेन. कपडे, आयदनां, खारें, फळां, भाजीपालो. तातूंतच म्हालो आनी जमनीर बसून फार्मस सुध्दां. फार्मसींत वखदां सगळीं इंडियेचीं. पळोवन आनंद जालो.

'इनले लेका'चेर कारागीर भरपूर आसात. ते लोक कमळाच्या देठांतले दोर काडून कपडे करतात. तरेतरेचे बोटवे, स्कार्फ, लुंग्यो करतात. बांबू आनी कमळाच्या देंठाचे दोर आनी झाडाचो दीक लावन तरेतरेचीं आयदनां करतात. पोर्सेलीना भशेन चकचकीत आनी ताचेर कोरीव काम करतात. तांकां लेकरवेर म्हणटात. दुकानां सामकीं भरिल्लीं आसतात. ताचेर तांचो खप भरपूर म्हणून कळटा. ह्या वस्तुंची निर्यातय बी जाता खंय! बर्मा टीकवूड भरपूर आनी पाचू आनी माणकांचे दोंगर खूब आसात. तांचीय ते निर्यात करतात. एक गांवांत तंबाकू जाता. थंयचे लोक हातांनी सिगारां करतात. तींय बी परदेसांत निर्यात जाता. चडशीं सगळीं हातमागावयलीं कामां. व्हडले व्हडले कारखाने नात. पूण लोक खावन जेवन सुखी आनी समृध्द.

बर्माच्या चलनाक चेट (Kyat) म्हणटात. स्पेलींग एक भशेन आनी उच्चार वेगळोच. म्यानमाराक (Myanmar) ते म्यांमा म्हणटात. सगळ्यो नोटी १ हजारांच्यो. तांचे एक हजार म्हटल्यार आमचे ६० रुपया. जेवणाक पंदरा हजार खर्च येतालो. म्हणल्यार आमचे आटशें रुपया खर्च. बर्माच्या जेवणांत नुस्तें, भाजयो, पोर्क, शीत सगळें आसता. पूण तातूंत हळद आनी मसाले कांयच नासता. नुस्तें डिप फ्राय करून सामकें कडक करतात. प्रत्येक देशाची जेवण करपाची वेगवेगळी तरा.

आमी एकाच वर्सा जगाच्यो दोन वेगवेगळ्यो संस्कृतायो पळयल्यो. अमेरिका जगाची सामकी फुडारिल्ली संस्कृताय आनी बर्मा सामकी थळावी संस्कृताय.

■

'लोकायत', कोंब, मडगांव-गोंय.
मो. : ९३२६११५६२५

तो ख णा य

ल क्ष्य भे द

मनांत थारायल्लो लक्ष्यभेद करतना पावला कणकणी आयिल्ल्यो अडचणी आनी अपेस हाचेर केल्ली मात, निर्शेवणी पयस करून मेळयल्ल्या जैताची ही काणी तुमच्या मुखार दवरतात अरुण साळकार. लक्ष्यभेद म्हळयार आपणें आपले जिणे मुखार दवरिल्ली मोख आनी ती साध्य करपाक काडिल्ले कश्ट आनी घेतिल्ली तकालस. बाय नेहा साळकार हाणें हो लक्ष्यभेद कसो केलो हाची ही काणी.

भुरगीं शाळेंत कित्याक वतात? हाची खरी जाप कोणूच दिनात. 'शिक्षण घेवपाक' अशी थातूर मातूर जाप आयकूंक मेळटा. शिक्षण म्हणजे ज्युस्त कितें? हें कोणूच सारकें सांगिना. शाळेंत खूबशे विशय शिकयतात, पूण खंयचो विशय भुरग्याचे घडणुकेक तेंको दिता तें कळपाक मोठें कुस्तार. नामनेचो शास्त्रज्ञ आल्बर्ट आइनस्टायन हाणें म्हळां, 'शिक्षण म्हणजे कसलीय म्हायती वा जाण आसप न्हय. तर शिक्षण म्हणजे मनाक/मेंदवाक चिंतपाक प्रशिक्षीत करप.' मेंदवान चिंतील्लें चालीक लावपाक संभाशण कलेची जोड लागता. संभाशण कला, जावं ती तोंडान उतरांनी, जावं ती बरपान, जावं ती वाचपान, जावं ती वैकल्पीक मार्गान, अव्वल दर्ज्याची आसप गरजेचें.

वयल्या दोनूय कलांनी फिशाल आमच्या नेहान भारतीय सशस्त्र सेनेंत अधिकारी जावपाक आयिल्ल्या अडचणिंचे सेनेकडेन कुशळतायेन झूज दिलें. सशस्त्र झुजार वचपाक परिस्थितीचेर केल्ल्या झुजाची ही काणी.

वत्स गोत्री साळकार घराब्यांत सुमार १५० वांगडी आसात. हरिश आनी गौरीनंदना उपरांत आमचें नेहा तिसरें साळकार, जाणें देश रक्षणाखातीर हातांत शस्त्र घेवपाचो दृढ निश्चेव केलो. सप्टेंबराचे १२ तारखेर लेडी कॅडेट नेहा साळकार, चेन्नयच्या ऑफिसर ट्रेनिंग अकाडेमितसून लेफ्टनंट नेहा साळकार जावन भायर सरलें.

मनांत थारायल्लो लक्ष्यभेद करतना पावला कणकणी आयिल्ल्यो अडचणी आनी अपेस हाचेर केल्ली मात, निर्शेवणी पयस करून मेळयल्ल्या जैताची ही काणी तुमच्या मुखार दवरपाची मोख इतल्याच खातीर येवजिल्या

कारण अपेसाच्या काळखान शेणिल्ल्यांक उजवाडाची तिरीप दिसची आनी नवे उमेदीन चालीक लागचें.

२००३ सालांत नेहा णववेंत पावलें. दिवचलच्या शांतादुर्गा हायस्कुलांत चलयां खातीर एन. सी. सी. सुरू जाता अशी नोटीस लागली. नेहान मोठे उमेदीन आपलें नांव वळेरींत घालपाक दिलें. नेहाचो खाकी गणवेशाकडेन आयिल्लो हो पयलो संबंद...

नेहा णववेंत आसतना श्री शांतादुर्गा हायस्कुलांत एन. सी. सी. आर्मी बटालियन सुरू जाली. येवजणे प्रमाणे एन. सी. सी. आठवी आनी णववी अशीं दोन वर्सां मेळटा. पूण नेहाक एन. सी. सी. सारकी एकूच वर्स मेळ्ळी. दुसरें वर्स धावेचें आशिल्ल्यान मैदानी कार्यावळीनी वांटो घेवप कमी प्रमाणांत जालें, तरी २००४-०५ वर्सा ताणें 'ए' सर्टिफिकेट कोर्स पुराय केलो. ०३-०४ ह्या वर्साचें उत्तम कॅडेट म्हणून ताका इनाम फावो जालो.

धावी जाल्या उपरांत नेहान श्री शांतादुर्गा उच्च माध्यमिक स्कुलांत वाणिज्य विभागांत आपलें नांव नोंदणी केलें. उच्च माध्यमिक स्कुलांत एनसीसीची वेवस्था नाशिल्ल्यान नेहा दोन वर्सां ह्या उर्बा वाडोवपी कार्यावळी पासून पयस उरलें. जून २००७-०८ ह्या शैक्षणीक वर्सा नेहान म्हापशेंच्या सेंट झेवियर आर्टस, सायन्स आनी कॉमर्स कॉलेजींत वाणिज्य पदवे खातीर प्रवेश घेतलो. हे कॉलेजींत एनसीसी आर्मी बटालियनची वेवस्था आशिल्ली. नेहाची शैक्षणीक उदरगत आनी एनसीसीची उदरगत वाटचालीक लागली.

ऑगस्ट २००८त ताची २००९च्या प्रजासत्ताक दिन संचालना खातीर निवड जाली. ह्या स म्हयन्यांत नेहान बेळगांव, बंगलुरू आनी दिल्ली मेळून धा प्रशिक्षण कॅम्पांनी वांटो घेतलो. निमण्या संचालना खातीर संपूर्ण भारतांतल्यान आयिल्ल्या एनसीसी आर्मी बटालियन कॅडेट चलयां मदल्यान १४४ जाणांची निवड जावपाची आशिल्ली. नेहा २६ डिसेंबर सावन दिल्लीच्या एनसीसी आर्मी बटालियन कॅम्पांत प्रशिक्षण घेतालें. दर दिसा सकाळीं ३ वरांचेर उठप आनी कामाक लागप असो नित्यनेम.

धा प्रशिक्षण कॅम्प आनी दिल्लींतलें म्हयनोभर केल्लें परिश्रम निमाणें फळाक आयलें. नेहाची २६ जानेवारी २००९ ह्या दिसा राजपथार जावपी संचलनाखातीर निवड जाली. चड अभिमानाची खबर म्हळ्यार ताका दावे वटेन चलपी पयले लायनींत चलपाक, ज्या कॅडेटाचेर सगळ्या चोम्याची नीट ओळीन चलपाची जापसालदारकी आसता, थंय चलपाची निवड जाली. नेहाचें हें राजपथार जाल्लें संचलन आमी दूरदर्शनाचेर दोळे भरून पळयलें.

भारतीय सशस्त्र सैन्याचें राजपथावयलें प्रदर्शन, प्रत्येक नागरिकाचो आपल्या देशाचे सुरक्षतेविशीं आत्मविश्वास बळीश्ट करतालें. हांगाच केन्नातरी नेहाच्या मनांत आपल्या देशाचे सुरक्षतेविशीं जापसालदारकी उखलपाची मोख रुजली. राजपथावयल्यान गेल्लीं विमानां ताका जणू आपयतालीं. दिल्ली कॅम्पा उपरांत आनी पंदरा दीस बंगलूरू कॅम्पांत काडचे पडले. थंय ताची गोंयचें सर्वोत्तम कॅडेट म्हणून निवड जाली आनी नेहाच्या पंगडान राष्ट्रीय एकात्मता जागृतायेचेर केल्ले कार्यवळीचें खूब कवतूक जालें.

सैनिकी गणभेसाचें आकर्शण आनी सैनिकां कडेन जाल्ली इश्टागत नेहाक फुडाराचे कारकिर्दीची सपनां दाखयताली. बंगलुरू सावन येतना नेहान भारतीय वायुसेनेंत फायटर पायलट जावपाची मोख घट्ट मनांत बांदली. भारतीय वायुसेने विशीं इंटरनेटावेल्यान म्हायती मेळोवपाचो ताणें छंद आपणायलो. आतां नेहाक ताची शैक्षणीक जापसालदारकी आपयताली. ताणें मन लावन अभ्यास करून वाणिज्य शाखेचीं तीन वर्सां पुराय केलीं. एप्रिल २०१०त जाल्ले निमणे परिक्षेंत बरें यश मेळयलें आनी बी. कॉम. ही पदवी मेळयली.

परिक्षेच्या निकाला उपरांत भारतीय वायुसेनेंत भरती जावपाचो फॉर्म ताणें इंटरनेटावेल्यान घेतलो आनी भरपाक सुरवात केली. भारतीय वायुसेनेंत फायटर पायलट जावपाक उण्यांतउणी शैक्षणीक पात्रताय सायन्स शाखेची बारावी पास आसूंक जाय. आमचें नेहा वाणिज्य शाखेची बारावी आनी जोडीक बी. कॉम. ही पदवी. हे अटीक कितेंय सूट मेळटा जाल्यार पळोवपाक नेहान भारतीय वायुसेनेच्या मुखेल कार्यालयांत फोन करून चवकशी केली. फायटर पायलटचे निवडीक ताणीं सूट न्हयकारली. पूण ग्रावंड स्टाफाच्या जाग्याक वाणिज्य शाखेची बारावी पास वा बी. कॉम. पदवी मान्य आशिल्ली. आनी एक म्हत्वाची अट म्हणजे पिरायेच्या २२ वर्सां मेरेन फायटर पायलटच्या जाग्या खातीर नेहा अर्ज करूंक शकतालें. जून २०१२त जावपी निवड ही नेहा खातीर निमाणी खेप. एप्रिल २०१०त २० वर्सां पुराय जाल्ल्या नेहा मुखार दुबावीत अशें वातावरण निर्माण जाल्लें.

''आऊताता म्हाका पायलट जावंक मेळचेंना?'' नेहान म्हाका विचारलें.

''पूण तुका ग्राऊंड स्टाफ जागो मेळटा, तो कित्याक घेना तूं?''

''ना म्हाका फायटर पायलटूच जावंक जाय. आऊताता हांव अकरावी वाणिज्य पास जालां, म्हाका बारावी सायन्साक ॲडमिशन मेळटलें?''

''म्हणजे? तूं पदवीधर चली परत हायरसेकंडरींत शिकपाक वतलें?''

''हांव कितें करूं?''

''आगो अकरावी वाणिज्य करून तुका सायन्सीक ॲडमिशन मेळचें ना. वाणिज्य विशय वेगळे आनी सायन्स विशय वेगळे. ते भायर प्रात्यक्षीकां आसतात.''

''म्हजी मोख पुराय करपाक जाय जाल्यार म्हाका सायन्स शिकची पडटलीच!''

''म्हणजे पांच वर्सांनी तूं परत श्री शांतादुर्गा हायरसेकंडरींत वतलें?''

''आनी उपाय आसा?''

''सोनला बराबर वर्गांत बसतलें?'' सोनल नेहाची धाकटी चुलत भयण.

''येदी व्हडली घोडी अकरावेंत? भुरगीं हांसचीं ना म्हाका?''

''तातूंत कितें? तूं पदवीधर आसा हें तांकां कळटलेंच. आनी तूं परत शाळेंत शिकपाकूच वता.'' नेहाक हांवें समजावपाचो यत्न केलो.

''परत श्री शांतादुर्गा हायरसेकंडरींत वचपाक म्हाका लज दिसता. म्हज्या नशिबांत भारतीय सैन्यांत वचपाचें ना दिसता.''

निर्शेवणेच्या कुपांनी काळोख केलो. काळजा सावन जतनाय केल्ले मोखीची अखेर जाता काय कितें?

श्री शांतादुर्गा हायरसेकंडरींत वचपाची अडचण आनी आपली येवजिल्ली मोख जोडपाचो हावेस नेहाक कसोच ओगी बसूंक दिनासलो. पणजे वचून येतां म्हणून गेल्लें नेहा दनपारचीं तीन वरां जालीं तरी घरा पावूंक नाशिल्लें.

इतल्यांत घराच्या कंपाऊंडाची खिळी काढून येता तें नेहा दिसलें, तोंडार हास्य फुलिल्लें.

''आऊताता, म्हजें काम जालें.. म्हजें काम जालें.''

''म्हणजे? कसलें काम जालें?'' हांवें विचारलें.

''म्हजें हायरसेकंडरींत ॲडमिशन जालें...!''

''कितें? श्री शांतादुर्गा हायरसेकंडरींत ॲडमीशन जालें आनी म्हाका खबर ना?''

''ना! ना! दिवचले हायरसेकंडरींत न्हय, हांवें दोना पावलच्या अवर लेडी ऑफ रोजरी हायरसेकंडरींत अकरावी सायन्सीक ॲडमिशन घेतलें. फाल्यांच्यान हांव लागतां कामाक. आऊताता निखिलाचीं पुस्तकां आसा न्हय तुजेकडेन?''

''वालोर गो तुका... परत युनीफॉर्म चडयतलें आंगार तर!''

''सैन्याचो युनीफॉर्म घालूंक मेळटा जाल्यार असले कितलेय युनीफॉर्म चडोवपाची तयारी आसा. दोन वर्सां भितर बारावी सायन्सचें सर्टीफिकेट हातांत घेतांच!''

''आगो तूं परत हायरसेकंडरींत वचपाक लज दिसता म्हणटालें!''

''दोना पावला म्हाका कोण वळखता? दोन वर्सां अशींच वतलीं.''

वाणिज्य शाखेंत पदवीधर जाल्लें चली आपले येवजिल्ले मोखी खातीर सायन्स शिकपाक परत शाळेंत वचपाक तयार जाल्लें. वाणिज्य खंय आनी सायन्स खंय... पयसुल्लीं दोन तोकां. भार उखलपाक नेहान हात घालो खरो पूण कसवटणेचीं दोन वर्सां तोंड आऽ करून फुडें उबीं आशिल्लीं. अथक परिश्रम आनी दोळ्यां मुखावयलें उद्दिश्ट हांचो मेळ घालप हातूंत नेहाचे दीस वताले. शिक्षणा बरोबर भारतीय वायु सेनेची आनी भारतीय सशस्त्र दळाची म्हायती मेळोवप हो नित्य नेम. काळ वेळ कोणाक रावना. दोन वर्सां अशींच गेलीं. म २०१२त बारावेची परिक्षा सोंपली. आतां नेह निकालाचे वेध लागिल्ले. ऑगस्ट २०१ भारतीय वायुसेना भरतीच्यो मुलाखती जावपा आशिल्ल्यो. सैन्यांत निवड जावप म्हणजे बर कठीण गजाल. इतलेय प्रयत्न करून मेळटलेंच अशें ना. येस मेळ्ळेंना जाल्यार कि हो एक मोठो प्रस्न नेहाच्या मुखार आशिल्ल

हजारांनी उमेदवार भारतीय सैन्यांत प्रवे मेळोवपाक यत्न करीत आसतात. ह्या सर्तीच आनी चडाओडीच्या वातावरणांत येस केन्न हूल दिवंक शकता हाची जाणविकाय नेहा बरेभशेन आशिल्ली. बारावी सायन्स शिकत ताणें आपल्या बी. कॉम. पदवीच्या आदार जायत्या कंपन्यांनी नोकरे खातीर अर्ज केल्ल ऑगस्ट म्हयन्यांत सैन्य भरतीच्यो मुलाख बंगलुरूच्या वाठारांत जातल्यो हाची म्हाय आशिल्ल्यान ताणें नोकरेचो शोध त्याच वाठार केंद्रीत केलो. २४ मार्च २०१२ ह्या दिसा बारा सायन्साची परिक्षा सोंपली आनी नेहान त्या दिसा बंगलुरूची वाट धरली. थंयचे ऑट ॲडव्हेंचर्स हे कंपनींत सोशियल मिडिय ॲनालायझर म्हणून ताका नोकरी मेळिल्ली २६ मार्च २०१२ ह्या दिसा आपले वेवसायीव जिणेचो ताणें शुभारंभ केलो.

आतां वेध लागिल्ले ते बारावेच्या निकाला आनी ऑगस्ट २०१२त जावपी मुलाखतीचे नेहाच्या पिरायेच्या हिसपान भारतीय वायुसेनें फायटर पायलट जावपाक ही निमाणी संद. ह

प्रयास जर उणो पडलो जाल्यार दुसरी संद फकत वायुसेनेंत ग्राऊंड स्टाफ नाजाल्यार भारतीय पायदळांत अधिकारी जावप. मे म्हयन्यांत गोवा बोर्डाचो बारावेचो निकाल लागलो. नेहान बारावी सायन्स परिक्षेंत ७०% गूण घेवन घवघवीत येस मेळयलें. एक मोठी अडचण पयस जाल्ली.

दोन म्हयने हाताकडेन आशिल्ले. नेहान नोकरी आनी मुलाखतीची पूर्वतयारी ह्या दोनूय आघाड्यांचेर आपली पुराय शक्त ओंपली. काळ आनी वेळ कोणाकूच रावना. दीस फुर्र करून उडून गेले. बंगलुरूच्यान नेहा मुलाखत थारिल्ल्या म्हैसूर शारांत मुलाखतीचे सुवातेर गेलें. आपली खेप येतकच सगळे दाखले घेवन मुलाखत दिवपाक त्या मानेस्त ऑफिसरा सामकार वचून बसलें. मुलखतीक सुरवात जाली.

मुलाखती पांच दीस चलपाच्यो. पयले दिसा फायटर पायलटा खातीर उमेदवारांची चाळण लावन तपासणी चलताली. नेहाची मुलाखत पुराय जाली. सांजेच्या स वरां मेरेन निकाल अपेक्षीत आशिल्लो. जसजशी निकालाची वेळ लागीं येवंक लागली, तसतशी नेहाच्या काळजाची धडधड वाडत आशिल्ली. स वरांचेर एक वायुसेनेचो अधिकारी भायर आयलो आनी ताणें निकाल जाहीर केलो. त्या वेंचणूक मंडळान आमच्या नेहाक फायटर पायलटच्या जाग्या खातीर न्हयकारलें. फाटलीं चार वर्सां केल्ले अथक यत्न मातये भरवण जाले. पिरायेक लागून नेहाची ही निमाणी संद आशिल्ली. फायटर पायलट जावपाचें सपन भंगलें! पूण अजून चार दीस ग्राऊंड स्टाफाखातीर मुलाखती जावपाच्यो आशिल्ल्यो. पॅनल डिस्कशन, ग्रुप डिस्कशन, फिल्ड ॲक्शन अशे तरेतरेचे प्रकार जाले. पांच दीस कशे सोंपले कळ्ळेंच ना! निमण्या दिसा सगळ्यांक निकालाचे वेध लागिल्ले. वायुसेनेच्या वेंचणूक मंडळाचो अधिकारी भायर आयलो आनी ताणें जैतीवंत उमेदवारांचीं नांवां वाचलीं. परत नकारघंटा वाजली. आपल्या नशिबांत सैन्याचो युनिफॉर्म ना काय कितें ह्या विचारान नेहाचे दोळे भरून आयले. आतां फुडें कितें? दोंगर चडटां चडटां अचकीत दोरी तुटून खोल दरयेंत पडिल्ल्याचो नेहाक भास जालो. ताणें आपल्या मनाक समजावपाचो येत्न केलो.

'ना! हांव पडूंक ना! म्हाका भारतीय सैन्यांत तुमकां घेवंचेंच पडटलें. हांव परत येतलें! हांव परत येतलें!' अशें आड्डून सांगचें अशें नेहाक दिसतालें. पूण आयकून समजून घेवपी माये मोगाचो म्हऱ्यांत कोणूच नाशिल्लो. फुडाराचो मार्ग कठीण, निबर, जबर कश्टाचो, खडतर आसा हाची पुराय जाणविकाय नेहाक आशिल्ली. आतां फाटल्यान पळोवपाचें ना! आतां माघार घेवपाची ना! आतां माघार घेवपाची ना! होच जप मनोमन चलतालो. भारतीय वायुसेनेचीं दारां आतां बंद जाल्लीं. सेंट झेवियर आर्टस, सायन्स आनी कॉमर्स कॉलेजांत आसतना नेहान एन्सीसीची 'सी' सर्टिफिकेट परिक्षा दिल्ली आनी तातूंत ताणें उत्तम येस मेळयल्लें. एकोणीस ते पंचवीस वयोगटांतले कॅडेट्स जाणीं हें 'सी' सर्टिफिकेट मेळयलां तांचे खातीर भारतीय सेनेंत ३२ जागे आरक्षीत आसतात. ह्या जाग्यां खातीर संपूर्ण देशांतले कॅडेट्स आपापली कसवटणी पणाक लावन जैतिवंत जावपाक आवंडेतात. पूण ह्यो सगळ्यो खबरी घडपाक आनीक एक वरस वाट पळोवपा शिवाय दुसरो उपाय नाशिल्लो. जिणेंत अपमान,

अपेस, हार गरजेची कारण ह्यो घडणुको मनशांतलो स्वाभिमान पेटोवन घालता, जागो जाता तो निश्चय, दृढ निश्चय, निर्धार आनी निमाणेकडेन तातूंतल्यान खंबीर मनीस उबो जाता.

बंगलुरू शारांत नेहा परत आयलें आनी आपले ऑटम ॲडव्हेंचर्स हे कंपनींत कामाक लागलें. जून २०१३त जावपी मुलाखती खातीर तयारी करपाक नेहाकडेन भरपूर वेळ आशिल्लो. दीस गेले, म्हयने गेले. हळुहळू मुलाखतीची तारीख लागीं येवपाक लागली. नेहान बरीच तयारी केल्ली. जून म्हयन्यांत मुलाखती सुरू जाल्यो. एन्सीसी खातीर आरक्षीत आशिल्ल्या ३२ सुवातां पयकीं ४ सुवातो चलयां खातीर आसात अशें थंय आशिल्ल्या अधिकाऱ्यांनी जाहीर केलें. पूण ४ सुवातांच्यो ८ सुवातो जावपाची शक्यताय ताणीं उक्तायली. ह्यो ४ सुवातो मेळोवपाक संपूर्ण भारतांतल्यान सुमार ५०० चलयो मुलाखती खातीर आयिल्ल्यो.

पांच दीस कस लावपी कार्यावळी चलताल्यो. पॅनल डिस्कशन, ग्रुप डिस्कशन, फिल्ड ॲक्शन अशे तरेतरेचे प्रकार जाले. निमाणे त्या अधिकाऱ्यांनी ४० कॅडेटांची पयली वळेरी जाहीर केली आनी तातूंत नेहाचें नांव आशिल्लें. हे वळेरींतल्यान फुडें जैतीवंत नांवां जाहीर जावपाचीं आशिल्लीं.

निमाणें गुणवत्तेनुसार २३ नांवांची शिफारस जाली, तातूंत नेहाचो आठवो नंबर आशिल्लो. एन्सीसी खातीर आरक्षीत चार सुवातो आशिल्ल्यो.

आनीक चार सुवातो जावपाची शक्यताय त्या अधिकाऱ्यान उक्तायल्ल्यान नेहाक चेन्नयच्या ऑफिसर ट्रेनिंग ॲकादेमींत प्रवेश मेळटलो अशी आशा परजळीत जाल्ली.

भारतीय सैन्यांत प्रवेश मेळोवपा खातीर केल्ल्या चिकाटीच्या येत्नांक येस एकसारकें हुलकावण्यो दितालें. आतां पिरायेचोय प्रस्न उबो रावतलो हाचीय जाणविकाय जावंक लागिल्ली. निकालाची वाट पळोवपा खेरीज आनी कांयच उपाय नाशिल्लो. सोशिकपणाची परिसीमा म्हळ्यार जाता. आठवो नंबर, चारूच सुवातो, फुडल्या आनीक चार सुवातांची खात्री ना हाका लागून चड भिरांत दिसताली. निवड जाल्ल्या कॅडेटांत सुवात न्हयकारली जाल्यार ताचे फुडल्या नंबराक ती सुवात मेळटाली पूण ही शक्यताय खूब पयसुल्ली. जाची भिरांत दिसताली तेंच जालें. पयल्यो चारूच सुवातो भरल्यो आनी फुडल्या सगळ्यांचेर न्हयकाराची कुराड कोसळ्ळी. परत एकदां निराशा.

परत परत म्हणून कितलेदां दारार मारप? केन्नातरी येवजिल्ले मोखिचें दार उगडटलें? मे २०१४त जावपी मुलाखती पिरायेच्या हिसपान नेहा खातीर निमणो यत्न. तें परत आपले ऑटम एडव्हेंचर्स हे कंपनींत कामार रुजू जालें. कंपनींत ताका आतां बढती मेळिल्ली. आठवड्यांतले कांय दीस ताका कामा खातीर चेन्नय वचचें पडटालें. एक दीस चेन्नयच्या ऑफिसर ट्रेनिंग ॲकाडेमीकूय ताणें भेट दिली आनी मनोमन थंय येवपाचो सोपूत घेतलो. मे २०१४त उत्तरप्रदेशांतल्या वाराणसी शारांत मुलाखती जावपाच्यो आशिल्ल्यो. नेहा खातीर ही निमाणी संद. ताणें आपली पुराय शक्त लायली. मुलाखत दिवपाक तें वाराणसी शारांत हाजीर जालें. पांच दीस कस लावपी कार्यावळी चलताल्यो. पॅनल डिस्कशन, ग्रुप डिस्कशन, फिल्ड ॲक्शन अशे तरेतरेचे प्रकार जाले. पोरूंच्या भशेन परत चारूच सुवाती भरपाच्यो आशिल्ल्यो.

हे सुवाती खातीर सुमार ५०० कॅडेटानीं सर्तींत वांटो घेतिल्लो. निवडी उपरांत ५०० उमेदवारांतल्यान २१ कॅडेट्स भरतीक पात्र आसात अशें थंयच्या अधिकाऱ्यांनी जाहीर केलें. तांची पात्रतेनुसार वळेरी भारतीय सैन्याच्या संकेत थळार पळोवंक मेळटली अशें सांगलें. आजून आशा आशिल्ली!

३० ऑगस्ट २०१४. भाद्रपद पंचम. घरांत गणपती सजयल्ल्या मखरांत बसला. सणासुदीचें वातावरण! सकाळच्या णव वरांचेर सुमार नेहाच्या मोबायलाचेर ताचे इश्टीणीचो संदेश आयलो, 'पात्रतेनुसार वळेरी भारतीय सैन्याच्या संकेत थळार जाहीर जाल्या आनी नेहाचो चवथो नंबर आसा.' चार सुवातो आनी नेहाचो चवथो नंबर म्हणजे लक्ष्यभेद जाल्ल्याची सुचनाच ती!

'आऊताता' नेहा धांवत म्हजेकडेन आयलें. ''हांव सिलेक्ट जालें!हांव सिलेक्ट जालें!''

अशें सांगतां सांगतां तें रडपाक लागलें. मोख मेळोवपाक केल्ले यत्न आनी अथीर, अनिश्चीततायेचें मनाक पिळून काडपी वातावरण आनी तांतले दुखेस्त फेऱ्यांतल्यान ताची निमणी सुटका जाल्ली. सोशीकपण आनी चिकाटी जैतिवंत जाल्ली!

भारतीय सैन्याच्या मुखेल कार्यालयांतसून अधिकृत कळोवणी थोडे दिसांनी पोस्टान घरच्या नाम्यार आयली आनी आमच्या नेहाक एका भव्य आनी दिव्य अशा मनोमन जपिल्ल्या कारकिर्दीचीं दारां सताड उकलीं जालीं.

४ ऑक्टोबर २०१४ ह्या दिसा चेन्नयच्या ऑफिसर ट्रेनींग अकाडेमींत लेडी कॅडेट नेहा साळकाराक हाजीर रावपाचो आदेश त्या पत्रांत आशिल्लो.

मनांत थारायल्लो लक्ष्यभेद करतना पावला कणकणी आयिल्ल्या अडचणी आनी अपेस हाचेर केल्ली मात, निर्शेवणी पयस करून मेळयल्ल्या जैताची ही काणी तुमच्या मुखार दवरपाची मोख इतल्याच खातीर येवजिल्ल्या कारण अपेसाच्या काळखांत शेणिल्ल्यांक उजवाडाची तिरीप दिसची आनी नवे उमेदीन चालीक लागचें.

भारताचे आदले राष्ट्रपती सर्गेस्त ए. पि. जे. अब्दुल कलाम हाणें म्हळां, 'फक्त जैताच्यो काणयो वाचशात तर तुमकां कितेंय संदेश मेळतलो मुजरत अपेसाच्यो काणयो वाचात, तुमकां येस मेळोवपाच्यो कितल्योशें कल्पना आनी मार्ग तुमचे नदरे सामकार येतले.'

तयारी करपाक हाताकडेन एक म्हयनो आशिल्लो. चेन्नयच्या ऑफिसर ट्रेनींग अकाडेमींत लेडी कॅडेट नेहा साळकार ४ ऑक्टोबराक भितर सरलें. ताका चेन्नय पावोवपाक ताचो पप्पा सुधीर साळकार ताच्या सांगाताक गेल्लो.

इकरा म्हयने ताणें सैनिकी तंत्रज्ञानाचें खर प्रशिक्षण पुराय केलें आनी ऑफिसर ट्रेनींग अकाडेमीचे परिक्षेंत ताणें येस मेळयलें. चेन्नयच्या अकाडेमींत १०, ११ आनी १२ सप्टेंबराक खाशेली कार्यावळ जाली आनी निमाणे दिसा म्हणजे १२ सप्टेंबराक सकाळीं पासींग आउट परेड जाली. लेडी कॅडेट नेहा साळकार लेफ्टनंट नेहा साळकार म्हणून भायर सरलें.

ऑफिसर ट्रेनींग अकाडेमीन एक 'अंतीम पग' म्हणून ओळ आसा, ती हुपली की तो सैनिक देशाचो जाता आनी देशाचे राखणेक आपल्या जिविताचें उतर दिता. लेफ्टनंट नेहा साळकारान शेनवारा सप्टेंबराचे १२ तारखेर 'अंतिम पग' हुपलो. तें पळोवपाचें भाग्य थंय हाजीर आशिल्ल्या सुमार २००० लोकां सांगातान, नेहाचो बापूय सुधीर, आवय रुपा, चुलतो अरूण, भयण तन्वी, भावोजी चिराग आनी भाव निखिल हांकां मेळ्ळें.

■

– अरूण साळकार. मो. : ९३२६१४२५६४

हार्ट टू हार्ट

प्रतिमा आनी प्रतिभा

म्हज्या कुळाश सामकें आनंदाचें वातावरण... म्हजें लग्न तुटिल्लें... त्याच वेळार म्हजी मम्मा-पप्पा भावाच्या लग्नाची तयारी करतालीं... सून हाडपाच्या आनंदान चलयेकडेन उलोवपाकय वेळ ना.. तातूंत म्हज्या मम्मान म्हाका सांगलें, 'आनंदाच्या वातावरणांत तुजें रडगाणें नाका आनी एक उपकार बाये कर, कोणेंय विचारलें जाल्यार जांवयाक आवट ऑफ स्टेशन कामाखातीर वचचें पडलें अशें हांव सांगतलीं... तूंय तशेंच सांग' आवयचें अनवळखी रूप हांवें पळयलें... त्या वेळार ती सुनेची मांय आशिल्ली म्हजी आवय न्हय. सुनेक वस्ती करपाची उमेद भागोवपी...

- सुजाता सिंगबाळ

मुंबयच्यान येतना टिकीट काडूंक 'ट्रॅव्हल एजन्सीं'त गेल्लें. थंय म्हाका म्हजी क्लासमेट (वर्गाइश्टीण) मेळ्ळी. हांव ताका वळखूंक ना. तें म्हाका वळखलें. 'सुजाता न्हय?' ताणें विचारलें तेन्नाय ताचो आवाज, रूप कांयच म्हाका याद जायना. 'तूं वळखूंक ना म्हाका?' अशें म्हणून ताणें रसायनशास्त्राच्या वर्गांत आमी मेळटालीं अशें सांगलें. हांवें 'हय हय' अशें वगीच म्हळें. हांव ताका मातय वळखूंक ना. 'हें कितें जालां म्हाका, म्हजी स्मरणशक्ती बी क्षीण जावंक ना म्हू?' असो विचार मनांत आयलो. पूण ताणेंच मागीर आपल्या उलवण्यांतल्यान म्हाका थाकाय दिली. 'आपूण खूब बदल्लां. सामकें काडीबडी आशिल्लें तें वाटकुळेंच जालां.' अशें ताणें सांगलें. 'हय हय कितलीं वर्सां जालीं न्हय.' हांवें ओगीच कितेंतरी उलोवंक जाय म्हण म्हळें. चौगुले कॉलेजींत 'सबजेक्ट कॉम्बिनेशनाक' लागून केन्ना केन्ना एका 'कॉमन' विशयांत मेळप जातालें. ताचो आनी म्हजो कॅमिस्ट्री विशय कॉमन आशिल्लो.

ताका म्हजी याद आशिल्ली तीय इतल्या वर्सांनी मागीर ताका वळखना अशें कशें सांगतलें? तातूंत ताणें म्हळें, 'म्हजी मांय तुजें आवडीन वाचता हां, हार्ट टू हार्ट' म्हाका बरें दिसलें. कोण आपलें वाचता हो आनंद लेखका खातीर सगळ्यांत व्हड आनंद. गेले वर्सभर हांव हें सदर बरयतां. दिलीपाक थँक्यू म्हणूंक जाय. 'वर्सभर तूं बरय, एक सदर कर.' अशें ताणें सांगलें. हांव बरोवंक लागलें आनी खूब जाणांनी, अनवळखी वाचकांनींय 'हार्ट टू हार्ट' बरें जाता अशें सांगलें... तातूंत मान्यवर लेखकय आशिल्ले. पूण म्हजे बरोबर शिकपी चलयेन म्हाका सांगलें तेन्ना चड बरें दिसलें.

उलयतां उलयतां ताणें म्हळें, 'तुमचें कलावंताचें जगणें वेगळें आसता न्हय गो... तुमकां सतत प्रतिमेक जपचें पडटा.' .... प्रतिमा... इमेज... ताचें सामकें खरें. लेखकाक प्रतिमेची गरज आसता. प्रतिमेक जपचें पडटा. वाचकांनी वा हेर लोकांनी त्या लेखकाविशीं एक प्रतिमा मनांत जपिल्ली आसता. भोंवतणी ज्या मनशामदीं रावतात तांच्योय प्रतिमा आसतात. ह्या अश्या प्रतिमांतल्यान वा भोंवतणचें जीवन पळोवन, त्या प्रतिमांतल्यान लेखक कलाकृती घडयता. प्रतिमा आनी प्रतिभा हांचें तशें सामकें लागशिल्लें नातें आसता. भोंवतणी

मनशां आसतात... नातें संबंध.. समाज ह्या सगळ्याक लेखक वेगळे नदरेन नियाळटा, समजून घेता आनी बरयतना सत्य आनी कल्पनेचें अजब रसायन करून कलाकृती घडयता. म्हाका दिसता प्रतिमाच्या जगांतलो लेखक व्हड खिलाडी.

दर एकलो मनीस भोंवतणचे प्रतिमेंत रंगता, खेळटा. हांवें खूब मनशां पळयल्यांत जीं आपली सुंदरशी 'इमेज' जपतात. केन्ना केन्ना दुसरोय आमचेविशीं इमेज तयार करता... मागीर आपणें जशी प्रतिमा तयार केल्या तसो त्या मनशाक समजता, तसो ताचेविशीं समज करून घेता आनी तसो वागता. खूबदां मनशाविशीं पूर्वग्रह करून घेतिल्लो आसता. तेच नदरेन ताचेकडेन आमी पळयता... तागेली इमेज मनांत आसता. आपलें नदरे परसय वेगळो तो मनीस आसूंक शकता असो विचार आमी करनात 'आं तो म्हरे... हांव वळखतां ताका' एका अनुभवांतल्यान जें 'इम्प्रेशन' जालां त्या वयल्यान ताची प्रतिमा आमी करून घेतात. केन्ना केन्ना दुसऱ्यांनी सांगिल्ल्या सांगण्यावेल्यानय आमी मनशाची इमेज करतात. आमी मनशाक वळखून जाणून घेवपाचो यत्न करनात. फकत तागेले इमेजीक म्हळ्यार प्रतिमेक वळखतात... 'एकल्याक अशें दिसता... दुसऱ्याक तशें'... कित्याक? दर एकल्याची पळोवपाची नदर आसता. ॲन्गल आसता – त्याच ॲन्गलांतल्यान पळोवन एक प्रतिमा तयार केल्ली आसता. ही इमेज जशी हेरांची तशीच लेखकांचीय. 'तुमकां लेखकांक प्रतिमेक जपचें पडटा' अशें ताणें म्हळें आनी प्रतिमेचेर हांवें चिंतन केलें. म्हाका दिसलें... म्हजीय प्रतिमा आसा. दर एकल्यांच्या मनांत वेगवेगळी. म्हज्या कुळारच्या लोकांमदीं म्हजी भुरगेपणांतली वळख जशी आसा तीच प्रतिमा आसा. तीच ताणीं जपल्या. म्हज्यांतलो बदल तांकां कळना वा कळूनय वळना... कित्याक ताणीं केल्ले प्रतिमेंतल्यान तीं म्हाका पळयतात.

जेन्ना हांव म्हाका निरखून पळयतां तेन्ना म्हाका खूबदां दिसता भुरगेपणांतलें हांव आतां उरूंक ना. म्हज्या घरच्यांचें मन दुखावंक नाका

म्हण तांचे आज्ञेन वागपी, मन मारून जगपी, सामकें सादें, भिवकुरें तांचें चली... आज हांव म्हज्या मना सारकें वागतां, म्हज्या विचारांत चलतां पूण तांच्या मनांत म्हजी पयलींचीच प्रतिमा आसा. 'सांगता तें आयकलें, जाय तशें वागलें जाल्यार बरें...' तांच्या मनांत म्हजी तांकां जाय तशी एक प्रतिमा आसा. ते प्रतिमेनुसार हांवें वागूंक जाय. अशेंच खूबदां जाता. दुसऱ्यांनी केल्ले प्रतिमेची इतली संवय जाता की तातूंतल्यान मना सारकें जगपच सोंपता – 'हांव कोण?'... ह्या प्रस्नाचें उत्तर 'हांव एक प्रतिमा.' चली म्हणून एक प्रतिमा, सून म्हणून एक प्रतिमा, बायल म्हण एक प्रतिमा... भयण म्हण, लेखक म्हण प्रतिमा, प्रतिमाच प्रतिमा. जीवन जगतना ह्या प्रतिमेच्या खेळांतलें हांवय खेळणें जाल्लें... ह्या सगळ्या अवस्थांतल्यान हांवेंय प्रवास केलो. ह्यो प्रतिमा म्हळ्यारच हांव न्हय अशें दिसतालें तेन्ना ह्या प्रतिमांची तुलना हांव खूबदां 'नाझी कॉन्सनट्रेशन कॅम्पाकडेन' करतालें. प्रतिमांची कादय. प्रतिमांची कादय फोडप सोंपें काम न्हय. भ आनी अंतरमनांत हें झूज आसता. दुसऱ्य मनांत जपिल्ले प्रतिमे सारकें जगना जाल वेगळी शिक्षा मेळटा. 'प्रत्यक्षापरस प्रति सुंदर'... प्रतिमेंतलें जगप सुंदर. खरें ज कोणाक भावना-मानना. पूण प्रतिमेचो सांगा भायर मारून जगपांतलो निखळ आनंद सोद भायर सरता तेन्ना ती वाट सोपी नासता. ख कश्टान ती वाट चलची पडटा.

खरें जगप सुंदर. ह्या खऱ्या जगण्यांत निखळ आनंद हांवें हालीं खूबदां घेतला. हा हांव कोणाकच प्रतिमेची 'टेप' लावन जोखन मनशाक वळखुवपाचो यत्न करतां. भितरल्ल आनी भायल्या. मनीस बदलता. बदलत आसत मनान पारदर्शी रावन जेन्ना हांव भोंवतणच्या पळयतां तेन्ना मागीर एक वेगळोच मनीस मेळट दुसऱ्यांनी खूबदां पूर्वग्रहदुशीत नदर करून दिल्ल आसता. पूण ते नदरेन पळयलें ना जाल्या खूबदां दुर्मीळ गूण दिश्टी पडटात त्याच मनशांत

प्रतिमाक वळखुपाचें हांवें हालीं सोडून दिल आनी मनशाक वळखुपाचो यत्न करतां 'कोणय म्हाका जाय तसो वागचो वा म्हाक जाय तशी वागची' असो हट्ट हांव धरना नात्यांमदींय धरना आनी तांकां आसा तशी स्वीकारतां. 'जाय तशें वागल्यार आपलें... जाय तशें वागलें ना जाल्यार परकें...' अशें भोंवतणचीं मनशां भायलीं आनी भितरलीं वागली की त्रास जातात. पूण म्हज्या मना सारकें ताणीं वागचें अशी अपेक्षा मात हांव करना. म्हजे पुरतें हांवें अपेक्षा दवरनासतना जगप थारायलां. खरें मनाचें निखळ सूख मेळूंक जाय जाल्यार प्रतिमांतल्यान जगणें सोडचें पडटा अशें म्हाका दिसता.

दुसऱ्यांक बरें दिसूंक जाय म्हण, स्वताच्या मनाक दुखी करत आनी आपूण सामकें बरें अशी इमेज सांबाळत जगप हालीं हांवें सोडलां. म्हाका दिसता दर मनशाचें मन वेगळें, वागपाची रीत वेगळी, सभाव वेगळो. अशा दर मनशाक खूश करूंक, सांबाळूंक गेल्यार आपलेंच मन दुखी जाता. मागीर दुखी मनान दुसऱ्यांकय सूख

दिवप जायना, खोस दिवप जायना. त्या खातीर इमेज सांबाळपाची धडपड करनासतना प्रतिमामुक्त जगप म्हाका बरें दिसता.

पूण स्वता पुरतें इमेजींच्या खेळांतल्यान मुक्त जालें म्हण लेखकाक प्रतिमांतल्यान मुक्त जावंक मेळना. कित्याक भोंवतणी प्रतिमांचो खेळ चलत आसा, हो खेळच लेखकांचें 'रॉ मटेरियल'. भोंवतणी घडटा तातूंत मन अस्वस्थ जाता... त्या अस्वस्थतेंतल्यान नवें बरोवप घडटा.

म्हज्या घरच्या आनी भायल्या मनशाक पळयतना, समाजाक पळयतना, समजून घेतना म्हाका खूबदां तांगेलें अनवळखी रूप दिश्टी पडटा. अशें रूप पळयतां तेन्ना प्रतिमा खंयची आनी सत्य खंयचें असो प्रस्न पडटा!

मागीर अश्यो प्रतिमां नवे कथेक जल्म दितात, नव्यो कादंबरी बरोवंक प्रेरणा दितात वा नवो लेख बरोवंक प्रेरीत करतात. प्रतिमांतल्यान प्रतिभेक स्फुरण येता. प्रतिमा आनी प्रतिभेचें अशें नातें. सामकें लार्गीचें... अनोखेंशें.

खूबदां वळखिचीं मनशां, इश्ट-इश्टीणी आपलें मनांतलें 'शॅअर' करतात. असो अणभव हांवें खूबदां घेतला. खूबदां सहज सांगिल्ली गजाल म्हज्या मनाक इतली लागल्या की त्या अस्वस्थतायेंतल्यान कथेचो जल्म जाला. म्हजी एक इश्टीण आसा. ती आपल्या मनांतल्यो, जीवनांतल्यो खूब गजाली 'शॅअर' करता. 'तुका सांगून मन ल्हव जालें आं' अशें म्हणटा. मागीर म्हजें मन जड अस्वस्थ जाता. हांवें खूबदां ताका म्हळें, 'तूं तुजें टॅन्शन म्हजेकडेन रिलीज' करता. मागीर तुवें सांगिल्ली गजाल म्हाका अस्वस्थ करता.

'पूण तुज्यान मागीर त्याच टेन्शनाची कथा करूंक येता न्ही गो' ताणें म्हळें. म्हाका हांसचें काय रडचें कळ्ळें ना.

अशें एक दीस तें आयलें... 'चल अशीं पासयेक या' दोगांय चलूंक म्हण भायर सरलीं... चलतां चलतां ताणें म्हळें,

''तुंवें प्रिया तेंडुलकाराची 'ज्याचा त्याचा प्रस्न' कथा वाचल्या गो?''

''ना... कित्याक गो? बरी आसा?''

''बरी आसा म्हणचे परस खरी आसा. म्हणजे पयलींय जेन्ना वाचिल्ली तेन्ना म्हाका ती 'अतिरंजीत' दिशिल्ली... पूण हालीं म्हाका ती सामकी खरी दिसता.''

''पुस्तक मेळ्ळें जाल्यार वाचतां.''

''वाचूं नाका. हांव तुका ती कथा सांगतां आनी मागीर म्हजी कथा सांगतां.'' ताणें, 'ज्याचा त्याचा प्रस्न' कथेचो सारांश सांगलो. ते कथेची नायिका आपल्या जीवनसांगात्याक सोडून, घर सोडून बापायगेर येता. त्या उपरांत वराभरा भितर तिगेलो बापूय तिचो संवसार परत मांडपाचो आनी नवो जीवनसांगाती सोदपाच्यो गजाली करता. त्या वेळार आपल्या जीवनाविशीं कितलेशेच प्रस्न तिका पडटात. तांतलें कांय अशें...

'होच म्हजो बापूय जो हांव फ्रॉकांत आसतना म्हाका आपलें सर्वस्व' म्हणपी, 'म्हज्या लग्नांत हांव वतां म्हण रडपी?' 'एक वरा पयलीं हांव संवसार मोडून घरा आयलां. आनी दुसरो संवसार मांडून दिवपाची गोश्ट करता'... हे आनी आनीकय प्रस्न... चाळींतल्या जीवनाचे फाटभूंयेवेली ही काणी. हे काणयेचो सारांश सांगून म्हजे इश्टीणीन म्हळें, 'तेन्ना ती काणी म्हाका सामकी अतिरंजीत' दिशिल्ली. लेखिकेचे कल्पनेंतल्यान बरयिल्ली एक फॅन्टसीशी. मातय पटूं नाशिल्ली काणी. तुमी लेखक बरयतात तें सगळें मसालो घालून बरयतात अशें मत आशिल्लें. पूण म्हज्या जीवनांत अशें वळण आयलें आनी म्हाका दिसलें, 'ज्याचा त्याचा प्रश्न' काणी कांयच न्हय. ताच्याय परस नात्याचें निश्ठूर रूप हांवें पळयलें... सामकें अनवळखी रूप... आतां म्हजी गजाल सांगतां...

अशें म्हणून म्हजी इश्टीण सांगूंक लागली.

''म्हज्या भावाचें लग्न आशिल्लें... आनी भयणीचें लग्न थारिल्लें... कोणाकडेन जाणां... म्हजे भावजेच्याच भावाकडेन. ताका भयण आवडली आनी मम्मी-पप्पाकय तो पसंत पडलो. म्हज्या कुळारा सामकें आनंदाचें वातावरण... म्हजें लग्न तुटिल्लें... त्याच वेळार म्हजी मम्मा-पप्पा भावाच्या लग्नाची तयारी करतालीं... सून हाडपाच्या आनंदान चलयेकडेन उलोवपाकय वेळ ना.. तातूंत म्हज्या मम्मान म्हाका सांगलें, 'आनंदाच्या वातावरणांत तुजें रडगाणें नाका आनी एक उपकार बाये कर, कोणेंय विचारलें जाल्यार जांवयाक आवट ऑफ स्टेशन कामाखातीर वचचें पडलें अशें हांव सांगतलीं... तूंय तशेंच सांग' आवयचें अनवळखी रूप हांवें पळयलें... त्या वेळार ती सुनेची मांय आशिल्ली म्हजी आवय न्हय. सुनेक वस्ती करपाची उमेद भागोवपी... फुडें येता त्या जांवयाचें (म्हजे भयणीच्या फियान्सीक) कवतूक आनी स्तुती करपाक रंगल्ली हें आवयचें रूप. बापायन कितें सांगलें जाणां, ''बाबूचे नवे बायलेफुडें बरें उदाहरण दवरलां तुवें... सून येता आमची आनी तूं तिका ही देख दितली... घर सोडपाची देख. तुजे लाड, कवतूक केलें तें चुकलें म्हजें'' भयणीन म्हळें, ''ताई तूं मातय कोणाक कळूंक दिवं नाका आं... तुजें भावोजीकडेन पटना म्हणून... म्हजें लग्न जावपाचें आसा. वयनीकय येन्ना तुजी गजाल सांगू नाका.'' आवय, बापूय, भाव, भयण हांचें अनवळखी रूप पळयलें. इतले दीस हांव वळखतालें ताचें परस वेगळें रूप. मम्माचें, पप्पाचें, बाबूचें आनी बायचें. मम्मी म्हजी आवयशी दिसली ना... ती तागेली मांय जाल्ली, बाबूक, बायक (भयणीक) हांव आडखळशी... एकाच वेळार मम्मा, पप्पा, भाव, भयण सगळ्यांचें वेगळेंच रूप हांवें पळयलें...''

ताणें सांगिल्ले गजालींत नात्यांची, नातेसंबंदांची, आपल्याच मनशांचें अनवळखी रूप पळयिल्लें...

अश्योच भोंवतणच्यो प्रतिमा... खरें म्हळ्यार प्रतिमा ह्या विशयाचो आवाठ खूब व्हड... इतलें मात खरें भोंवतणचीं मनशां मात खूबदां आपले प्रतिमेपरस वेगळें विसंगत तरी वागतात वा खरें तरी.

■

पर्वरी - गोंय मो. : ८३७८९८८५५०

आपटो

गोंय म्हजें

गोंय म्हळ्यार समुद्रकिनारे, गोंय म्हळ्यार कॅसिनो, सोरो, कैफ, अनिर्बंधताय, एक अद्भुतरम्य नगरी. अर्थात आसाच ती रम्य.. आसाच अद्भुत.. हांगचे संस्कृतायेचीं खोल खोल रुतलेलीं पाळांमळां विविधतायेच्या परंपरांचो विशाळ रुख. कितल्या तरी कलाकुशळतायांचो मनभलायणो बगीचो हेंय आसा न्हय पळोवपा सारकें ? जायत्या आघातां उपरांत आजून शिल्लक आशिल्ली वनसंपदा, हांगचें गांवगिरें जिवीत, हांगच्यो लोककला आनी हांगच्या मनश्याच्या मनाची तृप्त गिरेस्तकाय हेंय पळोवपाच्यो, समजून घेवपाच्यो, अणभवपाच्यो गजाली आसात न्हय.. ?

- राधा भावे

आमच्यांत आमी फुडाराचे पुरातत्वशास्त्रज्ञ पळयतालीं तेन्नाची गजाल. सगळ्यो वर्गमैत्रिणी मेळून आमी जुन्नराक गेल्लीं... लागसारच्यो आर्किओलॉजीकल सायटी पळोवपा पासत..त्या गांवगिऱ्या राबित्यांत रातचें जेवण उलगतकच आमचे मदली एक चली सहज म्हूण भायर आंगणांत गेली. थंयच्यान ती आमकां सगळ्यांच्या नांवान उलो मारूंक लागली. आमी धांवत भायर गेलीं. तशें तिणें म्हळें, 'वयर पळयात...' लिकलिकपी नखेत्रांनी भरिल्लें निळेंच मळब अतिशय देखणें, विलोभनीय दिसतालें. सगळ्यो चलयो अजापीत जाल्ल्यो. उमेदीन भरिल्ल्यो. एकलेन म्हळें, 'आवयस्स! इतलीं नखेत्रां..' हांवें म्हळें, 'म्हळ्यार गो... सदांच आसतात..' तेन्ना शारांत वाडिल्ल्या आनी रस्त्यावेल्या वीजदिव्यांच्या लखलखाटा भायर नदर पावूंक नाशिल्ल्या त्या चलयांनी नखेत्रांनी भरिल्लें मळब हे आदीं पळोवंक नाशिल्ल्याचें सांगलें. तें आयकून हांव अजापलें. म्हजे पासत तर मळब, चंद्रीम, नखेत्रां घरांतल्या मनशां इतलेंच वळखीचें, लागशीचें, जायजायशें आशिल्लें. सदांच रातचें न्हिदपाक वचचे आदी धा-पंदरा मिणटां तरी आंगणांत तुळशीपेडाकडेन बसपाचो म्हजो परिपाठ आशिल्लो. केन्ना निखटी लिकलिकपी नखेत्रां, केन्ना शिवरपी चान्नें, केन्ना सरकपी धवीं कुपां पळयतना दारांतल्या पारदिकाच्या फुलांचो सुगंधय केन्ना केन्ना वांगडा आसतालो. झुळझुळपी वारो आनी पाटाच्या उदकाचो सुरेल स्वर तर सदांच खूब तरल, भावविभोर भासतालो. ते सगळ्याची म्हा याद जाली. मळबाचें तें नयनरम्य रुप पळो विस्मित जाल्ल्या त्या सख्यांची देखूनच म्हा खूब मजाच दिसली. ह्या सगळ्यांक एक खे तरी गोंयच्या आमच्या घरा व्हरचें, असो निश्चे हांवें केलो.

दुसरे दिसा त्या वाठारांतल्या निर्मनुश वाटांवेल्यान चलतना, हांव वळखूंक शकता त्या रुखांचीं नांवां हांवें तांकां सांगलीं. ए सुकलेले ताळयेर, ध्यानस्थ आशिल्लेवर बशिल्ल्या शेवण्याच्या रुपड्यांच्यो नोंदी आन फोटे घेवपी चलयांक तें नातूक म्हणपाचें पैजे सांगलें. एकलेच्या पांयांत रोंबलेलो कांट ल्हवपीक काडून उडयलो. त्या ल्हानश्या दौऱ्यां वळखीच्या, संवकळीच्या वातावरणां वावुरल्यावरी म्हज्यांत आयिल्ली सभाविकता आनी मेकळेपण म्हज्या आनी इश्टीणींच्या लक्षात आयिल्लें. अर्थात हांव जंय खेळलें बागडलें, वाडलें थंयचे सारकोच हो वाठा आशिल्ल्याचो खुलासो हांवें केलो. तेन्न सगळ्यांक साहजिकच म्हजो गांव, म्हजें घर हे विशीं कुतुहल दिसूंक लागलें.

हॉस्टेलांतले सुर्वेचे नवखेपणाचे, बिचकल्यापणाचे दीस उलगल्या उप्रांत हांवें हे चलयांमदीं मिसळपाक, मात्शें मात्शें उलोवपाक सुरवात केली, तेन्ना म्हाका तीं गोंयाविशीं खूब प्रस्न विचारतालीं. हांवूय उत्साहान जापो दितालें. तातूंत म्हजो गांव, म्हजें घर, थंयचो रितीरिवाज, खाशेलेपणां बी ह्या सगळ्यांविशीं उलोवपाक म्हाका आवडटालें. तींय तल्लीनतायेन आयकतालीं. मुळांतच गोंयांविशीं कुतुहल.. तातूंत हांव सतत करीत आशिल्लें वर्णन आनी गुणगान आयकून त्या चलयांक गोंय पळोंवचें अशें दिसलेंना, जाल्यारूच अजाप.. निमणें एम.ए.चे फायनल परिक्षे आदीं आमी गोंयच्या दौऱ्याचो बेत आखलो.

शिमग्याचे दीस आसले. रिवणाच्या आमच्या घरा पावलीं, तेन्ना ज्युस्त शिगम्याचो मेळ आयिल्लो आशिल्लो.. आनी तांचो खेळ चलतालो. तें पळोवन म्हज्यो इश्टीणी सामक्यो थक्क जाल्यो. 'वॉट अ ट्रीट!' म्हणत ताणीं आपआपले कॅमेरे काडले आनी हौसेन फोटे काडूंक लागलीं. तशी आमच्या मेळांतली

मंडळीय खूश.. म्हज्या इश्टीणींच्या गोंय भेटीचो, आरंभच इतलो सुरेख जालो, तीं प्रवासांतलो शीण विसरुनच गेलीं. उपरांतचे चार-पाच दीस हांगची सैम-सुंदराय, भरपूर उदक, धकाधकीपासून पयस शांत,प्रसन्न वातावरण हातूंत रमल्यो. गोंयचें एक सुंदर चित्र तांच्या मनांत कोराथलें. वचचे आदीं चंद्रीम आनी नखेत्रांनी भरिल्ल्या मळबापोंदा, तीय दर्यावेळेवयली एक सुंदर रात आमी बारा-एक वाजऽ मेरेन आमी एन्जॉय केली. मळब, दर्यो, ल्हारां, रेंव, जिवाभावाच्यो इश्टीणी.. सगळें इतले लागीं.. एकठांय.. कितली अनमोल ठेव जावन रावले ते खीण.. गोंयच्यान वतना. हॉस्टेलाचेर तुका इतलें होमसिक कित्याक दिसता तें होलमलें.. आनी इतल्या सगळ्या सोबीत गजालीं पासून पयस राविल्ल्यान तें तशें दिसप सभाविकच आसा..अशेंय ताणीं म्हळें. म्हाका हांव खूब गिरेस्त, समृद्ध आशिल्ल्यावरी दिसलें. गोंयां भायल्या तीन चलयांक तरी हांवें म्हजें गोंय दाखयलें, हाची म्हाका खोस तेन्नाय जाली आनी आतांय जाता. शिक्षण आनी कामा निमतान हांव जेन्ना जेन्ना गोंयां भायर गेलें, तेन्ना तेन्ना लोकांचे मनांत गोंयची प्रतिमा कितें तरी वेगळी आशिल्ल्याचें जाणवलें. गोंयचे लोक 'खाओ पिओ मजा करो'त मग्न आसतात.. चलयो-बायलो खूब फ्री वागतात.. सगळ्यो अस्तंत पद्धतीचो भेस करतात.. असले जायते गैरसमज आसात. दिल्लीच्या नॅशनल म्युझियमांतल्या एका ऑफिसरान म्हाका म्हणिल्लें, 'आप गोवाकी नही लगती..' हांवें म्हळें, 'क्यूं..?' तर ताणें मात्शें चांचरत म्हळें, 'गोंयच्यो चलयो मॉडर्न आसतात.' हांवें विचारलें, 'केन्ना गोंयांत आयिल्लो..? खंय राविल्लो..? कितें कितें पळयलें?' तर म्हणटा कसो, 'ना, हांवें टिवीर पळयलां..' आतां टिवीर नक्की कितें कितें दाखयतात, ताची त्या काळांत म्हाका कल्पनाच नाशिल्ल्यान हांव वोगीच रावलें. पूण मुखार चार-आठ दिसां उपरांत हांव एक खेप साडी न्हेसून थंय गेलें तेन्ना थंयच्या कांय बायलांनी अजाप उक्तायलें आनी भोंवतणी घोळको करून 'गोवा मे साडी पहनते है?' अशेंय विचारूंक फाटीं रावल्योनात. ह्या लोकांच्या मनांतल्या गोंयच्या चित्रांचें स्वरूप मतींत येवन म्हजें मन विरूस जालें.

अर्थांत ही खूब वर्सां आदींची गजाल. आतांय लोकांचीं गोंयांविशींचीं मतां चडशीं बदलूंक नात. उरफाटें गोंयूच झपाट्यान बदलता. तांच्या मताप्रमाण, मनाप्रमाण जायत वता काय कितें? असो प्रस्न पडचो अशी हांगच्या कांय वाठारांची अवस्था.

गोंयच्या लोकांच्या सुशेगादपणावेल्यानूय सदांच टिंगल जाता. खरें म्हळ्यार सुशेगादपण हें निवांतपणाकडेन चड निगडीत आसा. पूण तो सदांच आळशीपणाच्या अर्थान वापरतात. आनी गोंयकार हे सुस्त, निश्क्रीय, फकत मौजा मारपी असो गैरसमज जायते विद्वान गरजेभायर करून घेतना दिसतात. मुळांत निवांतपणां हो संपन्नताय आनी सुबत्तेच्या फाटबळाचें फलीत जावन आसा. घाई-गडबड, धांवपळ, सर्त ह्या सगळ्यां पासून पयस रावन आत्मसंतुश्टपणान जियेवपी आमच्या पुर्वजांचे हे वृत्तीचें म्हाका तरी कवतूक दिसता. ताचें कारण म्हळ्यार तांची हीच वृत्ती तांचे सर्जनशक्तीक फायद्याची थारल्या. निवांतपणान जिविताचो मनसोक्त आस्वाद घेतनाच, विंगविंगड कला-कुशळतायेंत रममाण जावपांत गोंयकार धन्यताय मानता, देखूनच कलेच्या सगळ्या मळार तो आघाडीर आसा. जायते उत्तम गायक, श्रेश्ठ वादक, कवी, लेखक, नाट्यकलाकार, चित्रकारांनी फकत हे मातयेंतूच न्हय तर राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय स्तरार कलेचें दालन समृद्ध केलें आसा. हांगच्या सैमाच्या लावण्यमय संगतींत वाढपी, फुलपी हांगच्या लोकांचें जिवीत, तांची सुसेगादवृत्ती ही समृद्ध, मनःपुर्वक जीवनपद्धतीचें द्योतक आसा. मनशां अशीं निवांत, आनंदांत जिविताचो चवीचवीन आस्वाद घेत जियेतात हें कित्याक खुपचें पळोवप्यांक..? उलट अश्या ह्या सुखद, निवांतपणांतल्यान भायर सरून आतांशे जायते जाण कृत्रिम कार्यमग्नतेंत गर्क आसात. जगप एक सर्त जावन आसा. तातूंत आपूण तिगूंक जाय, जिकूंक जाय अशें मानपी एक जमात हांगांय निर्माण जाल्ली आसा. स्वताच्या मुळ व्यक्तीमत्वाक, अस्तित्वाक उभारी आनी झळाळी दिवपा बदला हेर कोणां सारकेंतरी जावपाची हौस ह्या लोकांमदीं बळावता. ताका लागून वागप, उलोवप, भेस बी सगळे बाबतींत हेर कोणांचें तरी अनुकरण करपांतूच ते धन्यताय मानतात. कायम उजवाडांत रावंक आंवडेतात. आनी असल्या सतत प्रकाशझोतात आसपी लोकांकूच गोंयां भायलें जग पळयता आशिल्ल्यान गोंयची प्रतिमा वेगळी जाल्या आसूं ये!

गोंय म्हळ्यार समुद्रकिनारे, गोंय म्हळ्यार कॅसिनो, सोरो, कैफ, अनिर्बंधताय, एक अद्भुतरम्य नगरी. अर्थांत आसाच ती रम्य.. आसाच अद्भुत.. हांगचे संस्कृतायेचीं खोल खोल रुतलेलीं पाळांमुळां विविधतायेच्या परंपरांचो विशाळ रुख. कितल्या तरी कलाकुशळतायांचो मनभुलायणो बगीचो हेंय आसा न्हय पळोवपा सारकें? जायत्या आघातां उपरांत आजून शिल्लक आशिल्ली वनसंपदा, हांगचें गांवगिरें जिवीत, हांगच्यो लोककला आनी हांगच्या मनश्याच्या मनाची तृप्त गिरेस्तकाय हेंय पळोवपाच्यो, समजून घेवपाच्यो, अणभवपाच्यो गजाली आसात न्हय..?

आमच्या राज्य वस्तुसंग्रहालयांत येवपी देशी-विदेशी पर्यटक हांगच्या लोक जीवनाचो संस्कृतायेच्यो, इतिहासाच्यो विंगड कुरवो पळोवन अजापतात. 'हें सगळें गोंयचें?' अशें अजापीत जावन विचारतात. मागीर जाणवता. फाटलीं कितलींच वर्सां गोंयच्या अस्तित्वाचेर चडिल्लीं पुटां, लायिल्लो लेप पुसूंक जाय. जाल्यारच ताचे पोंदा लिपिल्लें ताचें खरें रूप ल्हव ल्हव नदरेक पडटलें. गोंयचेर चडिल्लें भपक्याचें मॉडर्नपणाचें, आकर्शक पटल ल्हवपीक पयस केल्यार भितरलें निवांत गोंय दिश्टी पडटलें... हांगची माती, हांगचीं शेतां,कुळागरां, झरे, दोंगर, रानां ह्या सगळ्यांतल्यान व्हांवपी उबदार आपलेंपण, मनशांमदलें सादेंपण, सरळपण, निश्कपटपण सगळें अजून लिकलिकता म्हणपाचें भावतलें. जुन्नराक पळयल्ल्या लिखलिखपी नखेत्रांचें मळब गोंयांतूय आसा. फक्त आमी मान वयर करून मळबाकडेन पळोवंक जाय... आनी गोंय पळोवपाचें आसल्यार सरभोंवतणी नदर भोंवडावंक जाय आनी पळोवंक जाय ताच्या अंतरंगांत...

सरकारी वसाहत, सांत. इनेज.
मो. ९९२३८११००६

उ स्त वा री

नातीं आनी वणटी

भोग आनी कर्तव्य शिकोवन येना. आमी तीं अणभवान शिकतात. आयुश्यांत ल्हान-सान खिणांमदीं एकामेकांलागीं संबंद येतात, तातूंतल्यान नातीं जोडतात. पयसावल्लीं नातीं जेन्ना लागीं येतात तेन्ना दोळे भरून येतात. भोगाचे वेलीक दुकांच्या उद्दकान भिजोवचें पडटा. तरच नातीं बांदून उरतात.

- अरुण काकोडकार

एक काणी गीताची. बिहार राज्यांतल्या एका गांवांत रावपी आठ वर्सांची चली. मोनी आनी भेरी. 'बैसाखी' परबेक ती सोयऱ्यां वांगडा जालंदराक वता... थंयसून परत येतना तिची आनी सोयऱ्यांची चुकामूक जाता. ती चुकून अमृतसर सावन लाहोराक वचपी गाडयेंत बसता आनी पाकिस्तानाक पावता. थंय पुलीस तिका कराचींतल्या सरकारी अनाथाश्रमांत हाडून सोडटात. थंय सारकी वागणूक मेळना म्हण ती दुसऱ्या अनाथाश्रमांत वता. ऐधी फावंडेशन ही पाकिस्तानांतली नामनेची स्वयंसेवी संस्था, तिच्या पालनपोशणाची जापसालदारकी घेता. इतलेंच न्हय तर पाकिस्तानी दूतावासाच्या आदारान भारतांत तिच्या आवय बापायचो आनी भावंडांचो ठावठिकाण सोदून काडटा. इतले मजगतीं बारा वर्सां सरतात. ऐधी संस्थेचे जाळवणदार वीस वर्सांच्या दुबळ्या गीताक घेवन भारतांत येतात. तिका तिच्या घरच्यां मेरेन पावोवपाची वेवस्था करतात.

...अशीच आनीक एक काणी. पाकिस्तानांतल्यान चुकून भारतांत पाविल्ले शाहिदा नांवाचे पांच वर्सांचे मोने चलयेची. पाकिस्तानांतल्या आझाद काश्मीर प्रदेशांतलें सुलतानपूर नांवाचें खेडें. चोंयवटेन दोंगर, पांचवीचार रुखावळ. चिनारचे ल्हान-व्हड रूख. दोंगराचे देंवतेर शाहिदा तिच्या आवय-बापा वांगडा रावता. एका अपघातांत तिची वाच वता. ती उलोवंक लागची म्हणून शाहिदाच आवय दिल्लींतल्या हजरत निजामुद्दीन अवलिय दर्गाहाक आंगवण करता. शाहिदाक घेवन त दिल्ली रेल्वेन वता. वाटेर खंयतरी सिग्नल नाशिल्ल्यान गाडी थारता. शाहिदाच्या आवयचें दोळो लागिल्लो आसता. शाहिदा अचकीत गाडयेंतल्यान देंवता. कांय वेळान गाडी फुडे वता. शाहिदा फाटल्यान उरता. ती दुसरे गाडयेंतल्यान हरयानांत कुरूक्षेत्र शारांत पावता थंय तिची भेट बजरंगी भाईजानालागीं जाता. तो तिका पाकिस्तानांत तिच्या घरच्यां मेरेन पावोवपाक जिवाचें रान करता. कशेय भशेन तिका तिचे आवयसरीं पावयता.

दोनूय काणयो एक सारक्यो. एक खरी, दुसरी काल्पनीक. काल्पनीक काणी बजरंगी भाईजानची. सलमानखानान बॉलिवूडच्या रुपेरी पड्ड्यार ती साकारल्या. गीताची सत्यकथा प्रसिध्दी माध्यमांतल्यान मुखार येवप आनी सलमानखानाचो सिनेमा 'रिलीज' जावप, हें एकाच वेळार घडप हो एक योगायोग!

'आपण ह्यानां पाहिलंत का?' कांय वर्सां आदीं मराठी दुरदर्शनाचेर शेणिल्ल्या मनशांची म्हायती दिताले. शेणिल्ल्या मनशांची वळेरी पळयतगीर प्रस्न पडटालो, इतलीं मनशां शेणटात कशीं? ताचीं जायतीं कारणां आसूं येतात. भोंवडेर

जावं जात्रांनीं-फेस्तानी ल्हान-व्हड मनशां शेणटात. सैमीक आपत्तींक लागून मनशांची ताटातूट जाता. अल्झेमर सारके मानसीक पिडेन जाणट्या लोकांची स्मरणशक्त नानपयत जाता आनी तीं खंयचेखंय वतात. कांय जाण संवसाराक विटून आपले आपूण नाच्च जातात.

संवसारीक भलायकी संघटणेन दिल्ले आंकडेवारी प्रमाण भारतांत दर पंचवीस मिनटांक एक मनीस शेणटा. म्हणल्यार दिसाक सरासरी पंचावन्न मनशां भारतांत शेणटात. हातूंतलीं कितलीं मनशां मेळटात जावं परत येतात हाची सारकी म्हायती ना.

डेव्हिड कपूर ह्या मानसशास्त्रज्ञान 'डेथ ऑफ द फॅमिली' ह्या ताच्या पुस्तकांत संवसाराक विटून वतल्या लोकांचो बरेतरेन नियाळ केला. मनशाची जीण सुख-दुखवानी भरिल्ली आसा. अडचणी आयल्यार एका फाटोफाट येत रावतात. तेन्ना उदासपण येता. एकसुरेंपण जाणवता. निर्शेणीन मन पोखरता. तेन्ना तो सगळें सोडून पयस वचपाचें चिंतता. अशा वेळार ताका सांबाळून घेवंक जाय. ताचेलागीं मेकळेपणान उलोवन ताच्या मनांतले गैरसमज पयस करूंक जाय. 'हांव कित्या खातीर जियेतां' हाचे परस 'हांव कोणाचो तरी आसां आनी तांकां म्हजी गरज आसा' अशें चिंतल्यार जिणेक एक अर्थ फावो जाता. मागीर जियेवपाची उमेद वाडटा.

...ल्हानपणांत भुरग्यांची आनी आवय बापायची जावं भावंडांची ताटातूट जावप मागीर कांय वर्सांनी ताणीं एकामेकांक मेळप, विमानाच्या जावं बोटीचे भोंवडेर गेल्लेकडेन अपघात जावप... अपघातांत ताच्या मर्णाची खबर येवप आनी कांय वर्सांनी अचकीत तो प्रकट जावप ह्या विशयाचे सिनेमा खूब आयल्यात, येतात आनी लोक ते आवडीन पळयतात. वक्त, यादों की बारात, अमर-अकबर-अँथनी हे सिनेमा खूब गाजले. कोंकणी सिनेमा 'निर्मोण' असोच एक सिनेमा.

हे सिनेमा काल्पनीक आसले तरीय ताचेफाटल्यान वास्तवताय आसा. खंयतरी, केन्नातरी घडिल्ल्यो घटना ज्या गांवांत जल्मलो, ल्हानाचो व्हड जालो तो ताचो गांव, ताचो देश अचकीत ताका सोडून पयस वचचें पडटा. तो पयस गेलो, कितलोय पयस पावलो तरी आपल्या भुंयेची ताका ओड आसता. त्यो यादी काळजांत बाळगून सदांच तो वावुरता.

हिंदुस्तानाची फाळणी जाल्ली तेन्नाचे प्रसंग, तेन्नाच्यो खबरो वाचतना मन फाटीं फाटीं वता. प्रत्यक्ष अणभवूंक नाशिल्ले खीण दोळ्यां मुखार येतात... आपलो हक्काचो गांव सोडून वतल्या लोकांचे... हांडीर भुरगीं-बाळां घेवन वतल्या बायलांचे, सामानाच्यो पोटल्यो फाटीर मारून वतल्या दादल्यांचे फोटे पुस्तकांत, सिनेमांत पळयल्ल्याची याद जाता. ज्येश्ठ पत्रकार आनी भारताचे लंडनांतले आदले हायकमीशनर कुलदीप नायर एकेकडेन बरयतात... पाकिस्तान राष्ट्राची निर्मणी जावपाची सुलूस आठ धा दीस आदीं लागिल्ली. पाकिस्तानांत मुसलमाना बगर हेर खंयच्याच धर्माच्या लोकांक थारो मेळचोना हें स्पश्ट जाल्लें. भारतांत कांय जाग्यांनी चड करून उदेंत पंजाबांत मुसलमानांक धांवडावपाची प्रक्रिया सुरू जाल्ली. ताका लागून हिंदु-मुसलमानां भितर फूट पडिल्ली. हिंसाचार लुटालूट कापाकापीक ओतो आयिल्लो. लोक बैलगाडयेंत, उकत्या ट्रकांतल्यान, बसींत, रेल्वेगाडयेंत, गाडयेच्या टपार बसून, हुमकळत... कोंबून चेंपून

ASSURE your CAREER with...



- DTE guidelines followed
- All India appropriate CET MCQs included
- Helps prepare well for the exam
- Sets for unlimited practice
- Dispels exam fear
- 10th consecutive year

राजहंस
RAJHAUNS SANKALPANA PVT LTD
1-Meenakshi Bldg, Dr. Wolfango da Silva Marg, Panaji 403 001
Ph. : 2220320 / 2232177 E-mail: rajhaunsgoa@gmail.com
www.rajhauns.com | www.facebook.com/rajhauns

जागो मेळटा थंय... वाट मेळटा तशे धांवत सुटिल्ले... लेखकाक आनी तांच्या घरच्यांक सियालकोट सावन भारताचे शिमेर पावपाक बत्तीस दीस लागले... हजार अडचणींक तोंड दीत निर्वासीत जावन लोक परकी गांवांत उश्णो स्वास सोदपाचो यत्न करताले... हाल उपाद्रे सोंशीत परकी देशांत जगपाचो संघर्श करताले. भारताच्या स्वतंत्रताये उपरांत रोकडेंच उप्राशिल्लें हें धर्म-झूज. हातूंत धा लाखांवयर लोकांक मरण आयलें आनी दोन कोटीं वयर लोकांचेर स्थलांतर करपाची पाळी आयली.

वर्सांचीं वर्सां एकठांय रावन आयिल्ल्या लोकांक घरदार, इश्ट-सोयऱ्यां पसून पयस वचपा बगर आनीक मार्गच नाशिल्लो. श्रीनगर ते मुझफ्फराबाद ह्या दोन शारां मदलें अंतर फकत १७० किलोमिटर. काश्मिरांतल्या दोनी वटेनच्या लोकांक एकामेकांक मेळप शक्य नाशिल्लें. एप्रिल २००५ वर्सा भारत सरकारान श्रीनगर-मुझफ्फराबाद बस सेवा सुरू केली आनी सत्तावन वर्सां उपरांत मुझफ्फराबाद साकून श्रीनगराक आयिल्ल्या भोंवडेकारांनी जेन्ना आपल्या म्हाताऱ्या आवयक-बापायक आनी पिरायेन वाडिल्ल्या भावां-भयणांक वेंग मारली तेन्ना टिव्ही चॅनलाच्या कॅमेरामन आनी वार्ताहरांचें काळीज भरून आयलें. लोक उमेदीन नाचताले. इतले वर्सां उपरांत मेळप हो तांच्या आयुश्यांतलो सोबीत खीण आशिल्लो.

दुसऱ्या म्हाझूजावेळार उदेंत आनी अस्तंत जर्मनी मदीं बर्लिन हांगां वणत बांदली. हे वणटीक लागून दोनूय वटेनच्या कार्यावाहींची ताटातूट जाली. थंयचे लोक थंय, हांगाचे हांगा. येवप-वचप सासणाचें बंद. १९९० वर्सा जर्मन सरकारान ही वणत मोडून उडयली. हे घडणुकेक अंदू पंचवीस वर्सां पुराय जालीं. ह्या निमतान 'डिस्कव्हरी चॅनेलाचेर' एक फिल्म दाखयल्ली. बर्लिन वणत मोडून उडयली तेन्नाचो प्रसंग. तुटिल्लें बर्लिन पर्थून जुळिल्लें. लोक उमेदीन नाचताले. उर्बेभरीत जावन आपल्या घरा-दारांत घुसताले. थंयची माती कपलाक लायताले. घरांतले वणटींचो उमो घेताले. आपल्या सोयऱ्यांक, शेजाऱ्यांक, इश्ट-इश्टीणींक, सांगात्यांक, शाळा-कॉलेजांतल्या वांगड्यांक एकसारके वेंगेंत घेताले... टीव्हीचेर हें पळयतना मजा येताली. मन भरून येतालें.

मोग आनी कर्तव्य शिकोवन येना. आमी तीं अणभवान शिकतात. आयुश्यांत ल्हान-सान खिणांमदीं एकामेकांलागीं संबंद येतात, तातूंतल्यान नातीं जोडटात. पयसावल्लीं नातीं जेन्ना लागीं येतात तेन्ना दोळे भरून येतात. मोगाचे वेलीक दुकांच्या उदकान भिजोवचें पडटा. तरच नातीं बांदून उरतात.

नातीं जर मोगाच्या रेशमी धाग्यान बांदिल्लीं उरिल्लीं जाल्यार आमचें जिणें कितलें सुखी जातलें आशिल्लें! पुणून तशें जायना. दुस्वास, गैरसमज, दुस्मानकायेच्यो वणटी अचकीत उब्यो जातात. तूं... हांव, तुजें-म्हजें सदांकाळ चालू उरता. बर्लिनाच्या वणटीवरीं त्यो मोडूंक येनात.

बुद्दीबळाच्या खेळांत राजा-वजिरा पसून प्यादीं सगळीं मनशांच. हत्ती, घोडे, उंट हीं जनावरां. राजाचो पावंडो सगळ्यांत श्रेश्ठ. पुणून ल्हान-व्हड प्यादीं आनी जनावरां लेगीत राजाक शह दिवन अडचणींत हाडटात. बुद्दीबळाचो खेळ जाणें घडयला ताणें इश्ट आनी दुस्मान, काळ्या आनी धव्या रंगांत घडयल्यात. खेळ चलतासर दोगूय एकामेकांच्या जिवार उठ्ठात. खेळ सोंपले उपरांत इश्ट आनी दुस्मान, काळ्यो धव्यो घु एका खोक्यांत पडून रावतात. मागीर डाव परत सुरू जायमेरेन लाक खेळणीं इतलेंच तांचें मोल!

काळ्यो घुलो, धव्यो घुलो घडये भाव-भाव. कौरव-पांडवां सारके. एकामेकांचे दुस्मान. तांचें एकामेकां आड चलता तें कुरूक्षेत्रांतलें झू देडशें वर्सां आदीं अमेरिकेंत घडिल्लें गोऱ्या आनीक काळ्यां मदल यादवी झुजावरी. वर्णभेद... धर्मभेद... दरेका धर्मांतली विशिश्ट बंधन त्या बंधनांत रावन जगप म्हणल्यार धर्मपालन करप. बंधनां मोडप म्हणल्य अधर्म!

ज्या घराब्यांत मनीस जल्माक येता तो ताचो धर्म. त्या धर्मांत त वाडटा. एकाच घराब्यांतलीं मनशां सगळीं एकाच सभावाचीं नासतात कांय बरीं.... कांय वायट. केन्नाय त्या घराब्यांत एकाद्रो बंडखोर जल्मा येता. सुखदुख्खाक वाचा फोडटा. न्हिदिल्ल्यांक जागे करता. ताच्य खुमखुमींतल्यान क्रांती घडटा. क्रांतीची कीट उसळटा. अचकीत पे घेता. वणवो सगळे इतल्याक पातळटा. तातूंतल्यान झूजां, म्हाझूजां घडटात

जगाच्या इतीहासांत अशे कितलेशे वणवे पेटल्यात. वाडत गेल्या आनी मागीर इल्ले-इल्ले पालवत गेल्यात. देशा खातीर, धर्मा खाती असंख्य लोकांनी बलीदान केलां. असंख्याचे बळी गेल्यात. फाटलें-फुडलें चिंतनासतना ताणीं क्रांतीच्या उज्यांत उडी घाल्या. जिण-मर्णाचो प्रस्न आयलो तेन्ना प्राण हातांत घेवन लडल्यात. कारणां वेगवेगळीं आसलीं तरी ताचो परिणाम एकच... मरण!

महाभारतांत एक प्रसंग आसा. कुरूक्षेत्र झूज सोंपले उपरांत सगळेकडेन अवकळा पातळटा. दुखेस्त गांधारीक पाचारपा खातीर श्रीकृष्ण तिका मेळूंक येता. तो तिका सांगता, 'माते तूं कित्याक रडटा? मरण हें सभावीक आसा. जो जल्मता तो केन्ना तरी मरता. तूं मन घट कर.'

गांधारी कृष्णाक सांगता, 'कृष्णा, ह्या सगळ्या घडणुकांक कारणीभूत कोण आसा? तूं म्हणटलो, सुयोधन. ताच्या हट्टपणाक लागून हें सगळें घडलें. हांव तुका विचारतां, तूं तारक ब्रह्म, त्रिकाल गिन्यानी. तूं सदांच पांडवांचे वटेन रावलो. अर्जून लडटना तूं ताका फुडें फुडें व्हरत रावलो. केन्ना सुदर्शन घुंवडायत... शंख फुंकीत... गीता सांगीत.... सारथी जावन ताचो रथ हांकीत. जी सदबुद्दी तुंवें पांडवांक दिली.... तशीच सदबुद्दी तुंवें म्हज्या पुतांक दिल्ली तर आयज हो प्रसंग येवचो नाशिल्लो.... तूं तांकां अधर्मी-पातकी हे नदरेन शिणत रावलो. हांव तुका स्त्राप दितां कृष्णा, म्हज्या शंबर पुतांचो विनाश पळोवपाची पाळी म्हजेर आयली तशी अख्ख्या यादव कुळाचो नाश पळोवपाची पाळी एक दीस तुजेरूय येतली.'

निमाणें कितें? जें घडपाचें आसा तें चुकना. एक वेळ असो येता... मतीभ्रम जाता. मन हट्टी जाता. हीं हट्टीपणां सगळ्यांकच बादतात. करतल्याकय बी आनी भोगतल्याकय बी! हे जाचे ताचे भोग आसतात. ते कोणाकच चुकनात. भगवान श्रीकृष्णाक लेगीत ते चुकलेनात. ■

करंझाळे - गोंय. मो.: ९८२२५८८८५२

ल
लि
त

ओंवळीची व्हंकलपावणी

मदीं पार्शां पावलेंच ना. पूण आनंदरावान रकाद दिलो. सोनक्यान झाड रोयलें म्हण. सोनको आनी ताचे गवंडे झाडाक उखलून व्हरताले तेन्ना म्हजें बाबडें, एकलें झाड भियेल्लें काय? हांवें ताका सांगात करपाक जाय आसलो! 'म्हाका बाबड्याक खंयीय व्हरून मारून बी उडयतात आसतले! होच विचार झाडाच्या मनांत शंभर टक्के येतलो. हांव जर ताचे बरोबर आशिल्लें जाल्यार ताका सुरक्षीत कशें दिसतलें आसलें!

- सुमेधा कामत

म्हजेकडेन एक ओंवळ आसा. तिका हांवें कोयंबतूरच्यान हाडल्या. जालीं आसतलीं तिका आतां पाचेक वर्सां. एका सिमेंटाच्या व्हाजांत म्हजे येदे उंचायेचें झाड वाडलां. दर वर्सा मिर्गार देवाकडेन आनी म्हजेकडेन मागता आसतली 'अंदू तरी बंदिवासांतल्यान सुटका कर' म्हण!

पूण देवानूच म्हाका बुद्द आनी शकत दिवपाची न्हय? सिमेंटाचे कुंडेचो तळ फोडून पाळां जमनीभितर वतलीं जाल्यार सकयल तेर्रास आसा. झाडान बाबड्यान करप तरी कितें?

आवय जशी वाडिल्ले धुवेबद्दल सतत चिंतीत आसता, तशें हांव हे म्हजे ओंवळबायविशीं दिसरात विचार करत आसतां. मदीं मदीं बेबी पार्शां येता आनी युनोच्या अधिकाऱ्यांनी बी राष्ट्रांक तापोवचें तशा सुरांत म्हाका तापयता. म्हणटा 'आजून ओंवळ हांगाच मुगो?'

ओंवळपासून तें आयकता आनी पानां हालोवन बेबीच्या उतराक 'हय तर...' म्हणटा. पूण हांव खूब दुखवी आसां. पार्शेकार देसायांची स्वताच्या मालकीचो लाखो चौखण मीटर जागो आसून म्हाका झाडां रोवपाक स्वतंत्र असो ब्लाऊजपीसा येदो पसून कुडको ना. म्हणजे आजून मालमत्तांच्यो कायदेशीर वाटण्यो जायनात. घोवूय लक्ष घालिना. हेरांकूय वांटण्यो करून घेवपाच्यो इत्सा नात. हेर लोक शारांनी रावतात. तांची 'झाड' हे संकल्पनेकडेन वळख ना. वळख करून घेवपाची इत्साय ना. वळखच ना म्हणटकीर प्रेम ना.

हेर लोक म्हणटात, हिका भुरगें ना बाळ. कित्याक हिका हो सगळो सोस. 'खा, पी, बरे कपडे घाल, भांगरां-शिंगरां घाल आनी सुसेग राव.' ह्याच वेळार म्हाका माधवी देसायाच्या 'नाच ग घुमा' ह्या आत्मचरित्राची याद येता. कोवाडची इनामदारीण जावन ती घरांत येता. ती स्वता स्वतंत्र विचारसरणीची. आत्मभान दवरपी. हेर बायलो माथ्यार पदर घेवन फकत घोवांच्या विचारांक 'व्हय जी, व्हय जी' म्हणत दीस काडटालीं...

हेर लोकांकूय बी हांगा तशेंच दिसता. हांवें फकत घरांतल्या जाणट्यांक (दादल्यांक) तेंको दिवपाचो. म्हजी स्वतंत्र वागणूक, म्हज्यो श्रध्दा, म्हजे विश्वास तांकां मान्य नात.

म्हाकाय तांचें मान्य ना. हांव म्हजे मार्गान चलतलें आनी तो चड उजू आसा, हाचो म्हाका विश्वास आसा.

***

हांव पार्शां आनी एक स्वतंत्र घर बांदतलें. ते भायर फार्म कसयतलें, फार्महावस बांदतलें. घराभोंवतणी ओंवळ रोयतलें म्हण इतलीं वर्सां वाट पळयली. आजून तें सपन कशेंच साकार जायना. पार्शां व्हडल्या घराभोंवतणी जागो आसा. मुखार दोन भाटांय आसात. घरा फाटल्यान दोंगुल्ली आसा. थंयय म्हज्यान ओंवळ रोवूं येता. पूण थंय आडो-दुरीग ना.

अंदू म्हजे घरा सकयल्या भाटांत एक कॉटेज बांदपाचें म्हजें काम सुरू जालां. थंयय म्हाका सरभोंवतणी व्हडलोसो स्वताचो म्हण वेगळो जागो मेळूंक ना. सप्टेंबर म्हयनो उजवाडलो. पावस सोंपलो. वाडिल्ले चलयेक पळयतना तिच्या असहाय्य, आवयबापायक जें दुख्ख भोगता, तेंच म्हाका आतां भोगूंक लागलां. म्हजी ओंवळी म्हाका कितें म्हणटा आसतली काय? तिच्या मुळांत हांव सदांच नुस्त्याचीं बोडकां पुरतां. वर्साक एकदां गोबारडें घालतां. तिचो हावेस खूब व्हड आसा. तिका आनी व्हड व्हड जावपाचें आसा. रानांतल्यान येवपी वाऱ्याच्या सांगातान धोलपाचें आसा. पानां सळसळावन सैमाच्या विविध रुपांचें स्तवन करपाचें आसा. फुलांचो गंध अर्पण करून सृष्टिदेवतेची पूजा करपाची आसा. ओंवळधोड्यांक हांडीर मारून तांकां आल्लय म्हणपाची आसा.

सवण्या-सुकण्याच्या पोटाक आदार करपाचो आसा. कीड, मूंयेक आलाशिरो दिवपाचो आसा. हुमल्यांक पानांचे पुडे कशे घोंटेर करपाक दिवपाचें आसा...

कितलीं म्हूण सपनां म्हजे ओंवळिणीन बाळगुंचीं? हांव आनी वोंवळीण दोगांय भयणी कशो एकाच सपनाचे फाटीक लागल्यांत...

***

म्हजे ओंवळीबाय म्हजेकडेन काकुळतीन पळयता. हालीं हालीं ती म्हज्या स्वप्नांत पसून येवंक लागल्या. पणजे सपनां पडटात आनी पार्शेची ओपन तेर्रासावेली वाडिल्ली व्हंकल कशी ओंवळ म्हज्या सपनांत येता. आनंदरावूय आतां म्हज्या सहवासान सैममोगी जाला. म्हजेपरस इल्लो चडूच जाला. तोय ओंवळीवेल्यान म्हाका दीस-रात थोमणे मारीत आसा. पावस सोंपत आयला. आतां हांवें निर्णय घेतला. कितें जाता तें जावं! तिका घोवागेर धाडटलेंच! थंय तिचो विस्तार जावं, फुलूं आनी फळूं.

म्हजे कॉटेजीचें बांधकाम करपी कॉण्ट्रेक्टर सोनक्याक आपयलें आनी तिका ताच्या हातांत सुपूर्द केलें. सांगलें, ''आमच्या पोन्न्या, व्हडल्या घराच्या दारांत तुळशीकडेन रोय.'' म्हण आनी हांवें ती सिमेंटाची कुंडी भायले गॅलरींत व्हरून दवरली.

वयान वाडिल्लें झाड मनशाभशेनूच वागता. हांवें जाग्यावेल्यान कुंडी हालयतकीर झाडाक कितें दिसलां आसत काय? मनांत म्हणटा आसत काय?

''म्हजो पांच वर्सांचो सांगात सोडून सुमेधाबाय खंय चल्ली काय?''

''म्हाका ती खंय पयस बी धाडटा काय कितें?''

''ती येवची ना तर म्हजेबरोबर?''

''काय म्हाका मारून उडोवपा खातीर बी हांगा हाडून दवरल्या?''

***

नव्या जाग्यार फुडले गॅलरेंत वत-पावस नासलो. तिच्या फुडल्या प्रवासा खातीरचें तें फकत मदलें स्टेशन आसलें. पूण ओंवळिणीन आपूण आपल्या जिवाक कितें समजून घेवचें तें कळना जालें. आनी तिचीं तिकतिकीत, सुंदर, पांचवीचार पानां अचकीत गळूंक लागलीं. पूण तीं फाटींय गळटालीं. पांचवींचार पानां आनी तींय अचकीत गळपाक लागप म्हणजे भंय कसो! कितें जालें काय म्हज्या बायचें? अंदूच्या पावसांत हांवें ताका नवें जग प्राप्त करून दिवना म्हण तिच्या मनाक दुख्ख जावना मू?

म्हज्या मनांत तिचेविशीं तरातरांचे विचार, शंका आनी कुशंका.

***

मदीं पार्शां पावलेंच ना. पूण आनंदरावान रकाद दिलो. सोनक्यान झाड रोयलें म्हण. सोनको आनी ताचे गवंडे झाडाक उखलून व्हरताले तेन्ना म्हजें बाबडें, एकलें झाड भियेल्लें काय? हांवें ताका सांगात करपाक जाय आसलो! 'म्हाका बाबड्याक खंयीय व्हरून मारून बी उडयतात आसतले! होच विचार झाडाच्या मनांत शंभर टक्के येतलो. हांव जर ताचे बरोबर आशिल्लें जाल्यार ताका सुरक्षीत कशें दिसतलें आसलें!

'आपल्या मनशाचो स्पर्श, आवाज, सांगात झाडां वळखतात...'

शेनवार आयलो आनी हांव बेगोबेग पार्शां पावलें. सांजवेळारच झाडाकडेन गेलें. ताच्या पानांक हात लायलो आनी ताका उमळशिकेन विचारलें, 'आगो, तूं कशें आसा? नवो जागो, नवें वातावरण तुका आवडलां मुगो?' झाड मात्शें भिलां. आजून ताका तो जागो संवकळीचो कसो जावंक तें पांच वर्सां बंद गॅलरेंत उरलें. थंय ता जिवाक थंड आनी सुरक्षीत दिसतालें. हांगा ता उकतें-उकतें कशें दिसतलें. कोणी खाय ओडीत म्हण थंय. आनंदरावान दुसरे दिसा ता हातर बांदली. आनी थोडे दिसांनी हांव ति विस्कळ-विस्कळ दुरीग बांदतलें. झाड मा व्हड जातकीर मुळांत खूब जागो दवरून बांदतलें... म्हजीं सपनां रोखडींच सुरू जा आनी ह्या सपनांचेरूच हांव जियेना न्हय?

ह्या चार-आठ दिसांनी खूब सुटयो आयल्य प्रत्येक सुटयेंत हांवें स्वता व्हरून तिका ए कळसोभर उदक घालें आनी मागीर ति नवरात्रांतलो झडीचो पावस 'रिटर्न जर्नी ऑ मॉन्सून' मेळ्ळो. पावसूय पडटा आनी ति हांव विसरूंक ना, म्हण तिका कळचें म्ह हांवूय कळसोभर उदक घालतां.

***

हांवें सदचेभशेन एक मुर्खपणाय केल आवयच्या आंधळ्या प्रेमान हांवें झाड पुरत पोंदची सिमेंटाची कुंडी फोडून काडली ना कुंडेसयत झाड पुरलां. पावस सोंपला आन कुंडेंतल्यान झाड हुमटिल्यार झाडाच्या मुळा दूख जाल्यार झाड मरत असो म्हाका हुस्क जाल्लो.

हांव तरातरांनी विचार करीत रावलें. ओंव खूब व्हडलो रूख जाता. (तरी ही ओंवळ मात्शें कलम ह्या प्रकारांतली आसूये. नर्सरींतल्या विकती हाडिल्ली. वनखात्याकडल्यान तिक हाडूंक ना.) पोंदां हांवें जी कुंडी पुरल्या, तिचेवेल्यान पाळां पातळटलीं असो म्हजो हिशेब, आसूं दी ती कुंडी. पूण ती कुंडी त्या गवंड्यांनी कितली खोल पुरल्या आसतली काय? झाड आतां कितें निर्णय घेतलें काय? तातूंत तें गार्फ आसत जाल्यार ताका कुंडेवेल्यान मुळां सोडपाची ताकद आसतली काय? काय मदींच हो आनी पाषाण खंयचो आयलो अशें समजून शॉक बी बसून मरत बी...

आतां हांवें कॉलेजांतल्या बायोलॉजिच्या टिचराकडेन - तारानाथ सराकडे विचारविनिमय करपाचें थारायलां. ताणें सांगलें, ''झाड आतां बेगबेगीन निर्णय घेवन कुंडेवेल्यान मुळां सोडपाक

सुरवात करतलें. पूण म्हाका दिसता, तुंवें फुडले आयतारा जमीन खणून सिमेंटाची कुंडी थंयचे थंय फोडून कुडके भायर काडून उडोवंचे.''

''आजून पावस सोंपूंक ना. जमनींत आर्द्रता (मॉयश्चर) आसा. जमीन ओली आसा. फोंडकूल खणून काड. कुंडी फोडून उडयतकीर झाडाक ॲडजस्ट जावपाक सोंपें जातलें. वेळ काडशीत जाल्यार जमीन घट जातली आनी मागीर ह्या सगळ्या प्रोसिजरांत झाडाचीं मुळां तुटूंक शकतलीं.''

''तुवें झाड पुरतना कुंडेचो फकत पोंदचो कुडको (तळ) जर फोडून उडयिल्लो. जाल्यारूय काम जावपाचें! सकयल, मद्दीं झाडाचें मुख्य मूळ (सोटमूळ) आसता. हेर मुळां दुय्यम दर्जाचीं आसतात. रोपो वाडटनाच ह्या मुख्य मुळाचो सकयले वटेन प्रवास सुरू जाता आनी हेंच मुख्य मूळ झाडाचो आधारस्तंभ आसता.''

हांवें तारानाथाक सांगलें, ''म्हजी ही ओंवळ रानवटी आशिल्ली जाल्यार 'खण, हुपळ' बी असले प्रोसिजर करतना चड भंय नासलो. कलम म्हणून चड काळजी दिसता.''

तारानाथ सर म्हणूंक लागलो, ''वगीच 'गार्फ, गार्फ' म्हणून चड लाड करूं नाका. केन्ना केन्ना तांचे मूळ रानवटी गुणधर्म उफाळून वयर येतात.''

***

हांव सदांच भानगडी करत आसतां. घोव म्हणटा, ''तूं हुतवाळें चड. कसलोच-सारासार विचार करिनासतना निर्णय घेता.''

आतां परत केदो वावर? मानायांक आपय. परत आळें खण. तुतयान सिमेंटाची कुंडी फोड. कुडके भायर काड. मूळ दुखवचें ना हाची जतनाय घे.

पूण हांव हें सगळें सव्यापसव्य करतलेंच! झाड म्हाका आशिर्वाद दिवचें ना तर! आनी म्हाका झाडांच्या आशिर्वादाची खूब गरज आसा. हांव सदांच दुयेंत आसतां म्हूण...

ते भायर हें झाड हांवें गेल्या वर्सा देवागेर गेल्ले म्हजे मांयच्या नांवान रोयलां. म्हण तें वयर सरतना पळोवपाचीय म्हाका खूब इत्सा आसा.

***

घोवाक सांगलें, ''फाल्यां दीस उजवाडट्यार पार्शां वच. थंय वचून, मानायांक घेवन ओंवळीचें फोंडकूल उस्तून काड. तारानाथान सांगलां. आजून पावस आसा. हवेंत-जमनींत मॉयस्चर आसा. जमीन आजून मोव आसा. जाता तितले बेगीन फोंडकूल उस्तून काड आनी झाडाक सुशेग दी.''

घोव मदींच पार्शां वचपाक मात्सो काचकूच करूंक लागलो. ताका सांगलें, ''तूं पार्शां वचना, जाल्यार हांव (ते दिसा सांजवेळा घोवाच्या सोयऱ्याचो एक कार्यक्रम पणजेंत आसलो) कार्यक्रम सोडून पार्शां वतलें. म्हाका असले हे कार्यक्रम म्हत्वाचे न्हय. म्हजे ओंवळीचो भविष्यकाळ म्हत्वाचो. घोव मागीर म्हाका भिलो. (हालीं हालीं तो खूबच पर्यावरणप्रेमी जाला. म्हज्या सांगातान चडूच जावंक लागला. हांव मात्शें बेरकी, वारो व्हांवता तशें सूप फिरयता) आनी पार्शां 'यूं यूं' गेलो. घराकडेन पावतां पावतां ताका थंय सोनको मेळ्ळो.

म्हज्या कॉटेजीचें काम आजून चालूच आसा. तो बांदीत आसता आनी हांव शेनवारा कांय गोष्टी मोडपाक लायतां. तो मागीर परत बांदीत रावता... तो म्हज्या कॉटेजीकडेन मूंय कसो वावरीत आसता. तो आमचोच भागेली. आमच्याच घराफाटल्यान रावता.

आतां पार्शांचे गवंडे कॉन्ट्रेक्टर जाले आनी ओरिसा-बिहाराचे लोक गवंडे म्हण तांचे हातासकयल काम करतात. पूण ताचें दुख्ख बाळगुपाचें ना? कोणार्कचें सूर्यमंदिर कोणें बांदिल्लें? ह्याच गवंड्यांच्या पूर्वजांनी न्हय? आमकां एक संवयच आसता - आपलें तें बरें, दुसऱ्याचें तें वायट म्हणपाची! पूर्वग्रहदुशीत दृष्टिकोण सोडपाची आतां आमकां गरज आसा. आसूं सोड त्यो खबरी!

मागीर खंय गवंड्यांनी फोंडकूल उस्तिलें.

सोनको म्हणटा : मी वयनीक पयलांच सांगललां.

म्हजो घोव : तशीच रे ती!

सोनको : आतां बश्टांच परतां खणान काडचां पडलां.

हो : काय तरी च्या-पाणी दिवंया तुज्या मनायांक.

सोनको : च्या पानयाचां सोडा वो. बश्टोच वावर जालो इतक्यांच!

***

एकूण कितें?

झाडाक मुक्ती मेळ्ळी आनी मानायांक च्या-पाणी मेळ्ळें आनी म्हज्या जिवाकय सूऽ जालें.

२७/०९/२०१४ ■

पार्शे, पेडणे - गोंय. मो. : ९७६७४१४१०६

लिंगीक सादूरतायेचें एकमेव संग्राह्य पुस्तक

निरामय कामजिवन



जुवानपणांत प्रवेश, लग्ना पयलींचें मार्गदर्शन, लग्न, कामक्रिया, लग्नाची अपुर्तताय, लिंगीक आगळीक, गुरवार जावप, संततनियमन, एड्स, गुप्तरोग, जननिवृत्ती....

थोडेमितर - कुमारावस्थे पसून जाणटेपणा मेरेन कामजिवनाची सगली माहिती सोंपे, सरळ, सुबोध मार्शेत विवेचन करपी अशें निरामय कामजिवन हें एकमेव संग्राह्य पुस्तक.

लेखक : डॉ. विठ्ठल प्रभू
अणकार : डॉ. नारायणराव प्रभू कोरगांवकार

स्वयंअनुदानीत मोल : ₹ 100/-

सहस्रावें प्रकाशन
राजहंस

RAJHAUNS SANKALPANA PVT LTD
1 - Meenakshi Bldg, Dr. Wolfango da Silva Marg,
Panaji - Goa 403 001 INDIA
Tel : + 91 832 2220320 / 2232177 Fax : + 91 832 242 5205
E-mail : rajhaunsgoa@gmail.com Web : www.rajhauns.com

NOW ORDER ONLINE

इंद्रधोनू

रेडी फॉर रोल नं. ३???

आवयचे तालमींत तयार जाल्ल्या लताक मास्तर दिसतगीर शशिकांत पोरणो भासलो. मास्तरय नेण्टो... शशिकांता परसय बरोच नेण्टो... सरकारी शिर्वीस. वेल्यान म्हयनोमाल पगाराची गॅरंटी. लताच्या दोळ्यां सामकार मास्तरच मास्तर नाचपाक लागलो. तें मास्तराच्या फाट्ल्या फुडल्यान करपाक लागलें. नेण्ट्या मास्तराकय हो लागसार जाय-जाय सो दिसपाक लागलो. टायमार-टायमार मास्तराक च्या-नाश्तो, जेवण खाण पावोवपाक लताच फुडें फुडें करतालें. रुख्माबायेन तर फुल सपोर्ट केल्लो. हुशार तें लताच. म्हणातकी एका म्यानांत दोन तलवारी रावपाक शकनांत. पूण लता एका वेळार शशिकांत आनी मास्तर...

- आशा शानभाग

कुळारचें अप्रूपें... रूख्माबाय जावन विठ्ठलाच्या हुंबऱ्यावेलें माप उमथून भितर सरलें. कुळारच्या सात तोंडांतलें एक तोंड उणें जालें म्हणून अप्रुप्यालो दाद आनी आई खुशाल जालीं. विठ्ठलाचे तर खोशेक शीमच नाशिल्ली. भांण पडून ओंठ पिंजक्या जाल्ल्या विठ्ठलाक सादारण... न खपपी चली लेगीत न्हयकारताली आनी अप्रुप्या सारकी सुंदरी घरकान्न मेळिल्ल्यान खुशाल जाल्ल्या विठ्ठलाच्या गिराणान पिंजिल्ल्या ओठांतल्यान लाळ गळटाली... जाल्यार तांदूळ, नाल्ल आनी हेर शेतमालान घरदार... कोठार भरिल्ल्या घरची धन्नी जाली म्हणून खोशी उक्तावची काय पिंजक्या ओठांच्या... विद्रुप विठ्ठलाकडेन शिरंगार करपाचो म्हणून होऽऽ होऽऽ करून रडचें हेंच अप्रुप्याक कळनाशिल्लें. 'नशीब म्हजें... आनीक कितें करूं हांव आतां?' म्हणून अप्रुप्यान रूक्माबाय जावन जियेवपाचें शेर्त केलें.

विठ्ठल कांयच शिर्वीस करिनाशिल्लो... जल्मजात भाटकार तो. ताची विधवा आवय सर्दे-वायगणें शेतां रोवन घरांत साक-साक भरून तांदूळ दवरताली. फाटलें लॉज नाल्ल, सुपारी, काजुबियो आनी हेर शेतमालांनी भरून ओततालें. चोंयवटांनी भरून वचपी घर सुखासमाधानान नांदतालें. सैमाच्या नेमाप्रमाण रूख्माबायेन वर्सागणीक एक कॅलेंडर छापून दोन चले आनी दोन चलयें जल्मांक घाल्यो. नातरांनी भरिल्लो पुताचें संवसार पळोवन विठ्ठलाचे आवयन निमणें स्वास घेतलो. वयान जाण्टो जाल्ल्यान विठ्ठल चार भुरग्यांचेरच थकलो. पूण तरणी... नेण्टी रूख्माबाय... तिचे दोळे भिरभिरताले... आतां तर मांयचीय आडखळ सोंपिल्ली.

एका दिसा दनपाराचेर व्हाळार कपडे धुवपी रूख्माबायेच्या कानार पलतडच्या व्हडल्या भाटकाराच्या चौपेटीच्या घरांत पेटिल्ल्या घेर्राचो आवाज पडलो. आवय, लग्न केल्ल्यो धुवो आनी हेर पूत एकेवटेन तर नेण्टो शशिकांत दुसरेवटेन. सगल्यांनी मेळून ह्या नेण्ट्या... आंकवार शशिकांताक बडोवन घराभायर काडलो. जीव वाचोवंक व्हाळांतल्यान पेंवून हे तडीक आयिल्ल्या जखमी शशिकांताक रूख्माबायेन आपल्या घरा हाडलो. ताच्या फेरिदांक तेल-हळद लाय, खंय सुको मार बसला थंय गरम उदकाचो शेक मार करता आसतना शशिकांताची कवळी... आंकवार कूड रूख्माबायेच्या दोळ्यांत भरली. सुको मार... ओली फेरिजां पेखलीं मात... सोंप्यार विठ्ठला वांगडा न्हिदपी शशिकांत भितर... रुख्माबायेच्या हांथरूणांत पावलो... विठ्ठल भायर सोंप्यार

जाल्यार चारीय वाडटीं भुरगीं भितर रांदचे कुडींत आनी रुख्माबाय... शशिकांताचे वेंगेंत. हो नेम सतत चालूच उरलो... केन्ना मेरेन? रूख्माबायेली व्हडली धूव लता वयांत येई मेरेन.

निकतेंच व्हड जाल्ल्या लताक दनपरां उगत्या आंगान बांयचेर न्हांवपी शशिकांताची भूल पडली. वता थंय ताका शशिकांतच दिसूंक लागलो. भितरल्यान भायर काडाओडी काडत तें शशिकांताची जाग घेवंक लागलें. शशिकांताकय लताचे नदरेंतली ओड दिसताली. ह्या तन्न्या... कवळ्या तवशा पिपरेकडेन ताचेंय मन ओड घेवंक लागलें. रूख्माबायय आतां मोडव्या वयाची जायत वताली. तिका तर हें कळटगीर भोव खोशी जाली. फुकसवाय व्हडल्या पोरोब घरांतलो भुरगो... तोवूय भाटकारालो चलो जांवय म्हणून मेळटा म्हणून रूख्माबाय दोन आंगळां जमिनीवयल्यानच चलपाक लागली. दुसरें कारण तिचे खोशेचें, आतां तांचे मदल्या संबदाविशीं लोकांचें उलोवप बंद जाल्लें. आतां लता आनी शशिकांताचो मोग रंगार आयलो. लोकांनी पयलींचें सोडलें आनी उलोवंक नवें घेतलें.

''आवयलो शेट आतां जांवय जातलो.''

''इतलो तेंप आवयन उजार केलो आतां धुवेची मज्जा. एकदम अणभवी.''

''शशिकांताली मजा रे. एक हात धंयार तर दुसरो दुदांत.''

''आरे शशिकांत खाता कितें तें पळयात रे. आमीय ट्राय करुया.''

एक ना हजार, वाठारभर, गांवभर वार्ता पसरली की शशिकांत रुख्माबायेलो व्हडलो जांवय जातलो. लोकांनी शशिकांताक आनी लताक काजुमळांनी, वायगणांच्या खळार नाका ते अवस्थेंतय जायते फावट पळयलीं. 'माल्ला उजो' म्हणून थोड्यांनी वाट वाकडी केली. कांय जाणांनी तांचे वांगडा नदरेचें सूख भोगलें. तर खूबजाणांनी 'मारूं झक. केन्नातरी लग्न जातलींच.' म्हणून सरळ दुर्लक्ष केलें. गांवकर कुणकूण सुरू जालीच.

अचकीत गांवांतले प्राथमिक शाळेंत शेजार गांवचो एक तरनाटो मास्तर जॉयन जालो. तेन्ना... सत्तराच्या दसकांत येरादारी वेवस्था कमीच आशिल्ल्यान मास्तराक बिराडाबगर पर्याय नासलो.

''मुलानो आपापल्या घरी सांगून माझ्यासाठी एका खोलीची वेवस्था करा.'' मास्तराचे हे विनवणेक भुरग्यांनी आपापल्या घरा पावयली. सगलें करून भागिल्ल्या रूख्माबायेक आतां परोपकारी जावपाचे वेध लागिल्ले. तिजे धाकले धुवेन हो रकाद दिले उपरांत दुसरेच दिसा ती शाळेंत वचून तरनाट्या मास्तराक मेळ्ळी. आपल्या घराफाटली एक कूड ताका रावंक दिवन तिणें मास्तराच्या च्या, जेवणाची जापसालदारकी घेतली.

आवयचे तालमींत तयार जाल्ल्या लताक मास्तर दिसतगीर शशिकांत पोरणो भासलो. मास्तरय नेण्टो... शशिकांता परसय बरोच नेण्टो... सरकारी शिर्वीस. वेल्यान म्हयनोमाल पगाराची गॅरंटी. लताच्या दोळ्यां सामकार मास्तरच मास्तर नाचपाक लागलो. तें मास्तराच्या फाटल्या फुडल्यान करपाक लागलें. नेण्ट्या मास्तराकय हो लागसार जाय-जाय सो दिसपाक लागलो. टायमार-टायमार मास्तराक च्या-नाश्तो, जेवण खाण पावोवपाक लताच फुडें फुडें करतालें. रूख्माबायेन तर फुल सपोर्ट केल्लो. हुशार तें लताच. म्हणातकी एका म्यानांत दोन तलवारी रावपाक शकनांत. पूण लता एका वेळार शशिकांत आनी मास्तर... दोगांकय खेळयतालें आनी दोबराद मजा मारतालें. अजाप इतलेंच की दोगांकय न कळत तें अशें करतालें. मास्तराक मात्शें शिगाराचें वेसन आशिल्लें. लता ताका चोरयां एकच फस्काकाडी आनी गंदकाच्या कागदाचो कुडको दिवन ताची तल्लफ भागयतालें.

ह्या बोवाळांत मास्तर घरदार, आवय-बापूय विसरलो. वाळवंटांत मृगजळ सांपडिल्लेवरी जाल्लें ताका. घरा वचनासतना मास्तर हांगाच आपले कुडींत पडून रावंक लागलो. शशिकांताक हें कळटा मेरेन खूबच कळाव जाल्लो. लता आपल्याक कोको दाखोवन मास्तरमय जालां हें जाणवतगीर तोच वेगळो सरलो. कांयच अडलें ना ताचें. अडीअडचणीक रूख्माबाय आशिल्लीच न्हय? मास्तरालें आनी लतालें गुटर्रगूं आतां गांवभर पातळ्ळें. गुणी, नेण्ट्या मास्तराच्या गळ्यांत ही अश्टी चली पडची न्हय म्हणून कांय जाण्टे वचून ताचे आवय-बापायक मेळून आयले. बापायन धेंकारो घालतगीर मास्तरान भीश्मप्रतिज्ञा केली.

''लग्न जाल्यार लताकडेनच. नातर आयुश्यभर आंकवार रावतलों.''

एकुलतो पूत जाल्ल्यान बापायलें आवुळ्ळें. निमणे बापायन फुडाकार घेवन मान सकयल घालून रूख्माबायेलागीं वचून लताक मागणी घाली. गणपतीली झरोवन गणपतीक तिबो म्हणा ते भशेन मास्तरानच केल्ल्यो भांगरावस्ती घालून लता मास्तराच्या घरा आयलें.

अजाप ह्या लग्नांत रायबारी म्हणून शशिकांताकच मिरयलो. वर्सा भितर लतान पाळणो हालयलो. मास्तर आनी लताच्या मोगाची जिती जागती कुरू म्हणून बाबू जल्माक आयलो. बारसो जावन तीन-साडे तीन म्हयन्यांनी लता घरा आयलें. पावोवपाक आनी ताचीं बॅगां उखलपाक शशिकांतच. बाबू आमचो पडलो, दिमकुऱ्यांनी वचपाक लागलो, बसलो, उबो रावलो... दिशींदिशीं वाडत वर्साचो जालो. बाबूल्या पयल्या वाडदिसाचो गडगड. मास्तरान आंगणभर माटोव घाल्लो. पेट्रोलमासाचे दिवे, पण्ट्यो पेटोवन आरास केल्ली. आंगणभर शेंद्रयो घालून लोकांच्या बसपाची वेवस्था केल्ली.

तोपभर बिस्कीट्यो, ल्हायो, चिरमुल्यो, चॉकलेटी, पुरयांचीं दातोळां बाबुल्या माथ्यार सगळीं घालतालीं. बेजारिल्लो बाबू हुयेल्यो मारून रडपाक लागतकीर लतान बाबूक हांडीर घेतलो. बाबू थामना म्हणून माटवाभायर व्हेलो. थंय ताका येता तो शशिकांत दिसलो. लता बाबूक घेवन थंय, ताचे म्हऱ्यांत गेलें.

''बाबू शाण्या रडूं नाका. मामा आयलो पळय. मामा तुका ताचे मोटरसायकलीचेर फिरयतलो. दुडदूड करून.''

आयज मेरेन रुक्माबायेलो शेट, लतालो जवळजवळ जावपाक आयिल्लो घोव हे रोल केल्लो शशिकांत रुक्माबायेल्या नातवाचो आनी घडये आपलोच पूत जावपी बाबुचो मामा जावपाच्या रोला खातीर मन तयार करपाक लागलो. बाबू रडप थांबोवन ताळयो मारत 'दुडदूड... दुडदूड' करपाक लागलो.

■

सादोळशें - काणकोण,
मो. ९४०४१४५३३७

भोंवडी

एक हाऊसबोटींतलो प्रवास

- सुचेता कामत पै

ह्या वर्सा सुटयेंत केरळांत वचपाचें थारलें आनी म्हाका एक उमळशीक लागिल्ली की केरळ साक्षरतेन अव्वल आशिल्लें, निसर्गसौदर्यांत खुलून आशिल्लें. केरळ बदल्लां काय ना तें पळोवपाचें आशिल्लें. ताच्या वेगळेपणाक पळोवन भुलपाक जाता. म्हाका केरळ हें गोंयची भयण कशीच दिसता. तशेंच माड-पोफळीचें रान, तशींच घरां, घरा मुखार मात गांवांत दिसता तश्यो सडो आनी रांगोळ्यो. साधारण तेंच वातावरण. तापमान तेंच आशिल्लें राज्य. पूण भाशा मात तुमकां कळपाची ना. सगळ्यो द्रविडी भाशा कळपाक कठीण. 'ळ'चो उच्चार चड जाता अशें दिसता. मल्याळी लोक गोंयांत येवन कोंकणी शिकले, उलोवंक लागले. पूण आमची गाडी 'चॉरूकॉडचू' वा 'ऍवढा पॉई' इतल्याचेरूच वता. 'धांवत धांवत आयलो आनी तारीकडेन पावलो' तशी आमची गत जाता.

केरळ हें राज्य भारताच्या दक्षिण अस्तमच्या मलबार कोस्टाचेर पडटा. केरळ हें राज्य लोकसंख्येच्या मानान १३व्या पावंड्यार आसा. हांगाची राज्यभास, मातृभास मल्याळम, शिक्षणाचो प्रसार केरळांत खूब जाल्लो आसा.

केरळांत आमच्या सारखोच मन्सुनचो पावस जून ते ऑगस्ट दरम्यान पडटा. केरळांत ल्हान व्हड ४४ न्हंयो पळोवंक मेळटात. तशेंच राज्यांतल्या सगळ्यांत व्हडलें तळें (वेमबंदड) हें आर्लपृक्षा आनी कोची हांचे मदीं आसा, हें २०० कि.मी. पर्यंत लांब आसा, तशेंच हातूंतल्यान ल्हान व्हड बोटी प्रवास करतात.

ओणम हो म्हत्वाचो सण राज्य, राजा महाबळीच्या उगडासाक मनयता. चडसो हो उत्सव पीक कापणी जाल्ल्यावेळार मनयतात. तो ऑगस्ट/सप्टेंबर म्हयन्यांत पडटा. तांची खाणा जेवणाची पध्दत सगळ्या दक्षिणेंतल्या लोकांभशेनूच. तांदूळ हे अन्नाचे प्रमूख घटक. बाकीचें भाजयो, नुस्तें, चिकन सगळीकडेन आसाच.

हत्ती हो तांचो राज्याचो प्राणी जावन आसा आनी हत्तीक तांच्या जिवनांत व्हडलो मान आसा. कित्याक देवाचे मिरवणुकेक हत्ती आसता. अंदाजे ७०० हत्ती देवळांनी आनी लोकांनी पाळिल्ले आसात.

केरळ पर्यटनाचे नदरेन आतां खूबूच फुडारिल्लें आसा. हांगा हजारांनी लोक दरवर्सा पर्यटनाक येतात. कोची शारांत पर्यटक भेटी दीत आसतात. हातूंत देशी तशेंच विदेशी पर्यटक आसतात.

मे म्हयन्यांत केरळांत गेल्लीं. पावस हयन्हयसो पडूंक लागिल्लो. मन्सून त्या वेळार लागीं पाविल्लो. केरळांत पळोवपा सारकें खूब कितें आसा. पूण ह्या वेळा हांवें पळयल्लें रूप वेगळेंच आशिल्लें. ल्हान आसतना त्रिवेद्रम, कोचीन, कन्याकुमारीक वचून आयिल्लीं. तेन्ना कोवालमची दर्यावेळ म्हाका खूबच आवडिल्ली. मागीर कोंकणी परिशदेच्या निमतान कोचीन वचून आयिल्लीं. थंय रावलीं, भोंवलीं, बोटींत बसलीं, तो परिसर ह्या वेळार वेगळोच दिसलो. दिसाफाटल्यान कितें तरी नवीन नवीन घडत आसता.

ह्या वेळार आमी कोचीन, मुन्नार आनी ॲलपीचो बेत केल्लो. कोचीन, मुन्नार रावलीं, भोंवलीं. मुन्नार म्हाका व्हडलें पसंद पडलें ना. कारण गेल्या दोन वर्सां फाटीं दार्जीलींग वचून आयिल्लीं. सिक्कीम पळोवन आयिल्लीं. आनी च्या आनी च्याचे मळे कितें आसतात ते थंय जास्त अणभवल्लें. तीच थंडी, तेंच वातावरण, भारतांतल्या खंयच्याय हिलस्टेशनार पळोवंक मेळटा तशें.

पूण ॲलप्पी-आलपुर्झा, हांवें पळयल्लें नाशिल्लें म्हणून नवीन पळोवपाची उमळशीक आशिल्ली आनी तांतल्या तातूंत हाऊसबोटींत रावपाचेंय आशिल्लें. तर्शी आमी काश्मिरांत हाऊसबोटींत राविल्लीं थंयचो तो राजेशाही, मुस्लीम थाट वेगळो आनी थंय एकाच जाग्यार हाऊसबोट आसता. दल सरोवरांत शिकाऱ्यांनी तुमी वचून भोंवून येवप आनी परत तुमच्या घरांत म्हळ्यार हाऊसबोटींत रावप. थंय आमी दोन दीस काडले. जेवण-खाण, न्हिदप, भोंवप सगळें दल लेकाचेर. खंय शॉपींग करपाचें आसलें शिकारा (ल्हान व्हडी) घेवन वच आनी भोंवन यो. वतां वतां कितें खावपाचें जाय जाल्यार खा, पी सगळें तुमका उदकांत वाटेर मेळटा. फुलां मेळटात, फोटो काडून मेळटा, आमी तर थंय काश्मीरी पध्दतीचे सलवार सूट शिवून घेतले. भुरग्यांनी तर खूबूच थंय मजा केली. त्या वेळार आमी थंय ८० लोक आशिल्ले.

ही हाऊसबोट वेगळी आशिल्ली. ही तुमच्या बरोबर भोंवता. सादारण ४०-५० कि.मी. ते भोंवडी मारून तुमकां परत दुसऱ्या दिसा हाडून सोडटात. दनपरां १२ ते दुसऱ्या दिसा सकाळीं ९ वरांपर्यंत तुमची पॅकेज आसता. केन्ना केन्ना तुमी ल्हान ४ कुटुंबार्ची आसलीं जाल्यार तुमकां २ रुमांची हाऊसबोट मेळटा. व्हड ग्रुप आसलो जाल्यार व्हडली हाऊसबोट ४-५ रूम आसतात. आमचे हाऊसबोटींत २ रूम आशिल्ले. वाहक आनी बरोबर कूक आसता. तो तुमची सगळी सरबराय करता. दनपरां जेवण, च्या, रातचें जेवण, दुसऱ्या दिसा च्या-नास्तो सगळें करून तुमकां पावयतात. आमचे हे हाऊसबोटींत दोन रूम आशिल्ले आनी एक किचन. भायर पडवी कशी! तातूंत डायनींग टेबल, टिव्ही सगळें आशिल्लें. बोट जशी जशी वता तशे वैलेगांवचे किनारे, शाळा, घरां, इगर्जो, मशिदी दिश्टी पडटात. हांगा चडशे लोक मुसलमान आनी कॅथोलीक आशिल्ले.

दनपरां १२ वरांचेर आमचो प्रवास सुरू जालो. किनारो सुटलो आनी आमी न्हंयत भोंवपाक लागलीं. पयलीं ड्रिंक पिवन जालें, मागीर नुस्त्याचें बरें जेवण जालें आनी जेवण गरम तशेंच घरगुती आसल्या कारणान चडूच पोटांत गेलें. भुरगीं फोटो काडपाक लागलीं. आमी दोन वरां विश्रांती घेतली. दनपरां चारांक केळ्यांचीं भजीं दिलीं. आमचो कूक 'जुझे' हॉटेल मॅनेजमेंटाचो विद्यार्थी आनी नवीन नवीन डिशीस करून आमकां दितालो. आमी जश्यो लांब मिरसांगो पिठयेंत बुडयतात तशेंच ताणें कच्च्या केळ्यांचें केल्लें. लांब कुडके करून ते पिठयेंत बुडोवन तळून काडिल्ले आनी वयर सॉस दिल्लो. वा अजब टेस्ट आशिल्ली. शॉनकाक, शमीकाक ही डीश खूबच आवडली. हरशीं ते मिरसांगो खायनात.

पांच वरांचेर खंयच्याय तरी एका किनाऱ्याक म्हळ्यार धडेर एका माडाक बोट बांदली. थंय नुस्त्याचो वेपार चलतालो तो दाखोवंक ताणें आमकां व्हेल्लें. थंय आमी टायगर प्रावन्स घेतलीं आनी कुकाकडेन रातचीं तळपाक दिलीं. वेगवेगळें नुस्तें थंय कातरून दितात. कुल्ल्यो पळोवन जिबेक उदक सुटलें. पूण उपाय नाशिल्लो. शेवटे, मुड्डोश्यो, तामसो, काळुंदरां, विसवण सगळें नुस्तें व्हडल्या व्हडल्या बॉक्सांनी घालून दवरिल्लें. ताजें फडफडीत नुस्तें पाटल्यांनी घालून दवरिल्लें. परत बोटींत आयलीं, बोट चलपाक लागली.

साडेपांच वरांचेर एका आयुर्वेद केंद्राचेर मालिश करपा खातीर बोट थांबली. हें सांतिगिरी आयुर्वेद केंद्र आशिल्लें. एका वराक १५०० रुपया घेवन हांगा मालिश करतात. शॉनकान तर सबंद आंगाचें मालिश करून घेतलें आनी न्हावन धुवून तो परत आयलो. आमी तो मेरेन बोटींत बसून रावलीं. आतां बोट परत चलपाक लागली.

चालकान आमकां सांगिल्लें की सांजेच्या सात वरांचेर आमी बोट बंद दवरतले, एका किनाऱ्याचेर. कारण रातच्या वेळार तांकां बोटी चलोवपाची परवानगी नासता. नुस्तेमारी बोटी आपलीं जाळीं घालतात, तशेंच गांवांतल्या

खांब्यावयल्यान ताणीं लायट घेतिल्ली आसता. मागीर एसी सुध्दां चलता आनी आमी निवांत न्हिदूंक शकतात. वेगवेगळ्या गांवाच्या सायडीन ह्यो बोटी लायतात. उदक भरून घेतात, लायट चालू करतात. मागीर आठ वरांचेर प्रवासी बोटी सुध्दां बंद जातात. रातच्या वेळाचेर फकत बोट हालत आसता आनी तुमी केन्ना खारसाणींत थंड वाऱ्यार न्हिदेच्या सुवाधीन जाता तें कळच ना.

रातचें चिकन, सुंगटां फ्राय, चपाती, भाजी, दाळ असो बेत आशिल्लो. फ्रूट सॅलड, स्वीट डीश आशिल्ली.

आमचे हे हाऊसबोटीच्या मालकाचें नांव आसलें 'जॉर्ज' आनी ताच्यो असल्यो १० बोटी आसल्यो. ल्हान ग्रुपाक ल्हान बोटी, व्हडल्याक ४-५ रूम आशिल्ल्यो बोटी दितात. मे-जून-जुलै ऑफ सिझनाक हांचें भाडें ६००० एका दिसाक आसता. चार मनशांक तर नोव्हेंबर-डिसेंबर-जानेवारींत सिझनात २५,००० पर्यंत भाडें वता. सांजचीं भोंवता आसतना शंबरेक तरी बोटी येतात त्यो दिसल्यो. पार समुद्रापर्यंत वचून परत येतात. तशेंच दुसऱ्या लोकांक हात दाखोवन, मजा करप हो आनंद खूब वेगळो आशिल्लो. एके बोटीन तर खूब सिस्टरींचो ग्रूप दिसलो. खूब आनंदान तीं मजा करतालीं.

रातच्या वेळार आमच्या कुकान एक बरो रसाळ पणस फोडलो. तांतले थोडे गरे आमकां दिले आनी आपूण तुमकां नवीन कितें करून घालतां म्हूण सांगलें. आमी न्हिदपाक गेलीं. बारा वरांचेर बाबड्या कुकराची शिटी वाजताली आनी हो आमचे खातीर इडली, सांबार तसोच नवीन पदार्थ करतालो.

सकाळीं उठलीं, गरम उदकान न्हालीं आनी च्या घेवपाक बसलीं, च्या आनी नाश्त्याक व्हडलो मेनू आशिल्लो. इडली/सांबार (इश्टर्न कंपनी)चो जो सांबार पावडर फकत केरळांत मेळटा आनी गऱ्यांची पातोळी. ताणें गरे आनी मैदा कालोवन तांची पेस्ट केल्ली आनी केळीच्या पानार ती लायिल्ली. तिचे भितर नाल्लाचें चून घालून बरी उकडलेली. पातोळी आमकां खावपाक दिली. ती इतली बरी लागली की रूच जिबेर खूब दीस रावली.

८ वरांचेर बोटी परत सुरू जाल्यो, सगळ्या बोटीनी आपलो परतीचो मार्ग धरलो. भुरगीं म्हणपाक लागलीं की आनीक एक दीस आमी हाचेर रावपाक जाय आशिल्लें. पूण आमचें बुकींग तशें नाशिल्लें म्हूण देंवपाकच पडलें.

९ वरां जालीं आनी आमची बोट किनाऱ्यार पावली. आमी उडयो मारल्यो. सगळ्यांक हात दाखोवन निरोप घेतलो. दोगांकूय बक्षिसी दिली. ते आमचेर खूब खूश आशिल्ले. परत आयलीं जाल्यार आमचे बोटीनूच या अशें सांगपाक लागले. आमचें सामान आमी गाडयेंतूच दवरिल्लें आनी आमचो ड्रायव्हर जो आमकां काल सोडून गेल्लो तो परत आयलो. आमी प्रसन्न मनस्थितींत फुडल्या प्रवासाक वाटचाल करपाक भायर सरली. तो एक दीस आनंदान, खोशयेन कसो गेलो तो कळ्ळेंच ना.

■

खोर्ली, म्हापसा - गोंय, मो. : ९४२१२४२८५९

HELPS BOOST CONFIDENCE

RAJHAUNS
PREPARATORY SERIES 2016
X-XII & VIII-IX

- ✓ Goa Board guidelines followed.
- ✓ Sets for unlimited practice.
- ✓ Help prepare well for the exams.
- ✓ Dispel exam fear.
- ✓ 18th consecutive year. (XII - 22 Titles)
- ✓ 19th consecutive year. (X - 11 Titles)
- ✓ 5th consecutive year. (VIII-IX)

NOW ORDER ONLINE

राजहंस
RAJHAUNS SANKALPANA PVT LTD
1 - Meenakshi Bldg, Dr. Wolfango de Silva Marg, Panaji
Goa 403001 INDIA Tel : + 91 832 222 0320 / 223 2177
Fax : + 91 832 242 5205 Email : rajhaunsgoa@gmail.com
Web : www.rajhauns.com

नेताजी - जिवीत आनी अंत

(धुवेच्या उतरांतल्यान)

Netaji's daughter speaks!

ती जीण अशी आसली जी केन्ना वांगडा जियेली ना आनी मरण जें केन्ना जालेंच ना. नेताजीचे चलये खातीर, अनीता बोस प्फॅफ. हिचे खातीर तिचो बापूय म्हटल्यार हेर लोकांनी गूंथलेल्यो कांय काणयो जावन आसलो. पूण तो खऱ्यानीच कसो आसतलो हाची ती फकत कल्पनाच करताली. तो जेन्ना तिचे पासून पयस जालो तेन्ना ती फकत अडेज वर्सांची आसली. अनीता हांसकुरी जाता जेन्ना ती सांगता तिचे आवयन तिका सांगलें, 'तो असो बापूय आसलो जो फकत व्हड पिरायेच्या भुरग्यां वांगडा संपर्क दवरूं शकतालो जीं उलोवं शकतालीं.' म्हणटकच जेन्ना ती अडेज वर्सांची आसली तेन्ना तो कांयच करूंक शकलो ना. तिचे आवयन तिका सांगलें कीं ती जेन्ना परत बर्लीन आयली, तेन्ना ताणें तिका म्हटलें, 'राव, म्हाका फकत ते दोळे याद आसात.' अनीताच्या संदर्भान अशें अनीता बोस प्फॅफ सांगता.

हरशीं तिच्यो बापाय बद्दलच्यो मुळाव्यो यादी सुपूल्ल्या भुरग्यांच्या यादीं भशेन धुसर आसल्यो. जेन्ना ती ल्हान आसली, तेन्ना तिची बापाय बद्दलची प्रतिमा अशी आसली जशी ती आपले कल्पनेन चितारताली. पूण कांय काळा उपरांत ती प्रतिमा बदलत गेली, जशी जशी तिची वळख जायत्या तिच्या भारतीय सोयऱ्यां वांगडा जावंक लागली. जशे परी डॉ. शीशीर बोस आनी रमा रे आनी तिचो घोव. रमा रे तांचे वांगडा व्हियेन्ना हांगा सुमार एक वर्स रावली आनी तिचे कडल्यान अनीता इंग्लीश शिकपाक लागली. तिच्या भारतीय कुटूंबाच्या संपर्कांत आशिल्ल्या कारणान ती आपल्या बापायचें कौतूक करपाक शकली एक ऐतिहासीक व्यक्तीत्व म्हूण तो आसलो - अनीता म्हणटा.

नेताजी 'एमीली शेंकी' हिका १९३४त जर्मनी हांगा मेळ्ळो जेन्ना तो पुस्तक बरोवपाचें येवजितालो. 'एमीली' ताची सेक्रेटरी आसली आनी नेताजीन तिचे कडेन १९३७त लग्न केलें. पूण अनीताच्या जन्मा उपरांत रोखडीच १९४२त ताणें जर्मनी सोडली जपानांत वचपा खातीर त्या फामाद सबमरीनींतसून. खरें म्हटल्यार तिचें नांव 'अनीता'. हें अनीता गॅरीबाल्डी हे व्यक्ती वेल्यान तिच्या आवय बापायन दवरिल्लें. अनीता गॅरीबाल्डी ही गीसेपी गॅरीबाल्डी हाची घरकान्न, जिणें ताका पुराय सांगात दिलो जेन्ना ताणें इटली एकठांय हाडली. ती एक धाडशी बायल आसली. अनीता सांगता तिणें ते बायलेचो पुतळो इटली हांगा पळयला. घोड्याचेर बशिल्लो, तिच्या भुरग्याक घेवन. अनीताच्या बापायक तिचें धाडशीपणाचें कौतूक आसलें आनी तिचे आवयक तें नांव युरोपीयन आनी भारतीय अशें दिसलें.

तिच्या व्हड जावपा संबंदी विशयाचेर अनीता सांगता, तिचे आवयक तिच्या अस्तित्वाचें झूज स्वता झूजचें पडलें. तें खूब कश्टमय आसलें. अनीताची आवय एक धाडशी आनी मानसीक ताकदवर बायल आसली. अनीताक वाडोवपाक तिचे आवयक खूब कठीण जातालें. कारण तिका वावर करचो पडटालो दिसपट्टे खर्चा खातीर. तिका हेर यूध्द पिडीत विधवां भशेन पेन्शन मेळ नासली. पूण तिचे कुळारचीं मनशां तिचे वांगडा आसलीं जाचो तिका खूब आदार जालो. त्या दिसांनी भुरग्यांची काळजी घेवपी संस्था नासल्यो, तिची आजी अनीताचो सांबाळ करताली. इतल्याय कठीण परिस्थितींत आसून पासून अनीताक खूब बरें शिक्षण मेळ्ळें. ती 'ऑग्सबर्ग यूनीवर्सीटी'त इकॉनॉमीक्सची प्रोफेसर आसा, जर्मनीत.

अनीता भारतांत पयलीं अठरा वर्सांची आसतना आयल्ली. तिका त्यो खूब उमेदिच्यो आनी अपेक्षापूर्तीच्यो भावना याद जातात. त्या

वेळार पंडीत नेहरून तिका तांचे वांगडा रावपाक आफयल्लें एक सप्तकभर. तिका सारकी याद जायना. पूण त्या वेळार तांचे मदीं तिच्या बापाय बद्दल आनी भारता संबंदी भासाभास जाल्ली. अनीतान भारताक १२ ते १४ वेळा भेट दिल्या.

सगळेच जाण जाणटात कीं गांधीक नेताजी केन्नाच लागींचे नासलेले आनी घडये जर नेताजी देशाच्या स्वातंत्र्या उपरांत जिवीत आशिल्लो जाल्यार नेहरू स्वतंत्र देशाचो पयलो पंतप्रधान जावप कठीण आशिल्लें. त्या दोनूय नेत्यांमदीं कितें फरक आसलो हें दाखोवपा खातीर अनीता सांगता कीं त्या वेळार जवाहरलाल नेहरू आनी तिचो बापूय दोगूय तरणे आनी नावाजते फुडारी आशिल्ले. ते दोगूय दाव्या विचार सरणीचे आसले आनी दोगांय मदीं तत्वां आनी नदर सारकीच आसली. पूण तिका कळीत जाता ते प्रमाण स्वातंत्र्य चळवळीचे निर्णायक वेळार नेहरू गांधी वटेन झुकलो आनी ताणें म्हटलें, 'हय, तू सांगता तशें' अनीताचो बापूय जिद्दी आशिल्लो आनी एक फावट ताणें एक मत थारायलें की तो त्या मताकडेन प्रामाणीक रावतालो. तशेय परिस्थितींत ताचो गांधी विशींचो आदर उणो नासलो, घडये ताका गांधीचो आदर नेहरू परस चड आसलो. गांधीक अनीताच्या बापायनूच 'फादर ऑफ नेशन' किताब दिल्लो अशें ती सांगता.

नेताजी ऑगस्ट १९४५त बेपत्ता जालो, जेन्ना अशें म्हणटात की तो एका विमान अपघातांत मृत जालो. १९४७ उपरांत तीन चौकशी कमीशनां शेगीत, ह्या प्रकरणाची चौकशी करपाक भारत सरकारान नेमलीं. पयल्या दोन कमीशनांचो रिपोर्ट विमान अपघाताच्या समजणेक तेंको दितालो, पूण तिसरें कमीशन जें १९९९त नेमिल्लें ताचो रिपोर्ट अशें सांगतालो कीं त्या दिसा तायवान हांगा खंयच्याच विमानाचो अपघात घडूंक नासलो. अनीता सांगता की जायते जाण उलयताले कीं तो संन्याशी जावन हिमालयांत भोंवतना दिश्टी पडिल्लो म्हूण, वा तो रशीयेचो कैदी आशिल्लो म्हूण. निमाणें एकूच गजाल खरी जी आनी जाका साक्षीदार आसात ती म्हणल्यार विमान अपघात. अनीता मानता की 'रेंकोजी' (टोकीयो, जपान) हांगा ज्यो अस्थी आसात त्यो तिच्या बापायच्यो, पूण जे ही गजाल मानीनात तांचे खातीर ती म्हणटा की 'डीएनए' चाचणी करप शक्य आसलें. दोनूय सरकाराची ताका मान्यताय आसपाक जाय. तशें जर जायत जाल्यार नेताजींच्या मरणाविशींचो हो दुबाव सांसणाचो पयस जातलो अशें अनीता म्हणटा.

अनीताक अजाप दिसता, तिच्या बापायचो मोग आनी आदर ह्या देशांत आजूनय तसोच उप्पाट आसा. तिच्या संपर्कांत आशिल्ल्या व्यक्तीं कडल्यान तिका हें कळीत जाता. पूण ती जेन्ना विचार करता कीं जी पिळगी त्या काळा उपरांत ह्या संवसारांत आयली आनी तांणी फकत तांणी वाचिल्ल्या काणयांनी वा हेर बरपांचेर विस्वासून

नेताजीक इतलो आदर आनी मोग दितात पळोवन ती धादोस जाता.

अनीतान भारत सरकाराकडेन मागणी केल की नेताजी संबंदान १९४५ उपरांतचीं जीं काग पत्रां आसात तीं नश्ट करचीं कारण तिका दिसत की आमी सगळेजाण मानतात की तिचो बापू मृत जाला. आतां शंभरां वयर वर्सां पिरायेचे जो मनीस कोणाकूच खंयच दिश्टी पडना त मनीस जितो आसा अशें मानप म्हणल्या बौध्दीक दळदिरेंपण जातलें. ताच्या मरणा संबंद कांयच अभ्यासपा सारकें ना. पूण ताच्य जिवीताविशीं आनी आदर्शांविशीं जायतें शिकप सारकें आसा. ताच्या मरणा संबंदीत वा घालपाक तिका इंटरेस्ट ना. अनीता सांगत जांकां तो वाद घेवन बसपाचो आसा तांणी जरूर तशें करूं येता, पूण तिका तातूंत वाटे घेवपाची मातूय इत्सा ना.

ममता बॅनर्जीन नेताजीचें एक यादस्तीक ताच्या जन्मगांवांत करचें (कोडालीया) म्हूण जो प्रस्ताव फुडें केला ताका अनीता तेंको दिता. पूण तिका दिसता कीं यादस्तीक वापरांत येवपी आसचें जाचो लाभ त्या वाठारांतल्या लोकांक जातलो. पूण जेन्ना तिचे जाणवायेंत आयलें की 'फॉवर्ड ब्लॉक' ह्या राजकीय पक्षान त्या प्रस्तावाक विरोध केला म्हूण, कारण त्या प्रस्तावाक तेंको दियत जाल्यार पक्ष म्हणटा कीं नेताजी विमान अपघातांत मृत जालो हें तांकां मान्य आसा अशें जातलें म्हूण, तेन्ना अनीता सांगता, कीं अशें समजुपाची कांयच गरज ना. एखद्या यादस्तीका खातीर जन्म वा मरणाचो आदार आसपाची कांयच गरज ना. तिका दिसता की सगळ्यांक नेताजीच्या जिवीता बद्दलचो आदर आनी मोग आसा, ताच्या मरणा संबंदी न्ही. घडये हें सगळें जिरोवन घेवपाक भारताक आनीक कांय काळ वचचो पडटलो.

(सुची - 'सूदेश्णा चक्रवर्ती' हांच्या सोसायटी ह्या इंग्लीश मेगझीनांत प्रसिध्द जाल्ल्या इंग्लीश लेखाचो कोंकणींत अणकार - उदय देशप्रभू.)

■

www.sardesaigroup.com

WAKE UP AND
SMELL THE
FLOWERS

A project by Sardesai Group

Mayflower
ENCLAVE

Premium 2 & 3 BHK Apartments
at Kadamba Plateau, Goa

SARDESAI
group

Mayflower Enclave has on offer 53 well planned, spacious apartments with impeccable amenities overlooking the Mandovi river. All created in harmony with nature so that you can enjoy the fragrance of life, everyday.

STATE-OF-THE-ART AMENITIES
Gated complex | Infinity Pool | Round the clock security | Surveillance cameras | Children's play area | Sewage treatment plant with water recycling | Solar water heating | Fully equipped modern gymnasium and club house | Backup generators for lifts and common areas | Automatic elevators with V3f technology | 2 covered car park for every apartment

Contact: 0832-2220252, +91 8805120344 Email: sales@sardesaigroup.com

MEMBER OF
CREDAI

SaveerFaire

दर्जेदार सिनेमा हेंच इफ्फीचें ओंदूचें यश

सोमारा ३० तारकेक ४६वो भारतीय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव उलगलो. ओंदूच्या चित्रपट महोत्सवाक कोणें गूड तर कोणें बेस्ट म्हळें आनी कोणें बाबतय म्हळें. व्यक्ती तितल्यो प्रकृती. पूण फिल्माचे जे जाणकार हे इफ्फीक वांटेकार जाल्ले ताणीं मात द बेस्ट म्हळें. हें द बेस्ट कित्याक?

हे आदींचे गोंयांतले अकराय महोत्सव जनता फ्री आशिल्ले. तिनशीं रूपया भरून प्रतिनिधी जालो म्हणटकच इफ्फी विकतो घेतलो हे भावनेन कोणूय खंयीय घुसतालो. चित्रपटाची वळख, अभ्यास नासतना खंयच्याय चित्रपटाची तिकेट काडटालो. आवडलें ना जाल्यार कदेल सोडून, हेरांक डिस्टर्ब करीत भायर वतालो. ऑनलायन बुकींग आशिल्ल्यान तिकेट बूक करून एक तर घरा न्हिदतालो वो खंयच्याय बारांचेर 'जिवाचो गोवा' करतालो. हाका लागून खरेच चित्रपटांचे मोगी आशिल्ले तांकां चित्रपट पळोवंक मेळनाशिल्लें. सगळीं थेटरां खालीं आसुनय हें घडटालें. ऑनलायन बुकींग बंद जालें ओंदू आनी महोत्सवाचीं फकांडां बंद जालीं. तिनशें रूपयांवेल्यान प्रतिनिधी नोंदणी फी १०००चेर व्हेल्ल्यान जे कोण खऱ्यांनीच महोत्सवाकडेन गांभिर्यान पळयतात तेच प्रतिनिधी जाले. भरिल्ल्या १ हजारांचो पुरायेन लाव घेवपाचे नदरेन ते महोत्सवांत पुरायेन वांटेकार जाले. देश विदेशांतल्या सात हजार प्रतिनिधींनी २७२ चित्रपटांचो लाव घेतलो.

२० नोव्हेंबर ते ३० नोव्हेंबर अश्या धा दिसांत गोंयांत जाल्ल्या ह्या ४६व्या भारतीय आंतराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाचें म्हळ्यार इफ्फीचें

उक्तावण नामनेचे चित्रपट अभिनेते अनिल कपूर हांचे हस्तुकी जालें. समारोप सुवाळ्याक गोंयच्यो राज्यपाल मृदुला सिन्हा, केंद्रीय म्हायती आनी प्रसारण राज्यमंत्री कर्नल राज्यवर्धनसिंग राठोड तशेंच गोंयचे मुख्यमंत्री लक्ष्मीकांत पार्सेकार आनी संगीतकार ए. आर. रेहमान हाजीर आशिल्ले.

समारोप सुवाळ्यांत भारतीय चित्रपट सृश्टीक वंदन करपी नाचाची कार्यावळ दवरिल्ली.

ओंदुचे इफ्फींत पयलेच खेप 'युनेस्को' फेलिनी पुरस्काराचें आयोजन केल्लें. चित्रपट माध्यमांतल्यान शांती आनी एकात्मतेचो

संदेश दिवपी चित्रपटाक हो पुरस्कार फावो जालो. इफ्फींत फोकस कंट्री म्हूण फ्रान्साची निवड जाली. वर्ल्ड, आंतरराष्ट्रीय, एशिया आनी भारत हाचे एकूण १२० चित्रपटांचे प्रिमियर ओंदूचे इफ्फींत जाले. महोत्सवाचें उक्तावण 'द मॅन हू न्यु इन्फिनीटी' ह्या चित्रपटान जालें जाल्यार समारोप 'द क्लॅन' ह्या चित्रपटान जालो. ओंदूच्या मिड फिस्ट चित्रपट विभागाचें उक्तावण 'द डॅनिश गर्ल' ह्या चित्रपटान जालें तर भारतीय पॅनोरमा विभागाचें उक्तावण 'प्रियमानसम' ह्या संस्कृत चित्रपटान जालें.

रशियन चित्रपट निर्मातो, अभिनेतो निकिता मिखाल्कोव्ह हांकां 'जीवन गौरव' पुरस्कारान सन्मानित केलो. तशेंच इलयाराजा हांकां 'शताब्दी' पुरस्कारान भोवमानीत केलो.

नॅशनल फिल्म हेरिटेज मिशनान पोरण्या सिनेमांचें संवर्धन करपाचें काम नेटान चलता म्हणपाचें ताणीं थंय भरिल्ल्या प्रदर्शनांतल्यान सिध्द केलें. तांच्या प्रदर्शनाची भोवच तोखणाय जाली.

भारतीय महिला निर्मात्यांचे चित्रपट 'वुमनक्लेचर ऑफ सिनेमा' ह्या विभागांत दाखयलें. अंजली मेनन, अपर्णा सेन, झोया अख्तर ह्या निर्मात्यांचें कवतूक रसिकानी केलें.

हिंदी चित्रपट सृश्टींतले ज्येश्ठ कलाकार, निर्माते शशी कपूर हांच्या चित्रपटांचेंय प्रदर्शन जालें. शशी कपूराचे सात-आठ सिनेमा ह्या विभागांत दाखयले. ह्या सुवाळ्याक भलायकेक लागून शशी कपूर आयलो ना. ताचो पूत कुणाल कपूर तांचे वतीन हाजीर रावलो.

ओंदूच्या चित्रपट महोत्सवांत कोलंबियन चित्रपट 'एब्रेस ऑफ द सर्पंट' ह्या चित्रपटाक भांगरा मोर फावो जालो. समारोप सुवाळ्यांत फाटल्या वर्साचे इफ्फीचे डिझायनर गोंयचे कला दिग्दर्शक सुशांत तारी हांचो भोवमान केलो ही एक बरी प्रथा ओंदूचे इफ्फींत पळोवंक मेळ्ळी.

ज्युरी समिती

आंतरराष्ट्रीय ज्युरी म्हूण शेखर कपूर हांचे अध्यक्षतेखाला आशिल्ले समितींत युकेतले दिग्दर्शक मायकल राडफोर्ड, इस्त्रायलांतले दिग्दर्शक सुहा अरफ, जर्मन अभिनेत्री जुलिया जेन्थेज, साऊथ कोरियन चित्रपट निर्मातो जिओन क्यू हावान हांचो आस्पाव आशिल्लो. फिचर फिल्मांचें परिक्षण अरिबम श्याम शर्मा हांचे वांगडा १३ ज्युरीनी केलें जाल्यार लघुचित्रपट विभागाचें परिक्षण सात ज्युरींचो आसपाव आशिल्ले समितीन केलो.

ऑस्कर चित्रपट

ओंदुच्या महोत्सवांतले २६ चित्रपट हे ऑस्कर पुरस्कारा खातीर नामांकन जाल्ले आशिल्ले. तांतल्या कांय चित्रपटांचो आसपाव कान, बर्लिन, टोरांटो हांगच्या चित्रपट महोत्सवांनी उक्तावण सुवाळ्यांतले चित्रपट म्हूण जाल्लो . भारतीय पॅनोरमा विभागांत ४७ चित्रपट आशिल्ले. ईशान्य भारतीय चित्रपटांक हे खेप फोकस केल्लें. ४६व्या ह्या चित्रपट महोत्सवांत ८५० परस चड चित्रपट प्रतिनिधीनी वांटो घेतलो. हातूंत ५४० राष्ट्रीय तर २८० आंतरराष्ट्रीय दिग्दर्शक, निर्माते, कलाकार, तांत्रिक विभागांतले तंत्रज्ञ बी हांचो आस्पाव आशिल्लो. हे इफ्फींत एकंदर ७९० चित्रपटांच्यो प्रवेशिका आयिल्ल्यो. तातूंत १८२ विदेशी तर ९० भारतीय चित्रपटांची निवड जाली. ह्या धा दिसांत खूब कलाकारांनी इफ्फीक भेट दिली. तातूंत ऑस्कर अकादमीचे वांगडी, हॉलीवूडचे कलाकार आशिल्लेच पूण बॉलीवूडचे कलाकार वळखिचे जाल्ल्यान तांचेर लोकांच्यो नदरो आशिल्ल्यो. अनिल कपूर, सोनाक्षी सिन्हा, इलयाराजा, कबीर खान, जॅकी श्रॉफ, नाना पाटेकार अशे कितलेच कलाकार दिसले.

CMM ARENA®
MEGASTORE



CMM ARENA हें घरां आनी ऑफिसां खातीर लागपी फर्निचर,पडदे, घर सजावट, इलेक्ट्रॉनीक्स, दिवे, झुंबरां, कुलचावां, मॉड्यूल किचन्स तशेंच घराक उपेगी सगळ्या तरेच्या वस्तुंची, उपकरणाची रिटेल विक्री करपी एक प्रशस्त आस्थापन. सगळेतरेच्या ग्राहकांक तांच्या णव दुकानांतल्यान सुविधायो आनी सेवेचो लाव मेळटा, जातूंत मेरशेच्या ३३,००० चौखण फूट मेगास्टोअराचो आनी मंगळुरूच्या ४५,००० चौखण फू मेगास्टोअराचो आसपाव जाता.

वेवस्थापनान भारतांत आयिल्लें ई. रिटेलींगचें ल्हार लक्षांत घेवन समांतर वितरण वेवस्ता सुरू केली, जातूंत गिरायकांक दुकानांत वचनासतन सुलभ खरेदी पासत घरांत बसून वस्तू विकत घेवपाक मेळच्यो. हाचो आरंभ डिसेंबर २०१३ त CMMARENA.com चेर जालो. हातूंत शॉपिंगाचो वेळ तशेंच खरेदी पासत दुकानांत वचपाचें अंतर उणें जालें. आस्थापनान चडांत चड वस्तू संकेतथळाचेर घालपाचो यत्न केला ज्यो CMM Arena मेगा स्टोअर्सांत विक्रीक उपलब्ध आसात.

कालांतरान हें संकेतथळ जसजशें CMM ARENA स्टोअराचें एक आंग जालें तसतशें आमी गिरायकांक चडांतचड सुविधा दिवपाक आनी वस्तू विकपाक यशस्वी जाले आनी आतां दोन वर्सां उपरांत वेवस्थापन परत एक फावट www.cmmarena.com ह्या नांवान मोबायल फ्रेंडली जालां जें ॲन्ड्रायड फोनांत वापरूंक शकतात असलें वेबपोर्टल तुमकां दिता. हें नवें संकेतथळ गिरायकांक अदीक बरे फिचर्स आनी चॉयस दिता. ताचें मोबायल फ्रेंडली डिजायन गिरायकाक आमचे प्रॉडक्ट तांच्या मोबायल आनी टॅबलेटीवेल्यान सहजतायेन पळोवंक मेळटा. तशेंच हातूंत तुमकां चडावाचे फिल्टर्स आनी सुदारीत सर्च ऑप्शन्स दिल्यांत जाका लागून तुमी सामानाची निवड जलद तशेंच कसलेच गैरसोयी विरयत सोपेपणी करूंक पावतात. हातूंत आमी एक नवे तरेची सुविधा दितात जातूंत तुमी ऑनलायन वस्तू विकत घेवन 'कलेक्ट फ्रॉम स्टोअर' ऑप्शनावरवीं लागींच्या स्टोअरांत येवन वस्तू घरा व्हरूंक शकतात. हातूंत गिरायकान खरेदी केल्ली वस्तू घरा व्हरचे आदीं ते वस्तूंक स्पर्श करून तांतलें खरेंपण पळोवपाची संद मेळटा.

An Impressive Way Of Living
OONA
Sofa Sets
Cushion Covers
Lightings & Chandeliers
Outdoor Furniture
Dining Sets
Carpets
Solid Wood Bed
Lamps & Candle Holders
Office furniture
Figurines
Home Appliances
Mattresses
CMM ARENA®
MEGASTORE
Merces-Panjim | Duler-Mapusa | Gogol-Margao
Mangaluru | Shortly in Kolhapur
HOME FURNITURE
OFFICE FURNITURE
HOME APPLIANCES
HOME DECOR
MODULAR KITCHEN
TABLEWARE
CHANDELIERS
MATTRESSES
10:00am - 8:00pm / Sunday -11:00am - 6:00pm
Online: WWW.CMMARENA.COM | +91832 6634962 to 66 | shopping@cmmgroup.in

URBA

Luxury Service Apartments

Each of our one BHK units at Urba luxury service apartments, Porvorim Goa is of premium quality. All are stylishly furnished and centrally located to provide a comfortable stay to all our guests.

They boast a 'home away from home' comfort that is warm and welcoming rarely found in a hotel. All our guests are special to us, no matter how long their stay – be it days or weeks. Our complimentary services including free Wi-Fi, breakfast, toiletries, and housekeeping help to ensure your stay is as pleasant as possible.

When you stay with us in one of our luxury serviced apartments, you have the greater privacy and more relaxing ambience that they offer compared to a hotel, at the same time you have approximate saving of 20-30% compared to a hotel room of the same standard and area.

Professionals choose Urba Luxury Service Apartments for our efficiency and flexibility – we don't have binding minimum term contracts with long notice periods. We offer a professional service with very competitive corporate rates of up to 20% discount. For an annual contracts we even offer 30% discount. Please call us for further information.

Website. Http://www.urbaluxury.com
Email : info@urbaluxury.com
Tel 0091 8322415168 mob 0091 8007542168

GOA STATE FIRE FORCE TRAINING CENTRE

3 Main Activities

▪ Fire Prevention ▪ Fire Extinction ▪ Training

PROFESSIONAL TRAINING COURSES

For Government and Non-Government Public Fire Services
Regional Training Centre (Approved by Ministry of Home Affairs, Govt. of India) -
SUB OFFICER'S COURSES (N. F. S. C.)
&
Tailored Training Course By Professionals
Meeting the needs of Hospitality Industry, Industries and Commerce
Visit website www.goadfes.gov.in for various training courses

Contact :

DIRECTORATE OF FIRE AND EMERGENCY SERVICES
Government of Goa, St. Inez, Panaji - 403 001
Tel :- (0832) 2423101, 2425101 Tel. Fax : (0832) 2225500
E-mail: dir-fire.goa@nic.in / trg-fire.goa@nic.in

आकर्षण

कोंकणींतले म्हालगडे साहित्यीक आनी संशोधक तशेंच भाशांतरकार सुरेश गुंडू आमोणकार हांकां मंगळुराक 'विमला वी. पै विश्व कोंकणी जीवनसिध्दी सम्मान भेटयलो तेन्नाचो खीण.

कोंकणींतली ज्येश्ठ कथाकार मीना काकोडकार हांकां तांचे 'वास्तु' हे कादंबरी खातीर मंगळुराक 'विमला वी. पै विश्व कोंकणी साहित्य पुरस्कार भेटयलो तेन्नाचो खीण.

'बिम्ब' प्रकाशन आनी कोंकणी भाशा मंडळ हांच्या जोड पालवान मडगांव हांगा कोंकणी भवनांत 'बिम्ब' दिवाळी अंकाचेर भासाभास घडोवन हाडली. तेन्ना उपस्थितां मुखार संवाद सादतना लेखक कृ. म. सुखठणकार, अंकाचेर भासाभास करपी माया खरंगटे, सखाराम बोरकार, हर्षा शेटये आनी रमेश लाड.

कृ. म. सुखठणकार हांच्या 'धंयार धुमके' ह्या पुस्तकाचें विमोचन हालींच पणजे शारांत जालें. ह्या वेळार माचयेर दिलीप बोरकार, गजानन जोग, अरूण साखरदांडे आनी कृ. म. सुखठणकार.
हें पुस्तक सुखठणकार हांचें दुसरें पुस्तक. हे आदीं 'चिमटे धुमके' हें पुस्तक उजवाडाक आयलां आनी तेंय बिम्ब प्रकाशनावतीनूच उजवाडाक आयिल्लें.

– संतोष हळर्णकार
बांदिवडे–बंदर,
फोंडा–गोवा ४०३ ४०१.
मो. : ९७६२६४१६१५



आडवे

१. हालींच आयल्लो सलमान खानाचो एक फामाद हिंदी सिनेमा, ७. रीस्क, वळ, ८. पद, गाणें, १०. पांच आनी सात, ११. नवी नोट अशी आसता, नवें, ताजें, १४. गोंयांतलें एक आदलें दिसाळें, १६. भारतांतलें एक उद्योजक घराणें, १८. तागडी, २०. कळप ना, नेणां जावप, २१. एक आनी दोन, २३. माणकुल्या भुरग्यांची शाळा? २४. XX का मालीक एक – साईबाबांची शिकवण, २५. भोवशीक जमात, एकठांय जमिल्लो लोक, २७. हिकमती, खटपटी, २८. भगवान श्रीकृष्ण, २९. मुरली (हिंदी), ३०. नरेंद्र, भूपती, 'राणी'चो घोव, ३१. धर्मीक वावराक उपकारावचेले पिंजर लाशिल्लें तांदूळ, ३२. ल्हान फळें.

उबे

२. गोंयचें 'शेजारी' राज्य, ३. खूब तरांचें, वेगवेगळे, विं
विंगड, ४. पाटण, शार, ५. व्हंकल (मराठी), ६. रुशी, तपस्
स्वामी, ९. जोखप, तुळा करप, १०. शरद पवारांचो मतदारसं
१२. कुंतीचो पूत, कौंतेय, १३. थाळी, ल्हानसार सोबीत ता
१५. आपली म्हणणी, विचार, १७. नुस्तें धरचेली जाळी, १
जाप, उत्तर, २०. पाकिस्तानाचे प्रधानमंत्री, २२. काम्राचो
नगरपालिकेचो येजमान, २४. घोवाच्या पेट्ट्या सरणार ता
बायलेन लासून घेवप, २६. बजरंगी XXXX – सलमाना
एक सिनेमा, २८. कागाळ, तक्रार (इंग्लीश), २९. तांबड्या
धव्या रंगाची बुळबुळीत आनी लांबोडी नुस्त्याची जात.

Buy a Luxury Villa with its Own Private Plot

PLOT SIZE
280 TO 425
Sq. Mts



The Highland Villas
PORVORIM - GOA

The Highland Villas is a residential enclave that is unique in its very concept of private, independent plots within a secure complex with all amenities. The beautifully designed villas, combined with our very central location and the concept of plot ownership assures you of lasting asset value.

SavoirFaire

Design Combinations
- 3BHK + Car Porch + Open Terrace
- 4BHK + Car Porch + Open Terrace + Maid's Quarters
- 3BHK + Car Porch + Open Terrace + Maid's Quarters
- 4BHK + Family Lounge + Car Porch + Open Terrace + Maid's Quarters

MEMBER OF CREDAI GOA

Club House

Classy Streetscape

Well-equipped Gym

Tennis Court

Children's Park

Basketball Half-Court

Project approved by leading Housing Finance Institutions

Construction work in full swing and some villas nearly ready for possession

HIGHLAND CONSTRUCTIONS PVT. LTD.

www.highlandvillasgoa.com

501, Citicentre, Patto Plaza, Panjim, Goa 403 001 INDIA.Tel/Fax: +91-832-2437296
Mobile: +91 99234 12021 & +91 80077 42020 E-mail: highlandvillasgoa@gmail.com

NATIONAL AWARD WINNER FOR **BEST HOLIDAY HOMES 2010**

स्वच्छ भारत
एक कदम स्वच्छता की ओर

G A

Looking for an Industrial Friendly State ?...

Goa awaits you!

Well developed Industrial Estates /Areas available for investments from non polluting industries to set up units and utilize abundant resources and friendly economic policies to their advantage.

Several units have already set up operations in Goa with the benefits offered by the state.

- Excellent climate, Culture & environment.
- The best educated manpower resource.
- Accessibility by rail, road, air & sea.
- Committed Government & Bureaucracy.
- Ample power.
- Executives feel at home.
- State-of-the-Art communications.
- Several professional educational institutions.
- Excellent management – labour relations.
- Abundant warehousing.
- Modern port & international airport.
- A major health tourism destination.

People friendly initiatives of the Government for improved living conditions of the people and for supporting industrial growth

- Rs.1 Lakh to every girl child upon attaining the age of 18 years under Ladli Laxmi Scheme to support marriage, education and other expenses.
- Increase in the financial assistance from Rs. 1000/- to 3500/- per month for differently abled person.
- Allowance of Rs.1000/- per month under Griha Aadhaar Scheme to housewives to offset inflation.
- Organization of Krishirath Camps for the benefit of farmers
- Measures initiated for providing 24X7 Water supply.
- Revised Cyber Age Scheme providing laptops to students.

सत्यमेव जयते
GOVERNMENT OF GOA

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa

Working towards a Secular & Prosperous Goa

ESG
ENTERTAINMENT SOCIETY OF GOA

इफ्फी 2015

46वो आंतरराष्ट्रीय भारतीय चित्रपट महोत्सव भारत, गोंय

२० नोव्हेंबर-३० नोव्हेंबर

इफ्फी २०१५च्या भव्य येसा खातीर तुमकां देव बरें करूं!

इफ्फी २०१५ हो उत्कृश्ट चित्रपट, प्रतिभावान चित्रपट निर्माते, जैतिवंत सत्रां आनी चित्रपट कलाकार हांच्या सयत खासा अणभवान समृद्ध जाल्ल्या इफ्फीचें कायम थळ म्हूण येजमानकी स्विकारतना गोंयची सरबराय मुजरत याद उरतली!

Published & Printed by Dilip Borkar Owner of Bimb Monthly, 'Dharm-Laxmi', St. Lourence, Agasaim - Goa &
Printed at Impressions, Belgaum. Editor : Dilip Borkar, Ph.: 2438355, E-mail: bimbkonkani@yahoo.co.in

NARAYAN (NANA) BANDEKAR GROUP

NRB GROUP©

A Leading business group in Goa, NRB has always stayed true to its core values of integrity and social responsibility. Today these values extend into our hospitality chain-Palette Hotels, our manufacturing division-Bandekar Speciality Valves Corporation (BSVC), retail, wellness, fitness and entertainment businesses. In short our transparent business associations, professional employee relations and strong commitment to community welfare make NRB a modern dynamic company with good old fashioned values.

The NRB Group also has expanded into the international markets and is the first Indian conglomerate to establish presence in Zambia with their NRB Pharma manufacturing unit.

THE HQ© Where It All Happens

10 CALANGUTE An Exclusive Boutique Hotel

NRB-Norbert's Fitness Studio

3N DISTRACTIONS

NRB PHARMA

BSVC

MINING & EXPORT | MANUFACTURING | HOSPITALITY | EVENTS & CONCEPTS | WELLNESS

Regd. Office: 601, 6th Floor, Dr. Ozler Forum. Near St. Andrews Church, P.O. Box 31, Vasco-da-Gama, Goa - 403 802. T: +91-832- 2512563 / 2848 F: +91-832-2501997 www.nrbgroup.biz

POSTTAL LICENCE NO. G-2/RNP.Goa/01/2015-17

RNI Regd. No. GOA KON/2008/304